साहित्य अकादेमी पुरस्कारप्राप्त कन्नड कथाझेलो

मोटव्यो कथा

मास्ती वेंकटेश आय्यंगार

2359
Sh. Stories Dev
RAM
215
Acc. No:

002359
L:B01-R03 (Dev.N)
002359
215
KONKANI BHAS ANI SANSKRIT PRATISHTAN (R)
Navaratna
Palace
K.S. Rao Road
Mangalore-1

मोटव्यो कथा

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पाकृती दिल्यां शिल्पांत तीन जोतिशी बुद्धभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुद्धोधनाक सांगतात अशें दाखयलां. शिल्पाचे सकयले वटेन एक बरोवपी तें सांगप बरोवन घेता. भारतांतल्या लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळ्यांत पुर्लिल्ली नोंद आसूंये.

नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेंकडों, इसवी,
नॅशनल म्युझियम, नवी दिल्ली हांचे बरेपणान.

साहित्य अकादेमी पुरस्कारप्राप्त कन्नड कथाझेलो

मोटव्यो कथा

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No. 215

बरोवपी

मास्ती वेंकटेश आय्यंगार

अणकारपी

रमेश लाड

साहित्य अकादेमी

Motveo Katha (मोटव्यो कथा) :
Konkani translation by Ramesh Lad of
Masti Venkatesha Iyengar's Award Winning
Short Story collection *Sanna Kathegalu* in Kannada
Sahitya Akademi, New Delhi (2003), Rs. Ninety

© **Sahitya Akademi**
First Edition : 2003

A, MAS (P03

Published by :
Sahitya Akademi

Head Office :
Rabindra Bhavan, 35, Ferozeshah Road, New Delhi 110 001

Sales Department :
Basement in 'Swati', Mandir Marg, New Delhi 110 001

Regional Offices :
172, M. M. G. S. Marg, Dadar (East), Mumbai 400 014
Jeevan Tara, 23A/44X, Diamond Harbour Road, Kolkata 700 053
Central College Campus, Dr. Ambedkar veedhi, Bangalore 560 001

Chennai Office :
C. I. T. Campus, TTTI Post, Taramani, Chennai 600 113

ISBN 81-260-1672-8

2359
Sh. Stories → ~~AA~~ → Dev
RAM

मोल : रू.90.00

Cover Design : Shubhada Mule

Typeset & Printed by : Micrograph, Ramdoot Bldg., Girgaum, Mumbai 4

मांडावळ

विभाग - 1

1.	मुनीश्वराचो रुख	3
2.	चेन्नमा	17
3.	चिक्कव्वा	47
4.	संजीवाचें सपन	64
5.	सुण्याचो जल्म	76
6.	आंग्ल नौका कॅप्टन	83
7.	संयमी केटो	98
8.	काक लोक	105
9.	मंत्रोदय	111
10.	राणी हाटशेप सिट्रू	122
11.	भ्रश्ट काळ	133
12.	नेशहुवल कोयोटल	142
13.	विचित्र प्रेम	156
14.	नर्तकीचो पराजय	165
15.	चवथो अध्याय	178

विभाग - 2

1.	नावांक मरण ना	189
2.	शाळेचे आचार्य	195
3.	न्याय रक्षक फीटस् स्टीफन्	201
4.	मुयांचो संवसार	205
5.	दांपत्याची नवी तरा	211
6.	आंग्ल-भारतीय आवय	217
7.	ॲन् शेक्सपियर	226
8.	टॉल्सटॉय महर्षिंचे भोजवृक्ष	232
9.	कुचेलाचें भाग्य	238

विभाग - 1

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
215

1.
मुनीश्वराचो रूख

कल्माडी साकून हालारा वचपाचे वाटेर शाविगे आनी कुंबळहळ्ळी हे गांव मेळटात. दोनूय मुखेल रस्त्याकडच्यान पयस आशिल्ले गांव. दोनायच्या मध्यार रस्त्याक लागींच एक व्हडली देवराय आसा. तिचे एकेवटेन आदल्या काळावयली एक व्हडली बांय आसा. तिका एकेवटेन देंवपाक सोपणां आनी उरिल्ल्या तिनूयवटांनी फातरांचे बांदकाम आसा. रायेच्या एका कोनशाक बांयेचे कुशीक एक पिंपरीचो व्हडलो रूख आसा. ल्हानपणांत हे वाटेन जाणट्यांवांगडा वता आसतना म्हाका त्या रूखाचो परिचय जालो. ताचें नांव आशिल्लें मुनीश्वराचो रूख. ताचे विशींचे एके खाशेले गजालीक लागून काय कितें म्हाका ताचो तेंन्नाच्यान भंय दिसतालो. मातसो व्हडलो जातकर हालारा वता आसतना वांगडचे भुरगे म्हजे भशेनूच त्या रूखाक भिताले ते हांवे पळयल्लें. तरणाटे भुरगे ते वाटेन वचपाचे आसले जाल्यार त्यांच्यो आवयो तांकां शिटकावन म्हणटाल्यो ‘‘सांबाळून वचात आं! उदक बी पिवपाक जाय म्हणून व्हडले बांयेंकडेन बी वचूं नाकात आं!’’ तोंडान व्हडली बांय अशें म्हणल्यारूयबी खरेपणी तांच्या अर्थान मुनीश्वराच्या रूखाकडेन अशेंच आसतालें. अर्थ असो आसतना तशें कित्याक म्हणटालीं जाल्यार ‘‘मुनीश्वराच्या रूखाकडेन वशात बी’ अशें म्हणून मुनीश्वराक दोश दिल्लेवरी जायत असो भंय दिसतालो. पिराय वाडली आनी हांव अशे तरेच्या भंयांतल्यान मुक्त जालों तेन्ना हावें त्या रूखासंबंदान कितें समज आसा. त्या संबंदान शाविगे आनी कुंबळहळ्ळी गांवांनी जाणटेल्यांक विचाल्लें. तेन्ना म्हाका जी म्हायती मेळ्ळी तिचे वयल्यान त्या रूखाकडेन नातें आशिल्ली कथा सांगतां.

II

आतांच्यान सुमार पन्नाशेक वर्सां आदली गजाल. शाविगेंत रामय्या आनी राजम्मा

नांवांची घोव बायल रावतालीं. राजम्मा हे कुंबळहळ्ळींतलें चली भुरगें. ती खूब सुंदर आशिल्ली. कितली सुंदर आशिल्ली म्हणपाची आतां कोणूच वर्णन करून सांगपी ना. तेन्नाच्या काळार त्या वाठारांत ती अती सुंदर. खरेपणी पळयलें जाल्यार खंयचे सुंदरेचें उलोवणे अप्रीय आसता? त्या काळार ते सरभोंवतणेत तेंच रूप सोबीत आशिल्ले. तिचे चाल-चलणुकेंत डौल आशिल्लो. तिगेल्या हांशाभितर पळयतल्याचें मन चोरपी माया आशिल्ली. कांय वरसां घोव-बायल सुखांन आशिल्लीं. घरांत रामय्याची धाकटी आवय सोडून दुसरें कोण ना. स-सात वरसां जालीं तरी तांगेर भुरगें जालें ना. मागीतर कितें जालें, घोव आपणाकडें दुर्लक्ष करता अशें राजम्माक दिसलें. हिका आतां पयलींभशेन आपणाचेर श्रद्धा ना अशें रामय्या समजलो. राजम्माक खाशेलें अशें कांयच काम नाशिल्ल्यान चार पांच फावटी कुळरा वचून दोन-तीन दीस रावून येताली. कुंबळहळ्ळी आनी शाविगे हांचे मदीं चडूच तें एका मैलाचें अंतर आशिल्लें. कोणूय आसूं दोना भितर एका गांवचो मनीस दुसऱ्या गावांत वस्तेक रावपाची गरज पडपा सारकें कारणूच नाशिल्लें. कसलेंय काम आसूं, लग्नकारण आसूं, सगळीं कामां सोपोवन परतून आपणाल्या गावांक येवप शक्य आशिल्लें. अशे आसतनाय राजम्मा अशी कुळरा कित्याक रावली काय? लोक हाचे विशीं चिंतूंक लागले, कारण समजलें अंशे दिसलें. एकलो दुसऱ्याच्या कानांत फुतफुतूंक लागलो. आं? अशें? म्हणून आयकून घेवंक लागले.

ताणीं तर्कान थारायल्लीं कारणां आशिल्लीं तीं अशीं : भुरगीं नाशिल्ल्यान राजम्मा वाजेल्ली. वाज घालोवपा खातीर कुळरा रावली. तिचे भयणीचो घोव नरसप्पा इल्लो आस्पतदार मनीस. बायलां दिसतकच जिबली चाटपी सभावाचो. हिचे आनी ताचे मदीं सलगी वाडली आसूंक जाय.

राजम्मा नरसप्पा बरोबर गरजेपरस चड सलगेन वागता अशें कोणेय पळयलें बी अशांतली गजाल नाशिल्ली. ती कुंबळहळ्ळींत आसतना दोनूय फावटी दनपारच्या वेळार धाकलें भयणी गेर गेल्ली. भयणीचे केंस वळोवन विणी घाली. आपणेय बी विणी घालून घेतली. तीं दोगांय सख्ख्यो भयणी नाशिल्ल्यो. दोगांय बापोलभावणां नरसप्पा त्या दिसांनी घरांतूच आशिल्लो. भितर हीं दोगांय उलयतालीं आनी तो मोट्या मोट्यान हांसतालो तो आवाज भायर आयकूंक येतालो.

लोकांचो हो तर्क गावांत घर, झाड, फातोर अशें सगळ्यां मेरेन पावले उपरांत, कोण पूण खंयतरी उलयल्लो ती मोडकी तोडकी गजाल रामय्याच्या काना मेरेन पावली. ती गजाल कानार पडलेबरोबर ताका कितलें दुख्ख जालें तें सांगप शक्य ना. बायलेन चुकीची चलणूक आपणायली जाल्यार घोवान अपमानीत कित्याक जावप तें खात्रेन सांगप कठीण. चडकरून आपूण जिवितांत असफल जालां अशी भावना जावप त्या अपमानीत

जावपा फाटलें कारण आसूं येता. बायलेक समज दीवन तिचें मन आपल्या ताब्यांत दवरूपाक लावप. ही जापसालदारकी घोवाची. ही जापसालदारकी तो पेलूंक शकलोना. जिविताचें परिक्षेंत ताणे हार खाल्ली. बायल बरे चलणुकेची आसली आनी घोवाची योग्यताय उणी आसली जाल्यार मात अशे तरेचो वाद उपरासचो ना. बायल कितलीय अप्रामाणीक आसली जाल्यारूय घोवाची हार ती हारूच. केन्नाय जावं, खयीं जांव खंयच्च्या य मनशाक मान. बागोंवक लावपी हे हारीचो अपमान ल्हान गांवाच्या जिवितांत एक सोसूंक जांयना तसलो आघात थारता. घोवाक सामको कोसळावन घालता. भुरग्यांनी फातरावन चटणी करून उडयल्ल्या एका किड्यावरी असलो घोव सगळ्या लोकांचे काकुळटेचो विशय जावन पडटा. ही काकुळटूच मागीर ताच्यान सोसूं नजो जाता. आपणाली बायल आपणाकडेन सारकी वागली ना अशें दिसतकच रामय्याक खूब राग आयलो. घरा वचून, हिका स्पश्टपणान विचारपाक जायः फावोते तरेन ख्यास्त करपाक जाय; हाजे फुडें तिका आपणे आडांवक जाय. अशे तरेच्या निश्चेवांची गजाल येता तेन्ना घोवाचो शेक कितलो दुर्बळ आसतां तें खंयच्च्याय घरकाराच्या ध्यानात येवचें ना. वाऱ्याक बंधन घालचें तशेंच मनाक बंधन घालूं येत पूण कशे तरेन तें मान मनशाक आजून कळपाचें आसा. आपणाल्याच मनाक आडावंक शकुंना तो मनीस दुसऱ्याच्या मनाक कसो आडायतलो? तातले तातूंत समाजीक परंपरेंतलो घरकार म्हणटात तो एक विचित्र प्राणी आसता. आपूण घरकार आशिल्ल्या कारणान घरकान्नीच्या मनाचेर ताबो दवरपाची शक्त आपणाक आसा अशें तो समजता. आनी तसो वागता.

त्या दिसा रातचो रामय्या बायले म्हऱ्यांत आयलो तेन्ना तिका स्पर्श करपाचे मनःस्थितींत नाशिल्ल्यान वाजेलो. फाटलें फुडलें कांयच उलयनासतना ताणे म्हळें ‘‘तूं उठू उठून कुळरा वता तें बरें दिसना.’’

राजम्माचो जीव खोलांत पडलो. ती घरा परतल्यार धायेक दीस जाल्ले. कारण नासतना घोवान उलयल्ली उतरां, वांगडाच आवाजांतली खरसाण तिका मातशी विचित्रच दिसली.

‘‘म्हाका वचपाक जाय अशें म्हळां तर हावें?’’

खूब वेळ विचार करून पयलें वाक्य तयार दवरिल्ल्या तिच्या घोवाक तिका परती जाप कितें दिवंची तेंच कळना जालें. ‘आतां मुखार वचपाची खबर उलयनां हांव. हाचे आदी गेल्लें ताचे विशीं हांव उलयनां. ‘अशें म्हणपाचें. आनी तिणे ‘कितें जालें?’ अशें विचाल्ल्यार कितें सांगप?’ नरसप्पा वांगडा नाचलें! अशें म्हणटलों? एखाद्या घरकारान अशें उलोवप सोबचें ना. ‘लोक जायतें उलयतले, हांव आनी तूं घट रावया अशें कितेंय उलोवन कसलीय कोडू घडणूक वाटावपाचे मोखीन उलोवंक जाय. अशें उलयलों जाल्यार

घरकान्नीक बंधनांत दवरूपाचे नदरेन आडखळ येवंक पावची ना.

रामय्यान दोन खीण चिंतून म्हळें ''ती सगळी खबर सोड. हावें सांगलां तितलेंच ध्यानात धर.'' आनीक कितेंय उलोवपाची मनःस्थिती नाशिल्ल्याचे स्पश्ट करून ताणे कूस परतिली आनी न्हिदेचें सोंग घेतलें.

राजम्माक तागेली ती तरा पळोवन कितेंयतरी आगळें उणें घडलां म्हणपाचें कळ्ळें. लोकांनी आपणाविशीं केल्लो वायट तर्क राजम्माक समजल्लो. ताचे संबंदान घोवाल्या कानार कितेंय पडलां आसत काय? ते खातीर तो रागार जाला आसत काय? कितें घडलां आसतलें? अशें चितीत राजम्मा न्हिदली. तिका बेगीन न्हीद आयली ना. तिणे फाटीं दोन फावटी कुळरावचून तीन चार दीस राविल्ली ती याद काडली. तिका आपणाल्या घरा परस कुळरा रावप चड बरें दिशिल्लें. कित्याक? थंय कुळारच्या मनशांनी चड माया केली. भावजेन तोंड इल्लें वांकडें केल्लें म्हणपाची गजाल खरी पूण वट्ट नियाळ घेतल्यार तो गांव हाचे परस सुखाचो सो दिसलो. ते नदरेन चिंतून तिणे कांय गोड यादी मनांत हाडल्यो. नरसप्पा उलयतालो तें आयकन दिसपा सारकें आशिल्लें. ताकाय हिचेविशीं तोखणाय दिसताली. घोवान ताचेवरी केन्नाच उलोवन दाखयलें ना. पूण भोव मोगान तो तिचेकडेन वागलो तो खूब आदीं. हालींसराक ताणे आपणावटेन हांसत्या तोंडान केन्ना पळयल्ल्याची याद जायना. आपणाल्या पोटांत एखाद्रें भुरगें जल्माक येवंक पावले नां. कितें करप? हांव तशेंच मागून आयलां म्हणपाचे. ह्या खातीर नाखुशी दाखयल्यार कशें जातलें? रगड्यांतल्या वांटपामदी ताचो फातोर बंदखणेत पडिल्ले वरी फिरत उरचो तशें राजम्माचें मन त्याच त्याच विचारांमदी असहायपणान घुंवत उल्लें. ह्या चिंतनातल्यान आपणाली सुटका करून घेवंक शकना जाल्ल्यान शेणिल्लेवरी जावन ती ह्या बेरंग जाल्ल्या स्त्री जल्मातल्यानय सुटका नाशिल्ल्यान जाल्ले असंहायतेचो अणभव घेतालो. पसंतेन हाडिल्ली साडी; रंग तिगलोना. आशेन सुरू केल्ली जीण, बेरंग जाली. कितें करपाचें? ती न्हेसून पिंजून उडोवपाची आनी ही जगून सोपोवपाची.

थोडे दीस घोव बायलेन एकामेकाकडेन एक दोन उतरां सुद्धां उलयनासतना दीस धुकल्ले. जिणेची ही रिती आवर्तिकाय (शून्य स्थिती) राजम्माच्यान सोसूंनज जाली. एक दीस तिणे घोवाक ''हांव धायेक दीस अण्णा गरे राबून येतां.'' अशें म्हळें. ''तूं म्हजेर खूब बेजारला. म्हाकायबी खूब त्रास जाल्यान.' अशें ताका सांगून उडोवपाचो तिचो हेत आशिल्लो. तीं वाक्यां तिच्या तोंडातल्यान भायर पडलीं नात.

रामय्यान म्हळें 'तुका जायतशें!' ताचो सूर फाव तसो नाशिल्लो. वचूं नाका। तूं अशें ताणे म्हणचें अशें तिका दिसतालें. ताणे तशें म्हळेंना. हिचो घुस्मटमार जालो. 'इतलो बेजारला कित्याक तूं? सोपूत आसा तुका म्हजो. अशें करूं नाका, ' अशें म्हणपाक

जाय. पूण कसलो तरी संकोच. आड आयलो. तातूंतल्यान सुटका करून घेवं येताली. ताचे पयलींच रामय्यान म्हळें 'मेळत ताच्या घरा वचून म्हाका मातसो लोकांच्या तोंडात दिवं नाका.'

हाच्या मनात वितुश्ट कित्याक आयलां ते राजम्माक कळ्ळें. तिणे नितीचो मार्ग धरून दुसरो उद्देश सोडून दिवपाक जाय. सोडलो ना! दुसरे दिसा ती कुंबळहळ्ळे गेली-वता आसतना ''नरसप्पागेर वचप ना, ताचे बरोबर उलोवप नां'' असो तिणे निश्चेव केलो.

पूण अशें घडलें ना. ही थंय गेली. त्या दिसा तिगेले भयणीन म्हळें ''विणी फणी करतां, आमगेर यो.'' ही गेली ना. दुसरे दिसा ती हिका घेवन वचपाक आयली. हिणे कितेंयतरी निमित्त सांगून म्हळें, ''आतां येवपाक मेळचें ना. ''कित्याक?'' हिणे कितें सांगपाचें? तोंड उगडू नजो. कितें तें, सांगू नजो. उपाय नासून तिचे बरोबर गेली. गेली ती बरी आसाः हिचो आवाज आयकून नरसप्पा आयलो आनी हिचेकडेन उलयतउबो रावलो. उपाय नासून घरा गेली, तशीच उपाय नासून उलयलीय बी. घोवाच्या आज्ञेप्रमाण त्या घरा वचपाकूच जायना, ताचे बरोबर उलोंवकूय जायना अशें तिणे येवजिल्लें. अशें आसुनूय दोनांतूय तिचें मन सुखावले. बेगीनूच परतून येतलें म्हणून गेल्ली. थंय, भयणीची विणी-फटी करता, आपणाली करून घेता म्हळ्यार खूब वेळ जालो. मागीर ती अण्णा गेर आयली.

दुसरे दिसा दनपरां ही बांयचेर वचून परततना वाटेर नरसप्पा तिचे सामकार आयलो. 'बांयचेर आइल्लें राजम्मा?' ताणे विचाल्लें आनी हांसत पळयले. ताची नदर हिच्यां मुखामळार घुटमळ्ळी; सगळ्या आंगार भोंवली. एक तरेचो खोस दिणो भाव, वांगडाच कसलो तरी भंय हिच्या मनातल्यान वीज कसों सरसरून गेलो. आंग सर्रर जालें. आयकल्ल्या उतरांक 'ऊं' इतलेंच म्हणून बेगीबेगीन ती घरा परतली. ताका थंय सोडून हेवटेन आयली त्या खिणाक तिका आपणाल्यां पायांत चलपाची शक्त नाशिल्ले वरी दिसली. काळीज कलकललें. मुखामळार घाम फुटलो. जिवाक इल्ली खोस जाली आनी वांगडाच थोडी निरशेणीय आयली.

राजम्मा दुसऱ्याच दिसा शाविगेक परतली. घोवान ''हे कितें, पयलींच आयलें?'' अशें विचाल्ले ना. ''नरसप्पागेर गेल्ले?'' अंशेय बी विचारलें ना. ही म्हऱ्यांत उबी रावली तरीयबी हिका पळोंवनाशिल्ले भशेन रावलो.

दुसरे दिसा घरांत बसून रावपाक बेजार आइल्ल्यान राजम्मा, धुवपाचे कपडे घेवन थोड़ी पयलींच बांयचेर गेली. गांवच्या लोकाक अशेतरेन दनपारच्या वेळार बांयचेर वचपाची सवंय. पूण त्या दिसा ही भायर सरली ती थोडी आदींच.

ही बांयत देवून कपडे उमळटाली. रायेंतल्यान नरसप्पा आयलो; ‘‘राजम्मा, कपडे उमळटा?’’ ताणे विचाल्ले. राजम्मान ‘ऊं’’ अशी जाप दिली. तकली सकयल घालून आपणालें काम करताली. तो दोन खीण थंयच उबो रावलो आनी मुखेल रस्त्यावटेन चलूंक लागलो. तो खयीं वचपाक भायर सरिल्लो आसूं पूण तो आपणांक पळोवपाखातीरूच हांगा येवन वाट पळयतालो म्हण राजम्मान पारखिलें ताणे अशे येवप चूक अशें तिका दिसलें; पूण आयलो म्हणून खोस जाली. तिणे धुवन पिळून दवरिल्ले कपडे खोटल्यांत घाले आनी बांयतल्यान भायर आयली.

रस्त्याकुशीक हिका दोगजाण दिश्टी पडले. एकलो नरसप्पा, जो आतांच गेल्लो. दुसरो कोण? राजम्मान पळयलें. तो दुसरो आशिल्लो रामय्या. ते राती रामय्या पानार बसलो तेन्ना सदचे सवंयेन ती वाडपाक आयली. ताणे ‘चिक्कव्वा, वाडगे म्हाका’’, म्हणून सावत्र आवयक उलो केलो.

राजम्माल्या जिवाक बरें ना दिसता, तें हाका कळ्ळां आसतलें, ते खातीर तो आफयता आसतलो, हे सुनेन जिवाक बरें ना जाल्यार आपणांक सांगूक नाका आशिल्ले, अशें चितून ती आयली, सुनेच्या हातांतले आयदन घेतलें आनी तिका विचाल्ले ‘‘कितें गे, जिवाक बरें नां?’’ राजम्मालें तोंड येदेंशें जालें. ती थंय रावली ना. आयदन मांयच्या हातांत दिवन भितल्ले कुडींत गेली आनी वणटीक तेकून बसली.

रातीकडेन न्हिदपाचे कुडींत ताणे तिका आपणाले हांतरूण घालपाक दिलें ना. आपणालें हांतरूण आपणेच पातलायलें आनी आपले आपूण एकटोच न्हिदलो.

उलयले बगर वाट नाशिल्ली. ‘‘इतले कित्याक रागार जाल्यात म्हजेर?’’ तिणे विचाल्लें.

‘‘कितें केलां तें तुका खबर ना काय कितें?’’

‘‘विचारात कितें केलां तें. सांगतां हांव! जाय जाल्यार देवा मुखार प्रमाण जातां. हावें कसलेंच पातक करूं ना.’’

‘‘पातक केल्ली खंयची रांड म्हणटली आपणे पातक केलां म्हणून?’’

‘‘देवाखातीर अशे रांडबीण म्हणूं नाकात आं. ताचे कृपेन शंबर वर्सां जगूं तुमी.’’

‘‘असली जीण जगपा परस दोगांय ह्याच खिणाक मेल्यार चडबरीं.’’

‘‘कित्याक? कितें जालें?’’

‘‘अण्णागेर गेल्लें न्हीं तूं? नरसप्पागेर गेल्लें काय नां?’’

‘‘वचचेंच ना म्हणून राविल्ले हांव. लक्ष्मी...’’

‘‘इतलें सगळें पुराण नाका म्हाका. वचूंक जायना अशें हावें सांगिल्लें. म्हजें उतर मोडून तूं गेलें.’’

"आयकून तरी घे."

"म्हाका आयकुपाचें ना. गेल्लें जाल्यार गेल्लें म्हण. ना जाल्यार झक मार."

"चूंक जाली. तें सामकेंच फाटीं लागलें आनी ओडून घेवन गेलें. वचचें पडलें."

"बांयचेरूय बी तेंच हट्टान घेवन गेल्लें?"

हो आपूण करता सवरता तें सगळें पाळत दवरून पळयतालो म्हण कळकटच राजम्मा खूब भिल्ली. तिका अजाप जालें. दोळे मोटे करून तिणे ताचे वटेनं पळयलें.

"आं! कोणूच पळोवचो ना अशें समजल्लें काय कितें? तुमी उलयलीं तें कोणाकूय कळनासतना उरूं येत? भर दनपरां बांयकडेन पावलीं जाल्यार लोकांक दिसनासतना उरूं येता? त्या वेळार नरसप्पा बांयकडेन नाशिल्लो?"

"खरेंच सांगता हांव..."

"ये! लजनाशिल्ले अस्तुरे! कितें तें, खरें खरें तूं म्हणटा तें? कित्याक आयलां तूं ह्या घरांत? असलें केन्नाच घडूंना आमच्या घरांत. म्हज्या कपलांत बरयल्लें तें : तुका हाडून वंवशाची कथा अशे तरेन सोपोवपाचें अशें आसा जाल्यार तूं जशें सुखाक पावतलें तशें तूं राव. म्हजें सूख हांव पळयतां. हाचे मुखार तुजो म्हजो संबंध सोपलो."

राजम्मान सट्ट करून दिमी माल्ली, आपणाली तकली ताच्या पांयांचेर दवल्ली आनी म्हळें

"हावें चूक करूं ना."

रामय्यान खोंटेंन धुकळ्ळ्या आसत अशें दिसना. ताणे पांय नेटान फाटीं घेतले तेन्ना त्या येत्नाता कशेतरी तिच्या कूपलाक आपटले. ताणे आपणाक खोटेन धुकळ्ळी असो तिचो समज जालो. आदल्याच खिणाक नमळायेन भरिल्लो जीव रागान फणफणून उत्तेजीत जालो. राजम्मा फट्ट करून उठून उबी रावली. घोवावटेन कांय खीण एक्क नदरेन पळयत रावली. आनी एकूय उतर उलयनासतना थंयच्यान उठून गेली.

रामय्या तसोच न्हिदलो. सकाळीं उठून हातांत थोडे पयशे घेवन घरांतल्यान भायर सरून गेलो. त्याच दिसा सानचो हालार साकून कोण एकटो मनीस राजम्मागेर एक चीट दिवन गेलो. तेन्नाच राजम्मा आनी तिगेले सावत्र मांयन रामय्याक सगळेकडेन सोदून सोपयल्लें. चीट मेळ्ळी तेन्ना रामय्या काशी यात्रेक वचपाक गेला. म्हणपाचें कळ्ळें आनी तेन्ना तरी ताका सोदपाची गरज ना अशें तांचेकडच्यान कळ्ळें.

राजम्मालो संवसार मोडलो. रामय्याली सावत्र आवय थोडे दीस थंय रावली. मागीर एका नात्यांतल्या मनशा बांगडा रावपाखातीर म्हणून खंयतरी दुसरेकडेन गेली. घरांत एकटीच रावूं नज जावन राजम्मा घराक कुलूप लावन कुंबळहळ्ळे वचून अण्णागेर रावली.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002359

III

वीस वरसां जावन गेलीं. मदल्या काळांत रामय्या खंय खंय गेलो, कितें कितें केलें, कोणाल्यो वळखी जाल्यो हे विशीं आमी कल्पनेन थारावंक जाय. त्याच काळांत राजम्मा कशेतरेन रावली होय बी एक कल्पलेचोच विशय.

वीस वरसां जाले उपरांत एक दीस शाविगे आनी कुंबळहळ्ळी हांचे मदीं आशिल्ले देवरायेंत मदीं. आशिल्ल्या मंटपांत एकटो सन्यासी आयलो. तो पारंपारीक मुंडण केल्लो सन्यासी न्हीं. सन्यासी दंड, जपमाळ, कमंडलू बी वस्तू नाशिल्ल्यो. ताणे जटा, वाडयल्ल्यो, खाड मिशयोय बी बऱ्यो नदरेंत. भरसारक्यो सांबळिल्ल्यो. अशे दिसपी लोकांक ह्या वाठारांत मुश्नीश्वर म्हाराज म्हणपाची चाल आसा. मुशीश्वर आयलो त्याच दिसा दोनूय गावांतलो जायतो लोक ताचे भेटेक गेलो. नमस्कार करून ताणी आपणाले सेवेचो स्वीकार करचो म्हणून विनवणी केली. चडशे फावटी ताणे कुरवेन वा मदीं मदीं भोव दबिल्ल्या आवाजान, केन्ना पूर्ण उतरान केन्ना अर्दुकुट्या उतरान आपणाक इतलें सगळ्यांतलें कांयच नाका म्हणून तांकां स्पश्टपणान् सांगले. ताणी अर्पण करपाक हाडिल्ल्या वस्तूंक स्पर्श करून देवाक ओपपाचो विधी आटपून तांकां परतून दिल्यो. लोकांनी मुनीश्वरांक थोडे दीस रावपाची विनवणी केली. सन्याशान बरें आसा म्हणून तकली हालोवन मान्यताय दिली.

पांच स दिसांभितर दोनूय गावांतलो दर एक मनीस मुनीश्वराक पळोवन गेलो. सन्यासी चडसोवेळ ध्यान करपांत घालयतालो. लोकांक तो सांजचो फकत थोडोवेळ दिसतालो; बांयचे कुशीक त्या पिंपरीच्या रूखामुळांत. ताचे ते चलणुकेन गांवच्या लोकाक खूब समाधान मेळ्ळे. कोणतरी एक महात्मो आयला अशी खबर भोंवतणच्या धायेक गावांनीयबी पातळ्ळी. ताका आसरो थारिल्ल्या त्या रूखाक लोक मुनीश्वराचो रूख म्हणूंक लागले.

गावांतलीं बायलो भुरगीं येवन सन्याश्याक नमस्कार करून वताली. तांचे मदीं राजम्माय बी एक. ती आपणाले ते भयणी वांगडा महात्म्याक मेळपाक आइल्ली.

तेन्ना नरसप्पा हो संवसार सोडून गेल्लो. हाका पळोवपाक आइल्ली भयण तेन्ना विधवा जाल्ली.

सन्याशाक नमस्कार करून बसली तेन्ना दोन-तीन मिनटांभितर तो रामय्या म्हणपाचें राजम्माक कळ्ळे. तिणे आपणे ताका वळखला म्हण तोंडार दाखयलों ना. सगळ्या लोकांवरी थंय बसून चलतालें तें उलोवणें आयकताली. उलोवणे कसले, कितेंय उलोवणे जातालें तें थंय हाजीर आशिल्लो लोक उलयतालो तितलेंच. सन्यासी दोन-तीन उतरां ओग्गी रावून आयकतालो. कोणूय आपणाल्या दुख्खाविशीं सांगतालो. तेन्ना कुरवेनूच

देव आसा, देवाचेर भावार्थ दवरून सोसून घेयात अशी जाप दितालो. त्याभायर चड कितेंय विचारतल्यांक नाका, पुरो अशें म्हणून कुरवो करतालो. जे कोण आशिर्वाद सागताले तांका ताणीच हाडिल्ल्या नाल्लाबरोबर कुकूम लाइल्ल्यो चार अक्षता हातार दवरून आशिर्वाद दितालो. ताची ही सगळी चाल चलणूक पळोवन राजम्माक तो रामय्याच म्हणपाविशीं इल्लोये दुबाव उल्लो ना. त्या दिसा ती बेगीनूच उठली. सन्याशाक नमस्कार करून भयणी बरोबर घरा परतली. हाका आपूण वळखल्यां तशे हेर लोकूय वळखल्यात काय अशें ती चितताली. दोन तीन दीस ते उलयल्ले तातूंत हाचे विशीं कोणाकूच सुलूस लागल्याशी दिसली ना.

त्या म्हयन्यात राजम्मा पांच स फावटी सन्याशाच्या दर्शनाक वचून आयली. ताका आपूण वळखलां अशें दाखयलें ना. ताणे कशी तरी आपल्याक वळखून आपलेवटेन पळयलां आसत काय म्हणून अदमास घेतलो. ताचे नदरेंत तसलें कांयच दिसलें ना.

निमाणे एकदीस रायेंतल्या एका झाडाकुशीक पयलींच येवन वाट पळयत रावली आनी तो बसतालो त्या झाडापोंदा तो बसनाफुडें ताचे सामकार येवन नमस्कार करून उबी रावली. सन्याशान तिका कुरवेनूच बसपाक सांगलें.

राजम्मा बसली. दोळ्यांतल्यान घळघळीत दुकां देंवलीं. ''म्हाका सोडून भायर सरून गेले तुमी. म्हजो हात हातांत घेतिल्लो म्हणपाचेंय विसल्ले.'' तिणे म्हळे.

सन्याशान ''विसरूं ना, वळख आसा.'' अशी कुरवेनूच जाप दिली.

''हांव वळखल्यांच न्हीं? आतां उलयल्यार कितें जाता? उलयात इल्ले म्हजे वांगडा.''

सन्याशान मौन रावप बरें म्हणून कुरवेन सांगलें. तोंडांत फुलांवरी उतरां येवंकजाय, बुरशी उतरां येवंक फावना, त्याखातीर तितल्या प्रमाणांत तोंड धापून ओगी रावपाक जाय अशें कुरवेनूच दाखयलें.

राजम्माक हें सगळें विचित्रशेंच दिसलें. हातान कुरवो करून हो समजायता तो अर्थ तोंडान सांगिल्लेवरी स्पश्टपणान कळयलो. खूब वर्सांचे संवकळेंतल्यान ही कुरवांची भास ताणे आत्मसात केल्या आसूंक जाय.

''म्हजो त्याग करून तुमी घर सोडून गेले. म्हजी गत कितें जातली तें चिंतूक नाका आशिल्लें? हातांत घेतिल्लो हात तुमी सोडून गेले तें योग्य जालें?'' राजम्मान विचाल्ले.

''सोडून गेलो तो मनीस वेगळो. हांगा आसातो हो वेगळो. याद आसा. जीव एकूच; पूण व्यक्ती ती न्हीं.'' सन्याशान आपणाले तरेनूच कळीत केलें.

म्हाका इतलो नाजूक घुसपागदळ समजुचो ना. सोडून गेल्लो म्हजो घरकार परतो आयला इतलेंच म्हाका समजता. दोन समाधानाचीं उतरां उलयात. तितलें म्हाका पुरो;

तुमी सन्याशी जाल्ले आसात; तुमकां आनीक कांयच विचारचें ना.'' तिणें म्हळें.

''तूं सुखान राव. सगळो लोक सुखी आसतलो तशेंच तुवेंयबी आसचें. ते लोक म्हाका जितले आपलेपणाचे. तितलेंच तूंय बी.''

''लग्न जावन आइल्ली घरकान्न, धा वर्सां संवसार केलो पूण घरकाराक लागशिल्लीय जालीना आनी पयसुल्लीय जाली ना. फकत उपेग नाशिल्ली जावन उरली. तुमी म्हाका सोडून गेले तेन्ना हावें कसलीच चूक करूं नाशिल्ली. तुमी म्हाका सोडलें आनी म्हाका वायट मनशांच्या हातांत दिलें. भ्रश्ट जायनासतना पवित्र रावपाची योग्यताय म्हज्यांत ना. हांव भ्रश्ट जालें. आतां पळयात दयेची कशी भीक मागतां ते. तुमच्या हिसबान हांव खंयचेय एके रस्त्यावयले बायलमनशे समान अशें तुमी म्हणटात.' हाजे परस तुमी म्हाका खोटेन कुशीक सारून गेल्ले ती घडणूक चड समाधानाची कशी दिसता म्हाका.''

''त्या दिसा हावें तुका खोटेन धुकळुं नाशिल्लें पांय फाटी घेता आसतना तो तुज्या माथ्याक लागलो. सगळीं बायलमनशां ही लोकमाता आसतात. म्हजो पांय तुका तेंकलो ही चूक जाली. तुवें ती म्हाका माफ करपाक जाय. विसरून वचपाक जाय. ''अशें सन्याशान कळीत केलें.''

''म्हज्या जल्माची नाशाडी जाली. म्हजी आतां गत कितें?''

''तूं लोकमाता हें मतींत धर. केन्ना कितें केलां जाल्यारूय लोकमाता म्हणून केलें अशें समज. हो समज घट कर. पातकांतल्यान मुक्तताय मेळटली.''

''तरीय बी तुमी म्हजे योग्यताये परस म्हजेकडच्यान उंचेल्या पांवड्याचें चलणुकेची आस्त धरली. आतांयबी म्हजे तांकी परस व्हडलें तप करपाक सांगतात तुमी म्हाका. मानमर्यादा व्हगडायल्ली, जीण इबाडिल्ली एक बायलमनीस लोकमाता कशी जातली?''

''नव्यान जावपाची गरज ना. अःतां तू आसाच ''जांव, आसूं. त्या खातीर निश्चेव कसो करचो तें पयलीं तुमी म्हाका सांगात. हांव सदांच येतां. येवन तुमच्या पांवलांक हात तेंकयतां. तुमी आदेश दियात.''

''लोकमाता तू. म्हजे कडच्यान शिकपाक जाय अशें कांयं नां. हांव तुजें बाळक. तुवें म्हज्या पांवलांक स्पर्श करूंक फावना.''

''आमगेर केन्ना भुरगीं जालींना. उरफाटीं अमीच एकेकटें भुरगें जावन पडली. म्हजो जल्म तेन्नाच फुकट गेलो.''

इतल्यान दुसरे लोक आयले आनी लागींच बसले. राजम्माक आपणालें उलोवणें बंद करचें पडलें.

दुसऱ्या दिसा राजम्मा परतून एकदां मातशी पयलींच गेली. सन्याशी भायर येनाफुडें

लागी वचून पांयाक हात लावन नमस्कार केलो. तो बसतकच ताचे सामकार मातशी पयस बसली. कांय खिणां उपरांत तिणे ''म्हाका वाट दाखयात म्हळें.''.

सन्याशान ''तूं लोकमाता, आतां मेरेन तुवें जें विचारलां आनी हावें जें सांगलां तें सोडून दुसरें आनी कांयच ना. हावें दाखोवपासारकी वाट हीच.'' अशेंतिका कळीत केलें.

राजम्माक मुखार कितें उलोवचें तें? कळ्ळें ना. ती ओगीच बसली. सन्याशी उठलो आनी मंटपाभितर गेलो. राजम्मा थंयच बाशिल्ली. गांवचे लोक आयले. सन्याशी भायर आयलोच ना. एकटो मनीस मंटपाच्या दाराकुशीक गेलो आनी खांचीतल्यान पळयलें. सन्यासी लोकमातेच्या फोटवा सामकार बसून ध्यानात गुल्ल जाल्लो. आइल्ल्या लोकांनी खूब वेळ वाट पळयली. संन्यासी भायर येवंनाशिल्ल्यान एकेकटो थंयच्यान गेलो. राजम्माय बी घरा गेल्ली.

दुसरे दिसा राजम्मा परतून मातशी पयलींच देवरायेकडेन गेली. थारिल्ल्या वेळार सन्याशी भायर आयलो ना. अशें कितें घडलें काय म्हण दारावटेन पळ्यत बसली. सदच्या वेळार दर्शन घेवपी लोक आयले. ''मुनीश्वर म्हाराज खंय? भायर येवंना काय कितें?'' अशें विचारूंक लागले. एकट्यान वचून मंटपाच्या दारांत उबो रावून खांचीतल्यान पळयले.

ताचो कांयच उपेग जालो ना. सन्याशाचे कपडं, हेर एक दोन वस्तू, देवाचो फोटो असलें कांयच थंय नाशिल्लें. ''कितें? मुशीश्वर म्हाराज गेले दिसता.'' अशें ताणे थंयच्यानूच मोठ्यान म्हळें.

राजम्माक विजेचो धक्को लागिल्लेवरी जालें. ती बशिल्ली थंयच बेसूद जावन पडली. पूण कोण एकटोय. तिचे वटेन पळयनाशिल्लो. सगळे मंटपावटेन धावले. सन्यासी थंयच्यान गेलो तें पळोवन

''अशें कितें? म्हाराज सांगनासतनाच गेले. कोणे कसलो अपराध केलो ना मूं?'' अशे लोक तरेतरेन उलोवंक लागले.

राजम्मा इतले म्हणटासर सुद्दीर आयली. ''आनी कोणेच न्हीं; हावेंच चूक केल्या. जेन्ना तांची घरकान्न आशिल्लें तेन्ना सारकी वागलें ना. ताका गांव सोडून वचचें पडलें. आतां सन्यासी जावन आयले. देह भ्रश्ट जाल्लें हांव अळंग कुशीन रावूंक शकलें ना. तांच्या पांयाक स्पर्श केलो हावें. तांचेर ह्या रानांतल्यानूय पळून वचपाचो प्रसंग हाडलो. म्हजोच अपराध गा हो, म्हजोच अपराध.'' अशें म्हणून ती कपल आपटूंक लागली. ''हाय रे म्हज्या देवा. कित्याक रे म्हजी तूं परिक्षा घेता? तेन्ना परिक्षा पळयली. हांवे कूड भश्टावन घेतली. परतून आतां परिक्षा घेता म्हजी? कितें करूं हांव? देवा, कितें

करूं? देवा रे! किते करूं?'' अशो आड्डी मारीत ती मंटपावटेन धावली. सन्यासी सदां बसतालो त्या थळाक दिमयो मोडून नमस्कार केलो. 'म्हजो हात सोडूं नाका, वाटाय म्हाका, चूक जाली म्हजी. ती माफ कर. हांव एक भ्रश्ट अस्तुरी ही गजाल खरी. त्या खातीर म्हाका पयस करूं नाका. म्हज्या देवा म्हजो हात सोडूं नाका. पालोव पातलावन मागतां, म्हाका वाटाय.'' अशें म्हणून ती आड्डली.

हिगेलो हो देखाव पळोवन थंयच्या लोकाक सन्याशाचो विसर पडलो. राजम्माचे बुद्‌दीचो तोल गेल्लो. ती पिशावरी विकळाप करताली. ति गेल्या उलोवण्या वयल्यान तो सन्यासी रामय्या म्हणपाचें ताका पळयल्ल्या लोकांच्या ध्यानांत आयलें. तेन्ना मेरेन सगळे जाण ताका एक व्हड संतपुरुस समजल्लें. सत्य कळ्ळें तेन्ना तांच्या मनातली ती व्हडविकायेची भावना नश्ट जाली. तांका दिसलें ''गांव सोडून गेल्लो. सन्याशाचो भेस चडोवन व्हडलो मनीस जावंक पळयतालो. जेन्ना वळख मेळ्ळी तेन्ना हांगा आनी रावून उपेग ना शें दिसलें. परतून पळून गेलो.'' तांचे मदल्या जाणट्यांनी तिकां म्हळें ''आसूं चल, विसर आतां आनी वच घरा. मागीर सोंदूंयेत. चल आज घरा वच.'' सगळेजाण आपापणाल्या घरा गेले. कोणेतरी वचून तिगेल्या भावाक खबर सांगली. ''देव रायेकडेन राजम्मा आसा. पिशेपणा करता.''

तिच्या अण्णान वचून पळयलें; राजम्माले ते विकळाप चालूच आशिल्ले. केन्ना मंटपाकडेन येवन दाराचे खांचीतल्यान पळयताली, केन्ना सन्यासी बसतालो. त्या रूखाक प्रदक्षिणा काडटाली. वाटेर कोणायच्या पावलांची कुरू दिसल्यार ती रामय्याच्या पांवलांचीच कुरू म्हणून थंय हात लावन दोळ्यांकलायताली. परतून हात तेकोवन तोंडाक लायताली; एक फावट दिमी मोडून ते पावलाचे कुरवेर तकली तेंकयताली. उठून बसताली आनी ''हायरे म्हज्या देवा, भायर सरून गेलो रे?'' अशें म्हणून कपल आपटिताली. तिचे असले अवस्थेंत अण्णा तिचे म्हऱ्यांत आयलो.

सन्यासी जावन आइल्लो तो रामय्या म्हणपाचें अण्णाक पयलींच कळिल्लें. आतां भयणीच्या उलोवण्यांतल्यान आपणालो अदमास खरो म्हण कळटकच ताका तिची खूब काकूळट दिसली. दुख्खय जालें. रामय्याची ताका तिडक आयली. ''मूर्ख खंयचो, लग्न जावन घरकान्नीक वसोंवक कळ्ळी ना नालायकाक. तिका बंधनात दवरूक कळ्ळीना तेन्ना तोंडघेवन गेलो. आपणाले भयणीक दुर्दशेक पावयली ताणे. हाका लागून गांवभर नांव पाड जालें तिचें. असल्या रांडेच्याक संवसारी जीण सारूंक कळना जाल्यार सन्यासी जावपाक जाय?'' मनांतले मनांत ताचेरतिडक काडून ताणे राजम्माक म्हळे ''यो गो बाय आतां. वचूं तो गेलो जाल्यार. केन्ना जाल्लो तो तुगेलोसो? पुरो आतां. चल या.''

राजम्मान म्हळें ''हांव येना अण्णय्या! ते न्हीं जाल्यार कितें तूं जातलो म्हगेलो?

एक फावट घरांतल्यान घालोवपाचें पातक करून बसलें. आतां रानातल्यानूय घालोवपाचें पातक पुंजावन मरूं? सोद घेवपाक जाय म्हाका ताचो. वतां हांव.''

अण्णाक तिच्या मनाचेर परिणाम जाला म्हणपाचें कळ्ळे.

''आसूं गो आतां, यो तूं. फाल्यां वचूं येता. जाय जाल्यार हांवूय येतां तुजे वांगडा.'' असो एक उपाय म्हणून तो उलयलो. राजम्मा ताचे वांगडा घरा गेली.

रातीकडेन ती जेवली ना. ओगीच विकळाप करीत पडवें तूच न्हिदली. सकाळीं हेर सगळीं उठपाच्या वेळार ती थंय नाशिल्ली.

IV

अण्णान तिका जायते कडेन सोदली. ती खंयच मेळ्ळी ना. चार वर्सां ती खंयखंय हेडत रावली. खूब त्रास सोसले चार वर्सां उपरांत सामकी पिशी जावन मुनीश्वराच्या रूखाकडेन आयली.

गांवचे लोक तिका वळखले. पूण तिचे फाफसल्ले केंस, नदर मंद जाल्ले दोळे, पिंजकरे म्हेळे जाल्ले कपडे, पिशेपणाचें उलोवणें अशे सगळे आवतिकायेक लागून तिचे म्हऱ्यांत बचपाची कोणाक धिटाय जायनाशिल्ली. ती दनपारची घडये अण्णागेर येवन जेवताली. मागीर देवरायेंत वेळ घालयताली. मुनीश्वराच्या रूखाआड बसून रावताली. केन्ना केन्नाय आपूण गायन करताली. केन्ना केन्नाय कोणाबांगडा तरी उलयताली. एकेक फावट हांसताली. ''शेवटाक आयलेच न्हीं तुमी?'' अशें म्हणटाली. केन्नाय ''सन्यासी जावन आयले म्हणटात ती फट खबर.'' म्हणटाली. कोणूय जाणटे म्हऱ्यांत आयले जाल्यार ''हावं भ्रश्ट जालां. पूण घरकारान कांय परवाना म्हळां. कूड भ्रश्ट करून घेवपी लोकमाता आसतात म्हळां ताणी.'' अशें म्हणटाली.

पिशी आसुनय ती लोकांक त्रास दिना तें पळोवन गांवचे कांय लोक तिचे म्हऱ्यांत वचून तिका तिडायताले. जाणाजाल्ल्या लोकांनी तें पळयलें जाल्यार तांकां ते आडायताले. असले लोक लागीं ना जाले जाल्यार राजम्मा त्या अवचिन्नांक तापयताली. कसलींय पिशेपणा उलोवन तांचे फाटीक लागताली.

त्याच खातीर ती थंय आसतनाची चार पांच वर्सां ही देवराय तिगेली राय जावन पडिल्ली. तिका लागिल्लें मुनीश्वर रूखाचें पिशें.

अशे स्थितींत एकदीस ही पिशी ते सुवाते वयल्यान नाच जाली. तिचे संबंदान जेन्ना खबर काडली तेन्ना शेतांत वावुरतल्या लोकांनी म्हायती सांगली. तांबसार मातये रंगाचें लुगट आंगाक गुटलावन एक मनीस हालारा वचपी रस्त्यावयल्यान वतालो तेन्ना ती पिशी ''म्हज्या देवा, आयले तुमी?'' अशी आड्डुत ताचे वटेन धावली. तो मनीस

हिका पळोवन भिलो सो दिसता. ताणे नेटान धांव साल्ली. ''आतां हांव तुमकां वचपाक दिवचें ना. तुमी म्हाका घेवनूच वचपाक जाय.'' अशें म्हणत खरशेत खरशेत ताचे फाटल्यान धांवली.

पिशी फाटीं सरली ना. ते रातीकडेन वाटसुऱ्यांनी अण्णय्याक तिगेली खबर हाडली. हालारच्यान थोडें आयल्यान एक अनाथ बायलमनीस मरून पडिल्ली.

☆☆☆

2.

चेन्नम्मा

पुरोयताची घरकान्न लक्ष्मीअम्मा, माथ्यार घांशिल्ल्या आयदनांचो पांटुलो, हांडेर भरिल्ली कळसुली घेवन तळ्यावयल्यान गांवांत परतुपी लोकांमदीं आशिल्ली. रामप्पा, चेन्नम्मा आनी निमाणी मादव्वा गांवांतल्यान भायर आयली. चेन्नम्माचे हांडेर भुरगें आशिल्लें.

लक्ष्मी अम्मान विचाल्लें ''कितें रामप्पा, बेगळुरा वता? कोणे तरी सांगलें हे पावटी तूं सकाळीं आयलो खंय. येवचो येवन एक दीस रावून सगळ्यांक मेळून वचपाचो न्हीं?

'ना, ताई दिसवडो बुडटा. त्या खातीर आयलो तसोच वतां. दुसरे पावटी येता तेन्ना एक दीस बुडल्यार बुडूं म्हणून रावतां आनी तुसगेरबी येवन वतां आं.'

''चेन्नम्माक व्हरता वांगडा?''

''हयगे ताई. येतां आं. बरें माग आमचे खातीर.''

इतल्यान म्हऱ्यांत पाविल्ले मादव्वान म्हळें

''केन्नाच गांव सोडून भायर सरूंना न्हिंगे ते. पयलेच पावटी बेंगळुरा सारक्या शारांत वता. देवान सांबाळ्यार पुरो म्हूण माग गे बाये लक्ष्मी अम्मा. वांगडा हो पोर आनी आसा. म्हज्या बाये जिवांत जीव ना जाला.''

हें उलोवणें रामप्पाक बरें लागलें ना म्हणपाचें ताच्या चेऱ्यावयल्यान कळटाले.

''कित्याक गे हुसकेता तूं? रामप्पा बरो हुशार आसा. बायले भुरग्याक बरो करून सांबाळटलो शार कितें बाजार कितें. चेन्नम्मा म्हूण कितें सामकें अडाणी हयतर? एका गांवांचो कारबार चलोवपाइतलें शिटूक आसा तें. सुखान रावतलें, भियेवं नाका तूं'' लक्ष्मी अम्मान म्हळें.

''तशेंच जावं बाये, तशेंच जावं. जाता कितें, गावांत बसून आमचें काळीज कलकलता.''

"कांयच गरजना सुखान रावतली. म्हाका पळय. उदकान भरिल्लो कळसो हाडला. रामप्पा, बायल भुरग्यांक बरेभशेन सांबाळरे बाबा. येता मरे?"

"येतातगे आई. पळयतां हांव बाबूक. हुसकें व नाका तूं"

"वाटेर मारुतीरायाक नाल्ल फोड आनी नमस्कार करून वच."

अशें म्हणून लक्ष्मीअम्मा गांवच्या दरवंट्यातल्यान भितर गेली. रामप्पा, चेन्नम्मा आनी मादव्वा फुडें चलूंक लागलीं. फाटल्यान मानाय लक्का कपड्यांची धाकटी पोटली घेवन चलतालो. ती चेन्नम्माली कपडेबिपडे बांदिल्ली पोटली आसूं ये.

मादव्वा धुवेक, जांवयाक पावोवपाक पयस मेरेन गेली आनी तीं देवस्थानात वचून नाल्ल फोडून फुडें सर्लीं तेन्ना वाटेर उबी रावली. निरोप दिवपाच्या वेळार धुवेचे हुबिल्ले केंस सारके केले आनी म्हळें, "येता मुगो बाय? बाबूक बरे भशेन सांबाळ. घोवाक वेळचे वेळा वाडबीड. शाणे कशें राव आं." नातवाक आपणे घेतलो आनी भोव अपूरबायेन ताची पापी घेतली, "भांगर तें म्हजें, बाबूक मेळत ताच्या हातांत दिवं नाका, नदर लागतबी, घे," अशें म्हणून बाबूक दिलो. दोनूय हात ताच्या मुखामळावयल्यान भोंवडायले आनी आपणाल्या काना कुशीक कानसुलांक तेकोवन बोटां मोडलीं. दोळ्यांत भरून आइल्ली दुकां तिणे पालवान पुसली.

एका मिनटात लक्का आयलो. जाणटेलेन ताका म्हळें "ये लक्कप्पा भुरग्यांक बरेमशेन गाड्येंत बसोवन दिवे लागणेक परतो येतलो न्ही तूं?" ताणे म्हळें "ऊं, येतलो गे." जाणटेलेन ताका म्हळें "येतलो तेन्ना म्हाका मातसो कळय आं, गाडी सारकी मेळ्ळी जाल्यार." "बरें गे सांगतां" अशें म्हणून लक्का वचपाक गेलो.

जाणूटेलेक ह्या जांवयान बेंगळूरांत संवसार मांडिल्लो तो पसंत नाशिल्लो. रामप्पा हो तिगेले भावजेलो पूत. ताच्या वांट्याक थोडी भोव जमीन आशिल्ली. हिगेलीयबी थोडी आशिल्ली. दोनूय मेळून बरेभशेन मशागत केल्ली जाल्यार गावांतूच रावून सुखान जिवीत सारूं येताले. पूण रामप्पा घरांत एकटो एकसुरो वाडलो. ल्हान आसतनाच बेंगळुराचें सपन मनात बाळगिलें. चार फावटी थंय वचून. थंय गिरण्यानी कामगारांक मेळपी दिसवड्याक रावून "खेड्यांतली जीण ही दुर्बळकायेची जीण. शारांतली जीण गिरेस्त कायेची', अशे तरेचो एक विचार ताणे मनात घट करून घेतिल्लो. दोन वर्सां आदीं ताचो बापूस भायर पडलो तेन्ना बेंगळुरांतली जीण कशी आसता ती पळोवपाखातीर थंय वचून रावलो. तो सभावान तसो कश्टी मानाय. गांवगिऱ्या वाठारांत रावपा परस बेंगळूर शारांत रावप चड सुखाचें अशें ताकां थंयच्या स म्हयन्याच्या राबित्यांतल्यान जाणवलें. गांवांत परतून येवन शेतकामाची फावो तशी ताणे वेवस्था केली. परतून बेंगळुरा गेलो आनी गिरणीत कामगार म्हूण भरती जालो. मदीं घरा येनासतना देड वर्स भर बेंगळुरांत रावलो.

हातांत इल्लो दडू जमयलो. बायलेक बेंगळुराक व्हरपाचें थारायलें, पूण ती गुरवार आशिल्ल्यान मादव्वान तिका धाडली ना. बायल बाळंत जावन स म्हंयन्या उपरांत तिणे तिका व्हरपाक आडखळ हाडली ना. तेन्ना तो बायलेक घेवन भायर सरिल्लो.

चेन्नम्माकूय बेंगळुराक वचपाक नाका आशिल्लें. पूण घोवाक जाय आसल्यार ही कितें करतली? भुरग्याक घेवन भायर सरिल्ली. तिका दिशिल्लें आवयक बरोबर यो म्हणचें. ती येवची नाशिल्ली. त्या भायर घोव त्या खातीर मान्यताय दिवचो नशिल्लो. हें तिका त्याच्या उलोवण्यावयल्यान कळिल्लें. त्या खातीरूच गांवांतल्यान भायर सरता आसतना तिचें मन तितलें उमेदी नाशिल्लें. परिचीत लोक तशेच हें देऊळ, तें तळें, ही वाट, हें रान इतलें सगळें जंय नाशिल्लें अशा विशाल शारांतले गल्लेतलें नवें नवें घर, नवे तोंडावळे ह्या सगळ्या मदीं तिगेली सभावीक उर्बा थंडावली.

सानचो लक्का घरा परतलो. हांकां गाडी मेळ्ळी म्हणपाचें ताणे मादव्वाक सांगलें. ते विशीं दुबाव असो कांय नाशिल्लो. पूण मादव्वाक ते आयकून इल्लें समादान. चड पारिपक्वताय नाशिल्ल्या मनीस सभावाक, तातूंत आनी जाणटे पिरायेची भर आसतना तें आयकुपांत खोस. अशा कारणाक लागूनूच घडये वेदकाळांतले आर्य लोक सद्दां सुर्य उदेले उपरांत 'उधेऽऽ' म्हणून खोश्येच्या किंवाट्यान मोठ्यान आड्डताले जावंये.

रामप्पा आनी चेन्नम्मा भुरग्याक घेवन सुखा-समाधानान बेंगळुरा पावलीं. रामप्पान गिरणीकडच्यान लागींच पेंडेपेठेंतले एके गल्लींत एक घर भाड्यान घेतिल्लें. रातचो हो घरा पावलो तेन्नाच शेजारचो ताचे बरोबरचो कामगार तिरुमळय्यान हांच्या घरांतलो दिवो पेटोवन दवरिल्लो. लागींच्याच एका हॉटेलांतल्यान शीत, सार, ताक भाजी अशें जेवण आयलें. चेन्नम्माक घरांत भितर पावल देवल्लें तेन्नाच "कित्याक आयलीं काय हांगा" अशे तरेचो सासको निरशेणेचो सो अणभव आयलो. घरामुखार गटाराचो वास, घरांत भितर गेलें जाल्यार तो नाकाक चिकटुनूच आयलो. गांवांत अशे तरेचो वास केन्ना केन्नाय येतालो पूण तो हांगा साठूय घटकांचो सांगाती कसो दिसलो. रस्त्याकुशीक नव्या काळांतले, कितें तरी नांव घेतिल्लें रामप्पान ते दिवे आशिल्लें. घरांत पेत्रेलाचो दिवो. चेन्नम्मान गावांतूय पेत्रेल पळयल्लें, पूण तांगेर तीन वातींचो तेलाचो दिवोच पेटयताले. ते खातीर तिका पेत्रेलाच्या वासान पोटात मळ मळिल्लेवरी जालें. हॉटेलांतल्यान आइल्लें जेवण तिणे घोवाक वाडलें, मागीर अपणेय बसून तोंडात घालें. कसलें जेवण तें? पळोवपाक रंगीत दिसतालें, तोंडात घाल्यार रूच ना. रामप्पा एकेवटेन बसलो. ताणे विचाल्लें "कितें जालें? बरें लागलें ना?" चेन्नमान जाप दिली "कसले रांदप हें? फाल्यां सारकें जातलें," तिणे जेवण सोपयलें.

भुरग्याक दूद पिवोवन ताका न्हिदायलो, ताचे कुशीक आपूण बसली.

थोड्या वेळान तिरुमळय्या आयलो ''कितें रे? देवळांत येता?'' ताणे विचाल्लें.

''घरकान्नीक आनी बाबूक घर नवें न्ही? आतां हांव येना. तूं वच मरे.'' अशी ताणे जाप दिली.

''कसलें देवूळ हें?'' चेन्नम्मान विचाल्लें.

रामप्पान आनी तिरु मळय्यान दोगांनीय दोवळाविशीं तिका म्हायती सांगली. हाणी देऊन म्हणिल्लें ती भजनाक वापरपाची एक कूड. गिरणीच्या कामगारानी भजन करपाखातीर म्हणून ती तयार केल्ली. एकेकट्यान आपापणाले तांकी प्रमाण पैशे एकठांय करून, एक सभा घेवन काम फुडें व्हरपाक एक समिती घडोवन नव्या काळांतले वेवस्थेप्रमाण ते देवळाचो कारबार चलयताले. गिरणीचे कामगारूच न्ही तर दुसरे लोकूयबी ताचे वांगडी जावंक शकताले, कांय लोक वांगडी जाल्लेय बी. पूण गिरणीचे कामगारूच प्रामुख्यान वावुरताले सप्तकांतल्यान एक फावट सगळे कामगार एकठाय जाताले. काळजी हुसको नाशिल्ले सदांच थंय वताले.

रामप्पा मंदिराचो एक जाळवणदार आशिल्लो. तो आशिल्लो ताचो मुखेल कार्यदर्शी. आतांमेरेन घरचो हुसको नाशिल्ल्यान तो सदांच मंदिरांत वतालो. तो देवाचें नामस्मरण कर पाक शिकतालो. मंदिरांत फावो तितले तांकीचे गायक लोक आशिल्ले. पूण बरे गावपी थोडे आशिल्ले. तातूंतलो रामप्पा एकटो. त्याखातीर तो नाशिल्ल्या दिसा भजनाची कार्यावळ निरस जाताली.

चेन्नम्मान म्हळें, ''देवाचे सेवेक म्हणटा जाल्यार गेल्यार जातालें. म्हजे खातीर रावपाक कित्याक जाय?''

तिणे अशें म्हणनाफुडें रामप्पान म्हळें ''तशें जाल्यार हांव वचून येतां तर.'' अशें म्हणून तो भायर सरून वचपाक तयार जालो, ''दार लावन घे. दिवो बारीक आसूं'' ताणे म्हळें आनी चलपाक लागलो.

चेन्नम्मान दार धापलें, दिवो बारीक केलो आनी कडेक दवल्लो. प्रवासान पुरो जाल्ल्याकारणान बाबू कुशीक आड पडली. तिका घोवाची उतरां याद जाली. ताणे पयलीं, ''घर नवें, हांव आतां येना'' अशें म्हळें आपणे आसूं वच तूं म्हणना फुडें तो गेलो? अशें कित्याक केलें ताणे? आशिल्लो जाल्यार बरें जावपाचें. अशे विचार मनात घोळटा आसतनाच तिका न्हीद लागली.

रामप्पा रातचो बरें व्हडारातीर घरा परतलो. चेन्नम्मा घोवा संबंदान नाखूश नाशिल्ली. हो गूण आमच्या चलीभुरग्यांच्या आंगांत आपसूक परंपरेन येता. तांचें चितप अशें-दादल्यांक धा कडेन वचचें पडटा, धा जाणांचें आयकुचें पडटा. आंगार घेतिल्लें काम सारकें सोपोवचें पडटा. तें अर्दार सोडून घरकान्नी खातीर पयलींच धांवून येवंक मेळना.

अर्दकुटें काम फायच्च्या दिसार धुकळूंक मेळना. तो इतले जे कश्ट करता ते कोणा खातीर? घरकान्नी खातीर आनी बायले भुरग्यांखातीरच न्हीं? तेन्ना तो येवपा वेळार उमेदी रावून ताका सांबाळून घेवन तोयबी एक भुरगोच आशिल्लेभशेन ताचो सांबाळ करप हें दर एके बायलेचें कर्तव्य. घरांत बसून, हाडून घाल्लें खावपी एक बायल मनीस इतलें करूंक शकलीना जाल्यार वत-पावसांत वावरून, वेळकाळ पळय नासतना कश्ट करपी एक दादलो संवसार कसो चलयतलो? ते वेळार चेन्नम्माच्या मनात हे विचार घोळटाले अशी गजाल न्हीं. त्या शिवाय हे विचार तिणे खंयच्याय व्याख्यानात आयकले आसतले अशीय बी शक्यताय नाशिल्ली. वेगळ्या वेगळ्या प्रसंगार जाणट्यांनी शंबर फावटी तरणाट्यांक उद्देशून उलयल्ली अशेतरेची भास आयकू आयकून तीं उतरां मतींत धरिनासतना तांच्या भावार्थाच्या आदारान आपणाली चलणूक सुदरायल्ली. ‘रामप्पा आपणाक शारांत घेवन आइल्ल्या पयल्याच दिसा कितलो वेळ करून घरा परतला! ‘असो विचार तिच्या मनांत येवप सभावीक आशिल्लें. पूण तिण तो येवंक दिलो ना. दार उगतें करून ताका भितर घेतलो आनी तो न्हिदले उपरांत ताका पांगरूण घालून आपूण न्हिदली.

II

दोन तीन दिसांनी रामप्पान संद पळोवन तिका एक सुचोवणी केली. तिणे गिरणीत मजुरेक कित्याक रावचें न्हीं? ताणे ती गजाल तरे तरेन सांगुनूय बी चेन्नमाक ती आयकून लज दिसली. आपूण एक जमीन मालकाची धूव. जमीन मालक आशिल्ल्या घोवाची बायल. बेंगळुरांत मजुरी करून पैशे जोडपाक जाय? मजुरी हें एक उणाक अशें उतर असो चेन्नम्माचो समज. गावांत मजुरी करपी लोक आसतात, हांव तांचे मदलें न्हीं. आपूण मजुरी दिवपी. ते दुबळे लोक. आपूण आस्पत आशिल्ली. गिरेस्त न्ही, अशी तशी आस्पत आशिल्लीं. गावांत मजुरी दिवपी शारांत येवन ताचे परस चड गिरेस्तकाय जोडपाखातीर उरफाटे मजुरी करपी कामेरें जालें जाल्यार तकली बागोवन जगपा सारकें जातलें! घोवाक आसूंक जाय तितली आपणाली परवा ना आनी घरकान्न म्हळ्यार घरांतली एक चाकर मानून तो चलता अशें तिका दिसलें. अविचारी म्हळ्यार तसोय न्हीं, पयसुल्लोय बी न्हीं. विचार करपाची तांक आशिल्लो. लग्न जावन उमेदीन आपणाक बेंगळुराक घेवन आयला. आपणाक मजुरेक वचपाक कित्याक सांगता? बेंगळुरांत येवन तकलेंत भरून घेतिल्ली ही पाडी बुद्द. ह्या शारांतले लोक बायलांक मानान जगूक दिवचे नात.

रामप्पाले सुवोचणेचेर दोन खीण गेले उपरात चेन्नम्मान म्हळें ‘‘गावांत मजुरी दिवपी एक चलीभुरगें बेंगळुरायेवन मजुरी करपाक लागलें जाल्यार बरें दिसतलें? म्हाका बरें दिसना तें.’’

"आगो, येऽऽ, मजुरी म्हळ्यार कितें, शेतांतलें कामेरेपण समजलां तूं? गिरणीतली मजुरी ही. वत आयल्यार रावपाचें ना, कपडे म्हेळे जावचे ना. थंय चार मानायांक मेळपी मजुरी हांगा एकटें कामेरें घेता. हांगा मजुरी करपी चली भुरगीं न्हेसतात तसले कपडे गावांतली धा एकर जमनीची मालकीण न्हेसचीना. मजुरी जाल्यार कितें जालें?"

"बरीं न्हेसलीं आनी बरीं सजलीं तरी मजुरी ती मजुरीच. आमच्या शेतार आमी वतांत कश्ट केले जाल्यारूय परवा ना. जल्मल्ल्या घरांत सावळेंत बसून नास्णे फाफडून पैशे घेवंक फावना. गावांतले शेत कोणा भलत्याच्या हातांत सोपोवन चेन्नम्मान बेंगळुरांत वचून मजुरी केली. जाल्यार जल्मल्लें घर आनी गेल्ल्या घराचे प्रतिष्ठेक सोबतलें?"

रामप्पान उलोवणे फुडें वाडयलेंना.

III

म्हयनो रोखडोच सोपलो. एक दीस रामप्पान बायलेक कांकणाची एक जोडी हाडली. पुताका कपडे शिंवपाखातीर लुगट हाडिल्लें ते तिका दाखयलें. चेन्नम्मान गावांतल्या हनुमंतरायाचें स्मरण केलें, आवय आनी पुरोहिताची लक्ष्मी अम्मा हांकांयबी मनातले मनात नमस्कार करून कांकणा घालीं. पुताक हाडिल्ले कपडे पळोवन चेन्नम्मा खोशी जाली. आपणाखातीर आनी पुताखातीर घोवाच्या मनातली लागणूक आनी आपलेपणान ती उत्साहीत जाली.

परतून कांय दिसानी ताणे बायलेक म्हळें "चेन्ना, म्हाका आयच्यान दिसाक चार आणे मजुरी-चड मेळटली."

चेन्नम्मान विचाल्लें "हें आनी कितेंतर दिसाक चार आणे म्हणटा तें? गिरणीत तूं मजुरी करता?"

"तेंच न्ही गांव म्हणटांतें? दुसरेकडें पगार म्हणटात पळय, ताकाच गिरणींत मजुरी म्हणटात."

"तशें कशें तर? दिसाचो हिशोब केलो जाल्यार, दिसवड्याची मजुरी जाली. म्हयन्याचो हिशोब केल्यार पगार. गावांत वर्सभर काम करून कांबळ-गोटो घेतात ताका बिदागी म्हणटात. तुवें हांगा येवन दिसवड्याची मजुरीच केली तर?"

"ही तुजी गावांतली भास जाली. पळय आ, म्हादप्पाचो लिंगप्पा हांगा कोर्टांत चपराशी आसा ताका म्हयन्याक पंदरा रुपया मेळटात. ताची ती मजुरी न्हीं. ती नोकरी. म्हाका म्हयन्याक तेत्तीस रुपया मेळटात; म्हजी ही मजुरी व्हडली काय ती व्हडली?"

"कशें तू म्हणटा तशें! लिंगप्पा हांगाच आसा? केन्नाच घरा यो म्हळें ना ताका?"

"यो म्हणलां, येतलो. सांगप्पाचें म्हळ्यार ताकाय बी अशेंच मोठेपण. आपूण

नोकरी करतां. हांव करतां ती मजुरी खंय. ते पायणी पोंतार त्यो खोपी आसात न्हीं. थंय एके खोपीत रावता तो. दोन म्हयन्या उपरांत रामप्पान बायलेक एक खड्याची नाका पिली हाडली. चेन्नम्मान ती पळोवन म्हळें ''म्हाका नाका ही. आमचे लोक असले खडे वापरिनात.''

रामप्पान इतलें सांगुनूयबी धव्या खड्याची ती पिली घालपाक तिणे हयकार दिलो ना. निमाणे ताणे ती परती दिली आनी तांबड्या खड्याची उण्या मोलाची दुसरी एक पिली हाडली. चेन्नम्मान ती घेतली. मागीर एकदां तिणे घोवाक विचाल्लें ''हें कितें, म्हयन्या दोन म्हयन्याक इतलो पयसो उरता? चड मेळटात ते पयशे हे?''

रामप्पान म्हळें ''चडमेळटात तेच हे, त्या भायर दुकानकार, पयशे मागीर दी, घेवन वच तूं म्हणटात. म्हयन्याक अमके अशे दिवन स म्हयन्यानी हिशोब मेकळो करूं येता.''

''कांकणाचे पयशे दिवन सोपयले?''

''ना. जातले दिवन. हे आनी ते दोनूय मेळून दिवं येता.''

''हाजे फुडें उरिल्ल्या पयशांनी वस्ती कपडे बी हाडूं नाका आं. वरसा भरयान गावांत इल्लें शेत घेवचे म्हणटा.''

''शेत बी घेवचें म्हणटा त्यो गजाली पोन्न्यो जाल्यो. शेत म्हणटा तें न्हेस पाक, आंगार घालपाक मेळटा? कपडे, वस्ती वापरपाक मेळटात. वापरलेल्यो पळोवपाक मेळटात. शेत केलें जाल्यार सप्तकभर वावरून वर्सभर वाट पळोवन चार गोटे जेवपाची गरज भगता. कसलें सूख तातूंत?''

''बापायन येवन बेंगळूरांत काम करून चार शेता कुणगे घेवन दवल्ले जाल्यार पूत गावांतूच रावून भांगर-वस्त घेवंये न्हीं?''

''आगो, ये! तूं कितें म्हातारें जालां? सून हाडून वस्ती बी करपाच्यो आसात तुका?''

चेन्नम्मा बेश्टीच हांसली. ''म्हांका म्हणपाचें आशिल्लें तें म्हळें. ताचे वयर कितें ती तुजी मर्जी.''

IV

मदीं रामप्पान केन्ना राममंदिरात वतां म्हणून, जाल्यार केन्ना आनी खंय म्हणून सानच्या वेळार वचून आठवड्याक एकदां दोनदां रातचो खूब वेळ करून येवपाक सुरवात केली. सुरवातेक दोन तीन फावटी असो आयलो तेन्ना तो हिच्या म्हऱ्यांत आयलो ना, असो कितें तरी विचारांत आशिल्ले वरी आपणालें हांतरूण मातशें कुशीनशें पातलावन

तोंड दुसरेवटेन करून न्हिदलो. पयले फावटीच चेन्नम्माक तो भितर सरलो तेन्ना कसलो तरी खर वास आयलो. तेन्ना तिणे हाचेविशीं कांयच चितलें ना. परतू परतून होय वास आयलो तेन्ना `हें कितें आसत काय' असो विचार तिच्या मनात आयलो. विचार केलो तितलोच, घोवाक मात विचाल्लेंना. तेंच एक दाक्षिण्य. हे सगळे गजाली विशीं चितून आपूण कितें म्हणून करतलें? आपणे ताच्या बंधनात रावपाक जाय. तें सोडून आपणे ताचेर बंधन घालपाचें? आज न्ही फाल्यां आपूणच सांगतलो. आपशींच कळटलें.

अशें घडटां घडटां रामप्पान खूब रात करून घरा येवप ही सदांचीच गजाल जाली. मदीं एकेक दीस तो कायच परवा नासतना सकाळी घरा येवन धा मिनटांनी गिरणीत कामाक गेलो. पयले फावटी अशें जालें तेन्ना चेन्नम्मान ''हें कितें सकाळी सकाळीं अशी न्हीद व्हगडवन?'' अशें म्हूण विचाल्लें. रामप्पान कितें तरी जाप दिली आनी उलोवप वाटावन गेलो. ती जाप तिणे सारकी आयकली ना. तरी पूण संवयेच्या दाक्षिण्यान तिणे तें उलोवणे थंयच सोडलें.

एक फावट रातीकडेन उसरां घरा परतता आसतना झेलपटत आयलो. गावांतल्या गुणे मारपी कामगारांक झेलपटत चलता आसतना चेन्नमान पळयल्ले. ते सोरो पियेल्ले आसतना अशे लकताले. आपणालो घोव कितेंयतरी पिला काय कितें? ती भीत भितूच म्हऱ्यांत गेली, आनी ताका धरून हांतरूणार व्हरून घालो. ताच्या तोंडाक कसलो तो भडक वास? चेन्नम्माक खंयतरी एक दोन फावटी हालाराच्या सोऱ्यांच्या दुकाना कुशीच्यान वतना सोऱ्याचो वास कसो आसता तो कळिल्लो. हो तसलो वास न्ही. दुसरे भशेन एक वास. ताचे परस चड हागेल्या कपड्यांत ल्यान एक वास येतालो. तो कसलो वास आसत काय, तिगेल्या नाकाक तो झोमतालो. तिणे हो असह्य वास कसो तरी सोंसलो. घोवाक हांतरुणाचेर न्हिदायलो. तेन्ना कसलोच विशय काडिनासतना सकाळीं ते विशीं विचारूंक जाय अशें तिणे थारायलें.

सकाळी रामप्पा गिरणीचो भोंगो आयकुनूय बी मातसो वेळ न्हिदून रावलो, मागीर उठलो आनी बेगीबेगीन तोंड-बीण धुवन, च्या-चपातीबी खावन गिरणीत कामाक वचपाक भायर सल्लो. चेन्नम्माक तेन्ना आदले रातीचे घडणुके संबंदान विचारपाक शक्य जालें ना. त्या दिसा सानचो तो मातसो पयलींच घरात परतलो. जेवन बी राममंदिरांत वचून बेगीनूच घरा आयलो. अशा वेळार आदले रातीचो विशय कित्याक काडचो अशें चिंतून चेन्नम्मा ओगी रावली. पूण तिका आपणाल्या जिविताचो एक भाग असो कितें तरी रितो जाल्लेवरी दिसलो. गावांत आशिल्लीं जाल्यार हो घोव आनी बायलेचें जिवीत साठूय घटका वेगळांव नज इतलें दाट सांगातान चलतलें आशिल्लें. शारांतल्या जिणेत घोव घरात आसता तितलो वेळ आपणालो, उरिल्लो, वेळ तो आपणालो न्ही, अशें तिच्या

मनान जिणेचे वांटे मानून घेतिल्ले. रामप्पायबी घरांत आसता तिलोच वेळ म्हजी बायल, म्हणो बाबू अशी चलणूक आपणावनूय बी चड प्रमाणात भायले जिणेक म्हत्व दिता अशें दिसतालें. गिरणीतलें जिवीत, राममंदीर दुसरीं कामां, आपणाल्यो आवडी-निवडी अशा सगळ्यानी तो आनी ताचे बायले मदी एक व्हडलें अंतर निर्माण केल्लें. दोन कागदा कुडके गोमान दसयले जाल्यार ते गोम आशिल्ल्या जाग्यार चिकटून, गोम नाशिल्ल्या जाग्यार वेगळे जावन उरतले. दोन धागे एकार एक वळून दोरी तयार जावची तशीं हांची गावांतलीं दोन जिवितां हांगा अर्दें दशिल्ल्या, अर्दें दसुंनाशिल्ल्या कागदांवरी जालीं. चेन्नम्मा जांव रामप्पा कोणेच ह्या संबंदान इतलें बारीकसाणेन चिंतुनाशिल्लें. अशें आसुनूय दोगांय निरस जाल्लीं. तिका जिणेचो एक भाग रितो दिसतालो जाल्यार ताका जिणेचे कुशींत आसरो नासो दिसलो.

V

परतून एकदां रामप्पान चेन्नमाक तिणे गिरणीत कामाक लागपाची सुचोवणी केली. चेन्नम्माच्या हिसबान मजुरी ह्या उतराचें उणाकपण हो वेळ मेरेन उणे जाल्लें. पूण बाबूक सांबाळप कसो? त्या भायर शेजाऱ्याकडच्यान आयकल्ल्या गजालीं वयल्यान गिरणीतल्या कामगारांचे बायलांकडचें वागप नितळ ना, ते जायते फावटी नीत सोडून वागतात अशें तिका कळिल्लें. आपणे वचून असल्या लोकांमदीं काम करप? हें आपल्या घोवाक जाय शें दिसता तें कशें?

"दिसाक एक पावली चड मेळटा म्हणटा. मेळटा तो पयसो पुरोना? कित्याक इतलो आवडेता? देवान दिलां ते पुरो" तिणे म्हळें.

"कांकणा, नाका-पिली करपाक काडिल्लें रीण पावोवन जालें. थोडे पयशे जमले जाल्यार गावांत शेता जमीन घेवया म्हणटां न्ही? त्याखातीर अशें म्हणटां. एकटो काम करून कितलें उरतले? दोगांयनी काम केलें जाल्यार वरसाक एक शेत घेवंयेत.

धा वरसां काम केल्यार ते एक हजार रुपया जातात. एकटो वावरून हजार जातात, दोग जाण वावरून दोन हजार जाले जाल्यार नाका म्हणू येता?"

"तशें जाल्यार कितें हांगा बेंगळुरांत धा वरसां रावपाक जाय म्हणटा? म्हाका आतांच पुरो जालां."

"कित्याक पुरो जालां? गावांत जेवतालें तें जेवण ना, शारांतलें जेवण सोपलें काय कितें?

"आंवंय! शी! तुगेलें शारांतलें जेवण आनी हो हळशीक वास, दोनूय नाकाशीं जावन गेल्यां म्हाका. गावांत रावून, शेतांत काम करून बरें तृप्त जावन आवडीन जेवचें

शें दिसता.''

''हय, तें शेत घेवंक जायच म्हणटा जाल्यार आतां पैशे जोड म्हणटां. आशिल्ल्या दोन शेतानी काम करपांत तृप्तताय कसली? आनी दोन शेतां घेतलीं जाल्यार तृप्तताय आसूंयेता.''

चेन्नम्मान रोखडेंच कांय मत उगतायलें ना. रामप्पानूय त्या खातीर नेट लायलो ना. तीन दिसांनी कितें तरी खबरो मारीत आपणा वांगडा गिरणीतल्या आपल्या मेस्त्रीक घेवन आयलो. थोडे वेळान आपले आपूण सुचोवणी कल्लेवरी म्हणपाक लागलो.

''रामप्पा तुगेलो संवसार धाकटुलोच उल्ला मरे. घरांतले बायल मनशेन बेकार कित्याक रावपाक जाय? गिरणीत भरती जावचें आसलें. कामातल्यान चार पयशे जोड जातली.''

''हय, हावेंयबी तेंच म्हणिल्लें. बाबू आजुनूय सामको ल्हान आसा ताचे हाल जातले म्हणटा'' ताणे सांगलें.

''आरे तें कितें व्हडलें घेवन बसला? गिरणीत भुरग्यांक पळोवपाची वेवस्था केल्ली आसा न्ही? कितलीं भुरगीं थंयच बरेभशेन वाडटात. घरांतले परस थंयच बरें जातां.'' ताणे सुचयलें.

रामप्पान बायलेक उद्येशून म्हळें ''कितें म्हणटा चेन्ना? आयकलें तुवें मेस्त्री म्हणटा तें?'' मागीर याद जाल्लेवरी करून मेस्त्रीक म्हणपाक लागलो ''गावांत जमीनदार आशिल्लो लोक हांगा मजुरी करपाची म्हळ्यार आमचो जीव फाटीं सरता.''

''गावांत जमीनदार, वरसाक शंबर रुपया जोड. बेंगळूरात मजुर जालों, हावें चारशीं रुपया जोडले. नावान कितें पोट भरता? लजेक आनी पेजेक पडना. हेवटेतलें तेवटेतलें काम करून हावें आतां चार हजार रुपयांची गाठ केल्या. जमीनदार म्हणणारे फकत जमीनदारींतूच उरले. दुसरी वाट ना. म्हणणाऱ्यांक जायतें म्हणूं अशें म्हणून आमी बुद्द वापरून चलपाक जाय.'' मेस्त्रीन म्हळें.

परतून थोडो वेळ उलोवन मेस्त्री उठलो. तो आनी रामप्पा वांगडाच भायर सरून गेले.

तांच्या ह्या उलोवण्यान चेन्नम्माचें मन इल्लें थाऱ्यार पडलें. गिरणीत काम धरून स म्हयने पळोवया म्हणून तिणे निश्चेव केलो. पूण ही खबर गावांत कळपाक फावना. त्या दिसा सानचो रामप्पान तिगेल्या गिरणीत काम धरपाचो प्रश्न काडलो, तिणे हयकार दिलो.

''गावांत ही खबर कोणाकूच सांगू नाका आं.'' तिणे ताका शिटकायलो.

VI

गिरणीत चेन्नम्माक थोडे दीस एका कामाची, परतून थोडे दीस दुसऱ्या कामाची म्हायती दिवन म्हयन्या देड म्हयन्यान दिसाक धा आणे प्रमाण मजुरीच्या कबलातीचेर कामाक लायली. हीं मजूर बायलां वळीन उबीं रावून काम करता आसतना मेस्त्री थंय येतालो. थंय दर एकटे कुशीक उबो रावून काम पळयतालो. कसलेंय काम सारकें करपाची गरज पडली जाल्यार दुसऱ्या अणभवी बायल कामगारांक आपोवन चुकतल्यांक सांगपाक लायतालो ना जाल्यार आपूणूच सांगतालो. अशें करता आसतना तो एकेक फावटी गरजे परस चड मेकळेपणान वागतालो. सलगेन उलयतालो. संवंयेंतल्यान वा दुसऱ्या कसल्याय कारणातल्यान आसुंये, चडशीं बायलां हे सलगेक सहमत आसतालीं. एक दोग जाणां नाखुशी दाखयतालीं पूण स्पश्टपणान कसलोय वाद करपाच्या इराद्यान न्हीं. ल्हानशे घडणुकेचो मोठो गाजोवाजो केल्ले भशेन जायत म्हणून तीं कांचवेतालीं. अस्तुरेचे मर्यादेंत रावतालीं.

कामाक लागली त्याच दिसा चेन्नम्माक मेस्त्रीची ही चलणूक कळ्ळी, तो आपणाकडेन असो वागलो जाल्यार कितें जातलें असो भंय तिका दिसलो. पूण ताणे हेरांकडेन केली तशी सलगी हिचेकडेन केली ना. उलोवण्यात, चलणुकेंत मर्यादा सांबाळ्ळी. चेन्नम्मा, जालें तें बरें जालें म्हणून समाधानान घरा आयली. देड म्हयनो अशेच तरेन समाधानान गेलो.

चेन्नम्माचें नाव धा आण्याचे श्रेणीत आसपावलें तें इल्लें बेगीनूच. ही गजाल तिचे बरोबरच्या बायल कामगारांक बरी रुचली ना. तातूंतली एकटी दोगां हिका दुस्वासान पळोवंक लागलीं. आपापणाभितर फुतफुतून उलोवंक लागलीं. "तरणाटें न्ही? आसायबी बरें. त्या खातीर मेस्त्रीचीं कर्तुपां तीं आपले मर्जीत हाडपा खातीर." असो आपणालो अभिप्राय, मोडके तोडके रितीन तिच्या काना मेरेन पावचो ह्या इराद्यान तीं उलयतालीं. चेन्नम्माक त्यो खबरो आयकून खूब वायट दिसलें. मजुरी करपाचीय बी केली, परपुरुषाबरोबर स्वैराचार केलो अशें कोणेय म्हळें जाल्यार तें सोसून घेवपाक ती सिद्ध जावंनाशिल्ली. प्राण गेल्यार वचूं पूण नाव व्हगडावल्लें सोसूं नज. पूण हाणीं कितेंय म्हळें तरीय बी मेस्त्री सारको मर्यादेन वागतालो. त्या खातीर मन घट्ट करून ती आपणाभितर आपूण रावून काम करीत रावली.

VII

मदीं एक दीस शेजारच्या गावांतलो लिंगप्पा हांगेर आयलो. तो आयलो तेन्ना रामप्पा घरांत नाशिल्लो. चेन्नमान ताका आपयलो, घरांत बसोवन खबर घेतली. "घरकार

येतलो, बस'' म्हळें.

''हांव हालींचेहाली तीन चार फावटी हांगा येवन पळयलें गो. तुमी कोणूच नाशिल्लीं. तूंय बी गिरणीत कामाक लागलां म्हण मागीर कळ्ळें. अशें कित्याक गो बाये केलें तुवें?'' ताणे विचाल्लें.

''अशें कित्याक म्हणटा रे तूं लिंगप्पा? हांव कामाक लागलां तें बरें न्हीं म्हणटा तूं?''

''हय. बरें न्हीं. रामप्पान तुका कामाक लायतां म्हळें तेन्नाच हावें ताका नाका म्हळें. ऑफीसांतल्या कामाक पगार उणो, मजुरेंतूच चड मेळटा अशें म्हणून तो हांगाच भरती जालो. तेन्नाच ताणे म्हाका सांगलें. घरकान्नी कूय हाडटां, तिकाय कामाक लायतां, तुज्या पगाराचे चार पटीन दुडू मेळयतां, म्हणपाक लागलो. हांवें म्हळें, तुका जाय तें कर, हावं म्हजे घरकान्नीक गिरणींत कामाक लावचो ना. गिरणीतलो मजूर जावन पक्वान्न खावपा परस खंयचेय कचेरेंतलो चपरासी जावन मानान निवोळ पियेन म्हळें. म्हजें सांगणे ताणे आयकलें ना. तुका हाडपाचें हाडलेंच ताणे, गिरणींत भरती करूनूय मेकळो जालो.''

घोवान आपणाक घेवन येवपा पयलींच गिरणीत कामाक लावपा विशीं चिंतिल्लें अशें कळटकच चेन्नम्माक खूब अजाप जालें, तितलेंच दुख्खूयबी जालें. आपणाल्या घोवाक आपणाक घरकान्न म्हणून वसोवपाक नाका जाली. बायलेनूय जोडपाक जाय. जोडपाखातीरूच बायल जाय. घोवाक आपणापरस आपणाली जोड चड प्रिय जाल्या म्हणून तिका भितल्ले भितर खूब दुखलें. इतलेंय आसून घोव तो घोव ताका सोडून दिवप आपणाक बऱ्याक पडचें ना. मनातलें असमाधान गिळून तिणे म्हळें ''मजुरी केली म्हणून कितें जालें गा? गावांतले मजुरे सारकी ना न्हीं ती. हांगा मजुरी करप वेगळी तरा.''

''वेगळी-बिगळी म्हाका कांय समजना गो. हांव तसलो मजूर जावचो ना म्हळें. म्हजी घरकान्नूय तशीच. गिरणीत मजुरी बी करप म्हाका पसंत ना. म्हजें सांगणे तूं आयकतलें जाल्यार आतांच ही मजुरी सोडप बरें. हांव कोण पयसुल्लो न्हीं. तुगेल्या नात्यांतलो म्हणून हाव सांगतां. असल्या कामांत मान मर्यादा उणी.'' लिंगप्पान सांगलें.

''नात्यांतलो न्ही कोणे म्हळां गा? हांव म्हणटां नात्यांतल्याक समजल्ली मान मर्यादा स्वताच्या घोवाक समजना आसतली? हालींच धल्लां न्ही काम. तशेंच कितेंय घडलें जाल्यार सोडून दितां.'' चेन्नम्मान सांगले.

''तें बरें आसा गो. किते आसा, धरल्या तितले सोपेपणी सोडपाक जावची ना. पयशांची रूच वायट आसता. रामप्पाक समजुचें ना तें. पूण कितें करतलो? तातूंत आनी तो मेस्त्री मेळ्ळा. वारेंच दुशीत.''

अशें म्हणून लिंगप्पा आनीक कितें तरी उलोवंक सोदतालो तो ओगीच रावलो.

वारें दुशीत म्हळ्यार कितें तें चेन्नम्मान विचारचें, मागीर आपणे सांगचें अशें ताका दिसलें. हाचे हुजीर आपणाल्या घरांतल्यो गजाली कित्याक उलोवच्या अशें म्हणून चेन्नम्मा ओगीच रावली.

''हाणी एक लेडी सांबाळ्ळ्या. त्या खातीर कितलें जोडटात तें पुरो जायना. तांकां. त्याच खातीर रामप्पा तुकायबी जोड म्हणटा तो.''

चेन्नम्माच्या काळजांत धस्स जालें. घोव कितलेशेच दीस रातचो खूब वेळ करून आइल्लो, येनासतनाय राविल्लो, तिका मनातल्यान दुबाव आइल्लो. अशें आसुनूय तिणे ते घडणुकेक म्हत्व दिनासतना ती ओगीच राविल्ली. आता लिंगप्पान लेडी सांबाळ्ळ्या म्हण सांगतकर रोखडीचा घोव वाट चुकला म्हणपाविशीं तिची खात्री जाली. पूण तिका 'लेडी' हें उतर नवें. तें दुसरें कितेंय आसत काय, आपूण कारणा शिवाय हुसक्यांत पडलां आसुंये अशी मातशी तिका आस आशिल्ली. ''तशें म्हळ्यार कितें आपा?'' तिणे विचाल्लें.

लिंगप्पान सांगलें, ''लेडी, लेडी म्हळ्यार फिरंगी बायल मनीस. गिरणीच्या राममंदिराचे ते कुशीक एकटी आसा. हे पांच-स जाण मेळून तिगेले थंय पिवप नाचप आनी सगळें करतात. ती गोरी बायल खुशाल बरी सगळे नखरे करता. हांगेली जोड सगळी तिगेल्या हातांत पडटा.''

चेन्नम्माची आस, मान-मर्यादा आनी खोश्येचो कलश एकाच खिणांत निसरून पडलो. तिका कितें उलोवचें तेंच कळ्ळें ना. तिणे तोंड उगडलेंच ना. तिगेल्या दोळ्यानी मात दुकां भरून आयलीं.

VIII

इतल्यान सारको रामप्पा घरा पावलो. लिंगप्पाक पळोवन ताणे म्हळें ''कितें लिंगप्पा केन्ना आयलो?'' ''थोडो वेळ जालो'' लिंगप्पान जाप दिली.

रामप्पान बायलेवटेन पळयलें. तिच्या चेऱ्याचेर ताचे वयलो अविश्वास बरेभशेन दिसतालो. खेडेगावांत वाडिल्ले अशे लोक अशे तरेचे भाव सोपे पणी लिपोवंक शकनात. कसलीय गजाल आसली तरी जेन्ना ती उपरासता तेन्नाच तरी सोपोवंक जाय. बायलेच्या चेऱ्यावयले भाव पळोवन लिंगप्पान तिका कितेंय तरी सांगलां आसतलें हें रामप्पाक कळ्ळें. रामप्पान म्हळें ''आफयल्यार कितले दीस जाले मरे. अशें कितें, येवपाक इतले दीस शे केले?''

''तीन चार फावटी आयलों. घराक कुलूप आशिल्लें. तेंच सांगतालों हांव चेन्नम्माक.'' लिंगप्पान सांगलें.

''कितें?''

“हेंच न्ही. हांव आइल्लों, तुमी नाशिल्लीं म्हणून.”

“आंऽऽऽ! जालें दिसता न्हीं?”

“जालें. खरेच तर! ही गिरणीतली मजुरी संवसारी बायलांक फावसारकी न्हीं म्हळें तिका. तुकायबी तेंच सांगिल्लें.”

“तुका कित्याक पडलां रे तें? तुका बरें दिसता तशें तू कर. आमकां बरें दिसता तशें आमी करतात, कळ्ळें मरे?”

चेन्नम्मान म्हळें “जाणीं ताणीं आपापणाक बरें दिसता तशें करचें म्हणटा न्ही? आतां तूं जें कितें करता तितलेंय तुका बरेंच दिसता आसतलें.”

“कित्याक म्हणटा? कितें केलां हावें?”

“जें कितें केलां आसत तें.”

“तेंच. तें कितें काय म्हणटां?”

“कितें तें तुका दिसना? हांवें सांगपाक जाय? करता तें सगळें बरें आसल्यार पुरो.”

इतलें उलोवन जायत मेरेन चेन्नम्माक भरून आयलें. दोळ्यांनी एकठाय जाल्लीं दुकां पोल्यांचेर व्हांवली.

रामप्पान सगळें रोखडेंच पारखिलें. “ये, घरची घरकान्न! इतलें शें तोंड सुटलां? आपलोच म्हणून कोणूय घरा आयल्यार ताका इतली सामकी मेकळीकशी कित्याक?” ताणे राग काडलो.

लिंगप्पान म्हळें, “रामप्पा, इतलो रागार जावं नाका तूं. हावेंच ताका अशो तशो दोन गजाली सांगल्यात. ताणे आपूण जावन कसलीच खबर काडूं ना. “वा, तूं सामको बरो मनीस. हांव नासतना येवन म्हजे घरकान्नीन कितें करपाचें तें सांगलें तुवें? त्या खातीर कसल्यो कसल्यो खबरी सांगून तिचें मन कुसयलें?” लिंगप्पाक राग आयलो. इतले सोपेपणी आपणाक आनी चेन्नम्माक दोगांकूय वायट मार्गी थारायलीं न्ही ताणे? कितलो अन्याय हो! ह्याच खातीर माती खाता हो. कितली आडदांडपणा हीं? ताणे जाप दिली.

“कितें उलयता रे तूं? तूं ना तेन्ना हांव आयलों काय हांव आयलों तेन्ना तूं नाशिल्लो? म्हाका कितें खबर तूं घरांत आसचो ना म्हणून? खंयच्याच सभाग्यान फट्ट करून अशें उलोवचें न्हीं. कोणूय कसोय उलयल्यार नीत खंय उल्ली मागीर?

“उलयता तो कोणूय न्हीं, घरचो घरकार.”

“घरचो घरकार जालो म्हणून अशें उलोवपाची गरज ना. बरेभशेन समजून करून मानमर्यादेन आयकुपासारकी भास उलोंव येता.”

रामप्पाकूय तितलोच राग आयलो. ताणे शीम हुंपली. लिंगप्पाच्या कानसुलार

ताणे एक थापट फुलयलें. ''इतल्या खातीरूच आयला तूं आमगेर?'' ताणे त्याच खिणाक विचाल्लें.

लिंगप्पाक खूब राग आयलो. तो उठलो. रामप्पाक मार घालपाचे मोखीन ताचो हात वयर सरलो. चेन्नम्मान भितल्ल्यान आड्डून म्हळें ''आपा, तूं मातसो वच पळोवया, झगडीं नाकारे सायबा.'' तिणे दोगांकूय म्हळें.

लिंगप्पान राग आवरून धल्लो. एकूय उतर उलय नासतना तो नीट चलपाक लागलो.

''ताका चड पेट पडत म्हणून खूब भंय दिसलो काय किर्ते तुका? चेडी खंयची?''

''नाका आं असलीं उतरां. तोंड सांबाळून उलय! कोणाक उलयता तूं हें सगळें?

''कोणाक म्हळ्यार? तुका! ताजेबरोबर दाटी...?''

''स म्हयन्यानी आज पयले फावटी आयला तो लिंगप्पा. कसली इश्टागत जोडली म्हणटा ताजेकडेन? कोणूय आयलो आनी दाटी करूंक सोदूंक लागलो जाल्यार ती मानून घेवपी बायल मनीस कोण ना हांगा. तुका बिचकुनूच हांव जगातं. बरे चलणुकेच्या आवय बापायगेर जल्मलां हांव. बरे देखीन वाडलां. म्हाका तूं धाक दाखोवन पतिव्रता करपाक सोदता?''

''आइल्ल्या गेल्ल्याक बसोवन घेवन मेळत त्यो गजाली करूंक लागलें जाल्यार धाक दाखोंव नाका जाल्यार किर्ते मान्यता येचो शिक्को मारूं?''

''आं, त्या खातीर धरच्यान घेवन आयला हांगा? छाप मारिल्ली एक बायल आसची म्हणून? मन रिजवणेक दुसऱ्यो पांच-स जाणीं.''

''दुसऱ्यो पांच-स जाणी? कोणाक पळयल्यो तुवें?''

''हांव कित्याक पळयतलें? पळोवपी तूंच किर्ते तें सांग. रातचो अपरात्रीचो खंयच्यान येतालो? केन्ना केन्नाय रातचो येनासतना रावतालो तेन्ना खंय न्हिदतालो? हें तूं जाणाच आसतलो न्ही?''

''आं, अशें? जाणा तितलें सांगतां. तूं जबानी घेता?''

''जबानी घेवपा सारको मान आमकांबायलांक मेळिल्लो जाल्यार बरे भशेन घेवंक शकतालीं तीं. मजुरी करपी बायल मनशां म्हणटात तीं दुडू जोडून दिवपी चाकरां. तीं आनी जबानी किर्ते घेतलीं?''

''ये ऽऽ - ''

''हे किर्ते तूं म्हाका 'ये, ये' म्हणटा तें? लग्न जावन तीन वरसां जालीं. तुवे आजून पसून 'ये' म्हणिल्लें ना. निकतेंच तुगेलें दोन फावटी जालें. हेंच मू तें बेंगळुरांत लें जिवीत?''

''तूं जगता तें जिवीत त्या गांवांतूच बरें दिसपाचें.''

‘‘हांव सांगतां अतें, जिवीत बरें आसा. नदरेंत भरसारकें. तुगेल्या जिवितविशीं उलय. गावांत वच, हाचे परस तें बरें आसता काय ना तें पळय म्हणटां हांव.’’

‘‘चड उलोंव नाका तूं. गावांत वचप काय हांगा रावप तें थारावपी हांव. तूं घरांतली एक बायलमनीस. मर्यादेन रावूंक शकता तूं. आपूण एक घरकान्न म्हणपाचेच विसरून उलोवंक लागलें जाल्यार आयकून घेवचोंना हांव.’’

भोव बरी गजाल, सोडखबर. घरकान्न जालां न्हीं हांव तुजी. तूं कितें कितें करतातें पळय.’’

IX

इतल्याचेर वाद सोंपलो. पूण घोव बायल म्हणून हांचो संबंध स्पश्टपणान इबाडलो. मोडलो म्हणपाक ताचेर उपाय ना अशें न्हीं. परतून तो जोडून, दोगांय जागरूकतायेन रावलीं जाल्यार कोपरांतल्यान सुटिल्लो हाताचो जोड सारको बसोवन हाता सारको हात जावचो ते तरेन दांपत्याचे संबंध परतून सारके करप शक्य आसा, हीं सुखान रावूक शकतात. ह्या खातीर दोगांयनी यत्न करूक जाय, जागरूकपणान चलूंक जाय.

चेन्नम्मान सगळी घडणूक नियाळून पळयली. कितले पवित्र भावनेन सुरू जाल्लो आपलो आनी आपणाल्या घोवाचो संवसार अशेतरेन इबाडपाकडेन पावलो म्हणून तिका खूब दुख्ख जालें. तोप भरून हाडिल्लो पायस वाडपा वेळार हातांतल्यान निसरून सकयल पडलो आनी मातये भरवण जालो. आपणा दोगांयचें जिवितूच ह्या शाराच्या जिणेचें बळी थारलें अशें तिका दिसलें. कितले बेगीन उलोवण्यात कोडवासाण आयली. खयचेतरी बायलेचें उलोवणे मनाक लावन घेवन तकली सकयल घालून रामप्पा आइल्लो. आपलें नाव कांयन्ही करून त्या लिंगप्पाच्या नावार लावन उडयलें, आपणाली बुद्द घाणायली. आपूण आनी आपणालो घोव अशुभ वेळार बेंगळुरांत पाविल्लीं जांवये. गावांत आशिल्लीं जाल्यार ह्यो गिरणी. हें राममंदिर. ही लेडी. अशो ह्यो कसल्योच व्याधी आपल्या वांट्याक येवच्यो नाशिल्ल्यो. जालें. सगळें सोडून गावांत धाव मारली जाल्यार जिवीत परतून सारकें जावंक शकता. पूण घोव येवपाक जाय न्हीं. तो येवचो ना. कसलेय भारावल्ले आवतिकायेंत मनीस एखाद्री गजाल करपाचो हट्ट धरून बसता. आपणालो सभाव विसरून रामप्पान बेंगळुराचें पिशें लावन घेतलें आनी गांवसुलभ नितळ निवळ बुद्द होगडायली. आमी गावांत या म्हळ्यार, तूं वच म्हळें आनी आपूण मात बेंगळूर सोडपाक शकलोना. आनीक थोडो काळ आपणेय हांगाच रावून सवकसायेन ताका फुसलावन, तो गावांत येवपाखातीर ताचें मतपरिवर्तन करून दोगांयनी वांगडानूच गांवांत वचपाक जाय. घोवाक सांबाळपाची जापसालदारकी आपणाली, आपणे हार मानली जाल्यार

दोगांय घाणटलीं. अशें चिंतून चेन्नम्मान मनातले मनात गणीत केलें, सोंसून घेवन सवपाक जाय असो तिणे निश्येव केलो.

कितें हें? आपणाक सोडून दुसरे बायलेचो सांगात करपी घोवाची आगळीक इतली सोंसून घेवप? सोंसप न्हीं तें. उपाय ना म्हणून आपणायल्ली एक असहाय स्थिती. सुपांतले तांदूळ मातयेंत पडले जाल्यार ते भरपाक जाय. फाफडून माती कुशीक काडपाक जाय आनी धूवन करून तांदूळ हातासपाक जाय. संवसाराच्या अणभवांतल्यान अशी अवस्था वांट्याक येवंक पावता. असले अवस्थेंत बुद्द आशिल्लो जीव सोशीकतायेन वागता. ही सोंशीकताय घडिल्ले चुकीसंबंदांतली आसना, ती आसता एका अपराधी घोवाचो त्याग करूं नज अशा लोभांतल्यान निर्मल्ली, सांबाळून घेवं येत अशे आशेन जल्माक आइल्ली.

ते रातीच रामप्पा बायले कडेन बरेभशेन उलयत भितर सरलो. चेन्नम्मायबी खोशी जावन फुडें तशीच उलयली. हांचें जिवीत परतून सदांभशेन चलूक लागलें अशें दिसलें.

X

गिरणीत मात हिका थोडी सतावणूक बांट्याक आयली. मेस्त्री हेर बायलां कडेन लगट करपाचे जे चाळे करतालो तशे तरेन थोडे थोडे हिचे कडेनूय करपाक लागलो. कितेंय काम सांगपाचें निमित्त काडून लागीं येवप, कितेंय तरी चुकलांशें करून हाताक हात लावप; ही तकली सकयला घालून काम करता आसतना आपूणय तें काम पळोवपाक म्हणून बागयल्ली तकली सामकी लांग्गीं हाडून पळोवप असलीं नाडपणां करतालो. पयले फावटीच चेन्नम्मा हें सोसूं नज जावन फाटीं सल्ली. मेस्त्रीन तिका म्हळें "आमी बायल भुरगीं आशिल्लेच लोक, मवाली न्हीं. कित्या खातीर इतली भिता तूं?"

दोन दिसां उपरांत ताणे परतून तेच तरेची चेश्टा केली. चेन्नम्मान ती खबर रामप्पाक सांगली आनी मेस्त्रीक त्या संबंदान सुचोवणी. करपाक सांगलें. "तो सारको वागल्यार बरे जातलें ना जाल्यार म्हाका खूब त्रास जातले आं." तिणे म्हळें.

रामप्पान ती खबर मनार घेतलीच ना. कितें व्हडलेंशें? मेस्त्री चेन्नम्माचो विनयभंग करतालो तो आपणाक मान्य आशिल्ले वरी तो ओगीच रावलो. चेन्नम्मान आनीक दोन फावटी मेस्त्रीन केल्ली अतिताय अणभवली आनी घोवाक म्हळें "कितें तूं असो तागेली आगळीक सोंसून घेता तो? घरकारान बायलेचे अब्रूची राखण केलीना जाल्यार उरलें कितें मागीर?"

रामप्पान सांगलें, "तो तसो वायट मनीस न्हीं. मुद्दम जावन कितेंय करता सो दिसना म्हाका. तूंच नाका म्हण ताका. कांय म्हणचोना."

मेस्त्रीची चलणूक मोडपाक हो कांचवेता म्हणपाचें चेन्नम्माक कळ्ळें. कित्याक

काय? हो मेस्त्रीक इतलो कांचवेवपाचें कारण कितें?

पांच-स दिसानी हिका दोन आणे मजुरी वाडोवन एकटेनूच बसून करपा सारक्यां कामाचेर एके कुडींत प्रोमोशन जालें. चेन्नम्मा दुबावान थोडी कांचवेतूच थंय गेली. एक दोन दिसांनी मेस्त्रीचो उद्देश समजल्ल्यान आपणांक चड पगार नाका, तें पयलींचेंच काम करतां, अशें म्हणून धा जाणां आशिल्ले ते पयलींचे कुडींत ती परती आयली.

मेळिल्लो चड पगार नाका म्हणिल्ले खातीर रामप्पाक खूब वायट दिसलें. ''मेस्त्री, म्हजो, एकदम बरो इश्ट. ताचेर नश्टें बगलांट घालता तूं'', अशें म्हणून बायलेचेरूच आरोप केलो. चेन्नम्माक खूब अजाप जालें, खूब दुख्ख जालें आनी वांगडाच भंयूयबी दिसलो. हो घरकार आपणाक बायल म्हणून लेखीच ना अशें तिका दिसलें. आपणासारक्या घरकान्न नांव दिल्ल्या एकां पदार्थाक दुसरो येवन स्पर्श करता म्हण कळुनूयबी मौन रावपी घरकार हो? दवरिल्ले बायलमनशेक सुद्दां कोणेय हात लायलो जाल्यारूय एका दादल्याक राग येवपाक फाव! आपूण रामप्पाचे नदरेन दवरिल्ले बायले परसूय उणाक थारलां अशें तिका जाणवलें. हाचे मुखार हे गिरणीत रावप तें कशें? रावंक शक्य जायत अशें कितें आसा?

थोड्या दिसानी चेन्नम्मान आपणाक गिरणींत काम करप शक्य ना म्हण घोवाक सांगून उडयलें. ''हांव मातसो त्रासांत पडलां. मेस्त्रीन म्हाका सांबाळून घेतला. तूं मातशें सोंसून घे.'' ताणे चेन्नम्माक सांगले.

''जायतें सोसून घेतलें. तो तेंकूक सोदल्यार ओगीच रावूं? तूं कसल्या त्रासांत पडला सांग, हें कांकण, ही सरपळी जाय जाल्यार वीकून उडय. एक मजूर जालें म्हणून अब्रू व्हगडावंक शकना.'' चेन्नम्मान म्हळें.

दुसऱ्या दिसाच्यान ती गिरणींत गेलीच ना. घोवान म्हऱ्यात येवन नरम भाशेन समजावपाचो येत्न केलो. चेन्नम्मान म्हळें ''गावांपरस बेंगळूरांत बरेभशेन रावचीं म्हणूनूच न्हीं हांगा आइल्लीं? हांव जोडीनासतना तागडी समान पातळेर येवचीना जाल्यार बरी जीण म्हणटा ती कसली तर? आसा तें सामान विकून कितेंय रीण बीण आसा जाल्यार दिवन मेकळें कर. गावांक या. पेज पालो, देवान दिल्लें आसा तें खावन रावया.''

रामप्पान इल्लो राग काडलो. हिणे वाद घालोना.

XI

मागीर धाएक दीस घोव-बायल बरेभशेन उलयलीं ना. आतां संबंध सुधारतले, फाल्यां सुधारतले अशे आशेन चेन्नम्मान धा दीस कशेतरी घालयले. निमाणे एक दीस तिणे घोवाक म्हळें ''तुजी म्हजे कडची साथ संगत इतल्यारूच सोपली जाल्यार म्हाका

आनी बाबूक गावांत धाडून दी. तूं गावांत परतून येता मेरेन आमी थंयच रावतात. आयले उपरांत परतून संवसार करूं येत म्हणटां.'' बशिल्ले कडेंन धोंपराचेर तोंड धरून दुकां व्हांवयली. उतरां आसू वा दुकां, रामप्पाच्या मनाक लागलां अशें दिसलेंच ना.

परतून धा दीस गेले. एकदीस रामप्पा गिरणीत आसूंक जाय आशिल्ल्या वेळार, गिरणीतलो एक मनीस येवन तो घरांत आसा काय म्हण विचारूंक लागलो. चेन्नम्माक हें अशें कित्याक तें कळ्ळें ना. रामप्पा घरांत ना अशें सांगून ''गिरणीत ना तो?'' म्हण विचाल्लें. त्या मनशान सांगलें ''गिरणींत आशिल्लो जाल्यार हांगा कित्याक येवपाक जाय आशिल्लें? चोर कसो लिपून भोंवता.''

चेन्नम्माक हुसको जालो. तरेतरेचे दुबाव येवंक लागले. आपलो घोव तांकांत-बांयत निसरून बी पडलो ना मूं? रस्त्यान वतना मोटारी पोंदा बी पडलो नामूं? सकाळी घरच्यान भायर सरून गेला तो गिरणीत कित्याक पावलो ना? घराक कुलूप घालून भुरग्याक घेवन ती गिरणींचेर वचपाक गेली. रामप्पा वाटे कुशीक पडला आसत काय म्हण ताचे सदांचे वाटेर दाव्यान उजव्यान खोलायेन पळयत गेली. गिरणीत तो आसूंक शकतालो अशा जाग्यांचेर दोन तीन फावटी सोदून पळयलें. रामप्पा थंय नाशिल्लो. गिरणीतलीं हिका वळखुपी दादले-बायलो मजूर कामेरीं विचित्र नदरेन आपणांक पळयतात. अशें तिका दिसलें. कितें घडलां तें विचारपाक ती मेस्त्री म्हऱ्यांत गेली. तो खंय नदरेक पडलो ना. तो खंय आसा ती खबर काडून वचून विचारपाची वानसा तिका जाली ना. चेन्नम्मान मनातले मनांत ''देवा, हें कसलें अरीश्ट सायबा? तें जाग्यार घालून राखण करसायबा.'' असो हनुमंतरायाक उलो केलो. ह्या पोराच्या कपलांत कितें बरयल्लें आसा काय म्हणून तिणे ताका छातयेकडेन घट्ट धल्लो. घोव घरा बी आयला आसतलो अशें तिका मनातल्यान दिसलें. बेगी बेगीन तिणे घर गांठलें. रामप्पा येवनाशिल्लो. खिणयाळ्या उजवाडाची किरणां नदरे आड जालीं आनी मोड येवन निरशेणेच्या काळ्या कुपांनी तिच्या मनांतली आस्त गिळून उडयली.

रातीं दिवे पेटले उपरांत गिरणींतलें कामगार लोक एकेकटो करून हांच्या घरामुखार घुटमळून दारावटेन पळयत गेल्ले चेन्नम्माक दिसले. एक फावट एकटो येवन ''रामप्पा येवंना काय कितें?'' म्हण विचाल्ले. हिणे 'ना' म्हळें. ताणे ते जापेचेर विश्वास नाशिल्लेवरी कुडींत हेवटेन तेवटेन पळयलें, आनी म्हळें ''कपडे हांगाच आसात न्हीं?'' ह्या उतरांनी चेन्नम्मा अपमानीत जाली. तिका राग आयलो. ''आरे हें कितें तूं उलयता तें? हांव कितें ताका लिपोवन दवरतां? कित्याक म्हणून?'' तिणे विचारलें. तो मनीस थंयच्यान गेलो.

रामप्पा ते राती आयलोच ना. दुसरे दिसाय आयलो ना, कितें जालें काय ताका ह्या हुसक्यान चेन्नम्माक जेवण चललें ना. ती राममंदिरात गेली आनी थंय हाजीर

आशिल्ल्यांकडेन घोवा संबंदान चौकशी केली. थंयच्या एका मनशान म्हळें ''तें कितें जाणामगे, मातशें कितेंय पयशांचें फाटी-फुडें जालां आसतलें. थोडेभोव पयशे फयदासपाखातीर गावां-बिवांक गेला आसत.'' परतून एक हात, पाय तोंड-बीण नाशिल्ल्या कुड्ड्या भयान चेन्नम्माचो श्वास आडखळ्ळो. आपणे बेंगळुरांतूच रावचें काय गावांक वचचें अशें चितीती ती घरा परतली. घोवाक गावांक वचपाचे आशिल्लें जाल्यार आपणाक सांगनासतनाच वतलो आशिल्लो? ना जाल्यार ताचें बेंगळुरांतूच कितें जालां आसतलें? आपणे काय ताका बेंगळुरांत सोदपा सारकी स्थिती ना. कसो म्हणून सोदप ताका? ह्या लाखांची लोकां मदीं एका मनशाक सोदप म्हळ्यार बांयेत पडिल्ली नाका पिली सोदिल्लेवरी. आज फाल्यां दोन दीस घरा रावुनूच वाट पळोवपाची, तो आयलो ना जाल्यार घराक कुलूप लावन गावां वचून पळोवपाचो असो तिणे निश्चेव केलो.

गिरणींतले कामगार घराकडेन येवन चौकशी करपाचे थांबले. दुसरे दीस बरे रातीर चेन्नम्मा न्हीद येना जाल्ल्यान कुशी परतिता आसतनाच कोणेतरी मोठ्यान दारार मारलें. आवाज आयकून चेन्नम्मान उठून ''कोण?'' म्हळें. ''हावं तो, दार उगड!'' भायल्यान रामप्पाची जाप आयली. दार उगडिना फुडें रामप्पा सडसडीत भितर आयलो आनी आपणेच दार बंद केले. ताणे चेन्नम्माक म्हळें ''कोणूय येवन विचारल्यार हांव ना म्हण.'' दोगांय मागीर भितर गेलीं.

घोव कसल्या तरी त्रासांत पडला म्हण चेन्नम्माक कळ्ळें. तितल्यान ताका लागून जाल्ले सगळे त्रास ती विसरली. फस्काची काडी काडून पेटोवपाक करीत तिणे विचारलें ''जेवता तूं?'' रामप्पान म्हळें ''जेवण जालें. न्हीद तूं. कोणूय येवन विचारीत बी जाल्यार हांव घरांत ना म्हण. दिवोबी पेटोवं नाका.''

चेन्नम्माक दिसलें ''कितें हें सगळें?'' ताका विचारपाक जाय. स्वताकूच ताका हें चड जालां आसतलें. बरें जालें. आपुणूच कळटलें मागीर. अशें चिंतून ती ओगीच रावली. रामप्पा न्हिदलो तशी मागीर आपुणूय न्हिदली.

XII

सकाळी रामप्पान थोडो बेगीनूच उठून चेन्नम्मा कुशीक बसून घडिल्ली सगळी गजाल सांगली. राममंदिराचो कारभार चलोवपी समितीचो हो येजमान. चार जाण मंदिराचे व्यवस्थापक ताचो कारबार चलोवपी जाळवणदार. तातूंतलो पयशांचो वेव्हार रामप्पाचो. ''हेवटेन तेवटेन कितें तरी करून थोडे पयशे व्हगडायले. ते जाग्यार घालपाखातीर मंदिराचे पयशे वापरले. हें हातूंतल्या थोड्यांक खबर आशिल्लें. तरीपूण ओगी राविल्ले. हें आमच्या मेस्त्रीकूय खबर आसा. भियेव नाका, आपूण तुका तितले जाय जाल्यार उश्णे दितां म्हणूक

लागलो. त्या धिराचेर परतून थोडे पयशे मोडले. आतां वर्स सोपता. हिशोब दाखोवपाक जाय. रीण दितां म्हणलेलें न्हीं, आतां दी म्हळ्यार आपल्याच्यान जायना म्हणटा. हें कितेरे बाबा, दितां म्हणटालो दी मरे म्हळ्यार तो म्हणटा, तूं आनी तुगेली बायल दोगांय जोडटालीं त्या बळाचेर रोखडे पावयतलीं अशें चितून दितां म्हणिल्लें. आतां तूं एकटोच जोडटा, शंबर रुपयां वयर तुका रीण दिवन हावें केन्ना पावोवन घेवयाचे तें? अशें म्हणून जावचें ना म्हळें ताणे. त्या खातीर ते पयशे पावोवपाक जायना म्हणून तीन दीस लिपून रावलों. मेस्त्रीन एक उपाय सांगला. ते तरेन केलें जाल्यार हो तंटो बरेभशेन सुटूंये, पूण तो उपाय करपाक तुवें मनार घेवपाक जाय.''

''कितें करपाक जाय? हांव परतून गिरणींत काय वचचे ना.''

''शे, पिशेपणा. कोणे म्हळांवच म्हणून? आतां पळय. म्हजे आनी तुजे मेळून फंडाचे पयशे आसात. म्हज्या हिशोबांत, म्हजे शंबर रुपया आनी गिरणीचे शंबर रुपया मेळटात. म्हज्या हिशोबाचे जातात ते फाटीं फुडें इतलेच. हे पयशे मेळपाखातीर उणीचधा वर्सां काम केल्लें आसपाक जाय ना जाल्यार मजूर भायर पडिल्लो आसपाक जाय. हांव मेलों म्हणून आमच्या गांवच्या पाटलाचें एक पात्र हांव तुजेकडेन दितां. तूं तें गिरणीत दाखोवन ते फंडाचे सगळे पयशे घे. आपूण गावांक वतां म्हणून सांगल्यार तुगेले पयशेयबी दितले सगळे घेवन मंदिराचे सगळे पयशे दिवन उडोवपाचे आनी बेंगळूर सोडून वचपाचें. एक स म्हयने सुमार लिपून दुसरे कडेन खंय तरी रावून मागीर गावांक वचप. इतलें तुवें करपाचें.

''कितें उलयता तूं हें? आशिल्लें. सौभाग्य ना म्हणून हांव फटीच्या मार्गान पयशे पुजांवन हाडूं? देवान दिल्लो कुकूम पुसून उडोवप योग्य जातलें?''

''तोंड धुयता आसतना कुकूम पुसून वचना? नवो धागो घालपाक जाय जाल्यार मंगळसूत्र काडचें ना? आतां काडटा, रोखडें घालता. संकश्टांतल्यान वाटबूंक जाय जाल्यार इतलें करपाक जाय.''

''तूं हेवटे-तेवटेन कितेंय करून दितलो तो दाखलो फट म्हणून ताकां कळ्ळो जाल्यार?''

''तें सगळें मेस्त्री पळयतलो. फंडांतले पयशे काडून व्हरपाखातीर अशें कितलेशेच फावटीं जालां. हे गिरणींत रावतात, मरून फंडाचे पयशे घेतात, ते गिरणीत कामाक वतात. थंय मरतात, फंड घेवन हांगा लागींचें गिरणीत परतून येतात.''

''अशें जाल्यार कशें तर? अस्सल फटींगपणा जालीं! कोणूच धरपी ना?''

''ह्या सगळ्याखातीर कोणाक सवड आसा? धरलो जाल्यारूयबी हाची चाडी ताणे आनी, ताची चाडी हाणे. सांगची पडटा. अशो चाडयो करून धा जाणानी एकठांय

दीस काडप कशे?''

''ह्या खातीर गावांतली थोडी शेत जमीन विकून हे पयशे पावोंव येताले.''

''बेंगळुरांत जोडून गावांत शेतजमीन घेवं येता न्हीं? गावांतली जमीन विकली जाल्यार गावंचो लोक हांसतलो आमकां. नाय जाल्यार बरेभशेन गिरायक मेळून विकून पयशे हाडपाक खूब दीस लागतले. हेंयबी करतात तें न्याया भायलें. अशें कांय ना. आमचेच पयशे ते. तांचो हिशोब बरयल्लो आसा. घेवपा खातीर नेम केल्ले आसात. तांचेप्रमाणे चलल्यार जालें. आमचेच पयशे आसी घेतात.''

चेन्नमाक ही येवजणूच पसंत नाशिल्ली. ती ओगीच रावली. थोड्या वेळान रामप्पान म्हळें ''जायना म्हळें जाल्यार फाल्यां मंदीर सोडचें पडटले, गिरणीतलें कामूय सोडचें पडटलें. आसूं म्हणटा जाल्या बंदखणेत वचपाक जाय.''

''हे पयशे दिवनूंयबी मंदीर, गिरण सोडचीच पडटलीं न्ही?'' अशें विचारूक जाय अशें चेन्नम्माक दिसलें. बंदखणेचो विशय काडला न्हीं. त्याखातीर हें सगळें करपाक जाय अशें दिसता अशें ताणे आपले भितर चितलें, ओगीच रावली. कांय खिणाउपरांत म्हळें ''म्हजो घोव मेलो अशें घोव आशिल्ली खंयचीय बायल कशें म्हणटली? तें सोडून दुसरें कितेंय सांगता तें सांग. तें हांव करतां.'' रामप्पान विशय इतल्यारूच सोडलो आनी सकाळ जाली तेन्ना भायर सरून गेलो. दुसरे दीस रातीकडेन घरा आयलो. ''तुवें गिरणीत वचून दुडू घेवन येवपाची गजाला नाका. ह्या कागदाचेर आंगठो लाय. बाकी सगळें मेस्त्री पळयतलो.'' ताणे चेन्नम्माक फर्मायलें. तिचे मुखार एक कागद आनी शाईची बाटली दवल्ली. चेन्नम्मान ''हें कितें?'' म्हणून विचारलें. रामप्पान सांगलें ''तुका मेळपी दुडवांची रसीट.''

चेन्नम्मान कागदाचेर आंगठ्याची कुरू लायली. दुसरे दिसा रामप्पान म्हळें ''दंडींत एक काम मेळपासारकें आसा. थंय वचुया.'' पंदरा दीस दिसाचो लिपून रावलों आनी रातीकडेन हांगा थंय धावपळ करून निमाणे ''काम मेळळें,'' ताणे सांगले दुसरे दिसा कामाच्या थळाकडच्यान लागीच आशिल्ल्या पुर्णपुरा एक घर पळोवन थंय हिका घेवन गेलो.

दोन म्हयने हीं थंय सुखान आशिल्लीं. सुखान म्हळ्यार गिरणींत वा राममंदिरात केल्ल्या चुकांक लागून जाल्ले तसले त्रास नासतना रावलीं इतलोच ताचो अर्थ. ह्या संवसारांत पुराय सूख अशें केन्ना मेळूंक कठीण. रामप्पा एका दिसा आड घरा येतालो. उरलेले दीस खंयतरी रावतालो. चेन्नम्मान एकदां दोनदां ''अशें कित्या करता?'' म्हण विचारलें. रामप्पान अशिश्टपणान जाप दिली. हें वांट्याक आइल्लें दुर्भाग्य सोशीत हांगा

रावपापरस गावांक गेल्लीं जाल्यार बरें जावपाचें अशें दिसलें. चार दिसांनी ताका तशें सांगचें अशें तिणे चिंतलें पूण मागीर ओगी रावली.

XIII

इतल्या भितर एक दीस रामप्पा बरे मध्यान रातीर घरा परतलो. ताचे तकलेर एक घावो जाल्लो. पोल्याचेर दोन तीन कडेन मार लागिल्लो दिसतालो. चेन्नम्मान विचारलें ''कितें जालें?'' रामप्पान म्हळें ''मातशें राव सांगतां.'' तांणे कांयच सांगलें ना. ओगी न्हिदलो. हें आनी कितें केलें काय? आनी कसले त्रास येवपाचे आसात काय? अशें चितीत चेन्नम्मा आपणाल्या हांतरुणार पडली. बाबूक वेंगांत घेवन ''हाची जीण कितली सुखाची आसूंक जाय आशिल्ली? आतां हाज्या कपलांत कितें बरयल्लें आसा काय?'' अशें हनुमंताची प्रार्थना करीत ती चितूंक लागली.

दुसरे दिसा दनपरां हांच्या घराकडेन कांय पोलीस आयले, ''रामप्पा आसा?'' ताणी विचारलें. चेन्नम्मान जाप दिली ''गिरणींत गेला'' पोलीस गिरणीकडेन गेले. रामप्पाक धरलो. परतून घराकडेन घेवन आयले आनी ''हो म्हजो घोव, हाचें नांव रामप्पा'', अशी तिची एक जबानी घेवन ताका बंदी करून घेवन गेले.

चेन्नम्माक आतां कितें करचें तेंच कळना जालें. तिका तेन्ना लागींचे अशे दिसपा सारके म्हणटात ते लिंगप्पा आनी मेस्त्री. पेंडिपेटेंत तीं रावतालीं ते घराचो मालक तिरुमळय्या आदार दिवंक शकतालों, पूण तो तितले तांकींचो मनीस न्हीं आशिल्लो. लिंगप्पा एका सरकारी कचेरेंत काम करता इतलें सोडून खंयची कचेरी तें तिका खबर नाशिल्लें. त्याच खातीर मेस्त्रीक मेळपा बगर तिका दुसरो उपाय नाशिल्लो. घराक कुलूप लावन बाबूक घेवन चेन्नमा ते आदले गिरणींत गेली.

मेस्त्री गिरणीत तिका दिसलो, मेळ्ळो मात ना. मेळत ताचेकडच्यान सांगून धाडलें, पयलीं जांका वळखताली तांच्या आदारान तो जंय जंय आसूंक शकतालो थंय थंय वचून ताका मेळपाचो येत्न केलो. ताणे दडी मारली. थंय कांय जायना तें पळोवन ती बाबडी गिरणीच्या राममंदिरांत गेली. थंय लिंगप्पा दिश्टी पडलो.

तड मेळ्ळी म्हूण चेन्नम्माक सू जालें. तिणे म्हळें ''लिंगप्पा, तू म्हाका देव कसो मेळ्ळो. कितेंतरी जालां आसतलें, घोवाक म्हगेल्या पोलीसांनी धरून व्हेला. हें कितें घडलां तें मातशें पळयरे बाबा. ताच्या जेवणा उदकाचें पळोवपाक जाय न्हीं? हांव एक बायलमनीस, म्हाका ह्या शारांत वाट मेळूंक कठीण. राग धरून बसूं नाका ताचेवयलो. तुजो सोयरो म्हणून हात धर ताचो.'' इतलें उलयतासर तिच्या दोळ्यांतल्यान घळघळीत दुकां व्हांवलीं.

लिंगप्पाल्या दोळ्यातूय दुकां आयलीं. ताणे आपूण जाणा जाल्ली खबर चेन्नम्माक सांगली. "कितें सांगूं चेन्नम्मा, काल हो, तांगेली ती 'लेडी' आसा न्ही, तिगेर गेल्लो. तेन्नाच तिगेर एकटो नवो मनीस कोण तरी आइल्लो खंय. हाचे आनी ताचें दोगांयचें केस्तांव जालें, दोगांयची मारामारी जाली. ताणे रामप्पाक मारलो. रामप्पान ताका मारलो, हात धरून पिंवळ्ळो. ह्या झगड्याभितर ताच्या हाताचो सांदो दुखावलो जावंये. 'ओऽऽ' म्हणून ताणे बोब मारली खंय. ताणे पोलीस ठाण्यार कागाळ केली. ते आता चौकशी करतात, त्या खातीर हें सगळें घडलां. आतां ताका धरला तो बरो आसां. तो मेलो अशें तुवें सांगलें खंय त्याखातीर गिरणीची फसगत जाली म्हणटात. आनी एक चौकशी चल्ल्या खंय. ती आनी कसली गजाल? म्हाका समजुना." तिणे म्हळें.

"कालच्या झगड्यांचो आनी हे खबरेचो कितें संबंध?"

"मारपी कोण काय म्हळ्यार, रामप्पा म्हणपाक लागले. ताचे विशींचीं फाटली फुडली म्हायती कितें, तर तो ते गिरणीत पयलीं काम करतालो. गिरणीत वचून चौकशी केली तेन्ना रामप्पा वचून तीन म्हयने जाले म्हण सांगलें. कितें घडलां म्हण पळयलें तेन्ना, तो मेलो म्हण ताचे बायलेन सांगलां आनी सगळो दुडू घेवन गेल्या म्हळें."

"हावें दुडू घेतलो म्हळें ताणी?"

"हय. तूं अशेंच गावां गेल्यार बरें. पोलीसांच्या हाताक लागनासतना म्हयनोभर तोंड लिपोवन रावपाक जाय तुवें."

"आवस् म्हजे! हांव एक बायलमनीस. इतलें सगळें कितें म्हण करतली? देवाक जाय तशें जातलें. घर नांवाचे सुवातेर वतां. घोव येत मेरेन दिवो पेट्यतां. विपरीत कितेंय घडलें जाल्यार देवान वांट्याक घाल्लें म्हणून मानून घेवपाचें. बरें आसा, हांव येतां."

घरसंवसारांतली निरशेणी, घोवान ओडून हाडिल्ली परिक्षा, आतां परतून तोंडामुखार उबें आशिल्लें हें नवें अरीश्ट ह्या सगळ्यानी चेन्नम्मांच्या जिविताक एक विचित्र अशी धिटायेची परिपूर्णताय हाडून दिल्ली. ती बाबूक घेवन पूर्णपुरा आपणाल्या नव्या घरा गेली.

थंय ती चड दीस रावली ना. दुसऱ्या दिसाच परतून पोलीस आयले. तिणे गिरणींतल्यान पयशे घेतिल्ले खातीर तिका बंदखणेत घेवन गेले. "हावें पयशे घेतिल्लेचना", अशें तिणे खूब सांगलें. "तुवें पयशे घेतले अशें मेस्त्री सांगता, तो कारकून सांगता. तुज्या आंगठ्याची निशाणी आशिल्लें मागणे पत्र आसा, रसीट आसा," अशें तिका पोलिसांनी सांगलें.

आपणाल्या आंगठ्याची निशाणी आशिल्लें मागणे पत्र, रसीट आसात अशें म्हणना फुडें आपणाल्या घोवान कितें केलां आसतलें तें तिच्या ध्यानांत आयलें. त्या दिसा ताणे तीन कागदांचेर तिगेल्या आंगठ्याची निशाणी लावन घेतिल्ली. ही आमकां मेळपाच्या

पयशांची रसीट म्हणिल्लें. ती वेगळ्या अर्थाची कागदां आशिल्लीं जातलीं, तीं कागदां घेवन आपल्या घोवान आनी मेस्त्रीन मेळून हें सगळें कारस्तान केल्लें आसूक जाय.

लिंगप्पा त्या दिसा पोलीस स्टेशनाचेर गेलो. रामप्पाल्या उलोवण्या वयल्यान चेन्नम्मालो तर्क खरो म्हूण कळ्ळें.

लिंगप्पा चेन्नम्माचो हयकार घेवन मादव्वाक बेंगळुराक आपोवन घेतली.

चेन्नम्मा आतां ह्या संकश्टांत घुसपली. एक तर खरें तें सांगून घोवाक आनी मेस्त्रीक दोगांकूय जेलींत धाडूंक जाय ना जाल्यार तोंड धापून रावून आपणे जेलींत वचपाक जाय. रामप्पान आपूण जावन जेलींत वतां म्हळें जाल्यार हिणे कितें सांगप. ताणे तशें कांयच म्हळें ना. परतु-परतून दुसरीच गजाल घोळयत रावलो. ''आरे रे, मेस्त्री म्हाका आदार दिवपाक म्हण गेलो आनी जेलींत वचपाची पाळी आयली!''

आपणालो हात हातांत घेवपाची चूक सोडून दुसरी कसलीच चूक करू नाशिल्ले एके बायल मनशेचेर जेलींत वचपाची पाळी आयली म्हूण ताका व्हडलेंशें दुख्ख जावंना शिल्लें. आपणाली घरकान्न जाल्ले बायलमनशेन आपणाले चुके खातीरूय ख्यास्त सोसची अशें तो मानता काय कितें? काय, ताणे ताचे विशीं कांय चितुकूच ना! हो इतलो बेफिकीर जाल्लो आसतना आपूण इतली घाळ रावून चूक केली म्हूण चेन्नम्मा खूब पश्चताप पावली. पोलीसांच्या सगळ्या प्रश्नाक तिणे एकूच जाप दिली ''म्हाका कित्याचेच संबंदान कांयच खबर ना, तुमी जायतें करात.''

XIV

पोलीस चौकशी सोपली. दोगांकूय कोर्टामुखार हाजीर केलीं. कोणा मनशाक हाड मोडपामेरेन मारलो म्हूण रामप्पाचेर एक आरोप, गिरणीची फसगत करून पयशे हातासले म्हूण घोव-बायल, दोगांचेरूय एक आरोप.

मारपेटाचो आरोप आशिल्ले केशींत रामप्पान प्रतिपक्षाकडेन उलोवणी करून समजोतो केलो. तातूंत कोर्टान ताका माफी दिवन सोडलो.

फटवणुकेचे केसींत मेस्त्रीक भरसुपाखातीर ताचें नांव ह्या दोगांनीयबी घेतलें ना. दोगांय जेलींत वचून कितें जातलें? एकटो तरी भायर उरपाक जाय न्हीं, अशें वकिलान सांगलें. रामप्पान आपणाक कांयच खबरना म्हणप, चेन्नम्मानूय तशेंच सांगप, गिन्यान नाशिल्ली बायलमनीस अशें म्हणून कोर्ट तिका माफी करूक शकता अशें वकिलाने सुचयलें. अशे तरेन चेन्नम्मान कोर्टांत कितेंच सांगलें ना. तिका धा दिसांभितर एक गजाल स्पश्ट जाल्ली. आपूण रामप्पाकडेन लग्न जालीं ती ह्या सगळ्या कश्टांचो अणभव घेयवपाखातीरूच म्हणून. घटित अशें नाशिल्लें जाल्यार खंयच्या तरी खेडेगावांत जल्मल्ली

आपूण हांगा पावून कित्याक इतलें सगळें घडपाक जाय आशिल्लें? तिणे मेजिस्ट्रेटाक सांगलें ''घडपाची ती चूक घडली सायबानू, गिन्यान नाशिल्ली बायलमनीस हांव, तुमीच वाटायात म्हाका.''

सगळें कितें घडलां ताका रामप्पाच जापसालदार म्हण सांगपी कोणूच नाशिल्लो. ताची मान्यताय आसलेबगर ही बायलमनीस कांयच करूंक शकचीना असो एक तर्क सोडून ताचो अपराध दाखोवन दिवप शक्य नाशिल्लें. मेजिस्ट्रेटान ताच्या अपराधाविशीं दुबाव आशिल्ल्या कारणान ताका दुबावाची अनुकुलताय दाखोवन निर्दोश थारायलो. आंगठ्याची निशाणी बी धरून हेर फावोतशा पुराव्यांच्या आदारान तिणे अपराध केला असो निश्कर्श काडून चेन्नम्माक स म्हयन्याचे बंदखाणीची ख्यास्त फर्मायली.

आपूण बायलमनीस आशिल्ल्या कारणान आपूण इतलें सगळें करूंक शकना असो तर्क करून मेजिस्ट्रेट आपणाक सोडून दिवंये अशी थोडी आस्त बाळगून ती आशिल्ली. तीं जेन्ना निरर्थक थारली तेन्ना हो संवसार म्हळ्यार अन्यायाचेंच घर अशें तिका दिसलें पोलीस तिका भायर घेवन आयले. रामप्पा, लिंगप्पा आनी मादव्वा तिचे म्हऱ्यांत आयलीं. ती आवयच्या खांदार तकली दवरून रडूंक लागली. खिणभर लिंगप्पावटेन पळयलें, कांयच उलयली ना. रामप्पावटेन पळयलेंच ना.

रामप्पान मुखार सरून कसली तरी गजाल काडली. तिणे कपड्यान तोंड लिपयलें, ''म्हाका आतां कांयच आयकुपाचें ना. म्हजें हांवूच बरें आसां.'' तिणे सांगलें.

XV

मादव्वा आपणाल्या गावांक गेली. दोन म्हयन्यानी एकदां अशी दोन फावटी येवन बंदखणेत धुवेक मेळ्ळी. त्यावेळार लिंगप्पा जाणटेले वांगडा आसतालो. रामप्पान थोडे फावटी चेन्नम्माक मेळपाचो येत्न केलो. ती भायर आयली ना.

स म्हयने सोपून तिका बंदखणेतल्यान सोडपाचो दीस आयलो. ताचे आदले दिसा मादव्वा गावांतल्यान आइल्ली. लिंगप्पा तिका बंदखणेकडेन घेवन आयलो. ती येवपाच्या वेळार रामप्पायबी बंदखणेच्या दारांत रावून वाट पळयतालो.

चेन्नम्मा भायर आयली, आवयचे कुशीक येवन बसली. सकाळीं गावांवटेन वचपी एक गाडी आसा. ती धरून आमी घरा वचुंया म्हण तिणे आवयक सांगलें.

रामप्पा लागीं आयलो; हे उलोवणें ताणे आयकलें. ''चेन्ना, चूक जाली म्हजी. हांव सांबाळटां तुका, म्हजे बरोबर यो,'' ताणे तिका सांगलें.

चेन्नम्मा उलयलींच ना. कबूल ना म्हणून फक्त तकली हालयली. घोवावटेन पळयलेंच ना.

स म्हयन्या भितर ती सामकी थतर-वितर जावन गेल्ली. काळान रामप्पाकयबी तसो बेश्टो सोडुंनाशिल्लो. तोयबी सामको असकत जाल्लो. रामप्पान जायतें सांगलें. तिणे तोंड उगडलेंच ना. परतून तशीच तकली हालयली. ती खंयचींच उतरां आपणाल्या कानार पडुनाशिल्लेभशेन ओगीच रावली. थोड्या वेळान तिणे आवयक म्हळें ''ऊठ गे, आमी स्टेशनार या.''

रामप्पाक आपणे खूब सोसून घेतलें अशें दिसलें. थोडेभोव रागानूच ताणे म्हळें ''तशें जाल्यार तूं म्हाका सोडून वता काय कितें?'' ''तुगेल्या घोवाक कितें ती जाप दी मुगो बाये. तुजो हात धरपी घरकारमुगो तो. ताच्या उलोवण्याक परती जाप दिनासतना रावुं येता?'' मादव्वान धुवेक म्हळें.

चेन्नम्मान म्हळें ''घोव बायलेक सोडूंक शकता न्ही. बायलेन घोवाक सोडप अशें आसा? आतां हांव कांयच नकळों. गांवां वचपाक जाय पयलीं.''

रामप्पान विचारलें ''तशें जाल्यार एका म्हयन्यान येता, दोन म्हयन्यानी येता काय येवचेंचना? काय हांव गावां येवं? कितें तें सांग म्हाका.''

चेन्नम्मान जाप दिली, ''हांव म्हयन्यान येवंक शकचें ना, दोन म्हयन्यानी येवंक शकचें ना आनी येवचेंना अशेंय म्हणूक शकना. गावांत आयलो जाल्यारूय हांव संवसार मांडूक शकचें ना. आतां हांव कांयच सांगूंक शकना. कित्याक बेश्टी ही सतावणूक चलयल्या म्हजी?''

रामप्पान म्हळें ''आं! अशेंच तूं सदां! सोड खबर. हांव आतां खयीं वतां तोंड घेवन आनी कितेंय करतां.''

चेन्नम्मा ओगी रावली. रामप्पान म्हळें ''बरें आसा, आतां तूं कांयच सांगूक शकना जाल्यार हांव मेलों म्हण समज, पळय तूं.''

मादव्वान म्हळें ''बाबारे कित्याक अशें वायट उलयता? समज उणो मातसो ताका. बेजारलां ते जिवाक. सांबाळून घे मातशें. सगळें सारकें जातलें. रामप्पान म्हळें ''तशें जाल्यार, ताणेच सांगूं तशें.'' चेन्नम्मा मातशेंय हाललें ना.

रामप्पान म्हळें ''बरें आसा. तें तशे कांयच सांगचें ना. बरें आसा. म्हजे घरकान्नीन हांव तिच्या वांट्याक नाच म्हण समजुचें.'' अशें म्हणून तो थंयच्यान उठून गेलो.

मादव्वान म्हळें ''आसतना उद्धार केलो तो पुरो ना? ना म्हूण चुकोवन वचपाक आनी कित्याक जाय? आपले भितरूच ती उलयली. धुवेक मोख करून तिणे म्हळें ''लिंगप्पागेर वचून, बाबूक दोन उणयो भरोवया आनी मागीर स्टेशनाचेर या न्ही?''

चेन्नम्मान जाप दिली. ''आतां कोणागेरूच वचप नाका गे आवय. एका लागशिल्ल्या सोयऱ्यागेर खंयचें तोंड घेवन वचूं हांव? धरतरेन तोंड उगडलेलें जाल्यार

हांगाच देंवून हांव वच्चाचें. पूण हांव इतलें पुण्यवान न्हीं. चल या आमी स्टेशनाचेर.''

लिंगप्पा तांचे बरोबर रेल्वेस्टेशना वटेन चलपाक लागलो. चेन्नम्मान आवयक ल्हवूच कितेंतरी सांगलें. तिणे लिंगप्पाक म्हळें, ''लिंगप्पा तूं आमचेबरोबर येवं नाका. घोव उठून गेले बरोबर कोणा दादल्या बरोबर गेलें अशें म्हणिल्लें कित्याक जाय आयकुपाक? तूं वच बाबडो मातसो. दिकाभ्रश्ट जावन उरलें तेन्ना देव कसो वांगडा रावलो तूं. देव सांबाळ करूं तुज्या भुरग्या बाळांचो.''

आपणे बरोबर येवंक फावना म्हणपाची चेन्नम्माची सुचोवणी लिंगप्पाक कळ्ळी. तिगेली सुचोवणी एकदम योग्य अशें ताका दिसलें. कितली शाणेपणान वागपी बायल ही अशी ताका तिची तोखणाय दिसली. ''बरें गो बाये. तशें जाल्यार यो तूं वचून, गाडयेक दुडू आसात न्ही तुमचे कडेन?'' ताणें विचारलें.

मादव्वान आसात म्हळें. तो उठून घरा गेलो.

XVI

तांकां निरोप दिवन लिंगप्पा आपणाल्या घरावटेन चलपाक लागलो. वाटेर पेंडेपेटेंतली गिरण. थंय कितें तरी गडबड-गोंदळ चलतालो. वाटेवयल्या लोकाक ताणे तें कितें चललां काय म्हण विचारलें. ताणीं ताका सांगलें ''गिरणीच्या कामगारांनी कित्याक लागून तरी संप, केला आनी रेल्वे खांब्या कडच्यान मैदाना मेरेन मोटो पुंजुलो करून रावल्यात. गिरणीचे राखणे खातीर पोलीस आयल्यात. कामगार गिरणीचेर बळ-जबरेन घुरी घालूंक सोदतात.'' लिंगप्पाक ते वाटेन गेल्यार घर लागीं पडटा. वचूं काय नाका अशें तो चितीत चार पावलां चललो. गिरणीच्या दारांत पोलीस राविल्ले. तांचे मुखार हाणे पयलीं पळयल्लो तो मेजिस्ट्रेट उबो आशिल्लो. तो कामगारांक सांगतालो ''वचात हांगासरल्यान. हांगा जमाव करून रावूं नाकात. तुमी हांगच्यान विसकटून वचनात जाल्यार पोलिसांक तुमचेर लाठीमारो करून तुमकां धांवडांवचें पडटलें.''

खिणाभरयांन कामगाराचे पयलेच वळींतल्यान कोण एकटो नेटान मुखार सरलो. ''येयातरे, कितें बिशात तांची पळोवया.'' ताणे म्हळें. तो आशिल्लो रामप्पा. ताचे फाटल्यान कितलोच लोक दिसलो. तो मुखार धांवलो, फाटल्या लोकान वचचें कायनाका अशें चिंतलें शें दिसलें ना. सगळो जमावूच फाटोफाट नेटान फुडें सरलो. पूण जमाव आनी तो हांचे मदी थोडें अंतर आशिल्लें. ताका तेन्नाच आडायलो जाल्यार गिरण उरूंयेताली. नाजाल्यार गिरणूच न्हीं तर पोलीस, मेजिस्ट्रेट कोणूच उरचे नाशिल्ले. पोलिसांनी तुबकां जमावावटेन लावन धरलीं. ''रावचेंच पडटलें तुमका ना जाल्यार फार मारतले.'' अशें ताणी आडून सांगलें. जमाव थांबलो ना. तुबकांच्या फारांचो एकाच

बरोबर आवाज आयलो.

सगळ्यां मुखार धांवतालो तो रामप्पा गुळी लागून थंयच घुंवून सकयल पडलो. जमावांतल्या तिगां चौगांक मार लागलो आसूंक जाय. देखूनूच तो फाफसून गेलो.

लिंगप्पाक आपूण रामप्पाचें मरण पळोवपाखातीरूच आइल्लेवरी दिसलें. पोलीसानी आनी गिरणीच्या अधिकाऱ्यांनी मार लागून पडिल्ल्यां मनशांक उखल्ले. लिंगप्पा तांचे म्हऱ्यांत गेला, आनी रामप्पाची वळख सांगली. ताची सासूमांय, आनी घरकान्न रेलगाडयेन वचपाक गेल्यांत तें सांगून, आपूण वचून तांकां घेवन येतां, प्रेत तांचे सुवादीन करात, अशें ताणे सांगलें.

अधिकाऱ्यांनी तशें करपाक काय आडखळ ना म्हळें. लिंगप्पा गाडी सुटली आसूंये अशे चिंतेन एक टांगो करून रेल्वे स्टेशनाचेर गेलो. आजून गाडी सुटू नाशिल्ली. चेन्नम्मा आनी मादव्वा बाबूक घेवन गाडयेमुखारूच प्लेटफॉर्माचेर बसून आशिल्लीं.

हो परतून आयला तो चेन्नम्मान पयसुल्ल्यान पळयलो. हो आनी कित्याक आयला काय म्हणून ती मातशी बेजारली. लिंगप्पा धप धप करून पावलां मारीत तांचे म्हऱ्यांत धांवत आयलो. ‘‘अव्वा, वायट जालें गे!’’

मादव्वान विचारले ‘‘कित्याक म्हणटा रे बाबा? कितें जालें?’’

‘‘हाय देवा, कितें सांगचें गे सायबिणी? हांव गेलों म्हूण समज, हांव गेलों म्हण समज अशें म्हणपी खरेंच गेलो गे अव्वा. बाबूक अनाथ करून गेलो तो.’’

‘‘आरे कितें उलयता रे तूं? आतां भायर पडलो तो?’’

‘‘हय. गिरणीच्या कामगारांचो कित्याक लागून तरी बोवाळ चलला. तुमीयबी फारपेटाचो आवाज आयकला आसतलो. तुमकां सांगून गेल्लो रामप्पा नीट थंय गेलो. पुलिसां मुखार वचून छाती फुडें काडून रावलो. गेलो गे अव्वा. तो पोर अनाथ जालो.’’

खीणभर कोण कांयच उलयलो ना. ही खबर आयकून थंयचे धायेक लोक लागीं आयले.

लिंगप्पान तांकां सांगलें ‘‘ताचे घरकान्नीक आनी सासूमांयक घेवन येतां, प्रेत थंयच आसूं अशें हांव सांगून आयलां.’’

मादव्वान धुवेवटेन पळयलें. तिणे कांयच म्हळें ना.

‘‘यो गो बाय, वचुयाआमी,’’ अशें म्हणून आवयन धुवेक आफयली.

चेन्नम्मान सांगलें, ‘‘अव्वा, वचपाक जाय जाल्यार तूं वचून यो. हांव हांगाच रावतां.’’

‘‘आसूं गो बाय, गेलोच न्हीं तो, आतां आनी राग कितें घेवन बसलां?’’

‘‘राग न्ही गे, राग न्हीं. कोणाकूय वचून पळोवपाचे म्हळ्यार जिवाक बेजार. चेरो

तोच, मनीस वेगळो. त्या दिसाच गेलो तुगेलो जावंय. म्हजे खातीर ही सगळी जावन गेल्ली घडणूक. हो एक मणी घेवन गावांक वचचें अशें म्हणटालें. घोवाक सोडून मणी घेवन कितें आयलां काय म्हणलें हनुमंतरायान. घे हो आनी कितेंय करून सोड ताजें.'' चेन्नम्मान आवयक म्हळें.

अशें म्हणून चेन्नम्मान गळ्यांतलो मणी तोडून काडलो आनी आवयच्या हातार दवरलो.

मादव्वालें काळीज तुटलें. तिणे म्हळें ''आगेबाये, कितें केलें हें तुवें?'' दुसऱ्याच खिणाक, तो गेले उपरांत हो मणी तोडपा बगर दुसरी आनी वाट कितें आसा अशें तिका दिसलें. गाडी सुटपाचो वेळ जाल्लो. कितें करचें तें कळना जावन लिंगप्पावटेन पळयत तिणे म्हळें ''मागीर कशें करपाचें? हें काय येवपाचें ना! हाका आनी बाबूक सोडून हांव येवन करतलें कितें?''

लिंगप्पान दोन खीण चितलें ''आसूंगे अव्वा, तुमी गाडी धरून वचात. हांव गिरणी कडेन वचून कितें करपाचे तें पळयतां.''

XVII

आवय, धूव, सान भुरगो मेळून गांवाक गेलीं.

☆☆☆

3.

चिक्कव्वा

(धाकटी आवय)

गेल्ल्या सप्तकांत हांव पुरयताबरोबर श्रीरामागेर गेल्लों. लग्न, नीत, समाजीक क्रौर्य अशे तरेच्या विशयांचेर भासाभास जाली. वाडिल्ले पिरायेचे दादले आनी तरणे पिरायेच्यो बायलो हांचे मदल्या लग्ना संबंदान उलोवप जालें. श्रीरामान आपले वळखीच्या एका मोठ्या मनशाकडच्यान आपणें आयकल्ली एक खबर आमकां सांगली.

‘‘हांगाच लागीं म्हजी हालींच वळख जाल्लो एक इश्ट रावता. आमच्या गांवांतलो न्ही तो. आमच्या दोगांयच्या कामासंबंदान ह्या वरसाभितर म्हजें तांगेर जायते फावट वचप जालें. उलोवपाखातीर आमी भितल्ले एके कुडींत बशिल्ले. पयले फावट हांव ते कुडींत गेलों तेन्ना कुडींत भितर सरतनाच तोंडामुखावयले वणटीचेर उंचायेर लायिल्ल्या एका फोटवान म्हजी नदर ओडली. चाळिशेक वरसां आदीं फोटवाखातीर वापरताले तसल्या कागदावयलें एक चित्र आशिल्लें तें कुंडीत भितर सरतनाच म्हजी नदर ओडून घेतिल्ल्या त्या फोटवांतलो चेरो पळोवन मागीर मागीर ते कुडींत ‘खऱ्यांनीच एक व्यक्ती बसल्या काय’ अशे दिसपाइतलो तो चेरो जिवाळ दिसतालो. पिराय सोळा वरसां वयर आसूं नज अशे एके सोबीत बायलमनशेचो चेरो पळोवन ती एक अपूर्व व्यक्तिमत्वाची आसूंक फाव अशें दिसतालें. तेच खातीर ते कुडींत तो आपणाली एक सुवात आडावन बसला असो भास जातालो. तो फोटो कोणालो तें विचारपाक जाय अशें दिसलें पूण पयलेच फावटी येवन असो प्रस्न विचारप समा न्हय अशे दिशिल्ल्यान हांव ओगीच रावलों. सभ्यताय सांबाळून प्रस्न फुडें धुकलून, ज्या विशया संबंदान उलोवपाचें आशिल्लें ताचेविशीं उलोवन फाटीं परतलों. परततना त्या फोटवांतलें तें मुखामळ मनात दवरून वांगडा हाडलें.

‘‘भोव सोबीत मुखामळ. ताचें आकर्शण उणें जावंक नाशिल्लें. तरीपूण पिरायेचेर मात करून जाणटेपणाची लेव सावळी दिश्टी पडटाली. दोळे सानसुपुल्ले कशे दिसताले.

खरेपणीं तितले ल्हान न्ही. पातकट्यो व्हडल्यो आशिल्ल्यान रुंदाय ऊणी आनी बुब्बुळ सामकें ल्हान कशें दिसतालें. ओंठ भोव सोबीत तरेन एकवटावन, पळयतल्याच्या तर्काक वाव दिवपी, खंय मातशी हांशिल्लेवरी, हांसनाशिल्लेवरी असो एक भाव तांचेर खेळटालो. खीण-दोन खीण पळयत रावल्यार, ते ओंठ न्ही तर तोंडाची बारीकशी वाट हे वटेन ते वटेन मातशी रुंदावल्या काय, अशें दिसतालें. ओंठार हांशें आसा म्हळ्यार ना आनी ना म्हळ्यार आसा अशे तरेचो भ्रम निर्माण केल्लो तो ओंठां मदलो नाजूक रेगेन. हाचेवांगडा दिसताली ती दोळ्यांत पातळिल्ली हांशाची बारीकशी लिकलिकसाण. तुमी पळयतात तशे ते दोळे तुमकां पळयताले. तुमी आनिकूय ते नदरेचो परिचय करून घेता आसतनाच ती नदर तुमच्या मनांत घुसून तुमचो सभाव पळोवन घेता आसतली अशें दिसतालें. इतली ते नदरेची धार, इतली नितळ नदर. अशें आसुनूय क्रूर न्ही आनी खरूय न्ही. चूक दिसल्यारूय क्षमाशील जावपी अशी नदर.

‘‘घरा परतलों तेन्ना फोटवाची याद जाली आनी वयलें सगळें वर्णन मनांत घोळूंक सुरवात जाली. ती याद आयली तेन्ना, इतली सगळी बारीकसाण फकत दोन-तीन फावटी, सात-आठ खिणांभितर तो फोटो पळोवन मनान ग्रहण केल्ली पळोवन म्हाका अजाप जालें. सगळ्या संदर्भांतल्यान हांव इतली बारीकसाण ग्रहण करूंक शकतां? म्हाका तें शक्य ना शें दिसलें. तशें जाल्यार ह्या विशयासंबंदांतलें इतलें सगळें विवरण म्हज्या मनाचेर चिकटलें? हांवें चितलें आनी म्हळें, हो ते फोटवांतले व्यक्तीचे विशिश्ट शक्तेचो परिणाम आसतलो. परतून वतलों तेन्ना इश्टाची माफी मागून तो फोटो कोणालो तें विचारुंकूच जाय असो निर्धारूच हांवें केलो.

‘‘तितल्यान परतून एक दीस त्या इश्टाक मेळपाक वचचें पडलें. थंय पावून हांव जेन्ना त्या फोटवावटेन पळयतालों तेन्ना इश्ट थंय पावलो. ताणें म्हळें, ‘तो फोटो म्हजे धाकटे आवयचो (चिक्कव्वाचो). ती म्हळ्यार म्हजे जिणेची राखणे दैवत. मोठे योग्यतायेची गृहिणी आशिल्लें चलीभुरगें. ल्हान पिरायेरूच भायर पडली.’

‘‘दोन खीण ओग्गी रावलो आनी ताणें म्हळें, ‘भायर पडली’ इतलेंच म्हणून सत्य कित्याक लिपोवं? जिवाचो त्याग केलो तिणें. हीं उतरां उलयलों म्हणटकच जिवाचो त्याग कित्याक केलो, कितें जालें म्हणटात तें सांगचेंच पडलें. तें सांगलें ना जाल्यार तुज्या मनांत एके चुकीचे भावनेचो जल्म जावं येता. हिचे विशीं जें सांगूंक सोदतां तातूंत भितर हांवें पूज्य मानूंक फाव अशा दोग जाणांच्यो वायट गजालीय बी म्हाका सांगच्यो पडटात. पूण खरें तें सांगून म्हजेकडच्यान तांचे बाबतींत घडपी अपराध ल्हानसोच आसतलो. खरें तें सांगनासतना आमचे धाकटे आव्वयन आत्महत्या केली इतलेंच सांगलें जाल्यार तिचे संबंधान म्हजेकडच्यान एक व्हडलो अपराध घडटलो.’’

'सवड आसा तुका?' अशे विचारून हांवें 'आसा' म्हणटनाच ताणें आपणाले धाकटे आवयची कथा सांगली.

अशें म्हणून श्रीरामान त्या इश्टाच्या उतरांनी ताचे धाकटे आवयचें चरित्र वर्णन केलें तें मुखार त्या इश्टाच्याच उतरांनी सांगलां.

II

हांव म्हज्या बापायचे तिसरे बायलेक जाल्लो भुरगो. म्हजो बापूय म्हजे आवयकडेन लग्न जालो तेन्ना सुमार चाळीस वर्सां पिरायेचो आशिल्लो. म्हज्या बापायची कुंडली कसल्या तरी कारणाक लागून बायलेक घातक अशी आशिल्ली. तो सगळ्यां परस धाकटो. एक लग्न जालो. ती बायल घरा आयली आनी दोन वर्सां जावंचे आदींच बायल मेली. आमच्या आज्यान बळजबरेन ताचें दुसरें लग्न केलें. ते बायलेक तीन भुरगीं जालीं. पंदरा वर्सां सुमार संवसार केलो आनी एक फावट कसलो तरी जोर आयलो आनी ती भायर पडली. रोखडेंच परतून लग्न जावपाविशीं बापायन चिंतूंक नाशिल्लें. तसो विचार येवंचे आदींच ताचो बापूय भायर पडिल्ल्यान संवसाराचो ताबो आमचे आज्जेकडेन पावलो. तिणें पुताक म्हळें, 'तुजें घर सांबाळप म्हज्या नशिबांतशें कित्याक तें? घराक एक लक्ष्मी हाडून संवसार करपाचो आसल्यार कर. ना जाल्यार सोडून दी. म्हजे हे पिरायेर तुजो संवसार सांबाळप म्हज्यान जावंचें ना.' आनीक चार वर्सां रावन व्हडल्या पुताक लग्न केलो जाल्यार सून घरसंवसार सांबाळटली अशें ताणें चिंतिल्लेशें दिसता. पूण ते आवयन चार वर्सां वाट पळोवपाक जाय न्ही! कितें करचें तेंच कळना जावन बापायन शास्त्राखातीर केळी झाडाकडेन लग्न लावन तो संवसार सोंपयलो आनी आमचे आवयकडेन लग्न जालो.

आमी गांवांत रावपी लोक. घरदार सांबाळपाचें काम भरपूर आसतालें. घरांत आयिल्लीं बायलमनशां पिरायेन भुरगीं आशिल्लीं जावये. पिरायेंतली तांक ध्यानांत घेनासतना संवसाराचें जूं मात मानेर पडटालें. हें म्हजें उलोवणें हालींच्या अणभवांतल्यान जाता. तेन्नाच्या काळार हाचेपरस चड भार आशिल्लो जावंक जाय. आमची आवय सभावान तितली कठोर बायल न्ही. घरा येतकच 'व्हडल्या पुताक लग्न करात, घरांत एक सून येवंदी' असो आग्रो सुरू केलो. तेन्ना बापायन 'इतल्या ल्हान भुरग्याक लग्न करपाचो आशिल्लो जाल्यार तुका कित्याक हाडपाक जाय आशिल्लें?' असो बायलेक थोमणो मारलो. मागीर आवयन म्हळें, 'घरच्या कामाक बायलमनीस जाय इतल्याकूच लग्न जावन हाडलां तुमी म्हाका? तशेंच जावंदी. दोगां जाणां जातलीं, मागीर घरचे चारकेक. सून म्हणून एकलेक हाडात तुमी.' दर दिसा ही भास आयकून बापायक पुरो जालें आनी ताणें म्हज्या व्हडल्या भावाक एकदांचो लग्न केलो.

एक सांगपाक विसरलों. म्हजे व्हडले आवयन जल्म दिल्ल्या तीन भुरग्यांमदलो हो व्हडलो भाव तितलो जगिल्लो. दुसरे दोग जाण आठ वर्सां आनी धा वर्सां जगून भायर पडले.

म्हजे आवयन म्हाका जल्म दिलो आनी बाळंटेरा वेळार कितें तरी दुर्लक्ष जावन म्हयनो दोन म्हयने उरून झुरू झुरून तिणें दोळे धांपले. हांव म्हजे भावजेचो भुरगो जालों.

म्हजे भावजेन म्हाका दोन वर्सां सांबाळ्ळो. ती खरें तर स्वताच एक वाडटें भुरगें. तरी पूण घर कारबारीण. आजी तिका व्हडली बायलमनीस थारावन तसोच जाच करताली. म्हाका म्हजे आवयचें मुखामळ याद जावप शक्यूच ना. ल्हान आसतना, आवयचो असो म्हणून हांव समजल्लों तो एक चेरो म्हज्या तोंडामुखार आशिल्लो, ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवून म्हजेर पडिल्लीं, ती म्हाका याद आसा. म्हज्या व्हडल्या भावान गांवांतल्या पाड्या भुरग्यांच्या सांवसर्गान आपणाली कूड इबाडून घेतिल्लीशी दिसता. कूड इबाडिल्ल्या तरणाट्याची बायल जाल्ल्यान म्हजे वयनीक कसल्या तरी रोगान पिडली. चारेक म्हयने झुरून धवी धवी पडून तिणेंय दोळे धांपले.

बापायची कुंडली बायलेक मारक जाल्ली म्हणटात थंयच आसात, व्हडल्या भावाची कुंडलीय बी बायलेक मारक थारली. हावेंय बी जल्माक घालतलेक आनी सांबाळ करतलेक खावपी अशे तरेचे कुंडलेंत जल्म घेतला म्हणपाचें स्पश्ट जालें. जल्माक येवन तीन म्हयन्यां भितर जल्म दिवपी आवयक खाली, तें जावन तीन वर्सांभितर सांबाळ करपी वयनीक खाली. भुरग्याक आजून तीन वर्सां जावंक नात, संवसाराक विटिल्ली आजी सोडून घरांत दुसरी बायलमनीस ना. त्या भुरग्याक कोण सांबाळटलो?

केन्ना एक दीस कोण तरी एकटो नात्यांतलो आयलो. ते घडणुके विशीं पुरायपणान म्हाका याद ना. कसोय तरी थोडो काळ फुडें सरलो. आज्जेन बापायकडेन लग्न कर म्हणून आग्रो धरलो. 'पुताक लग्न करतलो म्हळ्यार तो वाळेस जावन गेला. चार दीस तशेच आसुंदी. थोडी बुद्द आयली म्हणटकच लग्न करूं येत'. ताणें म्हळें. बापूय पेचांत पडिल्लो.

लग्नाची खबर सामकी सवकसायेन चलता ती पळोवन आज्जेन म्हळें, 'म्हाका काशीयात्रेक वचून येवपाक जाय. ह्या संवसारांत घुस्पून म्हातारें जालें. म्हाका रेलगाडयेर बसोवपाची वेवस्था कर रे बाबा. आगांत इल्ली शक्ती आसा तो मेरेन ही एक यात्रा करून घेतां.'

आज्जेचो मुखेल हेतू काशीयात्रेचो नाशिल्लो. पुतान लग्न जावचें होच तिचो उद्देश. आमचो बापूय बी ताका बागवलो. पूण, करप कितें? लग्न जावप काय 'चल वच, हांव जायना' अशें म्हणप? आवयक अशी जाप दिवपाइतली धिटाय ताचेभितर नाशिल्ली. पंचेचाळीस वर्सांचो दादलो एके सान चलयेकडेन लग्न जाता अशें म्हणपाकूच संकोच

कसो दिसता. ही जाली आतांची गजाल. तेन्ना ती हांशें जावपासारकी गजाल नाशिल्ली. तरी पूण चड लोकांक मानवत असोय बी विशय नाशिल्लो तो. आरतो परतो विचार करू करून आमच्या बापायन निमाणें गांवाकडच्यान थोड्या पयसुल्ल्या वाठारांतली एक व्हंकल हाडची असो निश्चेव केलो. आपणाले वळखीच्या कोणाकोणाक ही खबर सांगून खंय खंय बासपूस केली. स म्हयने सोद करून एके चलयेचो होलम मेळ्ळो. तिचेकडेन तो लग्न जालो.

सून घरांत येतकच एक दोन म्हयन्यां उपरांत आमचे आज्जेन पुताचें मन वळयलें आनी एका सोयऱ्या बरोबर काशीयात्रेक वचपाक भायर सरली. घरांत हांव, आमची धाकटी आवय. म्हजो व्हडलो भाव आनी आमचो बापूय इतलींच जाणां उरलीं.

आमची धाकटी आवय आमच्या घरा आयली तो दीस म्हाका बरे भशेन याद आसा. पांच वर्सांच्या भुरग्याक ते पिरायेवयल्यो यादी खंयच्यो आनी कितले मर्यादिमेरेन उरुंयेत ते म्हाका समजना. म्हाका त्या काळावयल्यो खूब यादी उरल्यात अशें न्ही. हे वटेंतली एक ते वटेंतली एक अशो कांय घडणुको मनांत उरल्यात. मदीं घडिल्लें सगळें सामकेंच यादींतल्यान पुसून गेलां. व्हंकलेच्या गांवांत एका देवस्थानांत लग्न जालें. जोडीदार बायलेक घेवन येता म्हणून गांवचो लोक वाट पळयतालो. घरच्या चाकर भुरग्यांनी कोणेतरी म्हाका 'तुजी आवय येता' अशें सांगलें. हांवें 'आं!' म्हणून खोस उकतायली. आवय येता म्हणून म्हाका खूब खोस जाल्ली. आवय खंय आसा काय म्हणून चार फावटी भायल्या दारार वचून पळोवन आयलों. आनीक एक फावट या अशें म्हणपाक 'ती पळय आयली!' अशें म्हणून सगळीं जाणां दारावटेन धांवलीं. आज्जेन शेजारचे एके सवाशणीक आपोवन हाडून घरांत येवपी सुनेक उवाळणी करून भितर घेवपाची वेवस्था केल्ली. दारांत दवरिल्ले म्हाणायेचेर आमचो बापूय आनी धाकटी आवय दोगांय उबीं रावलीं. हांव भुरगो. अशें आसुनूय आमचो बापूय सामको मौन धरून आशिल्लों हें पळयल्ली म्हाका याद आसा. ना जाल्यार पयलींच्या खंयच्याय अणभवांतल्यान हांव त्या दिसाच्या त्या चित्राक रंग भरतालों जावंये. बापायवटेन हांवें एकदां बी पळयलें आसतलें. म्हजे दोळे खिळून आशिल्ले ते म्हजे नवे आवय वटेन. उंवाळणी चलताली तेन्ना तिणें म्हजेवटेन पळयलें. म्हज्या बापायन 'होच तो भुरगो' म्हणून तिका सांगलें. तिच्या चेऱ्यावयले भाव बदल्ले. तिच्या ओंठांचेर तुमी ह्या फोटवांत जें पळयतात न्ही, तेंच हांशें हांवें पळयलें. बाकी सगळीं जाणां धा दांत दाखोवन हांशिल्लीं जाल्यार दिसूंक पावतालें ताचेपरस चड खोलाय आशिल्लो हांशाचो 'कुडको' म्हाका दिसलो. आवयक पळोवं नाशिल्लो एक हांव अनाथ, आवयचो म्हणून एक चेरो पळयल्लो, तो सामको म्हऱ्यांत पळयलो तेन्ना तिच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांविल्लीं हांवें पळयल्लीं. आतां आवय जाणटी जावन म्हजो सांबाळ

करपी एक मूर्त कशी दिसली. हांव मनांतल्यान अधीर जालों. म्हाका आवय म्हऱ्यांत वचपाक जायशें दिसलें आनी कोणें तरी म्हाका घट्ट धरलो.

उंवाळणी जाली आनी ती घरांत आयली. हांव 'अव्वा' म्हणून तिचे म्हऱ्यांत गेलों. तिणें 'अव्वा न्ही, चिक्कव्वा म्हण!' अशें सांगलें आनी म्हाका उखलून घेतलो.

थंयच म्हजो व्हडलो भाव उबो आशिल्लो. तोय बी एक पूत म्हणून ती नकळो आशिल्ली. हांवें म्हळें, 'अण्णा, ही पळय चिक्कव्वा.'

आमचे आवयन ताचेवटेन पळयलें. तिका कसलो तरी संकोच जालो. ती आपले भितर घुसपल्ले वरी जाली. ते भायर कितें घडलें तें म्हाका कांयच याद ना. सगळीं भितल्ले कुडींत गेलीं. चिक्कव्वा घराची कारबारीण जाली.

चिक्कव्वा आयिल्ल्यान घराचो सगळो वेव्हार पयलीं परस बरो चलता तो दिश्टी पडलो. सकाळीं उठून ती गायचें दूद काडटाली, हांव उठपाच्या वेळार म्हजी विचारपूस करून, तोंड बी धुवन तयार दवरिल्लें दूद दिताली. सांबाळ करपाइतलेंच न्ही तर खरेपणीं अनाथ जाल्ल्या म्हाका ह्या एका परिवर्तनांतल्यान कितलेंशेंच सूख मेळटालें. पूण म्हज्या जिवितांत जाल्ल्या तीन परिवर्तनां मदलें 'हें' एक, इतलीच खबर. आवय म्हणपासारकी एक व्यक्ती म्हऱ्यांत नासून कितलें रितेपण आयलां म्हणून भुकेल्ल्या म्हज्या जिवाक मनांत येता तेन्ना उलो करपाक एके बायलमनशेचो आधार मेळ्ळो. म्हाका जल्म दिवन वाडोवपी आवय आशिल्ली जाल्यार हांव ते पिरायेर ते व्यक्तीक इतलो चिकटचों नाशिल्लों. आवयचें छत्र शेणिल्ल्याक नवी आवय मेळिल्ल्यान हांव चिक्कव्वाक एकदमूच चिकटलों. तिचो सभाव दुसरेभशेन आशिल्लो जाल्यार हांव बेजारून वचपाचों. पूण चिक्कव्वाक हांव जितलो आतुरतायेन लागीं गेलों ताचेपरस चड आतुरतायेन तिणें म्हाका आपणालागीं ओडलो. स वर्सांचो भुरगो तिच्या वात्सल्याक तीन वर्सांचो भुरगो थारलो. किशोर अवस्थेंतल्या भुरग्यान विटनासतना केल्ली सगळी सेवा-सुश्रुशा हांवें बरी रूच घेवन समजून उमजून अणभवल्या. चिक्कव्वा बेजार जायनासतना म्हाका हांडीर मारून घरभर धांव-पळ करताली. आपूण जंय काम करताली थंय म्हऱ्यांत म्हाका बसयताली. तांदूळ, दाळ, मूग, तूर असलीं धान्यां फाफुडटना, सुकयतना, दळटना म्हाका अक्षरां गिरावंक घालून बरय म्हणटाली. जेवण जाले उपरांत कुडींत बसून म्हाका कुशीक घेवन थापटून न्हिदयताली. खऱ्यांनीच हिगेले असले अपुरबायेक लागून म्हाका शाळेंत नांव घालपाक वेळ जालो. चिक्कव्वा म्हाका इतली मायेन सांबाळटा तें पळोवन म्हजी आजी भोव खोशी जाताली. म्हज्या बापायकूय हातूंत खूब समाधान जातालें. ती नवी आसतना ताणें एक दीस म्हळें, 'चल्यान आपणाली आवयच करून उडयली तुका. पुण्यवंत म्हणपाचो, तूं मेळ्ळें तें.' चिक्कव्वा कांयच उलयलीना.

घरचे जिणेविशीं हांव चड कांय सांगूंक शकचोंना. हेवटेंतल्यो तेवटेंतल्यो एकदोन गजाली याद आसात. बाकी सगळें पुसून गेलां. याद आशिल्ल्या एक दोन गजालीं वयल्यानं तांचो फाटफुडो कसो आसूंक जाय हाचो अदमास बांदतां. एक म्हयनोभर सदां चिक्कव्वा घरांत मेकळेपणान वावुरली. म्हजो बापूय तिचे बाबतींत खोशी आशिल्लो. थोडे दीस गेले उपरांत बापूय चिक्कव्वाचेर मनांतल्यान खोशी ना अशें दिसलें. बापायन तिका एक फावट म्हळें, 'हें कितें, तूं दिसूयभर त्या चल्याक बरोबर घेवनूच आसता. सोडून दी इल्लो ताचो ताकाच.' तेन्ना चिक्कव्वान म्हळें, 'आवय नाशिल्लो पोर तो. हांव बरे भशेन उलयतां म्हणून येता तो म्हजे म्हऱ्यांत. ताका कितें कुशीन सारतलें?' सदां भशेन तिणें म्हाका आपले वांगडाच दवरलो.

एक दीस रातचो हांव एका हांतरुणाचेर न्हिदिल्लों. म्हजे कुशीक चिक्कव्वाचें हांतरूण आशिल्लें. ताचे कुशीन बापायचें. केन्ना तरी म्हाका न्हिदेंतल्यान जाग आयली. बापूय आनी चिक्कव्वा उलयतातशीं दिसलीं. हांव न्हिदिल्लो आसतना आवाज आकलो आसूंक जाय. खिणांत बापायन कितें म्हणिल्लें तें कानार पडलें.

''हे कसले हट्ट तुगेले?'' ताच्या आवाजांत राग भरिल्लो, निबरसाण आयिल्ली.

''हट्ट कसलो?'' चिक्कव्वान म्हळें.

''हट्ट कसलो? हो हट्ट न्ही जाल्यार आनीक कितें तर? हांव तुजेकडेन लग्न कित्याक जाल्लों तर?'' बापायन विचारलें.

''लग्न कित्याक जाल्लो काय म्हणून कित्याक विचारता? लग्न जातल्याक समजना? हांव एक नेण्टें भुरगें!''

''नेण्टें भुरगें? कसलें तर तें? सोळा वर्सां जावनूय बी सान भुरगें समजता काय कितें?''

''सान भुरगें न्ही जाल्यार कितें तर हांव वयावयलें भुरगें?' हांव पुण्यायेचें आशिल्लें जाल्यार तुझी धूव म्हणून जल्माक येवपाचें. तुजो घरांत पूत आसा न्ही, ताची धाकटी भयण जावपाचें हांव. दुसऱ्या घरांतलें पोर, हात धरून आयलें. अज्ञानी अशें समजून सोसून घे.''

''बरें. सोसून घे, सोसून घे अशें सोपेपणीं म्हणत राव. तूं घडये मातयेची बावली बी आसतलें. हांव...''

चिक्कव्वान बापायचें उलोवणें मदींच तोडलें आनी म्हळें, ''पोर उठत बी. मागीर उलोवंया म्हणटां. आतां न्हिदात पंळोवया!''

''आं! तुवें हेच खातीर चल्याक इतलो लाडावन दवरला दिसता. दर कारणाक ताका मदीं घालून म्हजें तोंड बंद करता.'' अशें म्हणून बापायन उलोवणें सोंपयलें.

इतलो वेळ झगडें जायत म्हणून जो हांव भियेल्लों तो तितल्यान सुटलों. हांवें अर्दकुटे न्हिदेंतूच 'चिक्कव्वा' म्हळें. तिणें 'आं! कितें म्हज्या राजा?' म्हणून म्हाका वेगेंत घेतलो. हांव परतून न्हिदलों.

तेन्ना म्हाका त्या सगळ्या उलोवण्याचो अर्थ कळूंक नाशिल्लो. आनीक उलोवणें जाल्लें जाल्यारूय हांव सांगूंक शकना. पिराय वाडली तेन्ना चिक्कव्वा संबंदान याद काडटां आनी मनांत गर्दी करून आशिल्ल्यो यादी वेगळ्यो काडून सांगतां. अशी याद काडटकच मनांत नितळ जावन आयिल्ल्यो भावना बुद्दीच्या कसाक लावन पळयल्यो आनी ते रातीच्या उलोवण्याचो अर्थ कितें आशिल्लो जावंक जाय तें म्हाका कळ्ळें.

चिक्कव्वा येवन, सुरवातीच्या त्या काळांत एका दादल्याची बायल म्हणून संवसार करपाक सहमत नाशिल्ली अशें दिसता. असलें उलोवणें जायते फावटी जाल्लें आसूंक जाय. एकेच फावटीचें म्हज्या कानार पडलें. हें जाले उपरांत, म्हाका अर्थ कळनाशिल्ल्यो आनीक एक दोन घडणुको त्याच विशयासंबंदांतल्यो आशिल्ल्यो अशें दिसता.

देखीक एक सांगतां. थोड्या दिसां उपरांत चिक्कव्वान म्हाका बसोवन कांय अक्षरां चिरूंक घालीं. बापायन येवन म्हळें, ''त्या पोराक तूं पालवाक लांबोवन दवरता पळय, तें वाट लायतलें ताची. शाळेंत वचुंदी ताका. थंयच शिकुनीं अक्षरां. सोड ताका मेकळो.'

चिक्कव्वान म्हळें, ''म्हजो ह्या घरांत वेळ कसो वतलो? घरचीं भायलीं कामां सोंपतकच चल्याक दोन अक्षरां शिकयतां तातूंत वायट कितें जालें?''

''स वर्सांचो भुरगो, दीसभर चिक्कव्वा, चिक्कव्वा म्हणून पालव धरून धांवता न्ही, हे पिरायेचीं लोकांचीं भुरगीं कशीं आसतात?''

''आनीक थोडेच दीस तें. मागीर आमी आफयल्यारूय बी भुरगीं म्हन्यांत येवचींना.'' चिक्कव्वान म्हळें.

बापूय ओगीच रावलो. असल्या उलोवण्यांतल्यान म्हाका एक गजाल स्पस्ट जाली. ती म्हळ्यार, हांव चिक्कव्वाक इतलो निकट जाल्लो बापायक पसंत ना. ह्या विचारांतल्यान दुसरो एक विचार मतींत आयलो. बापूय चिक्कव्वाचेर खूब रागार बी जाता, तापयता. ताका लागून आनीक एक विचार : चिक्कव्वाक हांवें सांबाळूंक जाय. काकुळट तिची. काय बरी ती चिक्कव्वा! म्हजेखातीर उलोवणीं आयकून घेता. कितेंय जाल्यार हांवें तिचे वांगडाच रावपाक जाय.

हो भाग हांवें वाडोवपाची गरज नाशिल्ली. आमची आजी काशीयात्रेक वचून परतुपाच्या त्या दिसांनी घरांत बापूय आनी चिक्कव्वा हांचेमदीं खूब फावटी तोंडाक तोंड जाल्लें. हांच्या दोगांयमदीं हांवें कितें करपाचें तेंच कळना जावन हांव घुस्पल्लों. आजी घरा आयले उपरांत एकदां रातीकडेन बापायन चिक्कव्वाक म्हळें, ''चल्याक अव्वा

म्हऱ्यांत न्हिदुंनी. थंय घाल ताचें हांतरूण.''

चिक्कव्वान जाप दिली, ''हांव ह्या घरांत आयिल्लें तें सान भुरग्याक सांबाळपाखातीर म्हणून. ताका आज्जे म्हऱ्यांत न्हिदोवपाक जाता जाल्यार म्हाका आनी कित्याक हाडपाक जाय आशिल्लें? लग्नाविशीं उलोवपाक आयिल्ले तेन्ना कितें सांगिल्लें तुमी? एक सान भुरगो आसा, ताका आधार ना अशेंच न्ही? त्या सान भुरग्याच्या आधाराखातीर हांव आयलां. हांव ताका वाडयतां. तुमकांय बी तेंच जाय न्ही? दोगांय सांबाळ करया ताचो.''

''हें कितें उलोवप तुगेलें? सोयरिकेक वतात तेन्ना म्हजेसारके संवसार मोडिल्ले आनी कितें सांगतले? भुरग्याक एक आधार जाय अशेंच म्हणचें पडटा, घरदार सांबाळपाखातीर म्हणचें पडटा. तींच उतरां दांतकटेंत धरून तुजेभशेन कोण डाव खेळटा?''

''हांव कितें डाव खेळटां तेंच समजना म्हाका. चलणुकेन सोबना अशें कितें केलां हांवें? तुमी वडील. एके अज्ञानी चलयेक तुमी धरून हाडली आनी एके संवसारी बायलेवरी वांगूक सांगल्यार कशें वागतलें हांव ते तरेन? कितें पळयलां हांवें? हांव एक खेळटलें भुरगें. तुमचे वांगडा सव्यार बसून एक नंदपी बायलमनीस जालें. म्हाका एक स वर्सांचो चलो आसा पळयात. म्हजे परस चार वर्सांनी व्हडलो एक चलो आसा. हां: एक चलीय न्ही आनी एक जाणटी बायलय न्ही. हांव एक अनाथ भुरगें. म्हजो हात हातांत घेतिल्ले तुमी म्हजेर रागार जावं नाकात. तुमची धूव, तुमची सून म्हणून तशे नदरेन पळयात.''

''बरें जालें तर. तुका म्हज्या घरांत सून म्हणून हाडपाक जाय आशिल्ली म्हणटा? तुजें उलोवणें मर्यादा हुपूंक लागलां.''

''रागार जावं नाकात तुमी. तोय बी म्हाका चल्या भशेनूच. ह्या सान चल्या भशेनूच तोय बी एक सान चलो म्हणुनूच ताका सांबाळटां. तुमच्या घरांतली एक बायलमनीस म्हणून रावतां. मर्यादेन घरांत नंदतां.''

हांव तेच कुडींत न्हिदलों. तें बापायक आवडचें ना हें स्पश्टूच आशिल्लें. पूण चिक्कव्वान ह्या संबंदान एकूय पावल फाटीं घेतलें ना. कित्याक, तें तेन्ना म्हाका समजप शक्य जालेंना. मागीरच्या घडणुकांवयल्यान हांवें तर्क केलो. बापूय म्हजेमुखार चिक्कव्वा कडेन इतले उलोवपाक फाटीं सरतालो. हांव कुडींत आसतना हाचेपरस फुडें सरप ताका शक्य ना. ते खातीर म्हाका भायर धाडपाक जाय असो ताचो विचार. तेच खातीर चिक्कव्वाची म्हाका भायर धाडपाक सहमती ना. तिका आवडना ते तरेन घोव तिका वागूंक लायता म्हणून हांव चिक्कव्वाक एक रक्षक कसो जाल्लों. त्या जिवाक एक भुरगें जाय. हांव तें भुरगें. तेन्नाच सद्याक घोव नाका जाल्लो. हांव रक्षक. अशे तरेन दोन कारणांक लागून तिच्या जिवान संवसाराच्या तळ्यांत उफेवपाखातीर म्हजो एका काश्टा भशेन उपेग

केल्लो.

थोड्या दिसांनी बापायन आमचे कुडींत न्हिदपाचें सोडून दिलें. हें म्हाका थोडे दीस खबर नाशिल्लें. एक फावट रातचो मदींत उठून तकली दुखता, नाक दुखता अशें म्हणून चिक्कव्वाक उठयली. तिणें उठून दिवो लायलो. बापायचें हांतरूण रिकामेंच आशिल्लें. हांवें 'चिक्कव्वा, अण्णय्या खंय गे?' म्हणून विचारलें. चिक्कव्वान 'खंय तरी भायर गेल्यात, येतले' अशी जाप दिली. हांवें विचारलें, 'कार्यावळीक?' बरे रातीर उठून लोक भायर सरून कसली तरी कार्यावळ पळोवंक वतात हो तो वेळ मेरेनचो म्हजो अणभव. चिक्कव्वान म्हळें, 'कार्यावळ न्ही. कसल्या तरी कामाक. तूं न्हीद म्हज्या राजा!' हांव वगी रावून न्हिदलों.

चार पांच म्हयने गेले आसतले. घरांत चिक्कव्वान म्हज्या व्हडल्या भावाच्या लग्नाचो विशय काडलो. आज्जेन म्हळें, "तो एक नालायक भुरगो. पयली बायल बाबडी पुण्य जोडून गेली. तो कितें बायलेक वसयतलो?" तेन्ना बापायन म्हळें, "एक बायल अंतरली म्हणून दुसरी बायल हाडून म्हाका मेळ्ळां तें सूख पुरो ना? ताकतीक कित्याक? करुंयेत केन्नाय."

विशयाची म्हाका कल्पना आयली. कितेंय तरी घडलां आसुंकूच जाय. चिक्कव्वान दोन तीन म्हयन्यां भितर दोन तीन फावटी व्हडल्या भावाच्या लग्नाचो विशय काडलो. दोन तिनूय फावटी आज्जेन आनी बापायन ती खबर अशेच तरेन सोंपयली.

एकदां रातीकडेन चिक्कव्वा वांगडा कोण तरी उलयता में मदीं जाग आयली तेन्ना म्हाका आयकूंक आयलें. म्हजी न्हीद खळ्ळी. मागीर हांवें आयकलीं तीं भावालीं उतरां.

"वचात, वचात? कित्याक वचूं? अण्णय्याक तुवें पयस केला तो हांव भितर येवचो म्हणून न्ही?"

"घरच्या पुतान वायट उलोवप बरें दिसना. हांव आवय म्हणपाचें लक्षांत आसुनी. आतां सरात कुशीन पळोवया."

"आवय पुताक 'चलात, वचात' अशें म्हणटा केन्ना? 'वच, यो' म्हणपाक जाय."

"बरें आसा. तशेंच म्हणया. आतां भायर वचुंयेता."

भाव भायर सरून गेलो आसूंक जाय. चिक्कव्वान दार धांपून खिळी घाली. परती येवन आपणाल्या हांतुणार न्हिदली.

हांव ल्हान आसूनयबी चिक्कव्वा आनी व्हडलो भाव उलयल्ल्या उतरांतल्यान कितेंय तरी आगळें उणें घडलां आसतलें अशें म्हाका दिसलें. थोड्या आठवड्यां उपरांत एक दीस दनपारचो म्हजो अभ्यास करपाक कुडीच्या दारांतच बशिल्लों तेन्ना म्हजो भाव

कुडींत भितर गेलो आनी चिक्कव्वा मुखार उबो रावलो.

चिक्कव्वान 'कितें?' म्हूण प्रस्न केलो.

भावान म्हळें, ''अण्णय्यान ते बायले वांगडा जोडिल्ल्या संबंदांची खबर हांवें सांगली जाल्यार तुवें विस्वास दवरूं नाशिल्लो. आतां आयक, ती खबर सगळो गांवभर जाल्या.''

चिक्कव्वान म्हळें, ''कोणूय कितेंय उलयता ताचेर हांव कितें उलोवं? आमच्या घरांत कित्याक ह्यो सगळ्यो खबरी? तांच्यो तांकांच आसुनी त्यो. कुडींतल्यान उठून ती भायर आयली आनी कसल्या तरी कामाक म्हूण घरांत गेली.

त्या वेळार म्हज्या मनांत दोन गजाली उकत्यो जाल्यो. बापूय चिक्कव्वाचेर रागार जावन तिका तिचे वाटेक सोडून तिचेर ताणें दुर्लक्ष केल्लें. व्हडलो भाव ती आपणा परस ल्हान अशें म्हणून तिचेकडेन मर्यादा सोडून वागतालो. ते चुकीचें स्वरूप कितें म्हणटात तें म्हाका तेन्ना समजप शक्य जालेंना. हालीं हालीं ताचो अर्थ कळ्ळो. ताचें स्वरूप समजना जावनूय बी चिक्कव्वा ते खातीर व्हडल्या भावाचेर खूब असमाधानी आसताली, आनी व्हडलो भाव ताचेर लक्ष दिनासतना पावला पावलाक तिका बेजार करतालो अशें दिसतालें.

ते घडणुके उपरांत रोखडेंच ह्या विशयाचेर आज्जे हुजीर उलोवणें जालें. आज्जेन बापायक म्हळें, ''घरांत एक बायलमनीस जाय म्हणून ती हाडल्या मरे तुवें. हाडिल्ले बायलेकूच वसोवंक जाय मरे सारकी.'' ह्या उतरांची म्हाका याद आसा. आनीक एक फावट आज्जेन व्हडल्या भावाक म्हळें, ''आरे धाकटी आवय तुजे परस ल्हान आसल्यार कितें जालें? आवय म्हणून पळय तिका. तुका जल्म दिल्ली तुजी आवयच परती आयल्या अशें समज. घरची कारबारीण म्हणून पळय तिका.''

ह्या उलोवण्याचें फाटलें फुडलें म्हाका आतां याद ना.

झगड्यांक कारण कितें जालें काय अशें केन्ना तरी बशिल्लेकडेन हांवे चिंतलें. त्या वेळार म्हाका दिसलें तें अशें : बापूय चिक्कव्वाकडेन संबंद जुळोवपाक गेल्लो तेन्ना आपणाक पांच वर्सांचो एक पूत-हांव-आसा अशें ताणें सांगलें. तेभायर अठरा वर्सांचो वाडिल्लो पूत आसा तें सांगलें ना. हेखातीर इतलो मनस्ताप कित्याक तें म्हाका कळनाशिल्लें. जाणट्यांच्यो खबरो त्यो अशें म्हणून हांवें ताचेर चड विचार करूंनाशिल्लो.

इतले भितर हांव मातसो व्हड जाल्ल्यान म्हाका शाळेंत घालो. सदांच वांगडा आसतालो. त्या चुकिल्ल्या कारणान उरिल्ल्या वेळांत हांव पयलीं परस चड चिक्कव्वा बरोबर रावंक लागलों. चिक्कव्वा केन्ना एक दीस एक खीण लेगीत वाजेली ना. आपूण एक मायेची मुर्ती जावन गेल्ली. तिच्या हिसबान हांव व्हडलो जावंकूच नाशिल्लों. ती आयले

उपरांत हांव कितलेशेच दीस तीन वर्साचोच भुरगो उरिल्लों.

अशे तरेन आनीक थोडो काळ सरलो. पांच-स म्हयने जाल्ले जावंये. बापूय जायते दीस आमचेच कुडींत न्हिदतालो. पूण हांतरूण एके कडेक आसतालें आनी चिक्कव्वाचें आनी म्हजें दुसरे कडेक.

एके रातीकडेन हांव अर्दे न्हिदेर जागो जालों. कोण तरी कुडींत आयलो. बापूय तसो येवपाची शक्यताय. पूण तो आपणाल्या हांतुणार न्हिदतालो हे फावटी आयिल्लो तो आमच्या हांतरुणाकडेन पावलो. चिक्कव्वा पावलांचो आवाज आयकून उठून बसली. ''कोण थंय?'' तिणें विचारलें.

''हांव तो.'' ताणें जाप दिली. आवाज व्हडल्या भावाचो.

चिक्कव्वान म्हळें, ''असो कित्याक म्हजो जीव खातात तुमी? बरे भाशेन कुशीन रावात आं. सोंसून घेतां म्हणून अती करुं नाकात.''

''कितें अती केलां हांवें? तुवें कित्याक सोंसून घेवपाक जाय? कित्याक इतलें उलयता तूं? तुवें ह्या घरांत पावल दवरलें तेन्ना म्हाका पळयलो आनी नदर चुकोवन सकयल पळयलें. अण्णय्यान मणी बांदलो तो म्हजे खातीरूच म्हणून दवरून घे. पांयांर पडून मागतां हांव तुजेकडेन. आयक म्हजें म्हणणें.''

''देवा नारायणा! कसलें म्हणणें आयकून घेवचें पडलें हांवें? हांवें आयकुपाचें, ते भायर देव कसो हो सान भुरगो न्हिदिल्लो नासत जाल्यार ताणेंय बी आयकुचें पडलेंना? तुमी पाडबुद्दी जायात जाय तितले. त्या पोराची वाट लावन पोट भरपाक सोदतात दिसता! जालें न्ही? आतां चलात.''

''कितें म्हणून हें तुजें वचात, वचात, वचात म्हणटा तें? आजी म्हणटाली तें आयकूं ना तुवें? मुनियाची बायल ईरा वांगडा पळून गेली हाचो अर्थ ईराचे बायलेकडेनूच मुनिया लग्न जाल्लो, ती घोवा म्हऱ्यांत पळून गेली? कोणूय वचून दुसऱ्यांचे बायलेकडेन लग्न जालो जाल्यार ती पळून वचनासतना कितें करतली काय म्हणटां. हांवें तुका आयजूच अशें म्हूण सांगना. तूं फकत 'आं' म्हण. जबरदस्ती ना.''

''पूत म्हणून इतलें उलोवणें आयकून हांव ओगी आसां. घराण्याचें नांव घाणूंक फावना. आड्डी मारून कोणाचीच अब्रू उरची ना. अण्णय्याची शी-थू जातली, पुताची शी-थू जातली आनी म्हजीय बी शी-थू जातली.''

''हांवूय तेंच म्हणटां. अण्णय्यानूच सुचयलां तशें.''

''कितें सुचयलां?''

''काल आज्जेक म्हणटाले ते. एक बायलमनीस घरांत हाडली. सून करिनासतना हांवूच तिचेकडेन लग्न जालों म्हणून राग आयला दिसता तिका. वायट वेळार संबंध

जुळयलो अशें ताणे म्हळें. हांव हांगा आयलां तें ताका खबर आसा. तुमचीं तुमी सुखान रावात अशें आपल्या तोंडान सांगुंना ताणें, इतलेंच."

"बरें जालें. आपणे विखाची परिक्षा घेतली. आतां पुताक धाडला? जावं तशें करात. म्हज्या कपलांतूच बरयल्लें आसा तशें जावंदी. आतां वचात तुमी."

खिणांत वाडिल्लो आवाज कानार पडलो. "वचात म्हळें..." परतून खिणाउपरांत परतून वाडिल्लो आवाज. "आं! चलात."

हावें हांतरुणांतल्यान परतून 'चिक्कव्वा' म्हळें. व्हडलो भाव भायर सरून गेल्ल्या पावलांचो आवाज आयलो. चिक्कव्वान विचारलें, "कितें म्हज्या राजा? अण्णान न्हीद मोडली तुजी?" म्हजें पांगरूण सारकें करून ती आपूण न्हिदली.

दुसऱ्या दिसा चिक्कव्वान म्हाका शाळेंत वचुंनाका म्हणून दवरलो. मातूय दोळ्यांआड जावंक दिनासतना म्हजे वांगडाच रावली. सदांचे परस चड मायेन म्हजी काळजी घेतली. कितलेशेच फावटी म्हाका हांडेर धरलो. म्हाका हे फावटी हांडेर धरपा वेळार लजशी दिसली ती पयलेचदां. चिक्कव्वाक कसलो तरी मायेचो उमाळो आयला हें म्हाका कळ्ळें. दनपरां चिक्कव्वान म्हजे कपडे पुंजावन सगळे जतनायेन हाडून एका जाग्यार दवरले. आपल्याली एक बॅग रिती करून म्हजे सगळे कपडे तातूंत दवरले आनी म्हळें, "हें पळय, म्हज्या राजा. तुजे सगळे कपडे हे बॅगेंत आसात. हांगा थंय सोदूं नाका. कळ्ळें मरे?"

म्हाका एक बॅग मेळ्ळी म्हणून खोस जाली. "आं! बरें चिक्कव्वा!' अशी हांवें जाप दिली.

चिक्कव्वान "शाणो तो!" म्हळें आनी म्हाका लागीं ओडून वेंगेंत घेवन अपुरबाय केली. पोल्याक पोलो लावन कितलोसोच वेळ बसली

तिणें म्हाका सोडलो तेन्ना ती रडटाली ती म्हाका दिश्टी पडली. हांवे म्हज्या दोनूय हातांनी तिचे गाल पुसले आनी विचारलें, "कित्याक रडटा गे चिक्कव्वा? अण्णान तापयली तुका?"

"ना रे बाबा. तुका सोडून वचचें पडटा म्हणून रडलें."

"खंय वता गे तूं चिक्कव्वा?"

"खंय तरी वचपाक जाय रे म्हज्या शाण्या!"

"हांव येतां गे."

"नाका रे बाबा! येना म्हण! हांव आसचे ना न्ही, तेन्ना तुवें हांगा थंय सोदूंक फावना म्हणून हांवें तुजे सगळे कपडे एकठांय दवरल्यात पळय. वेळा वेळार जेवपाक जाय, न्हावपाक जाय, शाळेंत वचपाक जाय, कपडे घालपाक जाय आपूआपूण. हांव

आसतना करता पळय, तशेंच करपाक जाय. कळ्ळें?''

''ना, ना, ना! हांव येतां गे चिक्कव्वा!''

''पळय आं! अशें केलें जाल्यार तूं शाणो न्ही. यो, तुका भोबो दितां.'' अशें म्हणून चिक्कव्वा विसरायेर घालून म्हाका जेवपाचे कुडींत घेवन गेली.

सांजे बापूय घरा आयलो तेन्ना हावें ताका म्हळें, ''अण्णय्या, हांवूय बी चिक्कव्वा बरोबर वतां.''

''खंय तो?'' ताणें विचारलें.

खंय तरी वता न्हीं ती! हावें म्हळें, ताणें थीर नदरेन म्हजे वटेन पळयलें. कितें कोणाक खबर अशें म्हणून तो ओगी रावलो.

रातचीं सदांभशेन हांव आनी चिक्कव्वा कुडींत न्हिदिल्लीं. म्हाका गाड न्हीद लागिल्ली. जाग आयली तेन्ना भायर शेवण्यांचो आवाज कानार पडलो. चिक्कव्वान म्हज्या पोल्याची पापी घेवन म्हाका उठयलो ती याद जाता. आपूण खंय तरी वतां अशें तिणें म्हणिल्लें आशिल्ल्यान ती भायर सरता काय कितें अशें दिसू हांवें म्हळें, ''चिक्कव्वा, हांवूय बी येतां.''

चिक्कव्वान ''नाका म्हज्या राजा, न्हीद रे बाबा'' म्हळें. हांवें आयकलें ना. ''नाऽऽ!!'' म्हणून हांवें हट्ट धरलो.

''चल आसूं. ओगी राव.'' तिणें म्हळें आनी म्हाका घेवन ती घरांतल्यान भायर सरली. आमी वापरतालीं अशो दोन बांयो आशिल्ल्यो. आमी दोगांय थंय गेलीं. चिक्कव्वान म्हाका थंय मातसो पयस उंचायेर एका रुंद चेपट्या फातराचेर बसयलो आनी 'हांगाच बस' अशें म्हणून बांयकडेन गेली.

चिक्कव्वा बांयचेर गेले उपरांत म्हजेर त्या फातराचेर बसून रावपाची पाळी. हांव बसलों. पूण अशा वेळार चिक्कव्वा बांयचेर आयल्या तें म्हज्या ध्यानांत नाशिल्लें. सकाळ जायत येताशी दिसूनय बी रातूच-शी. थोडो वेळ बसून हांवें भियेवन 'चिक्कव्वा' म्हणून उलो केलो.

चिक्कव्वा कांयच उलयली ना. हांवें परतून मात्सो 'चिक्कव्वा' म्हूण उलो केलो.

चिक्कव्वान बांयंतल्यान 'आयलें म्हज्या राजा' म्हळें. एकदोन मिनटांनी ती आयली. तिची साडीअर्दाचेर अशी पुराय भिजिल्ली. न्हावपाक बी देंविल्ली दिसता अशें हांवें चिंतलें. हांवें म्हळें, ''चिक्कव्वा, म्हाका भंय दिसता.''

चिक्कव्वान म्हळें, ''तेंच खातीर हांव तुका नाका म्हणटां. बरें, या चल.''

तो सगळो दीस म्हाका चिक्कव्वान आदले दिसा परस चड मायेन वागयलो. म्हाका सोडून वचचें पडटा म्हणून ती म्हाका इतली माया दाखयता हें म्हजे बुद्दीक कळ्ळें.

हांवे एक फावट ती म्हजी अपुरबाय करताली तेन्ना कांपऱ्या स्वरान ''चिक्कव्वा, चिक्कव्वा, तूं वता तेन्ना म्हाकाय बी व्हर गे'' अशें काकुळटेन सांगलें.

''आरेऽऽ! रामा! अशें उलोंव नाका रे पुता! तुज्या बाबान, तुज्या अण्णान म्हजो जीव खालो तो पुरो! तूं आनी म्हजो जीव खावं नाका रे राजा.''

चिक्कव्वा खूब बेजारिल्ली म्हणपाचें तिच्या स्वरांतल्यान कळटालें. पूण तो खीण गेले उपरांत तिचो स्वर अपुरबायेच्या स्वरांत बदललो.

''यो बाब, कितेंय खेळ पळोवया तूं'' अशें म्हणून तिणें म्हाका आंगणांत सोडलो.

ते राती आमी परतून दोगांच कुडींत न्हिदलीं. सकाळ जाली तेन्ना, पयल्या दिसाभशेनच शेवणीं गावंक लागपाच्या वेळार जाग आयली. चिक्कव्वान पापी घेतली म्हणून न्ही. कशी तरी जाग आयली. चिक्कव्वान पापी कित्याक घेवंक ना म्हणून हांव तिचे वाटेन घुंवलों जाल्यार हांतरुणाचेर चिक्कव्वा नाशिल्ली.

कुडींत काळोखूच आशिल्लो. तातूंत भितर हांव एकटोंच आसां म्हणून कळटकच म्हाका भंय दिसलो. हांवें मोठ्यान 'चिक्कव्वा' म्हणून उलो केलो.

जाप ना. हांवें परतून उलो केलो आनी हांतरुणावयल्यान उठून भंय दिसता म्हणून दोळे धांपून विश्वासान दारावटेन वचून ''चिक्कव्वा, चिक्कव्वा!'' अशे मोठ्यान उले केले.

कोणेंच जाप दिलीना. हांव मोठ्यान रडत उबो रावलों. तितल्यान भितरले कुडींतल्यान दार उगडून आजी भायर आयली आनी, ''कित्याक गो बाय बाबू रडटा? कितें? हांगा यो.'' अशें तिणें मोठ्यान म्हळें. म्हाका धीर आयलो आनी हांव बेगीबेगीन तिचे म्हऱ्यांत गेलों. ''चिक्कव्वा भायर सरून गेली'' अशें हावें रडतूच सांगलें.

''भायर सरून गेली? खंय भायर सरून गेली? येतली. फाटल्या दारांत गेल्या आं. यो! येतली... यो!''

''ना, भायर सरून गेल्या ती! आपूण वतां म्हणटाली ती. हांवूय येतां म्हळें. नाका म्हणूंक लागली. घर सोडून गेल्या ती.'' असो विकळाप हांवें सुरू केलो.

आज्जेन विचारलें, ''अशें सांगिल्लें तिणें? आरे, रामा! आरे कोण आसा हय रे थंय? आरे तुज्या येजमानाक घेवन यो रे पुता, चल बेगीन'' अशें तिणें मोठ्यान आड्डून सांगलें. पडवेंत न्हिदिल्लो चाकर, रामा धांवत भितर आयलो. आज्जेलें म्हणणें आयकून वाटेक लागलो.

आजी म्हाका भितर घेवन गेली आनी आपणाल्या हांतरुणाचेर म्हाका न्हिदोवन म्हजे कुशीक आपूण बसली. थोड्या वेळान हांव न्हिदतां जाल्यार पळयलें. हांव आजून जागोच आशिल्लों. ''सगळो तुजेर भावार्थ राया, नारायणा, कृष्णा!'' अशें म्हणत ती वणटीक तेंकून बसली.

थोड्या वेळान बाबा आयलो. हांवें सांगिल्लें, आज्जेन सांगिल्लें सगळें आयकून घेतलें. घडिल्लें सगळें सांगता आसतना हांवें आदल्या दिसा फांतोडेर ती उलयल्ली तेंय सांगलें. बाबान आज्जेक म्हळें, "पळयलें मगे? हांवें सांगलांच, म्हजी कुंडली म्हळ्यार घरकान्नीकूच खावपी कुंडली म्हणून. तूं म्हजें आयकूंक तयार नाशिल्ली. ही घडणूक दोळ्यांनी पळोवपाकजाय आशिल्ली तुका." अशें तो आड्डून उलयलो. चाकराक आपोवन हाडून तो बांयेचे वटेन गेलो.

चिक्कव्वा ते बांयंत आशिल्ली. ती सकाळीं उठून वचुंनाशिल्ली. रातींच म्हाका न्हीद लागली तेन्ना रोखडीच गेल्ली आसतली.

कूड भायर काडली. निमण्या संस्काराची वेवस्था केली. म्हाका थंय घेवन गेले तेन्ना हांवे 'चिक्कव्वा!' म्हणून किळांच मारली आनी तिचेर घालून घेतलें. तिच्या पोल्यांक पोले घांसले. तिचे पोले सामके थंड पडिल्ले. सदांच हांव खंयूय आसल्यार जंय पळयतालों ते तिचे दोळे खंय तरी एकेच वटेन लागून उरिल्ले. "तूं नाका" अशें म्हणूद दोळे घुंडायवन ती रावल्या काय, अशे तरेन ते थिराविल्ले.

जाणट्यांनी म्हाका उखलून कुशीक काडलो. म्हज्या हातांतल्यान दर्भ घेवन सगळें क्रियाकर्म पूर्ण केलें. त्या दिसा म्हजो अण्णा थंय दिश्टीच पडलो ना. किशोर पिरायेंतूय बी म्हाका 'चिक्कव्वा गेली' म्हणपाचें मनाक लागलें. स्पश्टपणान तशें म्हणनासतना हांव परतून अनाथ जालों.

तिचो हो फोटो. लग्न जावन नवेंपण आसतना आमच्या तालुक्याचो एक सरकारी अधिकारी आमच्या गांवात एक फावट आयिल्लो तेन्ना म्हजो बापूय आनी चिक्कव्वाचो एक फोटो काडटां म्हळें. तांकां फोटो काडपाक कळटालें खंय वता थंय इश्टांचे फोटे काडपाची तांकां उमेद. तांणी बापायबरोबर चिक्कव्वाचो फोटो काडटां म्हळेबरोबर चिक्कव्वा लजेनव फाटीं सरली. बापायन म्हळें, "म्हजे बरोबर उबें रावना जाल्यार नाका, तुगेल्या धाकट्या पुताक बरोबर घेवन फोटो काडून घे." चिक्कव्वा थोडो वेळ फाटींफुडें जावन मागीर तयार जाली. त्या अधिकाऱ्यान आमकां दोगांक उबीं करून फोटो काडलो. हांव व्हडलो जालों तेन्ना फकत चिक्कव्वाचो फोटो व्हडलो करून घेतलो. त्या फोटवाची ही एक प्रत." श्रीरामान म्हळें.

"अजून पसून तुमी तो वाडो साबाळून दवरला अशें आयकलां." अशें हांवें विचारलें.

इश्टान जाप दिली.. "चिक्कव्वा भायर पडले उपरात बापायक दुख्ख जालें. हें घर. हो गांव आमकां सुगुरव्याचो न्ही अशें म्हणून ताणें तो वाडो विकून उडयलो. तो विकिल्ल्यांतल्यान घर बांदलें. हांवें वाडयला तें सगळें तो विकून आयिल्ले

आस्पतींतल्यानूच.''

''तुमकां दुख्ख जावपासारकी गजाल तुमचेकडल्यान हांवें वदोवन घेतिल्ले भशेन जालें. ते खातीर तुमी म्हाका माफ करूंक जाय.'' हांवें ताका म्हळें. ताचेर इश्टान जाप दिली, ''हें दुख्ख, ही गजाल सांगता आसतनाच न्हय, तर सदांकाळ म्हजे भितर चिकटून बसलां. पूण ताचे वांगडाच ही म्हजी आवय म्हळ्यार एक 'दैवी सत्व' च आशिल्ली असो एक विश्वास म्हजे भितर घट्ट जाला. तिचे संबंदान म्हजे भितर दुख्खा परस व्हडविकायूच चड.''

बापूय, आजी, व्हडलो भाव हांचें कितें जालें तें म्हाका विचारपाक जाय. उलोवणें वाडत वतलें म्हणून हांव तसोच भायर सरून आयलों.

☆☆☆

4.

संजीवाचें सपन

ही चाळीस वर्सां आदली खबर. रंगप्पाल्या लग्नाच्यो दिवाळेच्यो बी जाणे खबरी सांगिल्ल्यो त्या आज्यान म्हळ्यार होसहळ्ळींतल्या शामण्णान त्या दिसानींच सांगिल्ली ती. आमच्या गांवातल्या संजिवय्याक पडिल्ल्या सपनांची ही कथा. त्या आज्याचे नांव जाका दवल्लां तो रंगप्पा आनी रत्नम्मलो पूत शामण्णा म्हळ्यार हांव आज ती कथा सांगतां. पूण ती कथा आज्याच्याच उतरांनी सांगतां.

II

सपनांच्यो जायत्यो तरा आसतात. दर एकेतरेच्या सपनाक वेगळें वेगळें अशें फळ थारिल्लें आसता. अशें ह्या विशयांत आपणांक तज्ञ म्हूण समजुपी लोक सांगतात. रंगप्पाल्या लग्नासंबंदांतल्यो हावें म्हळ्यार शामण्णान सांगिल्ल्यो चार गजाली सारक्यो बरेभशेन सांगून आपणाक बुदवंत समजल्लो आमचो शास्त्री आसा न्हीं, तो, कोणेय सपनांची खबर काडेल बरोबर तांच्या फळा विशीं व्याख्यान दिवपाक सुरवात करता. भूक लागल्या अशें सपन पडलें जाल्यार जेवण मेळटा, जेवलों अशें सपनात दिसलें जाल्यार भूक लागता. सपनात दुडू दिसले जाल्यार बरें कितेंय घडटा. लग्न जालों अशें सपन पडलें जाल्यार त्रास जाता. (हे खबरेंत तशें सत्याच्या उरफाटें अशें कितेंय आसा शें दिसलें ना.) सपन पडलां अशें सपनात दिसलें जाल्यार तें खरेंच जाता. खार दिसलें जाल्यार खरेपणी तें आंबट आसता. हीं जालीं वेगळीं वेगळीं सपना संबंदांतली फलितां. ह्या सगळ्या म्हायतीचें सारांवशरुपात एक सूत्र अशें काडलें जाल्यार तें अशें सांगूं येता : सपनांत जें कितें घडलां शें दिसता ताचे उरफाटें घडटा.

आशे फाटभुंयेचेर आमच्या गांवच्या संजीवाक एक सपन पडलें.

ही कथा आयकतल्यांक संजीवाचो परिचय जाल्लो आसा. रंगप्पा इंग्लीश शिकून

आयले उपरांत संजीवान म्हणलें 'रंगप्पा, कन्नडांत हदिनारू म्हणटात ते इंग्लीशींत म्हण.'' रंगप्पान 'सिक्सटीन' म्हणलें. संजिवान 'सिक्सटीन' म्हळ्यार कितले?' म्हूण विचाल्ले. रंगप्पान 'हदिनारु' म्हूण जाप दिली. संजिवान 'तितलेच मरे? हाय सायबा!' 'हाय सायबा' अशें कित्याक म्हळें तुवें?' रंगप्पान विचाल्लें. संजिवान जाप दिली. 'कन्नडात 'हदिनारु' आसात ते इंग्लिशिंतूय 'हदिनारूच जातात. अशें जाल्यार इंग्लिशींत अशें खाशेलें कितें आसा? कित्याक शिकपाक जाय ती इतले त्रास घेवन?' होच तो हें सपन पळोवपी संजीव.

संजिवाविशीं सुरवातेच्यान अखेर मरेन सांगपाक आतां आनी कळावनाका. तसो पळयल्यार संजीव बुदवंतूच. सोळा आंकड्याची ती खबर आयकून तो अडाणी म्हणू समजुनाकात. आमच्या गावांत तो जल्मलो, आमच्या गांवांत वाडलो आनी आमच्याच गांवांत ताची बुद्ध परिपक्व जाली. आमी सगळे जितले बुदवंत तितलोच तोय बी. शारांतलें म्हेळें उदक पिल्लो मनीस न्हीं तो; बुद्ध पाड जावपाची शक्यताय साप्प उणी. एक फावट चार चौग जाण उलयत बशिल्ले आसतना एके गजालीचेर पावले आनी कोणे तरी म्हळें ''कितें रे बाबा हें? व्हडलो भाव आनी धाकटो भाव हांचे मदीं फकत स म्हयन्याचो फरक आसूं येता? हे कोणेतरी जेन्ना म्हळें तेन्ना संजीव थंय आशिल्लो. संजिवान म्हळें 'जुवळे बी आसुंयेतात न्हीं?'' भोंवतणच्या तिगां-चौगां जाणानी ते शक्यतायेक सहमती दाखयली. मागीर थोड्या वेळान सगळेच जाण एकामेकाक म्हणूंक लागले, 'कशें रे ते? कशें रे?'' संजिवूय बी हांसून म्हणूंक लागलो ''तुमी कितें म्हणतात तें पळोवया म्हळें.'' बुदवंत पळयात कितलो. अशें कित्याक शक्य ना तें ताका खरेपणी तेन्मायबी कळुंनाशिल्लें. तरीपूण ताणे आपणालीं पिशेपणां सोडुंनाशिल्लीं. मागीर ताणे म्हाका येवन विचाल्लें. हावें फोडणिशी करून सांगलें तेन्ना ताका कळ्ळें. आपणाक बुद्द ना म्हणपाची खबर आपणाक चड लागींचो आशिल्ल्या एकट्याकडेनूच दवल्ली. हेरांकडेन गंभीर रावून आपणाली अब्रू सांबाळ्ळी. तीच ताची बुदवंतकाय म्हणपाची. आपणाकडेन शाणेपण इल्लें उणें आसा म्हणपाची गजाल दुसऱ्यांक कळपाक दिवप ना हें एक पांडित्याचें लक्षण.

बुद्दीचो विशय आयलो म्हूण इतलें सगळें सांगलें. तो कसले तरेचो मनीस तें आतां कळ्ळें. इतलोच ताचो हेत. एकदीस ताका एक सपन पडलें. सपन पडलें म्हळें, इतलेच खातीर तुमी, भुरगीं जशे परीं सुंदर सुंदर कल्पना करतात तशे तरेन संजिवाक स्पन पडलें काय कितें अशें समजुंनाकात. नितळ धव्याफुल्ल मळबाचेर एकवटून येवपी, फुलिल्ल्या मोगरे फुलांवरी दिसपी कुपां पातळुचीं ते तरेन पातळिल्ल्या न्हिंदेच्या भारार भिणभिण्याचेर एक मोगाळ मुखामळ दिसचें ते तरेचे हाका एखाद्रें मुखामळ दिसुंनाशिल्लें. एक खंयचें तरी मुखामळ दिसलें ही खरी गजाल पूण तें एके मोगाळ व्यक्तीचें नाशिल्लें. तें आशिल्लें नागप्पा नावाच्या बेंगळुरांतल्या एका म्हाल्याचें. ताचेकडच्यान आपूण कापणी करून

घेतां अशे तरेचे सपन तें. गजाल ही इतलीच. ही एक कथाच म्हणपासारकी आसत जाल्यार हाचे फुडें तुमी तिचेर चड ध्यान दिवंनाकात.

संजीवाच्या सपनाची ही कथा म्हळ्यार ताच्या सान पिरायेचेर घडिल्ली एक खबर. ताचें जावळ काडपाखातीर ताका तिरुपतीक व्हरचो पडलो. थंय ताका केंस तासून बोडको केल्लो. परतून येतकच भुरग्याक पळोवन आमचो गवंडो उसमान साबान म्हळें "अब्बा हो भुरगो बरो मुसलमानाचो कसो जाला मगे. म्हाका दियात तो आमगेर व्हरतां ताका" संजीव आपणालें आवयफाटल्यान लिपलो. जाणटो लोक हांसलो; ताणीं दुसरो विशय काडलो. भुरगो मात ती गजाल विसल्लो ना. उसमान आशिल्लो तितलेय दीस तो दिसल्यारूच ह्या भुरग्याक भंय दिसतालो. तो आपणाक खयीं उबारून व्हरत बी आनी केंस तासून बोडको करून आपणाक मुसलमान करीत काय म्हणून संजीवान आपणालो हुसको इश्टांकूय उलोवन दाखयलो. तांचे मदलो कोण ना कोण केन्नाय हाका भिवोवपाचो आसत जाल्यार "पळय संजीव, सांबाळ तूं, तुजी शेंडी हुमटावन मुसलमान करतलों तुका." अशें म्हणटालो. पिराय जाले उपरांतय बी ही गजाल ताचे संबंदान एक हांशें पिकोवपी गजाल जावन उल्ली.

एक फावट संजीव बेंगळुराक गेल्लो तेन्ना, सपनाक आनी एक आदार सूत्र मेळिल्लेभशेन थंयच्यान म्हालेकामा संबंदांतली एक खबर मतींत धरून आयलो. तेन्ना तो थंय कांदे घेवन गेल्लो. सावकाराकडलो वेव्हार बरेभशेन जाले उपरांत ताणे "फाल्यां पयशेदितां, एक दीस राव." अशें सांगलें खंय. दुसरे दिसा ताच्या घरा गेलो तेन्ना हाका बेंगळुरांतली म्हालेकामाची पद्धत कळ्ळी. बेंगळुरांतलें म्हालेकाम म्हळ्यार दुकानात तीन रुपयांचे वस्तूक स रुपया सांगतात तसली गजाल न्हीं. तेन्ना त्या घरांत सावकाराचो धाकटो भाव पडवेत कापणी करून घेवपाक बशिल्लो खंय. संजीवान सावकार आसा काय म्हण विचारले. "भायर सरला, येतलो. बस मातसो." अशी ताणे जाप दिली. संजीव थंयच बसलो. नागप्पा म्हाल्याचें काम तो पळयत रावलो.

नागप्पान वणटी रंगोवपाची पिशोला सारकी एक ल्हानशी वस्तू घेतली. लांकडाच्या एका कुडक्याक केसांची एक पेंडोळी तोपून केल्ली ती वस्तू ताणे एके डबयेंत आशिल्ल्या धव्या धव्याशा कसल्या एका कुडक्याचेर उदका वांगडा घालून फिरायली. ती गरगरीत अशा फेंसान फुलून आयली. नागप्पान तो फेस घेवन सावकाराल्या भावाच्या खाडाक लायलो. तो कित्याखातीर लायला तें संजीवाक कळ्ळें ना. अशी गजाल ताणे गावांत पळयल्ली ती एकूच फावट. उसमान साबाचो पूत रंगारी बिरामसाबान एक घंगाळ भर चुनो तयार करून संक्रांतीकडेन वणटीक थापी घेवन लाइल्लो. आतां हांगा चुन्या बदलाक फेस जालो; वणटीबदलाक पोले जाले; आनी थापये बदलाक लाकडा

कुडक्यावयले केंस जाले. ''असो किंतें हो पिसो कसो!मुखामळाक चुनो कित्याक हो?'' असो विचार संजीवाच्या मनात येता आसतनाच नागप्पान आपणालो तलवार कसो वस्तरो काडलो. संजीवाचे नदरेक तो एक हातभर लांब आशिल्लेवरी दिसलो. सुरवातेक ही खबर सांगली तेन्ना संजीवान एक हातभर लांब तरसाद' अशें म्हणलें, म्हजों तेन्ना विस्वास बसलो ना. तरसाद घेवन नागप्पान आपणे लाइल्लो सगळो चुनो तासून काडलो. अशें पांच स फावटी केलें तेन्ना मुखामळावयले सगळे केंस गेले. तकलेचे फुडले वटेंतली कापणी करून सोपली. मागीर नागप्पा उठून उबो रावलो.'मर्दींच अशें किंतें घडलें काय? कापणी करता आसतनाच असो उबो कित्याक रावलो तो?' ताका प्रश्न पडलो. अशें चिंतता आसतनाच, नागपान सावकाराल्या भावाच्या तकलेचे फाटले वटेन चुनो लायलो आनी थंयकापणी केली. सुरवातेकसाकून निमाणेमेरेन चुनो मात खूब वापरलो. चुनो लावप, तो तरसादेन काडून हाताक लावप. आतां ती कापणी जाली. संजीव सगळें बारीकसाणेन पळयतालो.

सावकारालो भाव उठून गेलो तसो संजीव म्हाल्या बरोबर ताच्या कामा संबंदान थोडें उलयलो. तें संभाशण थोड्या भितर सांगचें जाल्यार अशें :

''आपा, तुजें नांव किंतें?''

''नागप्पा.''

''म्हालो, न्हीं, तूं?''

''हावें इतलो वेळ केलें तें किंतें तर रे बाबा?''

''हय, तें खरें. ताचे तोंडाक चुनो – अं ऽऽ फेस – – लायलो तो कित्याक?''

''खाड करपाक सोपें जावचें म्हूण.''

अशे तरेन प्रश्न विचारून निमाणे संजीवाक कळ्ळें तें इतलें. सावकाराच्या भावान त्या म्हाल्याक हजामतींचे चार आणे दिले. संजीवान तें आयकून 'अब्बा' म्हळें. नागप्पान चार आणे दिवपी लोकांचीच हजामत करप असो सोपूत बी कांय घेवंनाशिल्लो. आठ आणे दिवप्यांचीय बी करतालो आनी दोन आणे दिवपी लोकांचीय बी करतालो. कोणूच मेळ्ळो ना जाल्यार एक आणो दिवप्यांकूय धरून हजामत करतालो. सगळ्यांकूच एकेच तरेची हजामत न्हीं. चार आण्यानी त्या दिसा सावकाराच्या धाकट्या भावाची हजामत केली तशीच करतालो. तेंच सामान आनी तीच विदेशी तरसाद. विदेशी म्हळ्यार दिसपा करपांत तशीच पूण धार उणी. तोंडाचे केंस सारके वचपाचे न्हीं. मोटवे केंस गिमातल्या सुक्या तणाचीं मुळां कशे तशेच उरपाचे. उबे रावले जाल्यार मोठे मनीस तसो आक्षेप घेनात. तांचे आवडीचो प्रकार म्हळ्यार इल्ले मोटवे केंस कापून घेवप.

बेंगळुरांत कोण मोठों मनीस आंनी कोण न्हीं तें कळपाक जाय जाल्यार ते हजामत

करून घेतात त्या दिसातांची तकली पळयली जाल्यार पुरो. तें कशें करपाचे काय म्हणटात? ते हजामत करून घेतात तो दीस पळोवन घेवन ते घरातल्यांन भायर आयले उपरांत, म्हऱ्यांत वचून "स्वामी, तुमची तकली दाखयात मातशी पळोवया," अशें म्हणपाचें. ताणी फुडें केली जाल्यार पळोवन घेवची. ना जाल्यार? कांयच करपाक जमचें ना.

तशेच मोठे मनीस केंस कापून घेतात तेन्ना ताणी सामके बोडकावन घेवप नासता. चड दुडू दिल्ले आसतनाय तोंडार, माथ्यार सादारण मोठे केंस सांबाळप अशी तांची पद्धत आसा. चार आणे दिवपी आसात तांचे परस आठ आणे दिवप्यांमदी ती चड आसा. एक रुपया दिलो जाल्यार शाबूलावन बेश्टो शाबू तितलोच काडप, केंस काडूंक फावना अशें नागप्पाल्या एका इश्टान ताका सांगिल्लें खंय. पूण नागप्पाक एका रुपयाचें माथें मेळुंनाशिल्लें. आठ आणे दिवपीय बी कमी. तांचे खातीरुय अशेच तरेन सामान वापरप. दोन आणे दिवपी लोकांक सामको उण्या दर्ज्याचो शाबू वापरप. एक आणो दिवपी लोकांक फकत उदकाचोच उपेग करप. एक आणो दिवप्यांखातीर रावप ना. दोन आणे दितल्यांक रावप. काय वचप हें मनशाच्या तोंडाक पळोवन थारावपाचें. दितले दोन आणे पूण रुबाब चड सांगपी मनीस आसलो जाल्यार अर्दूच वेळ दिवपाचो आनी कापणी करपाची. रुबाब आसा कायना तें समजप कशें काय म्हळ्यार मुखावयल्यान कापणी करून जातकच तकली बागोवपाखातीर हातान मातशी वांकडी करप; बागयली जाल्यार बरें जाले; बरेभशेन बागोवन बसलो जाल्यार फाटल्यानूयबी कापणी करपाची. तकली बागयनासतना रावलो जाल्यार, आपणेच उठप, उठून फाटल्यान कापणी करप.

थोडे मोठे मनीस वस्तऱ्याच्या पात्यान कापणी केली जाल्यार आपूण खूब नाजूक मनीस म्हूण दाखोवपाखातीर गरज नासतना बेठेच हाय हूय करून दुखिल्ले भशेन करतले. तांचे सारक्यांची वस्तऱ्याचे फाटले देगेन कापणी करपाची आसता. केंस वचचे नात; पूण दुखना जातकच जालें, मोठे मनीस कापणी करता आसतना हाय हाय म्हणून दुखिल्ल्याचे नाटकूय करतात. किते रे बाबा हें? कापणी केली जाल्यार केंस मातपासून वचूंना मरे.' अशें म्हणून वाद घालतात. कापणी केली जाल्यार केंस वचना जाल्यार जाता, शाबू गेल्यार पुरो, अशें म्हणून समजावपाक जाय. मानलें ना जाल्यार तेन्ना "सायबलोक कापणी करून घेतात ते अशेच तरेन," अशें म्हळें जाल्यार "अशें तर तें? तशें जाल्यार आसूं तर" अशें म्हणून ते ओगी रावतले.

अशे तरेन सायब लोकांचे कापणेचें नांवं पेड्डेर. नागप्पा सायब लोकांचीय बी कापणी करपाक वतालो. तांच्या खाडाचे केंस आमच्या खाड च्या केंसांसारकेच पूण रंग मातसो वेगळो. सायब लोकांभोवतणी सोऱ्याचो वास आसता. तांकां मातशेंय दुखपाक

जायना. दुखलें जाल्यार सगळें फिंर्गी लोक 'डॅम बिगार' अर्दकुटे फिंर्गी आसतात ते 'डॅम निगार', अशें म्हणटात खंय. नागप्पाक 'डॅम बिगार' आनी 'डॅम निगार' असल्या उतरांचो अर्थ कळनाशिल्लो. साधारणपनान तीं बरीं उतरां न्हीं अशें ताचें मत जाल्लें.

संजीव नागप्पा कडच्यान इतलें सगळें समजून घेवन गांवांत परतल्या उपरांत जाय ते दीस त्योच खबरो सांगतालो. बेंगळुरानंतलें कापणेचें पिशें ताच्या माथ्यार चडून बशिल्लें. हें पिशें ताच्या सपनांचें दुसरे सूत्र जालें.

आमच्या गांवांत कापणी करून घेवप ही इल्ली कठीणशी गजाल. दीस, सप्तक, ग्रह-नक्षत्रांचे नेम हें सगळें ताचे फाटलें एक कारण. बरो दीस मेळ्ळो तरीय बी म्हालो मेळप ना हें एक कारण. तरीय बी कोणेय आमच्या गांवांत येवन पळयलें जाल्यार कितलेशेच जाण पुताचो जल्मदीस आसा म्हणपी मेळटले. सगळेच जाण व्रतां धरून आशिल्ले भशेन. पाडव्यादिसा कापणी जावंक शकता पूण तो दीस मंगळार. बिये दिसा (द्वितियेक) अण्णा करून घेवपाचो आसा. तये दिसा बिरेस्तार. अण्णाक बरोन्हीं तो. शुक्रार घरकान्नीक वायटाक पडटा. शनवारा दिसा करपाक मेळना. आयतारा सश्ट पडटा. सोमारा सप्तम उपेगना, अश्टमूयना. मंगळार तसोच करपा सारको न्ही. बुधवारा एकादस, बिरेस्तारा उमास. शुक्रारा पुनव, अशें तशें कितेंय करून कापणी करपाक बरो असो दिसूच ना. अशे तरेन कापणेक दीस मेळप कठीण जाल्ल्यान आमच्या गांवांत घोव बायले संबंदान मजेशीर अशी एक खबर परंपरेन चलत आयल्या. 'मुनिअप्पा आयला न्हीं, कापणी करून घेवपाची न्हीं? अशें घरकान्नीन म्हळें जाल्यार, रसीक सबावाचो तिगेलो घोव 'दीस अडचणेचे आसात म्हजे' अशें म्हूण रोखडोच म्हणटालो 'तूं मातशी गर्भार जाल्ली आशिल्ली जाल्यार म्हयन्या दिसाची अडचण चुकूंक शकताली. घरकान्न तिगेली पिराय, सभाव, त्या खिणावयले मनःस्थितीप्रमाण 'इतली पिराय जाली तरी तुमगेली ही निलाजरेपणाची भास वचुंना.' म्हणटा वा, 'तुमी मातशे प्रसूत जातात जाल्यार हांव गर्भार रावतां,' म्हणटा नाजाल्यार सभ्यतायेचें कितेंय उलयात मूं, घरकान्न गर्भार जाल्या म्हणून घोवान व्रत धरचें अशें कांयना. घोवान व्रत धरचे म्हणून घरकान्नीन गर्भार रावचें अशें आसा?' अशें ती म्हणटा.

तसोच केन्नाय तरी फावोसारको एक दीस मेळ्ळो जाल्यार म्हाल्यांक सोदून हाडप कठीण काम. आमच्या गांवांत म्हालेपण करपी मुनियप्पा आनी गिरिया अशे दोगजाण म्हाले आसात. आमच्या गांवांत तांका दुडू दिवपी कोणनात. कितें म्हणटांते वरसाक एक फावट पिकावळ येवन मापून घेवपाच्या वेळार सेवेकाऱ्यांक वरसा वरसाचे येणावळींतल्यान थारायल्लो वांटो दिवन उडोवपी लोक. मुनियप्पाच्या बापायचो काळ बरो आशिल्लो. सदां अशेंच. तो काळ बरो आशिल्लो. हो काळ पाड जाला. त्या भायर

मुनिअप्पाचो बापूय त्या काळाक फावो सारको मनीस आशिल्लो. त्या भायर धान्याक तितलें मोल नाशिल्लें. दान धर्माक म्हत्व आशिल्लें. पीक बरें येतालें दिवपाचें आसा तें बरेभशेन दिताले. मागीर दानधर्माचे म्हत्व उणें जालें. धान्य पिकवप उणें जालें: पीक उणें जाले :दिवप उणें जालें. दिवप उणे जालें: दानधर्म उणों जालों, त्याच प्रमाण धर्माचें म्हत्व उणें जाल्ल्या कारणान दिवप कमी. दिवप कमी जाल्ल्यान. दान धर्म कमी, अशेतरेन विखाळचक्र फिरुंक लागलें आनी दरीद्री मनशांक आरंभ ना आनी अंतूयना अशें जावन पडलां.

ह्या इतल्याय उलोवण्यातल्यान सारांवश रुपान कितें म्हणूं येता काय म्हळ्यार मुनियप्पाक आमचो लोक दिता तें धान्य खंयच कित्याक पावचेंना. अशें जावन मागीर एक बरोसो दीस पळोवन लोकांनी कोणेना कोणे तरी पयलींच वचून ताका ते विशीं सांगपाक जाय. मागीर तो म्हणटलो ''तुवें म्हाका दिवपाक जाय म्हणून हांव सकाळीं उठून येवन तुजे खाड करीत बसपाक नाका तर?' 'तशें म्हणल्यार कशें जातलें तर रे बाबा? आमी पातयेवन आसात ते फकत तुजेर. तुवें आमकां सोडले जाल्यार आमकां कोण तर मागीर?'' अशें हाणीं म्हणचें पडटलें. ''सोडप न्हीं जाल्यार कितें तर, तुवे आमकां सोडले नां? हांव खळ्यांत पावले उपरांत सोडून बी वचन म्हणपाची याद कित्याक जायना तर?'' तो विचारतलो.

वेतभर रोपां जाल्यार वांव भर मुळां खळ्यात पीक येतले कितें? नासणो धा खांडी पिकतालो थंय चार खांडी पिकिल्लो आसता. पिकाचे वांटे करून हेवटेन पावण खांडी, तेवटेन पावण खांडी. उरिल्ल्या भितर थोडें बियाखातीर सांबाळूंक जाय आनी मागीर देवाधर्माखातीर, भिकाऱ्यांक, चाकर- मानायांक बी दवरूंक जाय: देव काय व्हरपाक येवं ना न्हीं, ताचों वांटो दवरना जाल्यार जाता अशें म्हणूंक येना. पुजारी आयला : देवाचो वांटो कमी करूं नाकात' असो श्रद्धेन तो सल्लो दिता. हेरांकोणाक ना जाल्यार जांव पूण भिकाऱ्यांक दिवपाकूच जाय. ना जाल्यार ते तोंडाक येता तें उलोवन वतले. पांच कोळगे धान्यातल्यान उरिल्ल्या तीन कोळग्यांतले चाकर लोकांक कितलें दिवपाचें? मुनियप्पा येवन विचारतलो ''कितें रे बाबा? कितलें जालें?'' शेतकाराक तांबडे दोळे करून पळयतलो. जमीन मालकाचेर आनीकूय दोळे तांबडे करतलो. शेत हागेलेंच जाल्ले भशेन. कितलें पिकले म्हणटा खंय. मुनियप्पाच्या प्रस्नाक जाप ना. ''हातूंत घाल!'' अशें म्हणून मुनियप्पा पोती उगती करतलो. शेतकार एक सुपली भर नासणो काडून पोतयेंत घालतलो. पूण ती पुराय भरिल्ली आसची ना. सुपली सकयल दवरून शेतकार नासण्याचे राशीक नाजूक हातान एका सान भुरग्याक सासपुचें ते तरेन थापटून पोशेवन बी ती भरून अळंग उबारुन रकयतलो. आपणे स्वता हातान पिकयल्लो नासणो आशिल्ल्या कारणान ताचेर

ताचो चड मोग. आपणे स्वता जल्म दिवन वाडयल्ल्या भुरग्याचेर आसचो तसो. पूण नासणो आनी भुरगें हातूंत एक फरक आसा. भुरग्याचेर मोग आसता तो फकत जल्म दिवन वाडयतल्यांचो. नासण्याचेर तो पिकयतल्याचो मोग आसताच तसोच तो पिकयना तांचोय बी आसता. मुनियप्पाक एक सुपलीभर नासणो पुरो जायना. नासण्याच्या दिल्ल्या मापाचेर ताचो विश्वास बसपा सारको ना. तो म्हणटलो "कितें रे पापया सुपली सकयल दवल्ली मरे तुवें." मागीर शेतकार विचारतलो "कितें रे बाबा आनी कूय जाय?" 'जावं आसूं, घालतू. तूं धनी, शेत कसून पिकोवपी. दिनां जाल्यार म्हजी गत कितें जातली?" अशें मुनियप्पा म्हणटलो. शेतकार ताका जाप दितलो. 'आसू तें सगळें, सोड खबर. दिसान दीस पीक उणें जायत वता. तुमचें मागपूय बी इल्ले वाडलां. कितेंय तरी करून मुनियप्पाक दुसरी सुपलीभर नासणो मेळपा वेळार मुनियप्पाक थोडें समादान जातलें. हीं सगळी मांडणी मुनियप्पाक यादी खातीर. कापणी करपाक आफोवपाखातीर आयले उपरांत खळ्यांत येता तेन्ना विनयशील भास खंय गेल्ली आसता?" अशें म्हणपाच्या अर्थाभितर हे यादीचो आसपाव जाता. आफोवपाक वता तांकायबी ते गजालीची याद आसता. त्याखातीर हे ताका मोठ्यान म्हणटले "आसूं यो, ना जाल्यार तितल्याच खातीर तूं येवन म्हाका थोडी रागी दी म्हळें जाल्यार काकुळट येवपाक जाय, आतां ना अशें हांव म्हणटां तर? यो,' अशें सांगून परततले. तो त्या दिसा येतलो काय ना तो दुबाव आसता. तो त्या दिसा आयलो ना जाल्यार आनी एक दोन म्हयने कापणी करपाक बरो दीस ना.

तशांतूय बी तो त्या दिसा आयलो अशें धरून चल. दर एक त्याच्या घरा आपूण जावन वतलो अशें ना. कापणी करून घेवपी थोडे आस्पतदार आसतात थोडे आस्पतीन उणे आसतात. उणे आस्पतीचे आसतात ते सगळे चावडेकडेन येवनूच कापणी करून घेतले. अशें जाल्यार तें गोरे सायब कोलारांत चलयतात तसलें सेशन कोर्ट जालें. मुनियप्पा थंय वचून बसलो जाल्यार गावांत उमळशिकेचें वातावरण कित्याक? वचून आफोवपी एकटो आसलो जाल्यार कापणी करून घेवपी वीस जाण आसतले. सगळे जाण चावडेकडेन एका फातराचेर बसून कितेंयतरी गजाली करीत मुनियप्पा मुखार बशिल्ल्याची कापणी केन्ना सोपतली काय म्हणून वाट पळयत रावतले. कापणी सोपिल्ल्या सगळ्यांक जाचे ताचे योग्यतायेक फावसारके मुनियप्पा 'ऊठ,' 'उठात', 'जालेन्हीं? 'ऊठरे बाबा', बरें अशें म्हणत रावतलो. कोणेय एकट्यान 'ये, हे, पळय हांगा केंस सोडल्यात तुवें, अशें म्हळें जाल्यार 'आरे ये, पुरो, पुरो, तुका कोणे चेडूं हाडलां दिवपाक?' अशे म्हणून वाखरानूच कातरिल्लेवरी उतरांनी कातरतलो. अशेतरेन एकट्या फाटल्यान दुसरो ताच्या न्यायासनामुखार हाजीर जावपाक जाय. आमच्या लोकांची भुरगीं

आसल्यार परवा नासताली. बिरामसाब (हो गंवंडो उसमानसाबाचो पूत) आयलो जाल्यार सबकसायेन कापणी करची पडटा. हेर कोणूय आसल्यार मुनियप्पाल्या वस्त्ऱ्यान अर्द तकलेचो प्रवास करपाक जाय. साब आयलो जाल्यार तकलेच्या माल्याभोंवतणीच वस्तरो चलपाचो. बिरामसाबाक पळोवन मुनियप्पान म्हणप 'आतां आनी आयला बाबा? साब लोकांचे खंयच्याय वेळार जावचें ना.'' बिरामसाबान मागीरजाप दिवप ''जांव आंसू मुनियप्पा, हांव खाड दवरतां, हे सगळे शेंडी दवरतात. सगळे एकूच जाता तें.'' केंस कापप, खाड करप अशें करून आइल्लो तो सगळो लोक वयार ''जावन बांयचेर न्हावपाक पावपामेरेन दनपार जातात.

संजिवाची आवय म्हळ्यार सामके पिकिल्ले फळ, आजुनूय आसा. त्या खातीर ताचे वांगडच्यांक जो दीस योग्य दिसता तो ताका दिसना. ती ताका म्हणटा ''आरे, घेरे पापया कापणी करून. हांव एक म्हातारी गेली जाल्यार कसलो व्हडलो घात जातलो? घे पळोवया करून तूं.'' आवयन कितलेंय सांगले. तरी तो तसल्या दिसांनी कापणी करून घेना. तो म्हणटा 'तुवें म्हाका जल्म दिवन वाडयल्ले खातीर म्हज्या जल्माचें सार्थक जाले. वा ताणे कापणी करून घेतली जाल्यारुय बी ताची घरकान्न ताका सोडची ना. ती म्हणटली 'कितें केलें तुमी हें? मांयक दुश्चिन्नशें, न्हीं हें, कापणी करून घेवप म्हळ्यार? पिशां भशेन तुवें कापणी करून घेतल्या ती?'' ती ताका याद करून दितली. त्या भायर हालीं संजीव आनी मुनियप्पा हांचे संबंद इल्ले बिगडल्यात. म्हळ्यार संजीव मुनियप्पा, दिसल्यार मातसो कांचवेतालो. जाता तितलो तो गिरियाकडच्यान कापणी करून घेतालो. गिरिया विशी आतां खबर नाका. आनी केन्नायतरी सांगतां. संजिवाक मुनियप्पा दिसलो जाल्यार मातसो कांचवेवपाक कारण कितें काय म्हळ्यार एक फावट संजिवाच्या सावकाराच्या दुकानाचेर मुनियप्पान कितेंतरी सामान घेतलें आनी गेलो. पयशें दिवपाक ताणे कळाव केलो. सावकारान संजिवाकडच्यान कडकसाणेन रकाद धाडलो. तो गेलो आनी मुनियप्पाक म्हळें 'पयशे दीरे, अशें मातशे नेटानूच पयशे मागले. ताचेर ताणे म्हळें ''बरें बरें, आसूं, तुका करतां सारको'' संजिवान मनात म्हळें, 'दुडू कितें हाच्या बापायच्या घरांतली गांठ? सावकाराचे दुडू मागल्यार हाका इतलो राग? कितें करतलो हो म्हाका? कापणी करचोंना अशें म्हणटा न्हीं तो? हो नाकाच म्हाका.'' मागीर एक फावट कामाक आइल्लो तेन्ना मुनियप्पान म्हळें 'यो संजिवप्पा' अशें म्हणून ताणे सदांचे संवये परस मातसो मायेन ताका आफजलो. संजीव वचून ताचे म्हऱ्यांत बसलो. कापणी बी जातकच कितें म्हणपाचें मुनियप्पान? 'आतां, तुका आतां मुसलमान करून सोडटां पळय.' अशें म्हणून फट्ट करून ताणे ताची शेंडी हातांत धल्ली.ताणे फकणा करपाखातीर म्हणून म्हणिल्ले. हाची ते विशींची भावना ताका खबर आशिल्ली. संजिवाच्या काळजांत कलकल्लें. मुनियप्पान

शेंडी हातांत धरता थंयच आसा संजीव 'अय्यो, अय्यो म्हणून हुयेली मारूंक लागलो. सगळ्यांनीच 'आरे, कितें जालें रे?' म्हळें. मागीर दोगांयकूय समजावन शांत केले. सगळें सारकें जाग्यार पडलें पूण मुनियप्पाचो हो खेळ संजिवाच्या मनांत सामको मूळ धरून रावलो.

हें घडल्या उपरांत थोड्या दिसांनीं तो बेंगळुरांत नागप्पान केल्ली कापणी पळोवन आइल्लो. त्या दिसांनी एका शुभ दिसा मुनियप्पान गांवांतल्या लोकांची कापणी केल्ली. संजीवूय त्या दिसा थंय रावलो. एकट्याची कापणी जाली., मागीर आनी एकट्याची जाली मागीर तिसऱ्याची अशें करून सगळ्यांची जाली पूण संजिवाची जावपाची उल्ली. निमाणे मेरेन हो रावला तो पळोवन मुनियप्पान 'हाचे उपरांत म्हज्यान जावचें ना रे बाबा. आनी केन्नाय येतां.' अशें म्हणून आपणाले हडप कवळून उठलो. संजिवान म्हळें 'हे कितें रे मुनियप्पा? म्हाका असोच सोडलो मरे तुवें.' मुनियप्पान जाप दिली. 'हांवे कापणी केल्यार भिता मरें तूं, गिरियाकडच्यान करून घे.' संजीव तशाक तसो घरो परतलो. कापणी करिनासतनाच कापणी केल्ल्या लोकां परस चड वेळ घालोवन तो येवन जेवलो.

त्याच दिसांनी गंवंडो बिरामसाब संजिवाच्या सावकाराच्या घराक चुनो काडटालो. संजीव तें पळयतालो. हांगा चुनो घालपाक जाय आशिल्लो, थंय चुनो पावचो ना अशें कितेंय तरी हो उलयला जातलो. ताणे कितेंय तरी जाप दिल्या जातली. असलें कितेंय तरी ताचे तकलेन उरलें आसतलें.

अशें स्थितींत ते घडणुकेच्या दुसऱ्याच दिसा संजिवाक मातसो जोर आयलो. ताका जोर मातसो येवनूयबी अस्वस्थताय मातशी चड आशिल्ली. तेच राती ताका ऐक सपण पडलें.

हो कपणी करून घेवपाखातीर चावडेकडेन वाट पळयत रावलो. मुनियप्पा येवन बसलो. थोडे वेळान बेंगळुरानतलो नागप्पाय बी येवन ताणे आपुणूय कापणी करता म्हळें. लोकांक आफयले. कोणे तरी येवन 'करून घे, संजिवप्पा' अशें म्हळें. हो चिंतपाक लागलो. नागप्पा. हो आशिल्लो थंय सामकार बसलो. हडप उगडले. ब्रश काडलो. हागेल्या तोंडाक चुनो काडपाक सुखातूय केली. संजीव हातूंत कसलें सूख मेळटा काय म्हूण चिंतपाक लागलो. नागप्पाचें आशिल्लें तें तोंड बिरामसाबाचें जालें. ताणे 'हो पळय तुका मुसलमान केलो' अशें म्हणून हागेली शेंडी हातांत धल्ली.

संजीवान म्हळें 'म्हजो प्राण जाय जाल्यार घे, हांव म्हजी जात सोडचों ना.' अशी किळांच माल्ली आनी उडी मारून कुशीक उबो रावलो.

असो उबो राविल्लो आसतना संजिवाक जाग आयली. जाग म्हळ्यार कितें? शेंडी कोणे तरी धरिल्लीच आशिल्ली. हाणे 'ये, नाका नाका. पांयां पडटा तुका, म्हजी जात

इबाडू नाका,' अशें तो आड्डत आशिल्लो.

संजीवाले बायलेन विचाल्ले 'आवय म्हजे, कित्याक अशो किळच्यो मारतात तुमी? ओगी रावात. जोर गेलो जाल्यार पळयताले. शेंड्येची गांठ सुटून मेकळी जाल्ली. गांठ मारपाखातीर म्हणून हावें धरिल्ली.' तिणे ताका खरी गजाल सांगली.

इतल्यान संजिवाक सारकी जाग आयली. आपणाली शेंडी धरिल्ली नी आपणाली घरकान्न, नागप्पा न्हीं आनी बिरामसाबूय न्हीं म्हणपाचें ताका दिसले. ताणे हुयेल मारपाचें थांबयलें आनी थंडसाणेन न्हिदलो.

दुसरे दिसा ह्या सपनाचें फलीत कितें काय म्हूण विचारल्यार शास्त्री म्हणूंक लागलो 'सगळ्या गांवान मुंडण करून घेतलें जाल्यारूय बी तुगेले चंडिकेक (शेंड्येक) कसलोंच भंय ना.' सपनात कोणेतरी धरल्या अशें दिसलें आनी खरेपणी घरकान्नीन धरिल्ली हाचे वयल्यान स्वप्नशास्त्र खरें आशिल्ल्याचें दिसून येता. अशें म्हणपाक शकतात. पूण आमच्या शास्त्र्याक हें सगळें दिसपाचें ना. हेर गजाली खऱ्यो आसूं फट आसूं. शास्त्रीन सांगिल्लो अर्थूय बी खरो; हांव म्हातारो जालो, संजिवाचीय बी पिराय जायत आयल्या पूण ताच्या माथ्यार आतांयबी त्या धायेकं केसांची सुपुल्ली गांठ तशीच आसा.

III

आजो शामण्णान सांगिल्ले पोन्ने कथेंत नातू शामण्णान नव्यो दोन गजाली घुसडल्यात. आज्यालो संजीव आतां सगळ्या गांवांचो संजिवय्या जाला. मुनियप्पाचो पूत मुनिशामी आतां आमचो कारागीर. तो संजीवय्याकडेंन भोवमानान चलता. ताचे वांगडा भुरगेपणा करिना. हाका मुखेल कारण म्हळ्यार आतां आमच्या गांवांत मुनिशामीक आफोवपी पांच जाणूच आसात. संजिवय्यातातूंतलो एकटो. फावोसारको दीस पळोवन मुनिशामी आपले आपूण येता; चावडेकडेन बसना, घरा येता. ताका विचारपी कोण ना. सगळेजाण खंयच्याय दिसा मादावराक वचून बरे भशेन 'क्रॉप' करून घेवपी लोकचड. मुनिशामी तांका पळोवन विचारता 'कितें रे बाबा, खंय 'क्रॉप' करून घेतले? डिसेंट हेयरांत काय मॅजेस्टीक हेयरांत?' हाचो अर्थ **Decent Hair Cutting Saloon** काय **Majestic Hair Cutting Saloon**. असो जाता. हीं मादावरांत आशिल्लीं दोन केंस, खाड करून घेवपाची दुकानां हीं आमनेसामने आसात. **Decent Hair** हें पयली जालें. दारामुखावयले नांवा पाटयेचेर पयले वळीर मोट्या अक्षरांनी पयलीं दोन उतरां आनी दुसरे वळीर बारीक अक्षरांनी **Cutting Saloon** अशें बरोवन घेतिल्ले. मागीर जाल्लें तोंडा मुखावयलें. ताणे अशेच तरेन नांवांची पाटी करून घेतली. **Decent Hair** चे प्रतिउत्तर **Majestic Hair** जालें, **Cutting Saloon** चे **Cutting Saloon** उरलें.

मादावरा वांगडा होसहळ्ळींतले आमी गांवगिरे नागरिकूयबी केशकर्तनालयाक इंग्लीश नांव दितात. 'अशें म्हणपाक शकतात. हें कितेंयतरी आमच्या संजिवय्याक पडिल्ल्या सपनांचे फळ काय कितें असो म्हाका एकेक फावटी दुबाव येता. संजिवय्या-कूच एक फावट हाचे विशीं. विचाल्लें. ताणे जाप दिली 'आसूंक शकता. न्हीं म्हणटलो? खिणा उपरांत 'शिवाय तशेंच आसतलें कशें म्हणुंयेत? हाचे वयर जाप आसा? हांव ओगीच रावलों.

☆☆☆

5.
सुण्याचो जल्म

I

चिनून काल म्हाका सांगले : ‘‘मनू आमच्या लग्नाची खबर सद्याक नाका म्हणटा,’’ अशें म्हूण.

हावें आनी लिलून दोगांयनी बरें चिंतून करून त्या दोगांयनी सुखान संवसार करचो म्हण केल्ली वेवस्था फुकट गेली. हे भाग्य जुळून येवपाक एक वर्सभर वाट पळोवची पडिल्ली.

हावें चिनूक तें अशें कित्याक म्हणटा काय म्हण विचारलें. ताणे ‘‘तशें कांयच कारण ना’ म्हळें; खिणा उपरांत ‘‘भैरूच्यान म्हाका पळोंव नजो जाता, त्याखातीर नाका म्हणूंक लागले.’’ ताणे सांगले

चिनून म्हळें ‘‘तूं रागार जावंनाका, अण्णा, लिलू कडेन उलय; तें सगळें सांगतलें.’’

घरा येवन हावें लिलूक म्हणले ‘‘हें कितें मनू म्हणटातें? आपणाल्या सुण्याच्यान चिनूक पळोवं नजो जाता त्या खातीर आपूण ताजेकडेन लग्न जायना म्हणटा न्हीं ते.’’ लिनून म्हळें ‘‘ताचो थोडो संबंद आसा खरो; फाल्यां सांगतां.’’

हांव परतून बेजारलों ‘‘कितलें बुदवंत हें? मनूच्या मनात आसा, पूण भैरूक नाका म्हणून हें लग्न थांबपाक जाय? हो निर्णय मनूनूय घेतलो, चिनूनय सहमती दाखयली, तूय बी तेंको दिता, अशें आयकलां’’

लिलून म्हळें ‘‘हांव कोण बुदवंत न्हीं, सोडून दी; दादले तुमीच बुदवंत. मातसो राव. फाल्यां तुमीयं म्हणू ये तशें.’’ तिणे म्हळें.

II

हांव, चामू, चिनू वांगडाच वाडिल्ले भुरगे वांगडाच शिकिल्ले. बेंगळुरांत शिकपाक

आयले तेन्ना चामू आपणाली मावशे भयण सुब्बम्मागेर रावलो. ही मावशे भयण म्हळ्यार ताचे व्हडले मावशेली चली. सुब्बम्मालो घोव जन्नप्पा सज्जन, नीट मार्गी मनीस. तीं चामराज पेठेंत रावतालीं. चामूक लागींच रावचे अशें थारावन हावें आनी चिनून दोगांनीय मेळून एक भाड्याची कूड पळोवन रावले. जन्नप्पा आनी सुब्बमाक मनू ही एकटीच धूव. मनूचें लग्नाचें थारलें तेन्ना पत्रिका दाखयली. चामूली पत्रिका बरी जुळ्ळी ना; चिनूली ताचे परस मातशी जुळपासारकी आशिल्ली. सगळ्यांपरस बरी जुळ्ळी ती म्हजी जल्मपत्रिका, आतां कितें? मनूकडेन हांव लग्न जातां काय चिनू लग्न जाता इतल्याचेर येवन पाविल्लें. पूण कितेंय जाल्यार चामू सुब्बाम्मालो धाकटो भाव; आमी मातशे पयस. कोण तरी एक जोतिशी मेळ्ळो.' 'जल्मपत्रिका पयलीं पळोवपांत चूक जाल्ली, चामू आनी मनूच्यो पत्रिका बऱ्यो जुळटात.' अशें ताणें सांगलें. त्या सांगण्यावयल्यान् चामूच मनूकडेन लग्न जालो.

लिलू, सरू, नमू हीं इश्टिणी. हाव लिलूकडेन लग्न जालो; चिनू सरूकडेन लग्न जालो. मनूच फुडें सरलें आनी आपणाल्या इश्टीणींक पटोवन घोवाल्या इश्टांकडेन तांची लग्ना लावन दिलीं.

वर्साचो दर दीस आमी उमेदीन खोश्येन सारलो. आमची इश्टागत संवकळ, मेळपा मिसळप आमचीं फकणां! कितली सांगची ताची तोखणाय! खोचूस खोस. पूण तितले भितर चामू इल्लो बेजारिल्लेवरी दिसलो. हांव आनी चिनू मनूकडेन इश्टागतीच्या नात्यान उलयले जाल्यार तो तोंड काळें करतालो; आपूण मात लिलू आनी सरूकडेन सामको लागसारकायेन उलयतालो. हांव वा चिनू मनूकडेन लग्न जावपाची शक्यताय आशिल्ली, हे गजाली विशीं तो अशेतरेन नाखुशी दाखयतालो जांवये. आमकां कितें ताचें? मनू सुखान रावचें हें म्हत्वाचें म्हण हांव आनी चिनू ताचे विशीं उलयले आनी मागीर चामूगेर वताले तेन्ना बरेच मर्यादेन वागूंक लागले.

III

लग्न जावन तिसऱ्या वर्सा बांळटेरावेळार सरू भायर पडलें. चिनू एकोडो पडलो. तेच वेळार सुमार सुब्बम्मा भायर पडली अनी चामू-मनूक जन्नप्पागेर येवन ताका आदार दिवचो पडलो. तेन्नाच चामूक अजीर्णासंबंदांतली कसली तरी व्याधी पिडटाली. चार दीस पथ्य केलें जाल्यार जिवाक बरें दिसतलें अशें डाक्टरान सांगलें. चामून पथ्य म्हणटात तें केन्ना करूं नाशिल्लें. तिकसाण कमी जावची म्हण घरांत वेगळे तरेचें सार आशिल्लें जेवण जेवलो आनी हॉटेलांत वचून चामून दोन प्लेट भजी खालीं. बुद्द नाशिल्लो मनीस काय न्हीं. पूण जिणेची वाट चुकून कुशीक पावलो. दोन वर्सांनी ताणे दोळे धापले.

तिगांय आमी वांगडा सुखान संवसार करया अशें चिंतिल्लें खरें पूण हांगा चिनू आनी मनू एकटोशीं पडिल्ली. चार म्हयने सोपले उपरांत हावें लिलूक सांगले, ''आमी काय जुन्या विचारांची मनशां न्हीं, मनू आनी चिनूक लग्न जावनी. तूं ताका सांग,'' चिनूक हावेंच सांगलें. चिनून 'बरे आसा अण्णा' अशें म्हणले. मनून 'मातशीं रावात' म्हणले खंय; 'बरें आसा' म्हणलें ना. जन्नप्पाक सांगलें तेन्ना ताणे धुवेक विचारलें आनी थोडी वाट पळोवयां म्हणलें. 'बरें आसा, कांय नज' अशें म्हणून हांव तेन्ना ओगी राबलों.

वर्सा उपरांत जन्नप्पानूय बी ह्या संवसाराचो निरोप घेवन दोळे धापले. त्या सगळ्या घरांत मनू एकटें एकसुरें जावन पडलें. पळोवपी करपी कोण काय म्हळ्यार एक सुणो, हो भैरू.

चार म्हयन्यां उपरांत हावें परतून लिलूक म्हणलें, ''दोन व्रर्सां वाट पळयली. आतां जावनी तें लग्न, मनूक सांग तूं.''

''बरें आसा, मातशें राव, पळोवया,'' अशें म्हणटा आसतनाच निमाणे मनू कालच्या ह्या निर्णयाचेर येवन पाविल्लें.

रातीकडेन हांतरुणात पडला थंय हांव चितूंक लागलो. ''पळयलो मरे हो सुण्याचो प्रभाव? कितें हें विचित्रूचशें?''

भैरू एक टेरियर जातीचो सुणो. चामू भायर पडले उपरांत, एक म्हयनो स दिसांनी सुमार जन्नप्पान घर राखपाक एक सुणो असचो म्हण ताका हाडिल्लो. ताका मनूची खूब माया लागली. केन्नाय पळयल्यार ताचे कुशीकूचे बशिल्लो आसता. तें ताका भोव मायेन सांबाळटा. अशें आसुनूय तागेलो तो निर्णय म्हळ्यार म्हाका मातशें अतीच शें दिसलें.

IV

सकाळीं कॉफी जाले उपरांत लिलून म्हळें, 'मातशीं मनूगेर वचून येवया आं.' गेलीं. वाटेर वतना चिनूले घर मेळटा. लिलून 'चिनूकूय आपय मातसो.' म्हळें. खिणाभरयान हावें भितर वचून ताका आफयलो. चिनून दाराकडेन येवन लिलूक विचारलें ''हावें येवप बरें जावंचें ना न्हीं?'' लिलून ''आयल्यार बरो. तुगेल्या अण्णाक कळटलें,'' अशी जाप दिली.

तिगांय जन्नप्पागेर गेलीं. दारांत रावून लिलून 'मनू' म्हणून उलो केलो. भैरू पडवेंत बशिल्लो. उमेदीन शेपडी हालयत दारांत आयलो; चिनूक पळोवन मोठ्यामोठ्यान भोंकूंक लागलो. लिलून अपूरबायेन उलोवन, फाटीर थापटून बी ताका थंड केलो. मनून येवन आमका भितर आफयलीं. हांव आनी लिलू भितर गेलीं. भैरू चिनूक भितर सोडचो ना अशे तरेन मदीं उबो रावलो. बरो वेळ समजायले-केले उपरांत शांत जालो आनी भितर

आयलो आनी लिलू कुशीक बसलो. मागीर चिनू भितर येवन आमचे बरोबर बसलो.

मनू भितर वचून कॉफी सांगून आयलें. ती येता मेरेन आमी कसल्यो तरी हेवटेंतल्यो तेवटेंतल्यो गजाली केल्यो.

कॉफी पिवन जाले उपरांत चिनू उठलो. ताणे लिलूक म्हणलें ''हांव आतां गेल्यार बरोन्ही?'' 'हय गेल्यार जाता,' अशा अर्थान लिलून तकली हालयली.'

चिनू उठलो तेन्ना भैरू गुरगुरलो. पूण तो वचपाक लागलो तो पळोवन शांत रावलो.

V

खिण भर हेवटेंतल्यो तेवटेंतल्यो गजाली करून लिलून मनूक म्हळें, 'पळय गो मनू तुगेले रानतलेन तुका उलो केला सो दिसल्तो.' रांदपिणीन उलो करूं नाशिल्लो. मनू मातशें भितर वचचें म्हण लिलून केल्लो तो उपाय.

मनू भितर गेले उपरांत लिलून म्हळें ''हांगा यो मातसो भैरूचे दोळे कितले बरे दिसतात ते मातशे पळय.''

हें आनी अशें कितें सांगता काय दिसलें म्हाका. पूण कसल्या उद्देशान ही गजाल तें म्हाका सांगता तें हांव समजलो. वचून ताचे सामकार बसलों आनी भैरूचे दोळे पळयले.

भैरू आपणाली मान लिलूचे जांगेर दवरून एकसारको म्हजेवटेन पळयतालो.

दोळे पळयले बरोबर म्हाका ते खंयतरी पळयल्ल्या सारके दिसले. एकदम वळखिचे दोळे, खंयचे ते मात कळना जाले.

लिलून म्हळें, ''खऱ्यानीच,'' हावेंयबी ''खऱ्यानीच. तर'' म्हळें.

इतल्यान मनू परतून आयलें. लिलून ताका म्हळें, ''तुजो अण्णा म्हणटा भैरुचे दोळे आपणाक कोणाल्या तरी वळखीच्या दोळ्यांसारकेच दिसतात म्हणून.

मनून कितें तरी म्हणिल्लें भशेन केले. उतरां कांय कळ्ळीं ना. आमी वेगळीं चार उतरां उलोवन घरा वचपाक भायर सरलीं.

VI

दनपारची च्या घेवपाच्या वेळार लिलून एक फोटो आल्बम हाडलो. म्हजे कुशीक बसलें आनी तो असो तिरपो करून म्हाका म्हणलें ''तुवें भैरुचे दोळे कोणाल्या तरी दोळ्यांसारके दिसतात म्हणिल्ले न्हीं, कोणाल्या दोळ्यांसारके ते पळोवन सांग'', हावें म्हणले, ''एखाद्या मनशाचे दोळे सुण्याच्या दोळ्यांसारके दिसतात तें पळोवपाचें! हें आनी कसलें काम?''

''आसूं, पळय तूं,'' अशें म्हणून लिलून एक फोटो दाखयलो. तो आशिल्लो चिनूचो

फोटो. ‘‘हाचे सारके आसात?’’ तिणे म्हळें. हावें ते बरेभशेन पळयले. ‘‘ना’’. म्हणले हावें.

ताणे दुसरो एक फोटो दाखयलो, ‘‘हाचे सारके आसात जाल्यार पळय,’’ म्हळे. तो आशिल्लो म्हजो फोटो. ‘‘ना अशें हांव समजलां. तूं हय म्हणचेंना न्हीं?’’ हावे विचारले. लिलून हांसून म्हणले, ‘म्हाकाय तशेंच दिसता’’, अशें म्हणून दुसरो एक फोटो दाखोवन ‘‘हाचे सारके आसात?’’ काय म्हण विचारलें. हातांत घेवन पळयलो हावें सायबा. तीच नदर दिसले बरोबर ‘‘हय नहीं?’’ असो उद्‌गार म्हज्या तोंडांतल्यान नकळटां भायर सरलो. तो आशिल्लो चामूचो फोटो.

लिलू हांसलें. ताणे म्हणलें ‘‘पळयलें न्हीं, ह्याच खातीर हांव सद्याक ही लग्नाची खबर नाका म्हणटां ती. जन्नप्पान सुण्याचें पील हाडिल्लें त्याच दिसा हे दोळे तशेच आसात म्हणपाची ताच्या मनाक वळख पटली. अशें आशिल्ल्यानूच आमी ही खबर काडली तेन्नाच्यान तें ह्या लग्नाखातीर मातशीं रावात अशें म्हणत रावलें. आपूण समजलां तातूंत चूक कितें आसा. ताणे एक दीस म्हाका विचारलें, ‘‘हाचे दोळे तुजे वळखीच्या कोणाल्या दोळ्यांभशेनूच आसात?’’ अशें म्हणून हावें पळयले, ‘‘हय’’ म्हणलें.

‘‘कोणाल्या दोळ्यां सारके?’’ ताणे विचारलें. ‘‘म्हज्यान सांगूं नजो’’ हावें सांगले. ‘‘हांवूच सांगता’’ म्हणलें ताणे, आनी सांगलेंय बी. तीन दिसां आदी, भैरूक वेंगात घेतलो. आनी चिनूकूय दाखयले. पळयता थंय आसा ताणेयबी ‘हय’ म्हणले, ‘‘कोणालेशे?’’ अशें विचारल्यार ‘‘सांगूक जावचें ना’’ म्हणू लागलो. ताका हावेंच मागीर केन्नातरी सांगलें; ताकाय तशेंच दिसले.’’

हांव ओगीच आशिल्लो. लिलूनूच विचारलें, ‘हो फोटो घेतला ते घडणुकेची याद आसा?’’

हावें, ‘‘हो हावें काडिल्लो’ म्हणलें, लिलून ‘‘हय. त्या दिसा आमी सगळीं लालबागेंत पिकनिकेक गेल्लीं तेन्ना मदींच उलोवण्याभितर इल्लें तोंडाक तोंड जाल्ल्यान चामू बरोच बेजार जाल्लो. मागीर ताका शांत करपाखातीर तुवें फोटो काडपाचो विशय काडलो.’’ अशी ताणे याद केली.

खरें, म्हाका याद जाली. ‘‘हय, तेन्ना ताचो समज काडप कठीण जालें. चिनू मातसो वांकडो उलयलो आनी ताका पिकार केलोन्हीं?’’

‘‘उलयल्लो तें चूक न्हीं. चामूक तें मातशें चूकशें दिसलें. तें कित्याक, खंयचोय दादलो आपणाले बायले संबंदान दुबावानूच चलता, अशे तरेचो विशय आयलो. चिनून म्हणलें, ‘घरकार जाल्लो दादलो सुणो, घरकान्नीक बायल सुणें म्हण समजता, घोवा-

बायलेची जीण ही सुण्याची जीण' सरू आनी मनू हांसली. चामूक खूब राग आयलो. चिनू, आपणाक आनी मनूक मोख धरून अशें उलयता असो ताणे समज करून घेतलो.''

''जालें न्ही आतां. तेन्नाच्यान, ह्या दोळ्यांची नदर त्या दोळ्यांचे नदरे सारकी आसा म्हणून तुमी तिगांय हे लग्न नाका म्हणटात.'' अशें हावें विचारले. ''सद्याक हें चामूक पसन्त ना अशें मनूक दिसता.''

हांव : सरू माजरा रुपान चिनूगेर येवन ताका ताणे एकोडोच राव म्हण 'मियांव' म्हणूना न्ही?'

लिलू : सरू माजरा रुपान आयलें जाल्यार, चिनूक परतून लग्न कर म्हणटले.

हांव : ना, ना! तुमी बायलो खूप परोपकारी!

लिलू : घोव अपणाल्या विचारांतूच उरलो जाल्यार बायलेन घोवाचो विचार करूक जाय न्ही?

हांव : तशें जाल्यार तुमी बायलां चामूच भैरूच्या रुपान आयला अशें म्हणटात?

''बरें जालें तर. तशें जाल्यार आज सकाळी तुजे जांगेर मान उडोवन शांत बरो न्हिदिल्लो तो चामूच म्हण.''

''दादल्यानी असलीच भास उलोवपाची.''

''दादले अशें उलयल्यार चूक. बायलांनी अशें केल्यार जाता.''

''ना जाल्यार कितें करपाचें? एक सुणो आपणाक राखण दी म्हण म्हऱ्यांत आयलो जाल्यार ताका पोशेवन लागीं ओडल्या बगर किं करपाचे?''

''हें कितें आडायलां तुमी लिलू? तुमी सगळी सुण्या रुपान चामूनूच जल्म घेतला म्हण समजतात तीं?''

''हीं कोणा दुसऱ्याची उतरान्हीं. पुनर्जल्म, विश्वास बी असलेंय कांय न्हीं. मनूच्या मनात ह्या लग्ना संबंदान कितें भावना जाल्या तितल्या विशींच खबर. सद्याक ताका तें नाकाशें दिसता.''

''कित्याक काय म्हणटां?''

''घोवाच्या मोगाच्यो यादी येतात आनी सद्याक दुसरो विचारूच नाका सो जाला ताका.''

''इतले दीस जीव घुस्मटावपी आनी मेले उपरांत सतावपी हे यादीकूच मोग म्हणटा तूं?''

''मोग न्हीं जाल्यार प्राण कित्याक घुस्मट्टा? जीव कित्याक तळमळटा? समाधान

दिता तो मोग आनी हें अशें घडोवन हाडटा तोय बी मोगूच. तो पोटांत पाविल्लें अन्न जाल्यार हो ताळ्यांत आडखाळिल्लो घांस.

"ओऽऽ!"

हावें चिंतले. लिलू म्हणटातें खरें शें दिसलें. तरी पूण मनू आनी चिनू एकोडीं रावूंक फावना अशें दिसलें.

हावें म्हणले : "भैरूकूच हांगा हाड पळोवया."

लिलून म्हणलें : "हावें पयलींच हो विचार केल्लो. मनूच नाका म्हणटा. कित्याक काय म्हण विचारलें तेन्ना तुमी घोव-बायल सुखान रावात म्हणलें ताणे." हावें विचारलें "अशें म्हणल्यार? भैरूक हांगा हाडलो जाल्यार तूं त्रामू रांगडा चड दाटी करशीत म्हण हांव बेजारतलों अशें समजलां ते?"

"ना ना. तू तशें कितेंय चिंतचो ना हें मनू बरेभशेन जाणा. पूण आपणाल्या मनाक समाधान मेळचें ना असो ताका दुबाव."

हावें म्हणले "त्याचे खातीर हावें वयलो कोर्ट म्हूण अपील केलें जाल्यार, तांचो निर्णयूच तुवें कायम केलो." लिलून जाप दिली "सद्याक तरी म्हणचें पडटा" आनी तें आपणाल्या कसल्या तरी कामाक गेलें.

दुसरो कांयच उपाय नासून हांव ओगी रावलों.

☆☆☆

6.

आंग्ल नौका कॅप्टन

महायुद्ध चालू आशिल्लें त्या काळाच्या मध्यार सुमार एक दीस म्हाका पुण्या वचपाखातीर एका पयसुल्ल्या रेल्वे स्टेशनाचेर वचुन रेल्वे धरची पडली. तेन्ना हांव संवरक्षण खात्याच्या ऑडीट विभागांत काम करतालो. एका कॅम्पाच्या खर्चाचो हिशोब पळोवपाचें काम सोपोवन म्हजे कचेरेंत परतो वचपाक भायर सरिल्लों. हांव स्टेशनाचेर पावपाच्या वेळारुच रेल्वे सुटपाचो वेळ जाल्लो. खंयच्या मेळटा त्या डब्यांत बसुंनाशिल्लों जाल्यार म्हाका ट्रेन चुकपाची. हांवं संद पळोवन एका कम्पार्टमेंटांत घुसलों. त्या कम्पार्टमेंटांत दुसरो एकटो प्रवासी आशिल्लो तो एक गोरो मनीस. ताचो भेस आनी चेपें पळोवन तो एक नौदल अधिकारी म्हणपाचें म्हाका कळ्ळें. ताच्या बिल्ल्याबयल्यान तो एक नौका कॅप्टन म्हणपाचेंय म्हाका कळ्ळें.

कॅप्टन सकाळचो उपहार घेतालो. ताचे दोनूय वटांनी सिटाचेर बिस्कीट, ब्रेड, जॅम, बटर अशे उपहाराचे पदार्थ पातळिल्ले आशिल्ले. ताचे सासकार आशिल्ल्या धाकट्या मेजाचेर चिनी मातयेच्यो दोनतीन प्लेटी थंयच एक व्हिस्केची बाटली, एक सोडाची बाटली अशो वस्तू आशिल्ल्यो. बाटल्यो उगडून तातूंतल्यान व्हिस्की सोडाय बी वापरल्यांत म्हणपाचें कळटालें.

हांव सट्ट करून कंपार्टमेंटांत भितर घुसलों तो पळोवन कॅप्टनान म्हजेवटेन पळयलें, तो मातसो गोंदळ्ळेलेवरी दिसलो. खिणाभरयान ताणे आपणामुखार आशिल्लें सामान आपणावटेन ओडून घेवन म्हाका जागो करून दिल्ना म्हळें 'माफ करात आं, हावें खूब सुवात आडावन तुमका आडखळ केली.'

हावें जाप दिली 'ना, ना कॅप्टन, तशें कांय ना. इतली सुवात म्हाका पुरो. अशें म्हणून हांव फुडें सल्लों, आनी दाराकुशीक कोनशाक सो सिटार बसलों. खिणाभितर रेल्वे सुटली आनी रोखडीच सदांच्या वेगान धांवूंक लागली. हांव खिडकेंतल्यान भायर पळयत

आपणाभितर विचार करीत बसलों.

कॅप्टन बशिल्लो तेवटेन पळयनासतनायबी तो म्हजेवटेन एक दोन फावटी कुतुहलान पळयतालो हाची म्हाका जाणविकाय जाल्ली. युद्धा पयलींच्या काळांत आंग्ल लोक-म्हळ्यार हो एक आंग्ल मनीस असो म्हजो समज. हे लोका एखाद्रो भारतीय मनीस आपणावांगडा एकाच डब्यांत बसल्यार आपणालो अपमान जालो अशें समजताले. हाचे नदरेंत तसली असहनेची कुरु दिसली ना. खरो निर्लेप वावुरता कसो दिसलो.

हांव चिंतूंक पडलों. ''आमच्या आंग्ल राज्यकर्त्यांचे चलणुकेंत म्हायुद्धान इतलो बदलावूय घडयला म्हणपाचो तर?'' अशें आसुनूय हांव जावन ताका उलोवपाक लावन, ताचो परिचय करून घेवचो अशें म्हाका दिसलें ना.

थोड्या वेळान कॅप्टनान व्हिस्केचे बाटलेची गुड्डी काडून आपणाल्या कोपांत थोडी व्हिस्की रकोवन तातूंत थोडो सोडा घालो. आपणालें पेय तयार करतना मर्दींच म्हणूंक लागलो. ''हांव मातसो पितां आं म्हाशय, तुमकां कसलो त्रास नामूं? उपहाराच्या वेळारुयबी हांव हें सगळें जेवण कशेंच मांडून बसलां न्हीं?''

हावें म्हळें ''कांय परवाना, कॅप्टन सायब. तुमी हें अशें कितेंय केलें म्हणून म्हाका कसलीच आडखळ ना.''

''मोठी सज्जनताय ही तुम गेली! युद्धांत घुस्पल्ल्या आमचे सारक्या लोकांक थोडी खोस मनोवपाची संद मेळूक जाय हें तुमकां कळटा अशें म्हाका दिसता.''

''हय, तें खरें तुमचें.''

''मोठें मन तुमचें, स्वामी. तुमी म्हाका नीट कॅप्टन म्हणून पाचारलो, हाचेवयल्यान तुमी म्हज्या अधिकारपदाचो बिल्लो वळखतात अशें जालें.''

''हय, जाणा हांव त्या बिल्ल्यांविशीं. रक्षा विभागांत हिशोब तपासणी अधिकारी पदार काम करतां हांव. स्टोअर्सांत असले बिल्ले आसतात तांची पुराय म्हायती आसा म्हाका.''

म्हाकायबी तुमचो देश आनी तुमच्या लोकां संबंदान जायत्यो गजाली खबर आसात. म्हाका सदांच भारतीय लोकांविशी ओड. तुमी खूब शक्तिशाली लोक. तुमचे योग्यतायेविशीं म्हाका खूब व्हडविकाय दिसता.''

''बरें दिसलें आयकून कॅप्टन सायब.''

''तुमका सागंतां स्वामी, एक गजाल हावें स्वता जावन अणभवल्या ती म्हळ्यार तुमचो लोक संवसारांतल्या खंयच्याच लोका परस बुद्धीन इल्लोय उणो ना.''

इतलो वेळ मेरेन कॅप्टनान आपणालो उपहार घेवन सोपयल्लो. कुशीक आशिल्ल्यो सगळ्यो वस्तू काडून एका बेताचे करंडेंत दवरून, कोपांत आनी थोडी व्हिस्की आनी

सोडा घालून बाटल्यो काडून कुशीक दवल्ल्यो मागीर तो आपणाले सुवातेर एका कोनशाक वणखून बसलो.

''आमचो लोक अशें जें तुमी म्हणटात तें कोणा संबंदान?'' हावें विचाल्लें.

''पटवर्धन कुटुंबांतले आनी तांचे वांगडचे हेर लोक स्वामी.''

''ओ, तुमी पटवर्धनांक वळखून जाणांत? हांव्रूयबी एक पटवर्धन म्हणून समजल्यात न्हीं?''

''पटवर्धन न्हीं जाल्यार तांचो व्हडलो भाव वा धाकटो भाव आसुंये. तुमची पगडीच पुरो तुमची वळख दाखोव्पाक.''

''हय, तुमी समजल्यात तें बरें आसा पूण हांव पटवर्धन घराण्यांतलो न्हीं. एक मात खरें, तुमी म्हणटात तसो तांच्या वांगडच्या समुहांतलो. ह्या तोंडावळ्याची वळख सांगपी ही पगडी आतां म्हाराश्ट्रांतलें कांय लोक आनी गिरेस्त लोक वापरतात.''

''आसूं, पूण तुमी फकत गिरेस्त म्हाराश्ट्रीय न्हीं, ब्राम्हणूय बी.''

''खरें, पूण तें तुमकां कशें कळ्ळें?''

''कशेंय आसूं, हांव जाणा तें. म्हाका वळखुपाक कळटा.''

कॅप्टन सायबान इतल्यान आपणाली व्हिस्की पियेवन सोपयल्ली. मागीर म्हाका उद्देशून ताणे म्हळें ''माफ करात स्वामी, हांवें सिग्रेट ओडल्यार तुमकां त्रासजावचे ना मूं?''

हावें जाप दिली ''ना, ना, कांयच परवाना कॅप्टन सायब. अवश्य ओडात तुमी.''

''उपकार जाले तुमचे. तुमी स्वता सिग्रेट ओडिनासतनाय दुसऱ्यांक ओडपाक संमती दाखोवप हें एक सौजन्य तुमचे. ''तें तशें व्हडलें सौजन्य अशें हांव म्हणूंक शकना. आमच्या राज्यकर्त्यांनी कितेंय केलें जाल्यारूय आमी तांचेआड उलोवपाचे नात. आमकां तसल्याची आतां खंवय जाल्ली आसा. इतलेंच कित्याक आमचे मदल्या जायत्या जाणानी हें सगळें आपणायल्लें आसा.''

''तें खरें स्वामी, तुमच्या लोकांनी अशें करप हो अन्याय. कितेंय व्हडलें सांगलें तरी गांधी मार्ग होच खरो उजू मार्ग.

''अशें म्हणटात तुमी? हाचो अर्थ हांव एक गांधीवादी न्हीं अशे तुमकां दिसता जांवंये.''

''हय, खरें तुमचें, तुमी सरकारा वांगडा सहकार्य करतात. पूण हावें गांधी मार्ग म्हळातो भारतियांची जिणेची जी अत्युत्तम अशी तरा आसा तिका. हिचे परस बरी तरा संवसारांत आनी खंयच पसवल्ली ना अशें म्हाका दिसता.''

''तुमच्या ह्या मताचो म्हाका खूब अभिमान दिसूंक फावो. पूण तुमी भारताचो

पांखो घेवन उलोवपी एक आंग्ल व्यक्ती. आंग्ल मनीस अशेंय बी म्हणूंक येवचें ना. स्कॉटीश वा आयरीश आसूंक शकतात.''

''ना स्वामी, हांवं एक आंग्ल मनीसूच.''

''हय तुमचे उलोवपाचे रितीवयल्यान तुमी आंग्ल म्हणपाचें हावें पारखिलां. भारतवर्षाचे बरे गूण वळखुपाची तुमकां नदर आसा म्हणपाचें तुमचे मदल्या खूबशा लोकांनी दाखोवन दिलां.''

''हय स्वामी, हांव तातूंतलोच एकटो. हांव भारतियांक जितलो जितलो पळयत आयलां तितलो तितलो म्हजो तांचे विशींचो आदर वाडत रावला.''

''नौदलांतलो एक कॅप्टन म्हूण अधिकाराचेर आशिल्ल्याक आमच्या लोकांचे जिणेंतल्या भितल्ल्या आंगाचो परिचय घडपाचीसंद उणीच आसता.''

''तुमकां अशें दिसता स्वामी? पळयात सांगतां, म्हजे बोटीचेर म्हज्या हाता सकयल तुमच्या देशाचे धा जाण आशिल्ले. तांचे परस बऱ्या अशा धा जाण भुरग्यांक हे भुंयेन केन्नाय जल्म दिला आसत सो म्हाका दिसना. तांचे चलणुकेच्या आदारान म्हाका तुमच्या लोकांची जी वळख मेळ्ळ्या त्या आदाराचेर हांव हें उलयतां. ह्या धा भुरग्यां परस उजवे धा जाण भुरगे खंयच्याच देसाच्या वांट्याक आयल्या आसतशे म्हाका दिसना.''

''तुमच्या वांट्याक भोव बरो अणभव आयला म्हणपाचो कॅप्टन. खंयची बोट ही तुमची?''

''आतां नाती बोट. हांव नशिबानूच जितेपणी तडीक येवन पडलों. तशेच म्हजे ते भुरगेय बी तडीक लागचे अशे म्हजे आंवडे. म्हजे नौकेचें नाव आशिल्लें '——' एका सप्तका आदींच आमचो दुस्मान जपानान, तिचेर बॉंब घालून तिचो लासून विद्वंस केलो. खबरांपत्रांत तुमी ही खबर वाचल्या आसतली न्हीं?

''ओ! ते नौकेचे कॅप्टन तुमी? तरणाट्या अधिकाऱ्यांक ट्रेनींग दिताली ती नौका न्हीं ती? घुरी घालपी लासून मेलो म्हणपाचें वाचून असह्य दुख्ख जालें आमकां. नौकेवयले सगळे जाण मेले जांवये अशी खबरां पत्राचेर खबर आइल्ली न्हीं?''

''मेल्ले ही खरी खबर स्वामी. मेल्ल्यांमदलो एकटो हांव मरणांतल्यान सुटून परतो आयलां. म्हजे सारके तेय बी परते येवचे अशी आस्त बाळगून आसां.''

''इतलें जावनय तुमी जिवे उल्ल्यात न्ही कॅप्टन, ती मोठी समाधानाची गजाल.''

''भुरग्यांची खबर मेळत मेरेन म्हाका सूख ना स्वामी. हांव जय तडीक लागलों त्या धक्यावयले आमचे कचेरेंत हांव सांगून आयलां, म्हजे नौके बयलो कोणूय मनीस खंयूय जांव, तडीक लागलो अशी खबर मेळ्ळे बरोबर म्हका रोखडेंच कळयात अशें

म्हणून. खबर मेळपाक उशीर जाल्यार जांव अशें चिंतून हांवें बंदराच्या गांवांतूच रावपाचें थारायलें. पूण म्हाका घर सोडून दोन वर्सां परस चड जाल्लीं. घरकान्नीक पळोवपाची म्हाका उमळशीक लागली. तिका मेळपाखातीर भायर सरून आयलां.''

''कॅप्टन, तुमची घरकान्न पुण्यांत आसता?''

''हय स्वामी आमचीं अनेक कुटुंबां आतां थंयच्या खंयच्या ना खंयच्या तरी केंटोनमेंटांत बिराड करून आसात. म्हजी घरकान्न गेल्लीं चार वर्सां पुणेंच्या केंटोनमेंटांत रावता.''

''काकुळट बाबडेची. पूण ती दोन वर्सां उपरांत जाली तरी तुमकां मेळूंक पावतली ही खोश्येची गजाल म्हणपाची.''

''तें खरें स्वामी, अशे तरेन एकामेकाक मेळप ही एक भोव खोश्येचीच गजाल आमचे खातीर.''

''दुबावूचना.''

''म्हजी घरकान्न सामकी मवाळ आनी खूब बऱ्या सभावाची. एक फावटी न्हीं, धा फावटी न्हीं, हावें म्हजे नौकेवयले कुडींत हांतरुणाचेर पडून फकत तिची याद काडीत वेळ घालयला.

''सभावीक अशीच गजाल ती.''

''हय स्वामी, तुमकां जिणेचो बरो अणभव आसा. असले आवतिकायेची तुमी बरेभशेन कल्पना करूक शकतात.''

''तेच तरेन कॅप्टन एकटी एकसुरी रावतली घरकान्नयबी आपणाल्या घरकाराची याद काडीत रावता. घरकार ब्रर फावटी याद काडीत पूण घरकान्न याद काडटा ती नित्यनेमान.''

''आसूंक शकता तुमी म्हणटात तशें, पूण असले स्थितींत बायलमनशेक दादल्याक जातात तितले त्रास जायनात न्हीं?''

''म्हळ्यार कितें?''

''दादलो आनी बायलमनशेच्या कुडींमदीं आसपी फरक, वासना बंधनांत दवरपाचे शक्तेंत फरक घडोवन हाडटा. दादल्याक हातूंत खूब त्रास जाता.''

''तातूंत दुबावना. आमच्या पुराणांत देखी आसात. तीव्र वासने मुखार पराभूत जावन तिचे भकीक पडिल्ल्या मुनीलोकांची चरित्रां अशींच आसात. पूण बायल मनशेकयबी ही स्थिती कश्टांचीच आसता फकत तिचे मनःस्थितीची दादल्याक जाणविकाय जायना.''

''हीच ती स्वामी, तुमची बुदवंत काय हांव म्हणटां ती. तुमी ही गजाल अशी

म्हूण सांगतकच म्हाकायबी ती खरी कशी दिसता. अशें आसुनयबी म्हजे वासनेन म्हाका जितलो भूंयभरवण केलो तितली एके बायलमनशेक केली आसत अशें म्हाका दिसना. हावें जें आजवेर धापून दवरिल्लें तें हांव तुमचे मुखार उगतें करतां. जायते फावटी म्हाका वासनेतल्यान सुटका मेळना जाल्ल्यान रावूं नजो जावन हावें तातूंतल्यान सुटका करून घेतली.''

''कशी म्हणून हांव विचारचों ना.''

''विचारपाचें कारण ना. कळिल्लेंच आसा तें.''

''खरी खबर, ही जाली तुमची रीत. दुसरे तरेचे लोक वेगळी तरा आपणायतात.''

''खरें तुमचें स्वामी, पूण हांव समजतां तें अशें : ही तरा रिती भायली आनी ती तरा म्हळ्यार अपराधी चलणूक. एका चाकराकडेन दाट इश्टागत वाडोवप सोपें दिसूंये पूण तातूंतल्यान उपरासपी अनर्थ व्हडलो आसता. कामगारांमुखार आपणाली पत इबाडटा. अधिकाऱ्याक आपणालो अधिकार चलोवप कठीण जाता.''

''तें चूक हें जाल्लेंच आसा, आसूं तें. पूण वयले अधिकारी आपापणां मदीं कुकर्मां करतात अशेंय आयकलां.''

''आसात अशें करपी. पूण म्हजे नौकेचेर तें शक्य नाशिल्लें, म्हजेकडेन शिकपाक आइल्ले ते धा तरणाटे म्हळ्यार धा रत्नां आशिल्लीं. ते मेकळे आसताले त्या दिसा कितें बरें वायट करताले आसत जाल्यार ती तांच्या निशिबांतली गजाल. म्हजे म्हऱ्यांत शिकता आसतना तांकां चुकिच्या मार्गार धुकळप हें एका शिकोवप्याचें काम न्हीं अशें हांव मानतां. अशें करपी मनीस गुरू नांवाचे पदवेक नवो अर्थ दसयता अशें जांवंयेतालें.''

अशें म्हणून कॅप्टन महाशय उपहासानसो मातसो हांसलो. हावें म्हळें ''तुमी घालून घेतिल्ली मर्यादा तुमच्या उच्च सभावाचें दर्शन घडयता कॅप्टन.''

''तुमच्या ह्या तोखणायेच्या उलोवण्याखातीर तुमकां धन्यवाद दितां स्वामी. पूण तुमी त्या म्हज्या तरणाट्यांक पळयल्ले जाल्यार ही मर्यादा कितली सोपेपणी पाडिल्ली हाचो तुमकां अदमास मेळटलो आशिल्लो.''

''आमचे दुस्मान आशिल्ल्या जपान्यांनी असली नौका लासलीच कशी पयली? अधिकाऱ्यांचे ट्रेनिंगेखातीर राखून दवरिल्ली नौका लासप म्हळ्यार मानून घेतिल्ल्या संकेतांचो भंग जालो ना?''

''म्हजी ही नौका एक अभ्यास नौका आशिल्ली. पूण असल्यो आनीक तीन नौका आसात. भारतवर्षाचें नौकादळ तशें व्हडलें ना. त्याखातीर आमचे अभ्यास, नौकेच्या वाट्याकय एक काम आयलें. दर्या किनाऱ्याच्या एका भागाची राखण करपाची थोडी जापसालदारकी आमच्या वांट्याक आयली. हेंय बी एक अणभव घेवपासारकेंच काम.

अशे तरेन शिकत आनी शिकयत ते तरणाटे शिश्य आनी हांव देसाचे उत्तरेच्यान दक्षिणेक आनी दक्षिणेच्यान उत्तरेक आमची नौका आमी कसलेंच लुकसाण जावंक दिनासतना मोठ्या अभिमानान चलयताले. आमी मोठें जिवावयलें काम करतात अशें आमी समजताले. एक दीस सकाळीं दोळे उगडपा वेळार एक जपानी राक्षस-नौका पयस दर्याचेर दिश्टी पडली. आमची किनाऱ्याची राखण म्हणटात ती असली एखाद्री नौका सामकार नदरेक पडली जाल्यार पळोवपाची. ती लागीं आयली जाल्यार मात आमचो खेळ सोपलो म्हणपाचो. आमचे नौकेची ते नौकेकडची लडाय म्हणटात ती एक सान भुरगो आनी एक दांडगट शक्तिवंत दादलो हांची कुस्ती लायल्लेवरीच ''हाय सायबा आतां कितें करपाचें?'' अशें हांव चिंतीत आशिल्लों. जपानी कॅप्टनान संदेश धाडलो 'वेळ व्हगडाय नासतना शरण येयात ना जाल्यार बाँब शेवटितां.' शरण येवया? ते स्थितींत तेंच योग्य आशिल्लें. वांगडच्या ह्या धा तरणाट्यांक कित्याक बेश्टे बळी दिवपाचे? हांव एकटोच आशिल्लों जाल्यार धिटाय दाखोवपाचो विचार करूं येतालो. ह्या देशान आपणाले कंवळे तरणाटे म्हाज्या हातांत दिल्यात. हांकां ते आवय खातीर सांबाळप ही म्हजी जापसालदारकी आशिल्ली.

''अशें दिसलें तुमकां?''

''हय स्वामी, त्याखातीर हावे निमणी जाप दिवंनाशिल्ली. विचार करपाक थोडो वेळ दियात, जाप दितां म्हळें. म्हज्या तरणाट्यांमदीं बऱ्या वायटाविशीं भासाभास केली.

''भासाभास करून बाँब घालून घेवपूच समाजातलें अशें तुमी थारायलें न्हीं?''

''तुमचो तर्क बरोबर आसा स्वामी. तरणाट्या मदल्या एकट्यानूय फाटीं सर नासतना सगळ्यांनीच म्हळें ''केन्नाच लडाय पळोवं नाशिल्ले आमी, हीच पयली पळयतले. आमी हरले म्हणपाचे आमकां बरें दिसचें ना.'' हावें म्हळें ''हांव तुमचो व्हडलो भाव आमचेर बाँब पडलो जाल्यार आमी सगळेच मरतले हें विसरूं नाकात. ताणी म्हळें ''शरण आयले जाल्यार तांचे बंदी जातले. मरणामेरेन आमच्या कपलार हरिल्ल्याची पट्टी बांदून भोंवचें पडटलें. हाचे परस मरण श्रेश्ट. जपान्यांनी परतून सादूर करून विचारलें तेन्ना हावें ''शरण येवप आमकां पसंत ना, तुमकां जाय तें करात' अशी जाप दिली.''

''अशें म्हणपाची फुरसत, दुस्मानान बाँब शेवटिलो?''

''लडायेच्या संकेताचो मान राखपाखातीर परतून एक फावट 'होच तुमचो निमणो निर्णय?' असो प्रस्न केलो. हावें 'हय' म्हळें तेन्ना बाँब शेवटिलो. हाचे आदीं आमी आमचे मुखेल कचेरेक संदेश धाडून परिस्थितीची खबर दिल्ली. आमकां ताणीं आशावादाचेरूच सोडून दिल्ले जातले. आमचेकडेन आशिल्ले सुविधेचो उपेग करून चडांत चड लोक जीव वाटावंक शकत हाची जतनाय घेवन आमी बाँब येवपाची वाट पळयत

रावले. बॉंब आयलो जाल्यार तो तसो दुस्मानाचो खूब बळीश्ट असो बॉंब आसचो नाशिल्लो. पूण आमकां सोपोवपा खातीर तितल्या बळीश्ट बॉंबाची गरज कितें आशिल्ली? हो उणे शक्तेचो बॉंब लेगीत आमचो खेळ सोपोवपाक चड बळीश्ट म्हणपाचो. नौका कुडके कुडके जावन अर्द बुडून अर्द उफेवन नौका म्हणपाची उल्लीना. बॉंबान सगळो विनाश केले उपरांत हांव हेवटे-तेवटेन पळोवंक शकलों. तेन्ना म्हजे कुशीक एक लाकडाचो लोळगो उफेतालो तो दिसलो. हावें तो धल्लो आनी हेरांची कितें गत जाल्या काय म्हण भोंवतणी पळयलें.''

''असल्या वेळार वापरपाक तुमकां रक्षा कवच आसता न्हीं?''

''सदांच आसता अशें ना स्वामी. नौकेवयल्या दर एकल्याक एकेक बरें कवच आसप म्हळ्यार एक अपरूपशें. सगळ्या नौकांची स्थिती अशीच. म्हजे नौकेवयल्यो सुविधा जाल्यार आनीक इल्ल्यो उण्या दर्ज्याच्यो आशिल्ल्यो.

''हांव जाणां ते प्रमाण खंयचेय नौकेक असल्या कामाचेर धाडटात तेन्ना सगळी सामुग्री पुरायपणान आसा काय कितें हाची जाणकार अधिकारी खात्री करून घेता.''

' तें कितेंय आसूं. पूण कॅप्टन जावं दुसरो कोणूय नौकेवयलो आधिकारी मुखेल कचेरेकडेन बरेपण जोडून आशिल्लो ना जाल्यार सरकाराचे नदरेंत जाका व्हड मान्यताय आसा असलो अधिकारी आसलो जाल्यार सगळी गरजेची सामुग्री नासतनायबी काम जावन वता. कागदाचेर सगळी सामुग्री आसता, सगळीच उपेगाची आसतली अशें ना.''

''तुमचे मुखेल कचेरेक तुमचे विशीं फावो तितलें आपलेपण ना अशें तुमकां म्हणपाचें आसा कॅप्टन?''

''त्या विशयाचेर आमचे मर्दीं उलोवप म्हाका योग्य दिसना स्वामी.''

''तरी पूण तुमकां ताणीं कॅप्टन पदार चडयलेच न्ही?''

''चडयल्यात स्वामी. हांव सेवेच्या बळग्याचेर वयर चडलां.''

''म्हाका जाय आशिल्लो असो एकटो अधिकारी उच्च पदार आसतना हांव कॅप्टन जालों. ते पयलीं हांव कॅप्टन जालों ना ताचें कारण म्हळ्यार म्हाका तुमच्या लोकांविशी आशिल्लें आपलेपण. ह्या धा तरणाट्यांक ट्रेनींग दिवपांत हावें वांटो उखलला ते खातीर. कॅप्टन जालों आनी थोड्या दिसांनी वयलो अधिकारी दुसरो आयलो. म्हजो आदार गेलो.''

''तुमचे कचेरेक तुमच्या कश्टांची कांयच पर्वा ना जाली?''

''हांव तशें म्हणूंक शकना स्वामी. पूण जपानी कितले क्रूर म्हणपाची जाणविकाय आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांनी म्हजे धाकटे नौकेक राखणे कामाक लायली ही सानुभुतीचे नदरेन केल्ली करणी न्हीं.''

“अशें जाल्ल्यान तुमी हांगा तुमच्या तरणाट्यांक भोंवतणेत घेवन झरत मरत उदकाचेर उफेत रावले तर?”

“हय स्वामी, म्हाका तकली मातशी वयर धरपाक मेळटाली. हेरांक खूब त्रास जाले आसतले. लाकडाच्या लोळग्याक एक हात धरून दुसरो हात उदकाचेर सारीत आनी वांगडच्या मनशांक कांटा कटेन नेटान फुडे सरपाचो येत्न करात अशी तांकां कुरवेन सुचोवणी करीत रावलों. हावें ते दिकेन वचपाक सुरवात केली. वताची हुनसाण वाडली. ताका लागून पुरो जावन धुंवळ येवंक लागली. सामकें पुरो जावन म्हाका बुडटा काय उरता अशें जालें.”

“निमाणे एकदांचे कांटार पावले.”

“सुमार दोन दिसांनी किनारो लागलो. अणभव आशिल्ल्या तारवट्याक हातूंत नवें अशें कांय ना.”

“X धक्याचे दक्षिणेक दोन मैलांभितर हावें जमनीक स्पर्श केलो. थंय दिशिल्ल्या लोकाकडेन ते सुवातेचें नांव विचाल्लें. ताणीं म्हाका थोडी रोटी दिली, पिवपाक उदक दिलें आनी वाट दाखयली. ते वाटेन हावं X धक्यावयले आमचे कचेरेंत आयलों.”

“कचेरेंतल्या मनशांक तुमी जिते जिवे परतल्ले पळोवन खोस जाली आसतली न्ही?”

“जाली आसत, पूण कोणेच तशें कांय म्हळें ना आनी कसली प्रतिक्रियाय बी दाखयली ना. रिपोर्ट बरोवन दी म्हळें ताणी. हावें बरोवन दिलो. म्हजे घरकान्नीक मेळपाक पुण्या वतां म्हळें तेन्ना गरजेचीं कागदपत्रां तयार केलीं आनी म्हाका धाडून दिलो.”

“बरें आसा, तितले तरी उपकार केले म्हणपाचे. कशेयभशेन तुमी आतां पुण्या पावून थोडे दीस विसव घेवन सावचीत जावंक शकतले.”

“तशें जावपाक जाय स्वामी, पूण हें अशें घडटलें म्हण सांगूं नजो. गेल्ले फावटी. सतत दोन वर्सां दर्याचेर रावून घरा परतल्लों जाल्यार कितें सांगूं तुमकां? एक सप्तक जावचे आदींच म्हाका परतून दर्यार धाडलो. हें अशें जावपांचें कारण विचाल्लें जाल्यार ताणी युद्धाचो काळ आशिल्ल्यान गरज भागोवपाक अशें करचें पडटा म्हळें. आमची फाटराखण करपी असो आमचो कोणूय आशिल्लो जाल्यार अशें जावंक पावतालें? कोण नाशिल्ल्यान तकली बागोवन सांगलां तें करप शाणेपणाचें.”

“तुमचो लोक असो आपापणाभितर पक्षपातीपणान वागना असो आमचो समज आशिल्लो कॅप्टन.”

“स्वामी तुमी एक बुदवंत मनीस. तुमकां सांगूंक जाय अशें कितें आसा? तुमकां दिसता आमी सगळे एकवटान जगतात. आमकां दिसता तुमी सगळे एकवटान जगतात.

खरे पणी पळयल्यार जशे तुमी तशे आमी. लोकांचे साबार समूह आसात. निश्पक्षपात हो फकत दर समुहाभितर आसता. हेर कडेन हें म्हजें, तें तुजें, तें आनी कोणाचें असो भेदभाव आशिल्लो आसा.''

''हे फावटी तरी तुमकां परतून बेगीन दर्यार धाडणात जाल्यार पुरो. तुमकां थोडें विसव, सूख जाय.''

''तशेंच स्वामी घरकान्नी वांगडा कुडीच्या मिलन सुखाची ओड लागल्या. फायचो दीस म्हजे जिणेतलो अप्रतीम सुखाचो दीस आसतलो.''

''फाल्यां म्हणटात कॅप्टन? तुमी आजूच रातीकडेन पुण्या पावतले तें तुमकां खबर ना?''

''हय, जाणां. पूण हांव आतांच म्हजे घरकान्नीक मेळून त्रास दिवंक सोदिना.''

''तिका तुमी येतात ते विशीं खबर ना?''

''ना स्वामी, हांव येतां म्हणपाची खबर हावें कळयली जाल्यार तिका वाट पळोवपाक लावन उमळशीक वाडोवन दवरिल्लेभशेन जातलें आशिल्लें. तितल्या वरांचो तकलेक बेश्टो ताण. एकट्याच्या येवपाक लागून दुसऱ्यान वाट पळोवपाचो त्रास सोसप कित्याक जाय? त्या खातीर आज रातीकडेन केंटोनमेंटांत रावून फाल्यांसकाळीं हांव आयलां म्हणपाचो तिका रकाद धाडपाचें चिंतलां. मागीर सवाय वरान सुमार घरा वतलों. तिका मेळपाक २ वरांचो सुमार उशीर जातलो पूण तिच्या मनाक जावपी त्रास चड आसचे ना.''

''खरे न्यायाक धरून उलयले तुमी कॅप्टन. तुमचें परतुवप हें एक उच्च बिचारी मनशाचें परतुवप अशें म्हाका दिसता. तुमी पुण्या आसतले त्या काळांत हांव तुमकां परतून मेळूंक शकतलों न्हीं? इतल्यो सगळ्यो सुखा दुख्खाच्यो आमी खबरी केल्यो. म्हणंटकच ही आमची वळख इतल्याचेरूच कित्याक सोपूंक जाय?''

''बरें आसा स्वामी, पटलें तुमचें म्हणणें. हांव मेळटां तुमकां ''बरें दिसलें. तुमी मेळपाक येतले तेन्ना तुमचे पसंतीचें खाण जेवण तुमकां दिवचें अशी म्हजी इत्सा आसा. तेखातीर फावसारकी सुवात म्हळ्यार आमचें क्लबहावस. आयले जाल्यार खूब खोस जातली म्हाका. म्हजे कांय सांगाती आसतले. तांची तुमची भेट जातली. तुमचे सारक्या मोठ्या पदावयल्या मनशाक मेळून तांकांय समाधान मेळटलें.''

''अवश्य येतां हांव स्वामी!''

हावें कॅप्टनाक म्हज्या ऑफिसाचो पत्तो दिलो तसोच राबित्याचोय दिलो. आमचो जंय क्लब आशिल्लो त्या मुखेल मार्गाची कुरू सांगली. आमची रेल्वे मध्यान रातीर पुण्या पावली. थंय एक मेकाक शुभ चिंतून निरोप घेतलो आनी आपापणाल्या आसऱ्या वटेन

वचपाक गेले.

निमाणाच्या निरोपाच्या उतरांनी हावें म्हळें ''तुमी आमकां मेळपाक विसरूंक फावना कॅप्टन.'' ताणे जाप दिली.

''खात्रेन मेळटां.''

''तशें जाल्यार फाल्यां... नाका, परां येयात.''

''बरें आसा, येतां.''

II

तिसरे दिसा तो येतलो तेन्ना ताका बरें पसंतीचें आनी रूचयेचें अशें जेवण दिवपाचो विचार करून तशी वेवस्था केली. वर्सांचीं वर्सां दर्याचेर रावून सुको ब्रेड चाबडावपी ताका बाबड्याक भुंयेर आशिल्ल्या दिसांनी बरें जेवण जेविल्ल्याचें समादान मेळचें अशें चितून क्लबाच्या बटलराक सांगून ताचे खातीर दोन बरे पदार्थ तयार करून घेतले. पुराय सांजवेळ वाट पळयली पूण कॅप्टन आयलो ना. आतां आनी येवचोना अशें दिसलें तेन्ना ते पदार्थ करपाक जो खर्च जाल्लो तितलो त्या बटलराक दिवन ते पदार्थ तूं जाय तशे वापर अशें सांगून हांव घरा परतलों.

त्या दिसाचेर एक दीस गेलो. मागीर आनी एक दीस गेलो. कॅप्टन महाशयाची कांयच सुलूस लागली ना. कितें घडलें अशें चिंतून येवन इल्लो दुबावूय बी आयलो. ताचो दुस्वास करपी. कोणेय तरी ताका परतून खंयतरी दर्यार वा आनी खंयच्याय दुसऱ्या गांवांत ड्युटीचेर बी धाडलो ना मूं? ना जाल्यार ताची घरकान्न खयीं दुसरे कडेन गेल्ली आशिल्ल्यान होय बी थंय गेलो ना मूं? कारण कितेंय आसूं, आपणाक येवपाक मेळचें ना अशी एक चीट बरोवन म्हाका कळोवं येतालें ताणे.

तो आयलो ना इतलें खरें. कित्याक आयलो ना तें कळपाक मार्ग नाशिल्लो. त्याखातीर हावें तो विशय बंदच केलो.

III

पांचव्या दिसा हांवं कचेरेंतल्यान घरा परततालों. घरा पावपाचे अर्द वाटेर आसतना तोंडा सामकार थोड्या अंतराचेर ताचेसारको दिसपी एकटो मनीस चलत येतालो म्हाका दिसलो. कॅप्टनूच काय कितें अशे दिसतनाच तोच म्हणपाची खात्री पटली. मोटार थांबोवन हांव देंवलों आनी ताचे वटेन चलपाक लागलों.

''नमस्कार कॅप्टन.''

कॅप्टनान नदर वयर करून पळयलें. खीणभर तो म्हाका वळखुंना अशें दिसलें.

पूण रोखडोच म्हाका वळखून ताणे म्हळें ''ओ! स्वामी, तुमी? नमस्कार.''

''हय, हांवूच. तुमी येतां म्हळें आनी आयलेच ना मागीर. कसली आडखळ आयली काय म्हण हांव चिंतूंक पडलों. सगळें बरें आसा न्ही?''

हो प्रस्न सामान्यपणान विचारप जाता. पूण आतां हावें तो फकत एक उपचार म्हणून विचारूंक नाशिल्लो. कॅप्टनाच्या मुखामळार निरशेल्ल्याचे भाव दिश्टी पडिल्ल्यान विचारिल्लो.

''ना स्वामी, सगळें एकदम बरें आसा अशें म्हणूक शकना. त्या खातीरूच हांव येनासतना रावलों.''

''तुमची घरकान्न बरी आसा मूं? तितलेंच सांगात. त्या भायर हेर गजाली कसल्योच नाकात.''

''स्वामी म्हजे इश्टागतीखातीर तुमकां कित्याक त्रास दिवचे अशें म्हाका दिसलें आनी हांव पयसूच रावलों. पूण परतून दोन दीस विचार केलो आनी तुमकां मेळचें काय नाका हें, दैवाचेर सोडचें अशें चिंतलें. अशें चिंतून हांव आज हे वाटेन आयलों. दैवान आमची भेट घडयली. म्हजेकडेन इतले आपलेपणान चलपी तुमचे सारक्या बरें मागत्याक सगळी गजाल सांगची अशें दिसलें. म्हाका थोडो वेळ दिवंक शकतात तुमी?''

''मोठे खोशेन, कॅप्टन. क्लबांत वचून बसुया?''

''चलता.''

क्लबांत वचून एका झाडापोंदा दोन खुर्च्यो घालून घेवन आमी बसले. हावें कॅप्टनाखातीर व्हिस्की सोडा आनी खावपाच्या पदार्थाची ऑर्डर दिली आनी म्हजे खातीर फळांचो रस हाडूंक सांगलो. व्हिस्केचो एकेक घोटं घेत कॅप्टनान सांगूक सुरवात केली. ''तुमी बुदवंत मनीस. तुमकां जिणेचो अणभव बरो आसा. त्या दिसा हावें म्हणिल्ली ती खबर तुमकां याद आसतली. आमी रेल्वेंतल्यान येता आसतना म्हज्या मनांत तो विचार आइल्लो. पूण तुमी अणभवी मनीस. तुमकां जिणेची बरी वळख आसा हाचो पुरावो म्हाका दुसरे दिसा मेळ्ळो.''

''अशें?''

''ते रातीकडेन हांव गेस्ट हावसांत रावलों आनी दुसरे दिसा. सकाळी उठून तयार जालो. हांव आयलां म्हणपाचो रकाद हावें घरकान्नीक धाडलो. हावें सांगिल्ल्या पत्त्याचेर ती नाशिल्ली. ती हॉस्पिटलांत आशिल्ली.''

''हॉस्पिटलांत? चड बरीना जाल्ल्यान?''

''हय स्वामी, सांगूक विसल्लों. प्रसुतीच्या हॉस्पिटलांत.''

''आं, अशें?''

'कॅप्टन म्हाशय खोस नासतना मोठ्या सायासान उलयतालो. प्रसुतीच्या हॉस्पिटलांत म्हणनाफुडें कच्च जालें पूण म्हजी भावना दाखयनासतना हांवें म्हजो कळवळो आडावन धल्लो.

''जशी दादल्याची स्थिती जाता तशीच बायलमनशेकूय बी एकटोशीं जीण सारता आसतना त्रासांची वता अशें तुमी म्हाका सांगितल्लें.''

''हय ताचे विशीं दुबाव ना.''

''दर्याचेर नौकेंत घरकार कुडीच्या सुखाक भुकेल्लो आसता तशे भुकेल्ले दादले भुंयेर, एके अस्तुरेचे आशी-कुशीक रावले. जाल्यार तिची स्थिती त्या घरकाराचे स्थिती परस चड घाताचे भकीक पडप शक्य आसा.''

''हय हें खरें, हाची गवाय हांव दिवंक शकतां.''

''म्हाका तेन्ना ते विशीं कल्पना नाशिल्ली. हांव ते फावटी घरा परतल्लों तेन्ना म्हजे बरोबरच्या दोग तीग जाण आधिकाऱ्यांनी मुद्दाम जावन येत्न करून म्हाका एका सप्तका भितर दर्याचेर धाडलो. म्हजी घरकान्न तांचे मदल्यो एकट्याचे वासनेचे भकीक पडली.''

''कॅप्टन सायब काकुळट दिसता म्हाका तुमची. अन्याय जाला तुमचेर.''

''तुमी मोठ्या मनाचे.''

अशें म्हणून कॅप्टन कांयखीण ओगीच बसलो. तेन्ना हावें म्हळें ''ही गजाल सांगपाक तुमकां खूब त्रास जाता. आतां इतलें पुरो. दुसरें कितेंय उलोवया आमी.''

''करुणेचे भावनेतल्यान दिल्लो सल्लो हो तुमचो. पूण आतां तसो संकोच बाळगुपाचे कांय कारण ना म्हाका. सुरू जाल्लें आसा तें सोपोवन उडयतां. मनातल्यान भायर घाल्ल्याचें तरी समाधान मेळटलें.''

''तुमकां जाय तशें करात पूण हें उलोवन मनाक लावन घेवं नाकात.''

''बरें आसा. मनाक लावन घेवपाची खबर सोपली स्वामी. बाबडी घरकान्न आपणाली गत आतां कितें अशें म्हणून आकुळपिकूळ जाली तेन्ना आमचे नौकेचेर बॉंब पडलो अशी खबर तिणे वाचली. तिका मोठो धक्को बसलो आनी ती दीस पुराय भरचे आदींच प्रसूत जाली. तातूंतल्यान ती वाटावली तीच व्हडली म्हणपाची. जल्मल्ल्या भुरग्यान एका वरा भितर दोळे धापले.''

''आतां तिच्या जिवाक धोको ना न्हीं?''

''ना सो दिसता स्वामी. पूण हाचे मुखार आमी घोव-बायलेच्या नात्यान सांगातान रावूंक शकतलीं काय कितें हाचे विशीं तिका दुबाव येवंक लागला. स्वामी.''

''अशें न्हीं?''

''हावें हॉस्पिटलांत येवन आपणाक मेळचें अशी काकुळटेक येवन विनवणी करीत

तिणे म्हाका रकाद धाडलो. हांव वचून तिचे खाटीकडेन उबोरावलों तेन्ना तिणे म्हाका म्हळें 'हॅरी, हावें तुजो अपराध केला, म्हाका समजून घे तूं' हांव ओगीच रावलों. तिणे मागीर सांगलें 'सांगल्यार खरें दिसचें ना तुका, पूण हांव पुरायपणान तुजेरूच अनुरक्त जाल्लें हॅरी, अशें हांव सोपूत घेवन सांगतां. अशें सांगुनूय फायदो कितें आसा? म्हजेर विस्वास दवरून म्हाका लागीं ओड अशें सांगनां, म्हजी चलणूक सारकी ना अशें कारण दिवन सोडचीट घे आनी म्हजे परस एके बरे अस्तुरेकडेन लग्न कर.' हे अस्तुरेची म्हाका खूब काकुळट दिसली स्वामी. तिका कितें जाप दिवची तें कळ्ळें ना म्हाका. मागीर ती म्हणूक लागली 'हॅरी, आमच्या आदल्या मोगाची याद म्हणून म्हाका एकूच उमो दी. तितलेंच करून तूं वच, हो आमचो एकवट सोपूंदी.''

कॅप्टन थोडो वेळ ओगीच रावलो. मागीर ताणे म्हळें ''म्हाका सामकें असह्य जाल्लें स्वामी, कितें करचें तेंच म्हाका समजना जालें. तिणे उमो दी म्हळें खरें पूण म्हाका उमो दिवपाक मनूच जालें ना. तिचे विशींचो काकुळटेचो उमाळो म्हजे भितल्ल्यान वयर येतालो. पूण तो लिपोवन धरपामेरेन हलके मानसीकतायेक हांव पावलां म्हणपाच्या चेपणांत हांव आशिल्लों. तिची विनवणी कानार पडुंनाशिल्लेभशेन ओगी रावून, तूं पयलीं बरें जा नील, मागीर केन्नाय उलोवया अशें सांगून हांव भायर सरून आयलों.''

''बरें आसा कॅप्टन, तुमचें मन खूब दुखावलां तें कळटा. सुक्या उतरांनी तुमचें सांत्वन करप म्हाका पसंत ना. कसलेंय संकश्ट येता तें सोंसून घेवंक जाय हें तुमी जाणातूच न्हीं?''

''सोंसतांच हांव स्वामी. कितें करचें तें कळना जाल्ल्यान चार दीस काडले. आतां एका वरा आदीं घुसपा गदळातल्यान वाट काडपाक तुमचो सल्लो घेवपाक जाय आशिल्लो अशें दिसलें.''

''तशें जाल्यार हांव तुमचे मुखार आडवो आयलों ते बरें जालेंशें दिसता.''

''हय, अशें म्हणपाक कांय आडखळ ना. दुबावना कसलोच.''

''म्हजो कसलो आदार जाय तुमकां सांगात.''

''हावें कितें केल्यार बरें जातलें अशें तुमकां दिसता?''

''तशें नाका. तुमकां कितें करचेंशें दिसता तें पयलीं सांगात. तें केल्यार बरें काय कितें हाचेर विचार करया.''

''हांव म्हणटां ते हलके मानसीकतायेचें चेपण आजून म्हज्या मनाचेर आसा स्वामी. पूण अशा चेपणांत येवन कितेंय निर्णय घेवप योग्य न्हीं अशें म्हजें अंतरमन म्हाका सांगता. त्याखातीर हांव हांगा आयलां. जें कितें घडटा ताचेर उपाय सोदपाचे नदरेन बुदवंत कायेचो असो जाणकारांचो निर्णय कितें तो म्हाका समजून घेवपाक जाय.''

''कॅप्टन म्हाशय, दुसरो कोणूय संकश्टांत आसता तेन्ना विचारान आनी बुदवंत

कायेन चलप हें व्हडलें काम न्हीं, तुमचेर चेपण हाडपी दुख्खाचो प्रसंग आयला तसलो म्हजेर आइल्लो जाल्यार हांव तुमचे इतले विवेकी बुदवंतकायेन पावल घालतलों आशिल्लों काय कितें तें हांव सांगूक शकचों ना. आमच्या लोकांची तुमी तोंडभर तुस्त-तोखणाय केली. अशें करपांत आमी ह्या देशाचे लोक इल्ले मनान कठोर आशिल्ल्यान फाटीं पडटात.''

''तशी शक्यताय आसुंयेता.''

''निर्णय कसल्याच चेपणांत येवन घेवंक फावना हो तुमचो विचार म्हाका मानवपा सारको आसा. तुमच्या मनातली करुणेची भावना तुमची सज्जनताय दाखोवन दिता. वांगडाच तातूंतल्यान आनीक एक गजाल स्पश्ट जाता ती म्हळ्यार तुमची घरकान्न खूबशीं वर्सां भोव बरे सज्जनतायेन एक साध्वी, संवसारी बायलमनीस कशी वागल्या.''

''खरें तें स्वामी.''

''घरकारान फकत एक घोव म्हणून योग्यायोग्यताय मेजिनासतना, मानवतेचे नदरेन पळयल्यार एके अस्तुरेची चूक दादल्याचे चुकी परस व्हडली कशी दिसची ना. हांव कोण एखाद्रो क्रिस्तबी न्हीं. तरीयबी वांकडें पावल पडिल्ले एके अस्तुरेक हात दिवन सामकार हाडून क्रिस्त गुरून केल्लो उपदेश हो एक म्हान उपदेश आशिल्लो अशें म्हाका सदांच दिसत आयलां.''

''खरें तुमचें स्वामी, तशें जाल्यार तुमच्या मतान हावें म्हजे घरकान्नीक ....''

''हय, अशें म्हाका दिसता.''

''बरें आसा स्वामी. फाल्यां सकाळीं हॉस्पिटलांत वचून सदांभशेन सांगातान रावया अशें हांव म्हजे घरकान्नीक सांगतां.''

''सांगात कॅप्टन. आतां मेरेन तुमी सज्जनतायेन तुमची जीण सारल्या. हीं उतरां तिका सांगून तुमी तुमच्या व्हडविकायेचेर मुकूट चडयात.''

''भोव मोठे उपकार जाले तुमचे स्वामी.''

IV

हें घडल्या उपरांत चार सप्तकांनी कॅप्टनाकडच्यान म्हाका मुंबयसाकून एक पत्र आयलें. कॅप्टन तो पुराय म्हयनो मुंबय रावलो खंय. ताची घरकान्न हालींच मुंबय वचून ताचे वांगडा रावूंक लागिल्ली. ताणे पत्रांत बरयल्लें ''आमी पुण्या परतले उपरांत विसर नासतना तुमकां मेळटात.''

''हावें परतुन ताका.पळोवं ना.''

☆☆☆

7.

संयमी केटो

रोमी सामराज्य प्रजासत्ताक जालें त्या काळांत सर्वाधिकारी जावपाचो येत्न करपी पोंपे, सीझर सारक्या फुडाऱ्यां मर्दीं, गिरेस्त घराण्यात जल्मल्लो, अधिकार मेळोवपाखातीरूच वाडिल्लो आनी अधिकाराच्या पदाचेर आसूनूयबी वडलांची चाल-चलणूक सोडिनासतना हेरांक आदर्श थारूं येन अशे तरेची चलणूक आपणाइल्लो केटो नावाचो एक महात्मो आशिल्लो.

केटो हो रोमांतल्या पुरातन अशा श्रेश्ट संप्रदायाचो तेन्नाचो एक श्रेश्ट असो प्रतिनिधी आशिल्लो. कितलो श्रेश्ट म्हण सांगचो जालो जाल्यार तो फकत श्रेश्टूच न्हीं तर अद्वितीय असो आशिल्लो.

श्रेश्ट अशा गुरूंकडेन रावून ताणे तत्वज्ञानाचो अभ्यास केल्लो. ते विद्येचो उपेग तो दिसपडटे जिणेत करतालो. घरांत, वाटेर, सभेंत, सांतेंत, रोमाच्या आनी सम्राट पदाच्या राजकारबारांत तो त्या गिन्यानाच्या आदारान चलतालो. आपणालो अधिकार चलणुकेंत घालता आसतना सत्यान, निस्वार्थान आनी लागे बांदे कुशीक दवरून चलपी केटो म्हळ्यार न्याय, केटो म्हळ्यार सत्य, केटो म्हळयार अलिप्तताय अशेंच लोक धरून चलताले.

II

पोंपे हो सर्वाधिकारी जावपाची महत्वाकांक्षा बाळगिल्लो एक तरणाटो. एक फावट राष्ट्रीय प्रतिनिधी मंडळाची सभा भरिल्लो. सभेंत केटो आनी सीझर तेकूनूच बशिल्ले. पोंपेक कसले अधिकार दिवचे आनी कसले काडून घेवचे, कितलों भोवमान दिवचो हाचेर भासाभास चलताली.

एकट्या प्रतिनिधीन पोंपेक कसलेच अधिकार वा कसलेच भोवमान दिवंक फावना

अशें नेटाचें मागणे केलें : ''राज्यांतली आदली संस्कृताय नश्ट जाल्या. सेवेचे नदरेन अधिकाराचेर येवपी लोक कमी जाल्यात. खरें पळोवंक गेल्यार एकटो सोडून बाकिचे आमी कोणूच स्वार्थांतल्यान मुक्त आसात अशें म्हणूक येवचें ना. अधिकाराखातीर नागरिकांचें मत जाय. मतां मेळोवपाखातीर नागरिकांक जाय जाल्लें करचें पडटलें, चड मतां जाय जाल्यार चड लोकाक जें जाय तें करचें पडटलें. चडशे लोक गरीब. त्या खातीर राज्याच्या कोशांतल्यान उदार हातान भांडवल काडून, खर्च करून गरीबांक मजुरेच्या रूपान दाणोगोटो दिवंक जाय. अशें वांटप करून ताचेंकडच्यान बरे मनीस अशें म्हणून घेवन तांचीं मतां मेळोवन आमी आधिकाराचेर येवंक जाय. : अशें जाल्लें आसा आमचें जीवन सूत्र. सेवेच्यो गजाली फाटीं पडल्यात, स्वार्थूच फुडें सरला. अशा वेळार एकल्याकूच सर्वाधिकारी करून ताच्या हातांत राष्ट्राचो कोश सोपयलो जाल्यार राष्ट्र कशें उरतलें? तो सर्वाधिकारी केटो जालो जाल्यारूय बी सगळें सारकें चलतलें काय कितें हातूंत म्हाका दुबाव आसा. आनी हेरांचें कितें?''

आदल्या म्हान फुडाऱ्यां वरी तांचेच वाटेन चलपी एकटो म्हळ्यार तो केटो हें सभेंतल्या लोकाक खबर आशिल्लें. ते सगळे ताचेवटेन पळोवंक लागले. इश्ट आशिल्ल्यानी अभिमानान, दुस्माननी इर्शेन : पूण हे ना ते भावनेन सगळ्यांनी पळयलेंच. निमाणे हो एकटो कोण तो कळटकच सभेन सरसकट उत्साहान ''हय, हय'' म्हळें.

III

परतून एकटो प्रतिनिधी उलोवपाक उठलो. हेवटेन केटोचे कुशीक बशिल्ल्या सिझराक सभेच्या एका सेवेकऱ्यान एक पत्र हाडून दिलें. सिझरान तें घेतलें आनी वाचून खोश्येन फुल्लो. केटोन, ''कसलें कागद तें?'' म्हण प्रश्न केला? कागदावयलें अक्षर ताचे वळखीच्या अक्षरावरीच आशिल्लें. सिझरान ''कसलें तरी एक कागद,'' अशी जाप दिली. केटोन म्हणलें ''सभेंत बशिल्लो आसतना प्रेम पत्रां?'' सिझरान जाप दिली ''बरोवप्यान असल्या वेळार धाडून दिलें जाल्यार हावें कितें करपाचें?''

''पत्र सभेंतले भासाभाशे संबंदांतलें नान्हीं?''

''ना.''

''हालीं तुवें सत्याची वाट सोडल्या. तूं म्हणटा तें खरें काय फट? हांव पळोवंतें पत्र?''

''सगळ्यो भाव भावना उदात्त केल्यात असो अभिमान बाळगिल्ल्या तुजेसारक्यान तें पळयल्यार गैर अशें कितें? पळय तूं.''

अशें म्हणून सिझरान तें पत्र केटोकडेंन दिलें. केटोन तें घेवन पळयलें तेन्ना तें

ताची भयण सेर्विलियान सिझराक बरयलां म्हण कळ्ळें. त्या दिसा सानचो सिझर तांगेर येवंक शकता अशें तिणे बरयल्लें.

आपणाली भयण सिझराकडेन चड इश्टा गमीन चलता अशें केटोन आयकल्लें. पूण त्या संबंदान ताणे केन्नाच तिका अशें करूं नाका म्हणलें ना. तिची बुद्द, तिची इच्छा आनी तिचे योग्यतायेक फावसारकी जीण तिच्या वांट्याक येवंक जाय. आपणे सांगल्यार ती आयकून घेत हय तर? आडायली जाल्यार फाटीं रावत हय तर? आपणाल्या व्हडल्याभावाक हें आवडुचेंना, आपणाले प्रतिष्ठेक हें उणाक अशें कितेंय तिका दिसत काय? आपणाल्या भावाची ही निश्टा. हिकाच सिझरान भावना उदात्त जाल्ली स्थिती अशें वर्णन केल्लें.

IV

भासा भास फुडे सरिल्ली. सभेंतल्या एका पक्षान केटोन संबंधित विशयावयलो आपणालो अभिप्राय सांगचो अशें मत उगतायलें.

केटो उठून उबो रावलो. मुखामळार रागाची बी कसलीच छटा दाखयनासतना., अभिमान वा मोठेपण असो आव हाडिनासतना दोनूय बाजू ताणे मांडल्यो.

''पोंपे हो एक दक्ष सेनापती. पूण ताणे सेनापती पदाचेस्च रावचें. राजा जावंक फावना. राजा जावपाचो हक्क रोमी लोकांचो. ताणी पुराय विचार करून थारायल्ले खंयचेय गजालीक पयलो मान मेळपाक जाय त्याबदलाक कोणेय उठून आपणालो निर्धार तडीक पावोवपा सारक्या हीन पावंड्यार देवूंक फावना. तशें केल्ल्यानूच ताणी अधिकाराची जापसालदारकी चुकोवन मांडलीकत्वाच्या भरवंशाचेर घावो घाल्लेवरी जालें. सर्वाधिकारी आशिल्ले लोकूच सर्वाधिकारी म्हूण उरूंक जाय.'' अशें केटोन आपणालें मत मांडलें.

बाकी उरिल्ल्यांचें तितलेंच उलोवणें जाल्लें आसलें तरी सभेचो निर्णय कितें आसत तो कळटालो. केटोन आपणालें मत मांडल्या उपरांत पोंपेच्या पक्षाक आणाली हार जातली हें कळ्ळें. सभेचो निर्णय बी तसोच जालो.

V

सभा सोपतकच केटो भायर येवपा वेळार होर्टेंसियस नावाचो ताचो एक जाणटो इश्ट ताचे वांगडा आयलो. ''तुजे बरोबर एका विशयाचेर उलोवपाचें आशिल्लें. सानचो येवं?'' अशें म्हण विचारलें. केटोन ''जाता.'' अशी जाप दिली. घरा वता आसतना केटो थोडो वेळ शारांतले बागेंत मातसो बसलो. वेळ जालो तेन्ना घरची वाट धरली.

VI

वाटेर चार रस्त्यांचेर पोंपेचो एक पुतळो आशिल्लों, ताचे कुशीक पोंपेच्या विरोधकानी एक सभा घेवन, हो स्वतंत्रतायेचो विरोधी, लोकांचो दुस्मान, राष्ट्रद्रोही अशें म्हणून, मेळत तें उलोवन लोकांक चिथायले. केटो थंय पावपाच्या वेळार चिथाविल्लो लोक पोंपेचो पुतळो सकयल उडोवपाक उद्युक्त जाल्लो. तांचो तो 'उद्योग पळोवन कितें घडलां, ताचे विशीं खबर घेतली. जाप आयकून ताणे म्हणलें ''म्हजीं चार उतरां आयकात, मागीर तुमकां जाय जाल्लें करात''.

त्या लोकांच्या फुडाऱ्यान मान्यताय दिली. पोंपेक सर्वाधिकार दिवंक फावना अशें हाणे दनपरां मत मांडिल्लें तें तांकां खबर आशिल्लें. हाच्या उलोवण्यांतल्यान आपणाल्या कार्याक उत्तेजन मेळूंये अशें तांकां दिसलें.

केटोन सांगलें : ''सर्वाधिकारी जावंक फावना म्हण तुमी धरिल्लो आग्रो नितीक धरून आसा. पूण हो पोंपे तो न्हीं. फाटल्या काळार आमच्या राष्ट्राक जैत मेळोवन दिल्ल्या श्रेश्ठ सेनापतीचो हो पुतळो. हांगा हो पुतळो उबो करून तुमी तुमच्या एका सेवेकऱ्याचो भोवमान केला. तो तुमी आता फाटीं घेवंक सोदतात काय कितें? त्या बऱ्या कामाचो तो भोवमान. आंज ताणें अपराध केल्लो आसल्यार तुमी तुमचो विरोध दुसरे तरेन दाखोवंक जाय. हो पुतळो मोडून घालात म्हणपी बुदवंत मनीस अशें हांव म्हणूंक शकना. हातूंतल्यान नश्टी घुस्पट वाडटली. समजुतदारपणान चलया अशें चड लोकांचे जें मत आसा तें तुमच्या अती उत्साहाक लागून इबाडून वचत जाल्यार तुमच्या विरोधकांची निमणी सरशी जावंये. म्हजी सुचोवणी आयकतले जाल्यार तुमी कोणेच ह्या पुतळ्याचे वाटेक वचूंक फावना. सगळ्यांनी शांतपणान आपापणाल्या घरा वचूंक जाय.''

गर्देंतल्यान केटोविशीं तरेतरेचीं उतरां आयकूंक येवंक लागलीं ''वा, हय न्हीं,'' ''आवयस्स! केदो मोठो मनीस हो,'' ''दनपरां तशें उलोवन आतां असो उलयता! शेड्ड्यावरी जालें!'' ''केटो म्हळ्यार केटो! न्याय म्हणटात तो हाचेकडच्यान शिकचो,'' गर्देंत मुखार आशिल्ले फुडारी आपापणाभितर विचार करूंक लागले. ताणीं, हागेली सुचोवणी योग्य आसा असो निर्णय घेतलो. पोंपेचो पुतळो अशिल्लो तसो आसूं असो निश्चेव करून आपणाल्या अनुयायांवांगडा थंयच्यान कुशीक सरले. पोंपेचो पुतळो जाग्यार उरलो.

VII

केटो रातीकडेन जेवन बी·बायल-भुरग्यां वांगडा गजाली करूंक बशिल्लो आसत, ना होर्टेन्सीयस आयलो. इश्टा वांगडा हेवटेंतल्यो तेवटेंतल्यो गजाली करपाभितर थोडो वेळ गेलो. सानच्या वेळार केटोन पोंपेचो पुतळो आसा तसो सांबाळून दवरपा संबंदांतली

खबर ताका कळिल्ली.

"स्वार्थाचो स्पर्श नाशिल्लो वडलां सारकी चलणूक आशिल्लो तुजे सारको आमचे मदीं आतां आनी कोणूच ना. तुका रुचनाशिल्लेयबी तुजी तोखणाय करतात. तुजी कीर्त तेंगशेक पावल्या, केटो. कसलोय वाद निर्माण जाता तेन्ना निस्पक्षपातीपणान नितीक धरून निकाल दिवपी असो तूं एकटोच आसा अशें लोकांचें मत आसा. झगडीं पोंतार पावतात तेन्ना लोक म्हणटात 'आयस्सायबा, इतलें कित्याक उलोवंक जाय? केटो म्हऱ्यांतया, येता?' अशी एक म्हणणीच जावन पडल्या. आपणाली बाजू सारकी म्हण खातरी आशिल्लोच अशें उलोवंक शकता. न्यायाखातीर जाणट्यांक वेंचपाच्या वेळार तुजें नाव येता तेन्ना अपराध केल्ले मनीस आपणाले काम आतां भंगलें अशें म्हणून भिरांतेन कडकडटात. बेडी आतां सुटपाक येवंना, कितेंय आस दाखोवन ती सुटपाची ना. केल्लो अपराध लिपोवन विसरायेर घालपाक मेळचो ना, जावप कशें आतां? जालें, न्यायदान करतल्या मदीं केटो. एकटो ना जाल्यार पुरो. तशें कितेंय म्हणलें जाल्यार ताणी आपूण अपराधी म्हणपाचें पयलींच मान्य केल्लेवरी जालें. 'केटो मुखार उबोरावपाक भिता, निरपराधी आशिल्ल्या कोणेच भियेवंक जाय अशें ना. अपराधी नाशिल्ल्या प्रत्यक्ष आपणाल्या दुस्मानाक लेगीत केटो ख्यास्त फर्मावचो ना. हाका भिरांत कित्याक? पुर्विल्ली चलणूक बेश्टी यादी रुपान उरल्या ती तूं खरी करून दाखयता."

होर्टेन्सीयस इश्टाची व्हडविकाय सांगपाखातीर म्हूण उलय नाशिल्लो. आपणाली खरी तोखणायेची भावना ताणे ह्या उतरांनी कळयली. तो केटो सारकोच उदात्त वर्तन आशिल्ली एक व्यक्ती. केटोची बायल भुरगीं ताच्या त्या उतरांनी खोशी जालीं. केटोविशीं अशीं उतरां तांच्या कानाचेर अदीं मदीं पडत आसतालीं.

VIII

केटोन ताच्या असल्या तोखणायेच्या उलोवण्याक कांयच जाप दिली ना. बरें उलोवणे नाका अशें न्हीं. जाय, पूण प्रतिक्रिया कितें आसपाची ताचेर? 'तुमी मोग दाखयतात, म्हज्यांत तशे गूण नात' अशें म्हळ्यार फट जातलें. फट उलोंवक फावना म्हूण 'हय' म्हळें जाल्यार आत्मस्तुती थारता. स्नेहाक, मोगाक उरफाटी जाप कशी दिवप? स्नेहान आनी मोगानूच खरें म्हळ्यार प्रतिक्रिया उकतावप. ती आपणाले चलणुकेंतल्यान दिसपाक जाय.

ताची ही पद्धत सगळेच जाणात आशिल्ले. उच्चारांत येनाशिल्ले आनी चलणुकेंत भडकपणान दिसनाशिल्ले. ताचे स्नेह-मोग, आसात काय ना हें कळपाक जड जावचें इतले क्षीण जाताले. इश्टांखातीरूच न्हीं तर बायलेक तशेंच आनी भुरग्यांकूय तशेंच. ताच्या मनांतल्या भावनांक व्यक्तरूप नाशिल्लें. व्यक्त रूप नाशिल्ल्यान भावना नाशिल्ल्या एका

रूखाच्या खोडा वरी ताची चलणूक निरस कशी जाताली.

IX

होर्टेन्सीयस कितेंय तरी सांगपाक आइल्लो आसा तें पळोवन केटोची बायल आनी भुरगीं भितर गेलीं. मागीर होर्टेन्सीयसान म्हणलें ''केटो, हांव तुगेर एक भीक मागूंक आयलां, दिवशीत तूं?''

केटोन जाप दिली ''फकत इश्टूच न्हीं तर एक वडील आशिल्ल्या तुजे सारक्यान अमकें जाय म्हण मागलें जाल्यार हावें ना म्हणिल्लें आसा? तें आमगेर आसत जाल्यार हांव मुजरत दिवन उडयन.''

''हें पळय केटो, कांय वर्सां आदीं म्हजी बायल भायर पडली. म्हजीं आशिल्लीं भुरगीं हालींच भायर पडलीं. आतां हांव सामको एकटो एकसुरो जालां. लग्न जातलों म्हणल्यार एखाद्रें गुणेस्त चली भुरगें म्हजे सारक्या पिराय जाल्ल्या मनाशावांगडा रावपाक राजी जावचें ना. पिराय जाल्ली म्हजे बरोबरचीचशी कोणूय पळोवची पडटली हावें. धा कडेन पळयल्ले भितर म्हाका खऱ्यानी मानवल्या ती एकटीच तुगेली बायल मार्सिया. तुगेली पयली बायल भायर पडले उपरांत तुवें हिचेकडेन लग्न केल्लें. आतां ती मेळटा आसत जाल्यार हांव तिगेल्या बापायकडेन मागणी घालतां. मार्सिया हेर सगळ्या बायलांवरी न्हीं. हांव पिराय जाल्लो मनीस म्हूण ती म्हाका उणाक वागणूक दिवची ना. ती वांकडे चलणुकेची न्हीं. तूं मनार घेवन तिका सोडूंक तयार आसा जाल्यार हांव तिचेकडेन लग्न जावपाची इत्सा बाळगून आसां. आस्पतीक आधार म्हूण, घराण्याच्या नांवांखातीर एक धूव वा पूत जालो जाल्यार म्हाका चिंता ना.

रोमांतले तेन्नाचे समाज वेवस्थेंत एका जोडप्याक अशे तरेन वेगळीं जावपाक लावपी भावनेंत अनुचीत अशें कांय ना अशें मानताले. पूण काया मनान एकठाविल्ल्या जोडप्यान दुसऱ्या कोणाखातीर फुटून वचपाक जाय?

केटोन हें सगळें उलोवणे शांतपणान आयकून घेतलें. तें सोपले उपरांत दोन मिनटां आपले भितर चितून म्हळें ''तुगेली इत्सा चूक न्हीं, मार्सियाक कसली आडखळ ना जाल्यार हांव ताका सोडपाक तयार आसां. मागीर तूं ताचेकडेन लग्न जावपाविशीं ताच्या बापायचें मत विचारचें पडटलें.

X

मार्सियान ताची सुचोवणी आयकून मान्यताय दिली. तिच्या बापायन ह्या समजोत्याक सम्मती दाखयली. केटोन कायद्याक धरून तिका सोडचीट दिली. होर्टेन्सीयस

मागीर तिचेकडेन लग्न जालो.

केटोच्या टिकाकारांनी म्हळें ''मार्सियाक आपणाल्या घोवाचो सांगात पुरो जाल्लो. त्याखातीर तिणे दुसऱ्याची घरकान्न जावपाचें मान्य केलें. केटोक बायलेचो खरो मोग नाशिल्लो. ती आसल्यारूय सारकी आनी नासल्यारूय सारकी अशेतरेचो तो भावनाशून्य मनीस. हें उलोवणें केटोच्या आनी मार्सियाच्या कानार पडलें. केटोन ताचेर कसलीच प्रतिक्रिया उगतायली ना. मार्सियान म्हळें ''हे लोक केटोक सारकें वळखनात.''

XI

तातूंत आनी भर म्हणून थोड्याच काळा भितर होर्टेन्सीयस भायर पडलो. मार्सिया एकटी एकसुरी जाली केटो परतून तिचेकडेन लग्न जालो आनी तिका घेवन आयलो.

होर्टेन्सीयसाची आस्पत मार्सियाक मेळ्ळी. केटोचो दुस्वास करपी म्हणूक लागले ''ते आस्पतीचे आशेनूच केटोन आपणाले बायलेक सोडचीट दिवन, त्या म्हाताऱ्याकडेन तिचें लग्न लावन तो मरपाची वाट पळयत रावलो.'' तांचे मदले परतून थोडे म्हणूंक लागले ''केटोकडेन हेर कसलोय दोश आसूं येता, पयशांखातीर तोंड उगडपी न्हीं. केटो दुडवांची आस धरपी म्हणप म्हळ्यार हेर्क्युलीस भिवकुरो म्हणपासारकें जालें.'' तांच्या साहित्यांतलो हेर्क्युलीस म्हळ्यार भारतीय साहित्यांतल्या कर्ण-भीम हांचे सारको एकवीर.

XII

राष्ट्राचो कारभार अव्यवस्थेंत घुसपलो आनी सीझर सर्वाधिकारी जालो. केटोक विरोधी पक्षाचो जाल्ले कारणान देश सोडून वचून पयसुल्ल्या एका प्रांतांत रावचें पडलें. सीझर थयूंयबी पावलो. केटोच्या पक्षाक हार खावची पडिल्ल्यान ताणे बंदखणेंत वचपाचो संदर्भ उपरासलो. अयोग्य अशा शासनकर्त्याचो बंदी जावन जिवो उरपापारस मरण श्रेष्ठ असो केटोन निश्चेव केलो. बंदखणेत घालपाचे आदलेच दिसा आपणालेच तलवारीन ताणे आत्महत्या करून प्राण सोडलो.

निष्ठूर सत्याक धरून चलिल्ले ताचे जिणे सारकेंच धिटायेन आपणायल्लें हें मरण म्हणल्यार पुरातन रोमी संप्रदायाचें अनुकरण करून केल्लीच एक करणी. वडलांनी दाखयल्ली अशीच एक वाट ती. जिवितांतल्यान तशेंच मरणातल्यानूय बी केटोन संयमी कोण म्हणपाचें दाखोवन दिलें.

☆☆☆

8.
काक लोक

नव्या वसंत रुतूंतली एक सकाळ. सोबीत म्हळ्यार सोबीतूच आशिल्ली. रातीकडेन बरो नेटाचोच पावस पडिल्ल्या कारणान सकाळ इल्ली शिंयाळीचशी आशिल्ली. वाऱ्यांत वाफ मोठ्या प्रमाणात भरून आशिल्ली. सकाळ दुदाळ दिसताली. हांव म्हजे कुडींत खिडके कुशीक बसून एक पुस्तक उगतें दवरून, खीणभर वाचप, दोन खीण भायर पळोवप हातूंत आपलेआपूण मनरिजवण करतालों.

आमच्या घराचे एके कुशीक कांय अंतराचेर चार झाडां आसात. तातूंतलें एक अशोकाचें. खूब पालेवन फुलिल्ल्या ताच्या एका खांद्यार एक चानी बसून तीव्र स्वरान आवाज करताली. चानयेचो हो स्वर म्हज्या खूबसो परिचयाचो जाल्लो. अशें आसुनूय सकाळ इतली सोबीत आशिल्ल्या कारणान हो स्वरूयबी कानाक बरो गोड संगीतमय सो लागतालो. तो प्राणी आतुरतायेन साद घालता आसतना आपणालें पोट फुगयतालो त्याचवेळार आपणाले फुलिल्ले शेपडेक, एक झटको दितालो. म्हाका बशिल्लेकडच्यान हें दिसतालें.

खीणभ : ते चानयेक पळोवन हावें परतून पुस्तकाचेर नदर घाली. तितल्यान अशोक रुखाच्या दुसरे एकेवटेच्यान एक बारीक गोड असो स्वर हावें बरेभशेन आयकलो. तो हावे पयलीं आयकल्लो तसलो न्हीं. खंयचोय नवो स्वर कसो दिसलो. गायन एकदम बारीक, कोमल रेशमी धाग्यावरी सूर : गोडूच गोड. तातूंत पांच-स मोडपां आशिल्लीं. अशेतरेन सुरांचे हे कुडके भोव चतुरतायेन एकाक एक चिकटायल्ले वरी दिसताले. भोव अजाप दिसलें म्हाका. पन्नास वर्सांची पिराय हावें हुपली, अशें आसुनूय आमच्या घराकुशीच्या झाडाचेर येवपी ह्या शेवण्याचो ध्वनी आजमेरेन म्हज्या कानार पडुंनाशिल्लो न्हीं! कितें म्हणप हाका!

शेवण्याक पळोवया अशें म्हणून हावें स्वर येतालो तेवटेन नदर मारली. शेवणें

दिसलें ना. परतून तो स्वर आयकूंक आयलो. तेच सुवा ते वयल्यान तो येता हें कळ्ळें. पूण नदर थीर करून बारीकसाणेन पळोवन लेगीत कोण गायक थंय दिसलो ना.

त्या वेळार आमची घरकान्न ित्याक तरी कुडींत आयली. हावें तिका त्या शेवण्याची खबर सांगली. ताचें गायन कितलें गोड तें सांगलें. तिणे म्हणलें ''हय तें शेवणें हांगा गेल्ल्या वर्सायबी आइल्लें. हे फावटी परतून आयलां. सामकें ल्हान शेवणें. सोबीतूयबी.''

हावे म्हळें ''आतां तें त्या पानांमदी आसा. पळोवया म्हळें. जाल्यार दिश्टी पडना.'' अशें म्हणत हावें त्या पानांवटेन बोट दाखयलें.

घरकान्नीन म्हळें ''हय, तें दिसचें ना. पानांमदीं पानकशें जावन भरसता'' अशें म्हणत म्हजे कुशीक उबी रावून हांव दाखयतालों तेवटेन नदर मारून पळोवंक लागली.

खिणांत तिणे म्हळें ''ते पळय थंय आसा. सामकें आमचे दावेवटेन बसलां. ते बारीक ताळये पोंतार, थंड जाग्यार तें चकचकीत दिसता न्हीं ताचे वयर.''

हय न्हीं : थंय बशिल्लें तें. तिणे दाखयलें तें वळखून पळोवपा इतली नदर म्हजेकडें नाशिल्ली. तें कितें एक शेवणें म्हणपा इतल्या आकाराचो प्राणी नाशिल्लें. नावाचें शेवणें. कसली ही सैमाची कुशल करणी! हो प्राणी स्वयंपूर्ण अशा शेवण्याच्या रूपाचो आशिल्लों : तरीयबी ताचो आकार म्हज्या हाताच्या आंगठ्या परस व्हड नाशिल्लो. भोंवतणच्या पानांमदीं हेंय बी एक पान. बारीकसाणेन नदर लावन पळयल्यारूच तें एक सुंदर, नांव खबर नाशिल्लें कसल्यातरी रंगाचें, फाटल्या पानाचेर बशिल्लें, केसरी, भांगराळी निळी एक रेग दोनूयवटानी चकचकीत उठून दिसतां अशे तरेचें शेवणें.

हावें विचारलें ''कितें म्हणटात हाका?''

घरकान्नीन जाप दिली ''खबर ना म्हाका.''

तिकाचशें कित्याक कोणाकूच खबर नाशिल्लें. आमी कावळ्याक नाव दवल्लां, किराक नांव दवल्लां, कोगळाक, साळोरेक अशें एकेक नांव दिलां. शेवण्या संबंदांतली आमची आवड हे मेरे भायर पाविल्ली ना. हे मेरे भायलीं शेवणीं सुंदरूच आसपाक शकतात, गोड गळ्यान गावंक शकतात, अशें आसुनूय आमकां तें समजून घेवपाइतलें शाणपण येवंचें ना.

वसंत रुतू सुरू जाता तेन्ना हें शेवणें परतें परतें आमच्या सान पोरसांत आइल्लें दिसता. तें परतें आयलें तेन्ना एकोडें नाशिल्लें. दादलो आनीबायल बरोबर आइल्लीं. ह्या दोगांय दादल्या-बायलेन सांगातान रावचीं म्हण निश्चेव केल्लो दिसता; आपणाल्या संवसार सुखा खातीर आमच्या घराचें आवरण योग्य आसा अशें ताणीं मानलां शें दिसलें. तांच्या त्या निश्चेवान हांव ख़ोशी जालों.

थोडो काळ जावन गेल्लो. कितालो काळ तो हांव आतां खात्रेन सांगूक शकचों ना. एक दीस आमचे घरकान्नीन पोरसांत उबी रावून म्हणलें ''हांगा येवन ह्या शेवण्यांचो घोटेर पळोवं नाका आशिल्लो तुवें?'' अशें म्हणन तिणे म्हाका आफयलो. शेवण्याचो घोटेर म्हळ्यार सामान्यतायेन रुखाचेर खंयतरी उंचायेर सो आसतलो अशि म्हजी कल्पना जाल्ली. हावें म्हणलें ''शेवण्याचो घोटेर पळोवपाक मेळटा?'' तिणे म्हणलें ''येवन पळयल्यार कळपाचें. प्राण्यानी आपणाल्या पिलांखातीर म्हण कसो तयार केला तो. तेन्ना तें गायन करतालें न्हीं, त्या शेवण्याचो तो, दुर्गा कुशीच्या दोन डेलियाच्या रोप्यांचेर हुमकळायला तो.''

हावें वचून पळयलें. घोटेर सामको ल्हान आशिल्लों. सगळोच म्हळ्यार मुठीयेदो आशिल्लो. भायलें वटेंतल्यान तो बारीक पूण घट्ट अशा कसल्यातरी धाग्यान विणिल्लो. पीळ घाल्ल्या दोन धाग्यांनी तो थंय वणटी कुशीक, वांगडाच वाडिल्ल्या दोन डेलियाच्या मदल्या खांद्यांक बांदिल्लो. घोटेरांत भितरलेवटेन पिपळापानानी तयार केल्ली मोवमोव गादी आशिल्ली. तिचेर धाकटुलींशीं दोन तांतयां आशिल्लीं.

घोटेराचें तोंड ताचे एके कुशीक आशिल्लें. डालियाचीं दोन पाना एका पडड्यावरी ताका नदरेआड करतालीं.

घोटेर तसो पळल्यार मजबूत असो कांय नाशिल्लो. तरीपूण तो तांतया इबाडचीं न्हीं म्हूण वता, वाऱ्यांत राखण करी सारके तांकीचो आशिल्लो. जमनीक लागीं आशिल्ल्या कारणान तो तितलो सुरक्षीत आशिल्लो अशें म्हणूंक जावचें ना. पूण एक शेवणे येवन ताणे तो जमनी कुशीक बांदला हातूंत कसलोच दुबाव नाशिल्लो. त्याखातीर ताचो तो आसरो फावसारको सुरक्षीत आशिल्लो अशेंच म्हणचें पडटलें.

त्या ज़ाग्यार घोटेर आसा अशी माजराक सुलूस लागिल्ली जाल्यार तांतयां थंय उरचींच नाशिल्लीं. पूण शेवण्यानी हो धोको ध्यानात घेना जावपाक कितेंय तरी कारण आशिल्लें जावंक जाय. तितलो घटमूट नाशिल्लो असो हो घोटेर दुसरेकडेन उरपापरस हांगा चड सुरक्षित आशिल्लो जातलो. अशोकाचेर, पणसाचेर वा चांफ्याचेर बांदिल्लो जाल्यार थंय उंचायेचेर ताका वाऱ्यापासून धोको संभवतालो. मांकडांचो तांडो येवन तो कोंचून उडोवपाचोय संभव आशिल्लो. आमच्या त्या झाडांचेर कावळे घोटेर बांदतात. दोन आठवड्यानी तीन फावटी, जांव आठवड्याक एकदां माकडांचो तांडो येता तेन्ना हांगा ते घोसोळ घालतात तो असो तसो न्हीं. त्या धुमशेणाभितर, उपरासपी उचांबळाय, हुयेली, बोबो कितल्यो आसतात त्यो आमी आयकल्यात आनी पळयल्यात.

आमच्या ह्या शेवण्या सानुल्यांक असल्या कित्याचो त्रास ना.

हें जाले उपरांत थोड्या दिसांनी आमचे घरकान्नीन, घोटेरांत आशिल्ल्या दोन

तांतयांतलें एक निसरून जमनीर पडून फुटलें अशें म्हणून दुसरें घोटेरांत सुरक्षित आसा म्हण सांगलें.

दोगांय, बापूय आनी आवय शेवणें घोटेरांत खूब फावटी येतालीं अशे दिसता. पूण तीं येतालीं वतालीं तीं सहजतायेन आमकां दिसनाशिल्लीं. वयल्यान थोडे भोव फावटी तरी तांचे वांगडान येवप जातालें अशेंयबी न्हीं. बापूय आनी आवय एकेक फावट येवन अशोकाच्या एका खांद्यार बसून घोटेरावटेन पळयत रावतालीं तें एकेकदां दिसतालें.

वसंताचे सुरवातेक इतलें गोड सुरान गायतालें तें शेवणे त्या दिसानी केन्ना आवाज काडिल्लें आमकां आयकूंक आयलें ना.

परतून थोडो काळ गेलो. अमकोच अशें हांव सांगूक शकचों ना. एक दीस दनपारचो हांव म्हजे कुडींत हांतरूणार पडिल्लों आसतना आमचे भोंवतणचें कावळे मोठो कुलकुलाट करताले ते हावें आयकले. आमच्या पणसा रुखाचेर एका कावळ्यान घोटेर केल्लो. त्या खातीर ते पंदरा वीस दीस जो थंय दरबार भरोवन घेतालो तो असो तसो न्हीं. पणसाचो रूख किल्लावपी आमी, वाडोवपी आमी. अशे आसुनूय आमी ताचे कुशीक गेल्लीं कावळ्याक सोसना. मोल नाशिल्लें आपणालें तांतीं आनी कोणाक नाका आशिल्ल्या आपणाल्या पिलाक कितेंय तरी करपाक जाय अशें म्हणुनूच आमी थंय खेपो घालतात अशी त्या प्राण्यांची कल्पना. त्या पंदरा दिसांत एक दीस हांव त्या पणसा रुखा कुशीक आशिल्लें. फातराचे लादयेचेर बसलों जाल्यार कावळो भुर्रर करून आयलो आनी म्हजे तकलेर चोंच मारून उडून गेलो.

''ह्या रुखाचेर म्हजो घोटेर आसा, त्या घोटेरांत म्हजीं तांतयां आसात, ह्या रुखा कुशीक येवपाचो दुसऱ्या कोणाक कसलो अधिकार?''

त्या दिसा दनपरां कावळ्यानी केल्लो भयंकर असो कुलकुलाट आयकून हावें ''पणसाचेर माकडांचो तांडो आयला दिसता'' म्हणलें. उठून वचून पळयलें ना.

कुलकुलाट वाडलो. सगळेवटेंतल्यान एकठाविल्ले कावळ्यांनी एके फौजेवरी आपणाल्या कान किण्ण करपी, कर्कश आवाजान भिरांकूळ असो घोष सुरू केल्लो. त्या आवाजांत क्षोभ, राग, द्वेश अशेतरेचे भाव भरिल्ले दिसताले.

हो कानांचे पड्डे फोडून उडोवपी घोष कितलोसोच बेळ थांबनासतना चालू आशिल्ल्या कारणान अशें कितें घडलां काय म्हण पळोवपाखातीर म्हजें हांतरूण सोडून व्हरांड्यांत आयलों.

पणसा रुखाच्या एका खांद्यावयल्यान एक कावळो आमाच्या घराच्या कंपावंडाभायर जमनीर एके कुशीक भुर्रर करून देंवून आयलो. कांऽऽ, असो मोठो आवाज करून थंयच कित्याचेर तरी चोंच मारली, आनी लागींच आशिल्ल्या चांफ्याच्या झाडाचेर

उडून बसलो. खिणाउपरांत दुसरो एक कावळो चांफ्या झाडावयल्यान तेच तरेन सकय देंवून त्याच थळार गेलो पयल्या कावळ्यावरीच चोंच मारली आनी तसोच मोठो आवाज काडलो. उडून दुसरे एके सुवातेर वचून बसलो. दुसरे जायते कावळे भोंवतणच्या रुखांचेर बसून आपणालो, कांव कांव आवाज करून पयल्याच्या सुरांत सूर मेळोवन साथ दिताले.

जमनीर देंविल्ले कावळे चोंचायताले तें कितें? हेंच म्हाका कळुंनाशिल्लें. कितें हो कणकण अशें म्हणून हावें भोंवतणी पळयलें. मुखावयल्या घराच्या चांफ्याच्या खांद्यार आमचीं दोन पिटकुलीं शेवणीं बशिल्लीं दिसलीं. तीं, कावळें जय चोंचायताले ते सुवातेर जमनीवटेन पळयतालीं अशें दिसलें.

त्या वेळार आमची घरकान्न घरांतल्यान भायर आयली, रुखा कुशीक वचून तांकां आमूडले. दुर्गाचेर बागवून ते सकयल देंवून जंय चोंचायताले थंय पळयलें.

बयल्या व्हरांड्यांतल्यान हावें तिंका थंय कितें आसा काय म्हण विचारलें.

तिणे सांगलें ''पिटकुल्या शेवण्यांचें पील, कावळ्यांनी ताका मारून उडयलां.''

तें पील पाकांनी बळ एकवटावन उडून पळोवया अशें म्हणून भायर आइल्लें काय कितें? आवय बापायन उडूनयो अशें म्हणून ताका भायर आफयल्लें बी? कितें घडलें आसतलें? असल्या येत्नातलो धोको कितें तो त्या पिलाक खबर नाशिल्लो आसतलोः जाणटीं आशिल्ल्या ताच्या आवय बापायक हें खबर आसूंक जाय आशिल्लें न्हीं!

म्हाका सोसूं नजो अशें दुख्ख जालें. तोंड उगतें करूंक शकलों ना. म्हाका कावळ्यांचो भयंकर राग आयलो. हांव इल्लो भुरगोसोच आशिल्लों जाल्यार चड करून. पणसा रुखाचेर चडून त्या कावळ्याचो घोटेर कोंचून काडून ततयां सकयल शेवटून फोडून ना करतलों आशिल्लो.

निर्दय, पातकी जीव खंयचे कडले! ह्या सुपुल्ल्या शेवण्यांच्या पिटकुल्या पिलाक ह्या पिशाच्चानी जितें मारपाक जाय आशिल्लें? आपणाल्या आवाजा सारको कर्कश नाशिल्लो असो आवाज लोक जिणेंत आसूंक फावना अशें म्हणणे हांचें?

आपले परस गुणवान आशिल्ल्या एका मनशाचो दुसऱ्याक दुस्वास जाता. शेवणींय बी मनशां सारकींच आसतात जावंये.

गायन नाका रे बाबा, तुजो धर्म न्ही तो! कांऽऽ असो आवाजूच पुरो. जैत जाता वेगाचे आनी शक्तेचें दुसऱ्याचे गूण नाका. गावपी पिटकुल्या शेवण्यांक संवसारांत स्थान ना. 'स्थान' म्हणटात ती कावळ्यांची मक्तेदारी. कितें उरलें जाल्यार तें माकडांक जाय जाता.

अशें म्हणून मनात कोडवासाण घालून घेवन हावें मुखावयल्या घराच्या चांफ्या रुखावटेन परतून पळयलें. पिटकुलीं शेवणीं आवय बापूय थंयच बसून आशिल्लीं. तांच्यो

नदरो जमनीर जंय तांचें पील मरून पडिल्लें त्या थळाचेर लागिल्ल्यो. ती नदर निराशेंत रोमिल्ली. तांची काळजां दुख्खावेगान शून्यात बुडिल्लीं.

आमची घरकान्न इतल्यान दोळे पुशीत घरांत गेली. हावूंयबी रडपाक पावलों. शेवण्यांचे निराशेणेन आनी काळजातल्या रितेपणान म्हजो जीव आनी काळिजूय भरून थपथपलीं.

☆☆☆

9.

मंत्रोदय

(कर्मयोगाचो निमणो दीस)

महर्षी वामदेव द्वयपायन आरुणेय त्या दिसा शंबर वर्सांची जिणेची पिराय पूर्ण करपाचे आशिल्ले म्हूण भोंवतणच्या आश्रमांनी खबर पातळ्ळेली. थोडे जाण भक्तिभावान, थोडेजाण कुतुहलान, थोडेजाण असुयेन महर्षींचे दर्शन घेवया अशें म्हणून, एकेकटो, दोग जाण, चारजाण वांगडान, आपापणाक फावता आशिल्ल्या वेळार तांच्या आश्रमांत आयले.

वामदेव महर्षी हे म्हागिन्यानी, म्हान योगी, व्हड द्रष्टो विद्वान अशें लोक मानताले. पूण ते केन्नाच तोंड उगतें करून चार उतरां उलय नाशिल्ले, कोणाकूच उपदेश करिनाशिल्ले.

आरुणेयाच्या वंवशात जल्मून विद्यार्थी दशेंत बापायच्या सानिध्यांत अध्यात्मीक गिन्यान आत्मसात करून वामदेव आपणाल्या काळांतलो एक भोव गिन्यानी व्यक्ती म्हूण नामनेक पावलो. बापूय भायर पडले उपरांत ताका आश्रमाचें येजमानपद सांबाळचें पडिल्लें, ताणे तशें केलें ना. आश्रमाचें चालकत्व आपणाल्या धाकट्या भावाचेर सोपोवन आपूण तपश्चर्या करीत रावलो.

हे तपश्चर्येतलो चडसो वांटो आश्रमाची कामां सांबाळपांत वतालो. कुलपती आशिल्लो ताचो भाव जय विद्यादान करतालो थंयची सगळी वेवस्था सारकी जाग्यार घालप, आश्रमात रावपी लोक, गोरवां शेवणीं हरणां अशा सगळ्यांची खुशालकाय पळोवप, सानच्या वेळार सगळे न्हिदपाक गेले उपरांत आपूण न्हिदपाक वचून सकाळीं आपूण पयलीं उठून उरिल्ल्या आश्रमाच्या सेवेकऱ्यांक उठोवन नित्याचे कार्यचक्र चालीक लायतालो.

कितलींशींच वर्सां अशे तरेन सेवा दिवन वामदेवान एकदीस कुलपती भावा म्हऱ्यांत वचून म्हणलें ‘‘वशीष्ठाश्रमांत वचून येवचें अशें चितलां, तेन्ना मातसो वचून येतां.’’ अशें सांगून तो एकटोच भायर सरलो. कुलपती आशिल्ल्या धाकट्या भावान

आपणाल्या व्हडल्या भावा वांगडा दोन तरणाट्यांक धाडपाचें थारायलें. व्हडल्या भावान ताका सम्मती दाखयली ना. ताणे म्हणलें "ताणीं म्हाका सांबाळून व्हरपाचें सोड हावेंच तांका सांबाळचें पडूंये. सेवे-शुश्रुशेच्यो गजाली नाका, हांव एकटोच वचून येतां."

कितलीं वर्सां तो वशीष्ठाच्या आश्रमांत आशिल्लो, दुसऱ्या खंयच्या खंयच्या थळांचेर गेल्लो कोणाकूच खबर ना. लागीं लागीं बारा वर्सां भायर काडून तो धाकट्या भावाल्या आश्रमात आयलो.

परतून आइल्लो त्या दिसा ताका पळयल्ल्या लोकांक एक गजाल बरेभशेन याद आसा. खंयचेय घटकेक तेजीश्ट दिसपी ताचें मुखामळ त्या दिसा सूर्य तेजावरी चकचकीत दिसतालें. बारा वर्सां उपरांत आइल्ले खोश्येन वचपावेळार सोडून दिल्लें काम ताणे परतून सुरू केलें. पयलीं भशेनूच सगळीं कामा : वृद्ध सेवा, बालसेवा, गो सेवा, झाडां-पेडां-वालींचो सांबाळ आनी तशीच लोक सेवा.

हाचे उपरांत जायत्या वर्सांनी कुलपती आशिल्लो धाकटोभाव हो संवसार सोडून गेलो. तेन्ना वामदेवूच आश्रमाचें येजमानपद सांबाळटलो अशें लोकांक दिसलें. वामदेवान धाकट्या भावाच्या पुताक येजमानपद दिलें आनी एक वर्सभर ताचे वांगडा रावून सदांभशेन आश्रम सेवा केली. मागीर लागींच्याच रानात एका व्हडल्या वडाच्या रुखा कुशीक एक कुटीर बांदून पुताची सहमती घेवन थंय रावपाक सुरवात केली.

हीय बी जायत्या वर्सां आदली खबर : तिची याद आशिल्ले ते भोंवतणेंत चडजाण नात. महर्षीच्या भावाक पळयल्ले लोक त्या भायर कमी. तांच्या बापायक पळयल्ले लोक दोग तीग जाण आसूं ये. महर्षी जल्मल्ले त्या वेळा बयले कोणूच नात.

महर्षीचे जिवीत म्हळ्यार एक विचीत्र तरेचेंच शें आशिल्लें. तांचोच कसो आशिल्ल्या त्या ल्हानशा आश्रमात ताणीं दोगजाण सांगात्यांक दवरून घेतिल्ले. तांका शिश्यूयबी म्हणू नज आशिल्ले. कित्याक काय म्हळ्यार महर्षींनीं तांका एकूय दीस कसलो उपदेश म्हणटात तो करूं नाशिल्लो. शिश्य न्ही, सेवक म्हणटलो जाल्यार आश्रमाच्या सगळ्याच कामानी महर्षी आपणाल्या सांगात्यांक आपले वांगडा समान पातळेचेर कामांत वांटेकार करून घेताले. ते करताले तसलीं कामां हे करूंक पावनाशिल्ले तीं कामां म्हळ्यार ते वाटेन आइल्ल्या भोंवडेवयल्या भिक्षूंखातीर आश्रमांत चलयतालें त्या आतिथ्या विशींची म्हायती दिवप, तशेंच ते तरेचे प्रवासी हांगा, थंय वचपाक जाय म्हूण इत्सा प्रगटावंक लागले जाल्यार तांकां वाटेन व्हरून पावोवन येवपाचें. ते हीं कामां करिनाशिल्ले ताचें कारण चडकरून तांचे कडच्यान असलीं कामा करून घेवपाक लोक आडमेळीं हाडटाले.

नव्यान आश्रम सुरू केल्लो त्या काळांत आश्रमाचें वातावरण शुद्ध अरण्याभशेन

आशिल्लें अशें आसतनायबी महर्षींनी स्वता तें सारकें करून आयचे स्थितींत हाडलां असो ते सरभोंवतणेंतल्या लोकांचो विश्वास आशिल्लो. आश्रम आतां एक नंदनवन कसो दिसतालो. खंयच्या एका काळार साकून वाड जायत आइल्लो तो म्हारूख! त्या रुखाच्या चारूय बटांनी हारेन धाकटे रूख वाडिल्ले. थोडे फळां दिवपी आनी थोडे फुलांचे आशिल्ले. दर एकरूख महर्षीन स्वता रोवन, शिपून, सांबाळ करून वयर काडिल्लो. व्हडल्या रुखांच्या मुळा भोंवतणी चारूय दिकांक फुडो करून एक चौकोनी पेड बांदिल्लें. ताचेर मदीं खंयचेयवटेन फुडो करून बसल्यार एक वाट दिसताली. ते वाटेचे दोनूय बटांनी रुखांच्यो हारी. त्या वनात चार कोनशांक चार अशो व्हडल्यो बांयो आशिल्ल्यो. तांचे कुशीक फातरांची एकेक माची. हेवटेन तेवटेन झाडां.

वनांतल्या दर एका रुखाची, झोंपाची जांव वालीची म्हायती महर्षी जाणा आशिल्ले.

वनातल्या फुलां-फळांचो शेजराच्या आश्रमांतल्या लोकाक, गावांतल्या लोकाक वांटो थारावन दिल्लो आशिल्लो. वामदेवाच्या आश्रमात वचून येवपाचे कश्ट घेतल्याक फुलां-फळां खातीर कांय उणे पडनाशिल्लें.

ताच्या आश्रमांत दूद दिण्यो चार गायो आशिल्ल्यो. गावांतल्या लोकांनी त्यो विल्ल्यो गायो तांच्या पाडकांसयत हाडून सोडिल्ल्यो. दूद सुकपावेळार येवन गायांक आनी वाडिल्ल्या पाडकांक ते घेवन वताले. आश्रमातल्या फुलां-फळांचो लाब घेतिल्ल्या लोकांनी महर्षींक केल्ली ही उपकार परतवणी कशी.

म्हातारपण आयलें ते बरोबर महर्षींक मेळपाक येवपी लोकांची संख्या वाडली. आइल्ले लोक जाणटेल्याक केन्ना केन्नाय प्रस्न विचारताले. भासाभास करपाक पळयताले. तांकां सगळ्यांक रुशी एकूच जाप दिताले : ''तुमचें हें म्हणणे मूळविशय अशें धरून तुमीच ताचेर विचार करात, सत्य कितें तें दिसून येतलें.''

तांचें हें मूक व्रत पळोवन जायते जाण बेजारताले. ''हाणीं शिकपाचे पिरायेर शास्त्राचो अभ्यास केल्लो ना. आपणालें अज्ञान दिसून येतलें म्हूण भंयान हाणी मौनव्रत धरलां.'' असोच त्या लोकांनी निश्कर्श काडलो. पूण ही निर्दोश अशी जीण, ही विश्व बंधुत्वाची भावना, ही अथक परिश्रमवृत्ती अशो गजाली पळोवपी म्हणटाले ''शास्त्राचें म्हणणे कशेंय आसूं, महर्षींक जिणेचो अभ्यास भरपूर जाल्लो आसा.''

महर्षींच्या धाकट्या भावालो पूत म्हणटालो ''अप्पाजींची बुद्द भोव तरल, आकलन शक्त मोठे तांकीची ते कसलोच वाद घेवन बसचे नात. पूण तांकां विशयाच्यो सगळ्यो बाजू खबर आसतात. पाठाचें श्रवण करप कठीण जाल्ल्या कारणान बेजारून ताणीं वर्गांत बसपाचें सोडून दिलें आनी आश्रमाच्या कामाक रावले अशें आमचो बापूय सांगतालो.''

महर्षी आपणाक णवद वर्सां जालीं, एक्याणव जालीं, णव्याणव जालीं अशें म्हणत आइल्लें. ही गजाल खरी आसपाक जाय : कित्याक काय म्हळ्यार हांचे पिरायेचो मनीस लागीं असो कोणूच ना. तरीपूण ते धाकट्या भावाच्या आश्रमात, ताच्या पुताचे कारकिर्दींत जीं कामा करतालें तसलीं कामां आपणाल्या आश्रमांत आजून पसून करीतूच आसताले. वर्सां भरलीं, म्हातारपण आयलें ना, म्हातारपण आयलें जातलें, शक्ती उणी जालीना, वा शक्ती उणी जावनूयबी मनाचें बळगें पयलीं भशेनूच घटमूट उरलें.

धाकट्या भावालो कुलपती आशिल्लो पूत एकदीस आयलो तेन्ना महर्षीन ताका म्हणलें "हाचे उपरांत हांव चडकाळ तुका पळोवपाक उरतसो दिसना. वडलांच्या मेळ्यांत वचून भरसतां."

तरणाट्या कुलपतीच्या काळजांत कल्ल जालें "हें अशें कित्याक उलयतात तुमी अप्पाची?" ताणे विचारलें.

"बापायन म्हाका सांगलें लोकसेवा करून शंबर वर्सां जग. ही ताची आज्ञा आशिर्वाद कशी जावन म्हजे कडच्यान सेवा घडयत रावली. शंबर वर्सां सोपलीं म्हणटकर हावें रावपाचें आनी कारण उरचें ना."

"तीं केन्ना पूर्ण जातात?"

"येता ते चैत्री पुनवेक."

कुलपतीन म्हणलें "आयस्सायबा, इतले बेगीन आमकां सोडून वतलें?" अशें म्हणून महर्षीक मिठी मारून छातयेर तकली दवरून दुकां व्हांवयलीं. महर्षींनी ताका वेंग मारली, केसांतल्यान अपूरबायेन हात भोंवडायलो आनी गालाचो उमो घेवन "ही कूड वचपाची. हांव वडलांच्या सांगातान तुमचे मदीं भरसून वतलों. कुलपती आशिल्ल्या तुजेसारक्यान रडल्यार कशें जातलें रे बाबा? आत्म्यासंबंदान जें आमी सांगतात तें जिणेत दिश्टी पडपाक नाका?" महर्षीन म्हणलें.

तरणाटो कुलपती शांत जालो. उठून ताणे महर्षींचे पांय धरले आनी तांची मनधरणी केली. ताणे म्हणलें "तुमी कोणाकूच शिश्य म्हणून वयर काडलोना. आतां मनार घेवन म्हजो शिश्य म्हणून अंगिकार करून म्हजो उद्धार करात." अशी ताणे विनवणी केली.

"कोणा एखाद्याक जाणटो असो मानून अशेतरेन विनयशील जाल्ल्या जिवाचो उद्धार जाल्लोच आसा. तुका ताची चिंता नाका. जाणट्यांचो धर्म तूं फुडें व्हरपाचें काम करता. तें तूं थांबोंव नाका. अशेंच चालू दवर, उद्धार आपले आपूण जातलो." महर्षीन ताका समजायलो.

"तुमी चलयल्लो धर्म चलोवप वायट गजाल हयतर?"

"म्हाका दिशिल्लो तसलो दुबाव ज्या कोणाक दिसता तसल्याच लोकांनी हावें

चलयल्लो धर्म चलोवपाचो.''

''कसलो तो दुबाव?''

''जाकां तो दिसना तांकां तो सांगूंक फावना. जी शिकवण दितात ती बिनचूक निर्दोश आसूंक जाय. कसल्याय दुबावाक सुवात दवरप हो एका रुशीचो धर्म आसूंक शकना.''

''आतां जो कितें तुमी आमकां सांगला न्हीं तो तुमचो संप्रदाय परंपरेन चलत येवंकना आयला. हाजेमुखारूय चलपाक नाका तो?''

''अंतीम सत्य समजल्ले महर्षी थोडे आसतात. सगळ्यानीच आपणाक समजलां तें दुसऱ्यांक सांगून आपूण द्रश्टो असो समज करून घेतला. हालीं हालींच फावो तितलें सत्य उजवाडांत आयलां. तें चलणुकेंत येवंदी. हावें नव्यान सांगपासारकें कांय ना.''

''तुमी जिवीत एके वेगळेतरेन सारलां न्हीं. ताचें तत्व कितें तें तुमी सांगूक जाय आशिल्लें न्ही?''

''सांगपासारकें कितें आसा? खंयचीय एक तरा बरी अशी दिसली जाल्यार ते तरेन चलूंक जाय.''

''कोणेय इतली गजाल तरी सांगूक जाय न्ही?''

''सांगूक जाय अशें जांकां कोणाक दिसता ताणी सांगची.''

तरणाट्या कुलपतीन ताचे फुडें उलोवणें वाडयलेंना.

''हावें तुमची फावो तितली सेवा करूंक ना. उरिल्लो काळ नेमान तुमचे म्हऱ्यांत रावून ती करूंक सोदतां. हाताक धरून तुमी म्हाका वाट दाखयात ताणे मागणे केलें.

महर्षीन खिणभर चिंतून म्हळें ''बरें आसा, यो?''

''निमण्या दिसा म्हाका तुमचे म्हऱ्यांतूच बसपाक तुमची मान्यताय जाय.''

महर्षीन परतून कांय वेळ चिंतलें आनी म्हळें ''चलता.''

दोन दिसां उपरांत कुलपतीन म्हळें ''पुनवे दिसा तुमकां मेळपाक येवपी कांय जाणांनी कसल्याय विशयाचेर कितेंय अभिप्राय विचारलो जाल्यार तो विशय समजुपा सारकी जाप तुमी दिवपाक जाय.''

महर्षीन परतून ''बरें आसा.'' म्हणिल्लें.

असो संवाद जाले उपरांत एक म्हयनो गेल्लो आसा. चैत्री पुनवेचो दीस आइल्लो आसा. भोंवतणच्या वाठारांतलो लोक महर्षीक मेळपाखातीर येत आसात.

सकाळीं उठून सदांभशेन महर्षी सदांचे विधी सोपोवन खोपीच्या दारा मुखार आशिल्ले मोगरेचे वेली कुशीक बसून तिचे मुळा कुशीची माती उस्तून ती सारकी करपाक लागल्यात.

मेळपाक आइल्ल्या मनशांमदल्या दोगा जाणानी तांका नमस्कार करून म्हळें ''हें किर्ते, हें काम तुमीच करपाक जाय?''

महर्षीन जाप दिली ''हय बाबा, हें म्हजें काम. आवय आपणाल्या भुरग्यांक आपुणूच सांबाळटा तशींच म्हज्या ह्या सगळ्या झाडां-झोंपांक हावेंच सांबाळूक जाय.''

''अशे तरेन संवसारांत घुस्पून रावप चूक, हांवपणाची भावना आपणाले संद्गतीचे आड येता अशें जायना तें?

''हांवपणाची भावना आसप चूक, अभिमान आसप चूक न्ही? मन लावन काम करप हेच सद्गतीक पावचाचें साधन. तें सोडून सद्गतीमेळोवपाक मार्ग ना.''

तुमी आज तरी विसव घेयात. हें काम आमी कोणूयतरी करतात.''

''नाका रे बाबा. म्हाका हातूंत त्रास कांय जायना.''

''हात सगळे मातयेन भरतात न्ही.''

''हातूच फकत मातयेन भरतात. आत्म्याक कर्माचो लेप लागना.''

दुसरे लोक आयले. महर्षी व्हडल्या रुखापोंदा बसून उदेत्या सुर्यावटेन पळयताले. आश्रमाचें एक पाडूक तांचे म्हऱ्यांत आयले. रुशीन लागींचेंच इल्ले तण आनी पालो तोडून पाडकाक खावयलो. लागी आइल्ल्यानी नमस्कार केलो आनी ते सकयल बसले. तातूंतल्या एकल्यान म्हळें ''कितलोसोच काळ विचार करून लेगीत देव म्हणपासारकें किर्ते तरी आसा हय तर हो प्रश्न तसोच उरला न्हीं. ह्या संबंदान महर्षींनी आमकां योग्य अशें मार्गदर्शन करचें.''

महर्षींनी म्हळें ''भावानो, चराचर, पुराय ही सृश्ट म्हळ्यार इश्वरूच, दुसरें कांय न्हीं. हो सुर्याचो उजवाड जो भायल्या विश्वाचेर आवरण कसो पातळ्ळा तसोच देवाचो उजवाड अंतर्लोक आनी बहिर्लोक अशा सगळ्या चेरूच आवरण रुपान पातळ्ळा. हे लोक आसात हें मान्य कर. आसात अशें म्हणुयेता जाल्यार जें सगळें आसा तें ईश्वर.''

''म्हळ्यार तोंडामुखार दिसता तितलेंय इश्वर म्हणचें पडलें.''

''हय, दुबावूच ना. भितर आसा तें तोंडामुखार आसा तें वा जंय खंय आसा तें सगळेंच इश्वर.''

''तशें जाल्यार आमकां देवाच्या सांगातान फुडें पावल घालप कठीण न्हीं!''

''कठीण जावपा सारकें कारणूच ना. हें सगळेंच इश्वर अशी खात्री बाळग. वेव्हार नीट जाता. कोणाचकडेन कसलो वाद उरचो ना. सगळ्यांच वांगडा सहयोगान वागप शक्य जाता तेन्ना इश्वरान मोठ्या मनान घे म्हणून दिल्ल्याचो तूं अणभव घेवंक शकतलो. तूं जावन जें किर्ते हातासतलो तें ना जावचें ना.''

हेर लोक आयले. रुशीं म्हऱ्यांत बसले. मनीस चुको कित्याक करतात हो प्रश्न

ताणी विचारलो.

‘‘सगळे लोक म्हळ्यार एक जीण अशी जाणविकाय दवरिनात जाल्ल्या कारणान. सगळे जाण एक अशी जाणविकाय दवरपी मनीस दुसऱ्यांक भोगयल्ली पिडा ही आपणाकूच भोगची पडटा ही गजाल मतींत धरतात. सगळेंच दुर्वर्तन हें आत्म हनन थारता.’’

‘‘सगळ्यो चुको हें अज्ञानाचें फळ हयतर? केन्ना केन्नाय समजून उमजूनय आमी चुको करतात न्ही?’’

‘‘तेन्ना पुराय समजणेंत कितेंय तरी चूक आसता.’’

‘‘समजणेत चूक जावन आमी चुकीची चलणूक आपणायली जाल्यार त्या खातीर लेगीत ख्यास्त आसूं येता?’’

‘‘चुकून आपणायल्ले चलणुके खातीर चलणुकेंतली चूक हीच एक ख्यास्त. भायलो उजवाड वाडोवपाच्या येत्नांत अंतरांतलो काळोख वाडटा. बरेतरेन जीण सारली जाल्यार प्रकाश लोकांत आमचें उत्थापन जाता. चुकीच्या मार्गान जीण सारली जाल्यार काळखाच्या राज्यांत देंवचें पडटा.’’

एक जिज्ञासू मनीस थंय पावलो. ताणे म्हळें ‘‘म्हाका ब्रह्माचें स्वरूप समजून घेवपाचें आसा.’’

महर्षीन ताका थोडे प्रस्न विचारले आनी निमाणे सांगले ‘‘तुका हो विशय समजुपाचो हक्क आसाच. आयक आनी समजून घे. ‘‘सर्व खलु इदम् ब्रह्मः अशें जाणकारानी म्हणलां ते अक्षरशा सत्य. ब्रह्म म्हणटात ताचे भितर आशिल्लो एकेक अंश सुद्दां समजप कठीण. ताचें वर्णन करतलो जाल्यार असाध्य अशा दोन अवस्थांचो मेळ घालून सांगचें पडटलें. तें चलतेंयबी आसा; स्थिरूयबी आसा. तें पयस आसा; तें लागींयबी आसा. तें सगळ्यांचे अंतरंगूयबी; तें सगळ्यांचे बाह्य रुपूय बी. स्थीर आसतना तें मनाक लेगीत फाटीं घालीत इतल्या वेगान उडत आसा. देवांनी ताका स्पर्श केलो. ताची सगळ्यांकूच पयली गरज. दोंगरावयल्यान एक फातोर घडघडत आयलो आनी कितलोय वेगान देंवलो तरीयबी भुंयेरूच आशिल्ले वरी, भूंय आपूण जंयची थंयच रावून, त्या फातराचें धांवप थांबतकच तो जंय स्पर्श करता त्या थळाचेरुय आसता: ब्रह्म तत्व हें धांवपी वस्तूंक धांवपाचे सुरवातेक धांवपाखातीर प्रेरणा दिता. आपूण हालनासतना तांच्या सांगाताक रावता; ताणी धांवप थांबोवन मोखीक स्पर्श केले उपरांत थंय तांच्या हाताकं धूरपाक वाट पळयत रावता.’’

आनी थोडे लोक थंय आयले. तांचे भितरल्या एकल्यान म्हळें ‘‘तुमी दया होच मुख्य धर्म अशें मानतात खंय. एके वायट व्यक्तीक दया दाखोवप कशें शक्य आसा? उपकार करून सांगचे तुमी.’’

महर्षींनी म्हळें ''सगळ्यांचो आत्मो एकूच. हाचो अभ्यास कर. तेन्ना दुश्टपण म्हणटात त्या संदर्भांत दयेची भावनाच उदेतली; तिडकीची भावना उदेवची ना.

तुजो जेन्ना पाय लोळटा तेन्ना तूं पायांक दुखयनासतना चिखोल धुवन उडयता. ही जतनाय तूं घेता ताचे फाटलें कारण कितें काय म्हळ्यार, तो पांय हो तूंच दुसरो कोण न्ही ही तुजी जागरुकताय. जिणे संबंदांतल्या सगळ्याच विशयांनी 'हो हांवूच' असो भाव बाळगिलो जाल्यार फाव तो संयम आमी राखूंक पावतले.''

''सगळे म्हळ्यार हांवूच अशें म्हळें जाल्यार स्वार्थाचीच वाडजावन दुसऱ्याचें हीत आमी विसरून वचूंक शकतात न्हीं?'

''सगळे म्हळ्यार हांवूच अशी फकत भासा भासूच जाली जाल्यार अशें घडपाची शक्यता आसता. अणभव येता तेन्ना तें शक्य ना. हातान पांय तोडलो जाल्यार आनी तोंडान हाताक घांस काडलो जाल्यार कोणूच सुखाक पावचो ना. पांयाक मार लागलो जाल्यार हात ताका पोशेता आनी हात भाजलो जाल्यार तोंड ताचेर फूक मारता. आपूण एक अशें तोंडान कोणूच म्हणना, एक म्हणून जगप हीच मोख आसता. अशे तरेन जियेवपी जिवांक मोहांतल्यान सुटका मेळटली इतलेंच न्हीं तर तांच्या वांट्याचें दुख़ लेगीत ना जातलें.''

''सगळे जाण ब्रह्मच अशें म्हणटकर हांव ब्रह्म जालों: अशें आसुनूय हांव यातनाभोगतां हाका कारण कितें?''

''तेंच कारण ताचें. 'हांव ब्रह्म' हें उलोवण्यांतल्यानूच समजलां अणभवांतल्यान न्हीं. प्रत्यक्ष ब्रह्म 'हांवूच' जाल्लों आसां हें जाणा जाल्ल्या मनशाक हांव नांवाचे तत्व ही एक नितळ निवळ अशी संकल्पना आसता. ताकां काया ना; तातूंत भितर कसली पिडाना, पिडा जांव येत अशें आंग ना: पिडा जांव नजो अशें तें एक शुद्ध तत्व जाल्लें आसता.''

खीणभरा उपरांत महर्षिंनी परतून सांगले : ''हे सगळें जाणा आशिल्ल्या आत्म्याक ब्रह्मतत्व संक्रमण काळ आनी प्रलयकाळ हांचो समावेश आशिल्ल्या अनंत काळांत कसलोच घुसपागोंदळ नाशिल्ली अशी सद्गती भेटयता.''

दनपार जायत आयले. महर्षींच्या कुमार कुलपतीन जाणटेल्याक थोडी विश्रांती मेळची म्हूण हेरलोक येवचे आशिल्ले तांका आडायले. महर्षिंनी हातपांय धुवन थोडोसो उसळ, फळां आनी दूद असो आहार घेतलो, एक फावट हातांत येता तितली उसळी घेवन तिचे चार वांटे करून चार कडेन दवरून फातराच्या लादयांचो ओटो आशिल्लो ताचे-रुच न्हिदले.

थोड्या वेळा भितर चार चानयो येवन उसळेचे दाणे खावंक लागल्यो. महर्षी तांचे चलिल्लें तें जेवण समाधानान पळयताले.

सुर्यान अस्तंतेवटेन देंवपाक सुरवात केली. महर्षी रुखाच्या अस्तंतेवटेतल्या कट्ट्यार न्हिदले. सूर्य देवता तो पळयत हर्षभरीत जावन ध्यानांत मग्न जाले.

गंगेच्या उत्तरेच्या कांटावयले आश्रमवासी थोडेजाण प्रवाह हुपून येवन महर्षींच्या सानिध्यांत रावले.

तेन्नाच्या त्या दिसानी विद्या-अविद्या संवसार वैराग्य, इह पर, अशा विशयां भितरल्या एकाक म्हत्व दिवन् दुसऱ्यांक कमी लेखून खूब वाद जाताले. वाद घालप्यांतलो कोणूच उणे अकलेचो नासतालो. अशें जाल्ल्यान त्या वादाक अंतच नासतालो.

थंय हाजीर आशिल्ल्यां मदल्या एकल्यान विचाल्लें ''मनशाक परलोक खातीर उपेगाक पडपी परलोकविद्या म्हत्वाची, काय भूलोकांतले जिणेक उपेगाक पडपी अपार विद्या म्हत्वाची आनी संवसारी मनशाक मोक्ष मेळूं येता? काय मोक्षाची आस धरपी हो वैरागीच आसूंक जाय?''

महर्षी कांय खीण ओगी रावले आनी मागीर सांगूक सुरवात केली ''ज्ञानाक अज्ञान म्हणून संवसाराक उणाक लेखिल्लो मनीस काळखांत बुडटा. भूलोकाक व्हड मानून ज्ञानाकडेन आड नदर केल्लो मनीस ताचे वांगडाच काळखांत देवता. भूलोकांतल्या वेव्हाराक जाय आशिल्ली विद्या श्रद्धेन आत्मसात करून संवसार जीण चलोवची. परलोकांतले जिणे खातीर उपेगाक पडपी विद्येभितर सिध्दी मेळोवन परलोक मेळोवंक जाय. संवसारांत रावुनच वैराग्याची साधना करूंक जाय. तेन्ना संवसार हो बंधन अशें जावचोना, आनी मोक्ष मेळप कठीण जावचें ना. परस्पर पूरक आसपाक जाय तीं तत्वां परस्पर विरोधी करून आमी वाट चुकून भोंवतात हें चूक. आमकां धर्माची शिकवण दिल्ली ते गुरू मोठे महात्में आशिल्ले. ताणीं मनःशांती मेळयल्ली. ताणीच आमकां अशे तरेचो उपदेश केल्लो.''

महर्षींचो आवाज खूब मधूर जाल्लोः तांची शक्त खूब क्षीण जाल्या म्हण कळटालें. मागीर एक-दोग जाण कितें उलयले ताचेकडेन ताणीं ध्यान दिलें ना.

सुर्यान इतलेभितर रंगांचें वैभव सगळ्याक पातलावन दिगंतेचे धडेर देंवपाक सुरवात केली. सानचो वारो मंदगतीन व्हांवतालो. आश्रमातल्या झाडांचेर शेवण्यांचे जोमे उमेदीन गायताले. थोडेंशे आदल्या उलोवण्याचे यादींत घुसपून आनी थोडे आपले भितरच कितेंयतरी उलयल्लेवरी करीत महर्षींनीं म्हणलें, ''सुर्याचे सुवर्णमय रूप धरतरेक उकतें जाल्ल्या वेळार मळबाक विसरावन घालता. घरांत रावतल्या मनशाक ताचो हुमरो घर दिता आनी उकत्या मळाक कुशीन दवरता. जिणेचो हुमरो हुपतल्याक फकत लाबूच जाता, लुकसाण जायना. भूलोकांतली जीण ही एका उजवाडाच्या दिसावरी आसता. तातूंत अर्देंच सत्य आमकां दिसता. सांजेचो हुमरो हुपतकच मळबाचें ऐश्वर्य दिश्टी पडटा''

इतलें म्हणून ताणी मुखार म्हणले, ''गा, सुर्यदेवा, तुजो उजवाडाचो पड्डो वयर काड, हांव सत्य पळोवंक आशेलां, तें म्हाका दिश्टी पडूं दी. अशें म्हणून ताणीं हात जोडले.

धा मिनटां गेलीं. महर्षिनी सुस्पश्ट अशा शुद्ध स्वरान म्हणलें 'पूषन् एकर्षे यम सूर्य प्राजापत्यव्यूह रश्मीन्. समूह तेजः. यत्ते रुपम् कल्याणतमम् तत्ते पश्यामि.'

कुमार कुलपती येवन महर्षींच्या तकलेकडेन तोंडामुखार बसलो. रोखडेच ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकांचे दोन थेंब सकयल पडले. महर्षीनी ते पळयले. पुताच्या हातांत हात दिलो. खिणा उपरांत म्हणलें ''यः असौ, असौ पुरुषः सः अहम् अस्मी.''

कुरवेनूच ताणीं आपणाक कट्ट्याच्या उदेंतेकडच्या बसकेर व्हरात म्हण मागले.

स्वता कुलपती आपणा बांगडा चार जाणांक घेवन गेलो आनी महर्षीक अळंग उबारून त्या रुखाचे उदेंतेक घेवन गेले. ऋषी पुर्वाभिमुखी जावन एका मृगाजिनाचेर न्हिदले. सगळ्यांच्या दोळ्यातल्यान दुकां येतालीं. महर्षीनी हें पळयलें. तांचे सांत्वन केलें. ''वायुः अनिलम् अमृतम् अथेदम् भस्मान्तकम् शरीरम्, ' अशें म्हणून 'ॐ' असो घोष केलो. मागीर ''सामर्थ्याचे स्मरण जावं. कर्तव्याचें स्मरण जावं, ध्येयाचें स्मरण जावं, साधिताचें स्मरण जावं'' अशें ते परतु परतून आपणा भितर गुणगुणत रावले.

कुमार कुलपतीन लागीं बागवून विचाल्लें 'कसलें सामर्थ्य?'' महर्षीनी मधूर आवाजान म्हणले ''पुराय धरतरी मोटे खोशयेन भरून वचूंक जाय आंनी तिचे वयली जीण सुंदर आनी सफल जावपाक जाय.''

खिणा उपरांत महर्षीनी कुमाराक आफोवन म्हणलें, ''म्हजो होमाग्नी हांगा हाडून दवर.''

कुलपती रडत गेलो आनी तो हाडून बापाय मुखार दवल्लो.

सूर्य आतां पुराय बुडिल्लो. उदेंतेचे दिगंतेचेर फिकट दिसतालें तें पूर्णचंद्राचें बींब चकचकीत दिसूंक लागलें. थंय नदरेआड जाल्लो उज्याचो गुळो हांगा लोणयाचो गुळो जावन आयला सो दिसतालो. महर्षीनीं अग्नीक नमस्कार केलो. वेदांच्या ऋषींनी गाइल्ल्यो ऋचा ते गावंक लागलेः ''अग्ने नय सुपथ राये अस्मान् विश्वानि देव वयनानि विद्वान् युयोद्यस्मज्जु हुराणमेनो भूयिष्ठांते नम उक्तिम् विधेम.''

ऋचा म्हणून दोळे धापिल्ल्या महर्षीनी कितलो वेळ ते उगडलेच ना. कुलपतीन म्हऱ्यांत वचून बापायच्या पांयांक हात लायलो.

महर्षीनी दोळे उगडून पळयले. पुताचेर नदर घाली. पुराय चकचकून आइल्ल्या चंद्रावटेन पळयलें आनी म्हणलें, ''यत्ते रूपम् कल्याणतमम् तत्ते पश्यामि.'' अशें कांय फावटी म्हणून ताणीं दोळे धापले.

परतून ताणी दोळे उगडले ना. मध्यान रातीर श्वास बंद जालो. सकाळ जावचे

आदीं कूड थंड जाल्ली.

संकल्पाक अणसरून एकदम आपणालो देहत्याग करपी हो महापुरुष एक महाज्ञानी मनीस आशिल्लो म्हणपाविशीं सगळ्यांनीच मनात गांठ घाली. येदो व्हडलो म्हापुरुष आसुनूय बी ताचें एक उपनिषद् नासतना गेलो म्हूण खूबजाणांक वायट दिसलें.

महर्षींचो जीवनक्रम मान्य नाशिल्ल्यानी म्हणले 'हाचेंकडच्यान गोरक्षण, वनपालन असलें कितेंय जायजाल्यार शिकून घेवं येतालें. ताणीं आनी उपनिषद सांगला आसतलें?

निमाण्या दिसा तांचे म्हऱ्यांत आइल्ल्या लोकांमदल्या एकट्या शिटूक मनशान म्हणले, ''महर्षिनीं नि माण्या दिसां जें इतलें उलोवप केल्लें तें सगळें पुंजावन एक वाक्यसंग्रह घडोवन तें तांचे उपनिषद अशें म्हणून आमी प्रचार करया.''

हें सगळें आयकून कुलापतीन सांगलें ''अशें कितेंय तरी करप शक्य जावंये अशी आस्त बाळगूनच हावें निमाण्या दिसा आमचे मदल्या कोणेय जरी तुमकां प्रस्न विचाल्ले जाल्यार तुमी मुजरत जाप दियात अशें हावें महर्षीकडेन नमळायेन मागणें केल्लें.''

''तुमचें एक उपनिषद आसपाक नाका?'' अशें केन्नाय कोणेय विचाल्लें जाल्यार महर्षी आपणे स्वताच्या हातान वाडयल्ल्या नंदनवनावटेन बोट दाखोवन ''हेंच म्हजें उपनिषद्'' अशें म्हणटाले खंय.

एक फावटी ताणीं ''म्हजें आनी वेगळे उपनिषद् कित्याक जाय? ईशोपनिषद् ना?'' अशें विचारिल्लें खंय

आनी एकं फावटी ताणीं म्हणिल्ले खंय ''मानवाचें उपनिषद ताचे भाशेंत आसा, ईश्वराचें उपनिषद् लोक जिणेंत आसा.''

हें सगळें उलोवणेंयबी मागीर कळ्ळें. हो एक अप्रतीम असो कर्मयोगी आशिल्लो अशें विद्वानांनी मानलें. सगळ्या श्रद्धावंतानी मेळून महर्षींच्या धाकट्या भावाच्या पुताची भेट घेतली. सगळ्या जाणांनी आपणे आपणे आयकल्लीं सगळीं वाक्यां ताका सांगलीं. कुलपतीय बी जाणा आशिल्लो. हेर सगळ्यांनीच मेळून सगळीं वाक्यां जुळोवन ईशोपनिषदाच्या श्लोकांची रचणूक केली.

वामदेव द्वैपायन आरुणेय महर्षींनीं आपणाल्या जीवनक्रमाच्या देखींनी पेटयल्ल्या गिन्यान दिव्याचे जायते वांटे त्या वाक्यांनी अलंकारीत जावन किरणांवरी आजून मानव जिणेंत चकचकीत उजवाड घालतात.

* * *

10.
राणी हाटशेप सिटू

इजीप्त देसाची राणी हाटशेप सिटू राजवाड्यांतल्या आपणाल्या निवासांतल्या व्हरांड्यांत बसून सदांभशेन गरीब दुबळ्यांच्यो कागाळ्यो आयकताली. मदींच देसाचो राजा टेहू टीमीसाचो आप्त सचीव अहमिसान येवन राणयेक बागवून वंदन करून म्हळें "प्रभू भलायकेन सामके थकल्यात सरकार, खीणभर म्हाराणीचें पावल तांचे म्हऱ्यांत पडलें जाल्यार प्रभूंक खूब बरें दिंसतलें सरकार." अशी ताणे भोवमानान आनी विनयशील तरेन अर्जी केली.

II

राणी हाटशेप सिटू आनी राजा टेहू टीमीस ह्या दोगां भुरग्यांचो बापूय एक आनी आवयो वेगळ्यो आशिल्ल्यो. हाटशेप सिटू ही पट्टराणयेची धूव आनी टेहू टीमीसाची आवय ही धाकटी राणी वा राजाची मोगिका आशिल्ली. इजीप्त राश्ट्राचे परंपरेप्रमाण राजघराण्याचे संततीन आपणांक समान अशा राजघराण्याकडेनूच लग्नाचे संबंध जोडूंक जाय असो नेम आशिल्लो. इजिप्ताचे राजकुंवरीच्या वंवशाक समान आशिल्लो असो राजकुंवर खंयच्यान मेळटलो? हाका लागून दर एके पिळगेंतल्या राजाराणी दांपत्याची संतत- पूत आनी धूव, युवराज आनी युवराज्ञी जातालीं. अशीं हीं भावंडां पती-पत्नी जावपांची ही निश्ठूर प्रथा बरीच लांबत गेल्ली. ह्या भावा भयणी मदलें पिरायेचें अंतर कितलेंय आसल्यार मागीर परवा नासताली. व्हडली भयण आनी धाकटो भाव लग्न जावन राजा-राणी जातालीं. हाटशेप सिटू आनी टेहू टीमीस अशे तरेन राजा-राणी जाल्लीं. भयण व्हडली आनी भाव ल्हान अशीं तीं सावत्र भावंडां आशिल्लीं.

हाटशेप सिटू भावापरस पंदरा वर्सांनी व्हडली आशिल्ली. पट्टराणयेची धूव आशिल्ल्या कारणान गादयेचेर हिचोच पयलो अधिकार आशिल्लो. टेहू टीमीस पिरायेन

ल्हान आसतनाच तांचें लग्न जाल्लें. तरणाटी राजकन्या राजघराण्याच्या व्हडविकायेच्या आवरणांत वाडिल्ली. लग्न जाल्यार कितें जालें, धा वर्सांचो भाव धाकटो तो धाकटोच. धाकटो भाव लग्न जातकच नांवांचोच घोव जालो. तिचो घरकार जावन सांगातान रावतलो आशिल्लो ती भविश्यांतली गजाल. बापायन त्या भायर धुवेक खूब अपूरबायेन वाडयल्ली. आपणा उपरांत राजकारबार मुखेलपणान तिगेल्या हातांतच उरपाचो आशिल्लो. त्या खातीर एका पुताकूच राजकारबार शिकोवचो तेच तरेन तिका तो शिकयल्लो. थोडो काळ सरल्या उपरांत बापूय भायर पडलो. भयणभावाकडेन गादयेचो अधिकार जेन्ना आयलो तेन्ना हाटशेप सिटू सहजतायेन सगळेच रितीन वयल्या पांवंडयार उल्ली.

दादल्या वरी ल्हानाची व्हड जाल्ली ती राजकन्या दादल्याचीच मानसीकताय बळीश्ट करून बसली. सगळ्या कारबारांत आपूण एक बायलमनीस न्हीं तर एक दादलोच आशिल्लेवरी वावुरताली.

तिका लागिल्ली ही चटक खुबूच बळीश्ट जाल्ली. लोकांमुखार उबी रावतकच आपूण एक अस्तुरी म्हणपाचें समजना जावपाखातीर ती दादल्याचोच भेस वापरताली. छातीय बी एका दादल्याचीच कशी दिसपाची जतनाय घेतिल्ल्यान, शस्त्रक्रिया करून घेतिल्ली आसुंये. 'अंतःपुराची नायिका' अशा अर्थाचें हाटशेप सिटू हें आपणालें नांव 'लोक नायक' असो अर्थ जावपी. 'हाटशेप्सू' अशा पुल्लिंगी उतरांत रुपांतरीत केलें. विजय दबाज्या वेळार स्मारक रुपान आपणालो पुतळो फातरांत कोरांतून घेवपाची गरज पडली तेन्ना तातूंत कोरांतिल्लें रुप, वस्त्रां, भेस बी सगळें दादल्याच्या भेसासारकें दिसचें हाची तिणे जतनाय घेतिल्ली.

असल्या सभावाचे हे प्रौढ अस्तुरेक घोव म्हूण लाबिल्लो आनी भुरगेपण सोपुंनाशिल्लो तिगेलोच धाकटो भाव दांपत्य जिणेंत आनी राजकारबारांत कितलो. प्रभावहीन जाल्लो आशिल्लो जांवये हाची कल्पना करूं येता.

प्रौढ पिराय जाली तेन्ना टेहू टीमीसान आपूण वेव्हारांत दक्ष आनी युद्धांत वीर आशिल्ल्याचें दाखोवन दिलें. सभावान कसोय आसलो तरी भयणी परस खूब ल्हान आशिल्ल्यान खूब वर्सां तिणे सांगलें आनी हाणे केलें अशीच प्रवृत्ती वाडीक लागली. ह्या कारणाक लागून होय बी बुदवंत जावन राजकारबारांत वांटो घेवपाचो वेळ आयलो तेन्ना राणी सदांच एक पावल मुखार रावप आनी हाका दुय्यम सुवातेचो मान फावो जावप अशी प्रथाच जावन पडली. धर्मीक कार्यां जी फकत दादलोच करूंक शकतालो अशा वेळार मात हो धाकटो भाव मुखार आसतालो आनी व्हडली भयण कुशीक एक पावल फाटीं रावताली.

राणयेक दांपत्यांतले सूख जाय आसतालें काय कितें वा कितलें जाय आसतालें

तें कळपाक कठीण आशिल्ले. बाकी सगळो तिगेलो कारबार पळयल्यार ही घर संवसारांतूय बी आपूण एक बायलमनीस म्हणपाचें मानून घेवपाक सोपेपणी तयार नासताली अशें दिसता. अशें आसलें तरीय बी घोवाक सोपेपणी कडेक सारप कशें शक्य आशिल्लें? खूब वर्सां संवसार चलले उपरांत हिणे एके धुवेक जल्म दिलो. ही धूव फुडारांत राश्ट्राची राणी जावपाक जाय आशिल्ली.

हे राणयेक लग्नाचो सांगाती आनी राश्ट्राचो राजा जावपाखातीर राणी एका राजपुत्राक जल्म दिवंये म्हण कुटुंबांतले लोक वाट पळयताले. प्रजेनूयबी वाट पळयली आसूंक जाय. पूण राणी दुसरे फावटी गर्भार रावली ना.

III

मदीं कसल्या तरी कारणावयल्यान घोवा बायले मदल्या संबंदांत ताण आयलो.

टेहू टीमीस एक फावट राजवाड्याच्या उपवनांत इश्टांवागडा फकणा मारीत बशिल्लो आसतना वयल्यान तांचे सामकारूच धप्प करून कितेंतरी पडिल्ल्याचो आवाज जालो. ती आशिल्ली एक व्हाण. ही खंयच्यान पडली काय म्हणून सगळ्यांनी वयर पळयलें. वयर एक घोण उडटाली ती दिश्टी पडली. ती व्हाण एके तरणाटे अस्तुरेची शी दिसताली. ते व्हाणेची सोबीत अशी रचणूक पळयल्यार ती एका चली भुरग्याचे व्हाणे सारकीच आशिल्ली. तशेंच तें चली भुरगें एका गिरेस्त घराण्यांतलें आसूंक जाय म्हूण कळटाले. व्हाणेचेर सोबीत रश्मी दोरयेन केल्लें वीणकाम आनी रंगरंगांचे अशे चार बटण लाइल्ले आशिल्ले. हाचेवयल्यान तें शारांतल्या एका गिरेस्त घराण्यातल्या चली भुरग्याचें म्हणपाचें सोपेपणी कळटालें.

इश्टांनी राजाचीं फकणा केली. 'तुका दुसरे राणयेची ओड लागल्या दिसता. देवान ती कोण ती थारावन तिगेली व्हाण तुजे व्हाणेकुशीक पावयल्याशी दिसता.'

राजा हांसलो. रोखड्या रोखडें कांय उलयलो ना. खिणा उपरांत ताणे म्हळे "आमच्या घराण्यांत आदीं एक फावट अशेच तरेन राणयेचो पत्तो लागिल्लो अशें हावें आयकल्लें आसा. ती राणी भोव रुपेस्त आशिल्ली अशें इतिहासांत म्हणिल्लें आसा."

राजाचो चड विस्वासांतलो असो एक इश्ट म्हऱ्यांत आयलो. आनी म्हळें "राजा वांगडा एक सोबीत मनभुलोवणी सांगातीण आसची. पिरायेन उणी अशी एक धाकटी राणी हाडात तुमी म्हाराज."

टेहू टीमीस परतून मातसो हांसलो. थोडो वेळ ओग्गी रावलो. मागीर म्हळें 'ही व्हाण कोणाची तें पळोवन येता?'

इश्टान म्हळें "थोड्या अंतराचेर बायलांचो एक न्हाण पाणटो आसा. घोणीन

थंयच्यान ती उखलून हाडल्या आसूंक जाय. थंय वचून विचाल्लें जाल्यार कोणाली व्हाण ना जाल्या नी खबर कळटली.'

राजान म्हळें ''लग्न जावपाच्या विचारान म्हणून न्हीं. तर ही व्हाण कोणाली तें पळोवन ती परती दिवपाखातीर तूं वचून यो.'' त्या कामाक तो इश्ट स्वताच गेलो.

राजाक राणयेच्या सहवासांतल्यान मेळटालें तें सूख जाय तितलें आसचें ना ही गजाल राजाच्या पुराय परिवाराक खबर आशिल्ली. ही चली सोबीत आसली जाल्यार हाका तिचो सांगात जाय जायसो दिसूंये. व्हाण परतून दिवपाखातीरूच म्हूण न्हीं तर तिचे विशीं म्हायती मेळोवपाच्या इराद्यानूयबी तिका पळोंवक जाय असो इश्टान निश्चेव केलो.

न्हाण पाणट्यार पावपा वेळार थंय एक दासी आनी चौगी चलयो व्हाण सोदतालीं तीं ताका दिसलीं. ते दासीन म्हळें ''हावें सांगुनाशिल्लें गो, ते घोणीन झोपय माल्ली म्हणून? तिणेच ती उबारून व्हेली असपाक जाय.''

इश्ट तांचे म्हऱ्यांत पावलो. ताणे विचाल्लें ''व्हाण सोदतात तुमी?''

हाचो भेस पळोवन, हो राजवाड्याकडेन संबंदीत कोणूय मनीस आसतलो म्हणपाचें तांकां कळ्ळें. चलयांमदले एके, पिरायेन मातशी व्हड आशिल्लेन म्हळें ''हय, तुमकां कशें कळ्ळे तें?''

''ही व्हाण उपवनांत पडिल्ली. ही एके घोणीन उबारून व्हेल्ली आसुंयेता, अशें आमकां दिसलें. चली भुरग्याची व्हाण म्हणटकच न्हाण पाणट्याचेर तिची भेट जावप शक्य आसा अशें धरून ती घेवन आयलां.''

त्या चलयांक खूब खोस जाली तितलोच तांकां संकोच दिसलो. इश्टिणीन म्हळें ''हय न्हीं? ही म्हजे इश्टिणिचीच व्हाण. व्हडले उपकार जाले तुमचे. पूण ती हाडून दिवपाचें काम तुमचेर पडूंक फावनाशिल्लें.''

त्यो चलयो बऱ्यो संस्कारी दिसताल्यो. जे चलयेची ती व्हाण आशिल्ली ती चली खुबूच सुंदर दिसताली. तिची पिशयूय बी चड नाशिल्ली. ती राजाक सोबसारकी आनी ताका मानवपासारकी आसा म्हणपाची इश्टाची खात्री जाली. ताणे म्हळें ''तातूंत वायट कांयच ना. आमच्या म्हाराजानीच ती तुमकां पावोवपाखातीर म्हाका धाडला. जाय जाल्यार तुमी घरा वता आसतना तांकां मेळून तांचे उपकार मानू येता.''

त्यो चलयो एकामेकाच्या तोंडाक पळोवंक लागल्यो. वयलेवयर हांसल्यो. राजपुरुशाच्या त्या आपलेपणाच्या आपोवण्याक कितें जाप दिवची ते कोणाकूच कळ्ळे ना. कांय खिणा उपरांत पयलीं उलयल्ली तीच इश्टीण म्हणूंक लागली ''आमी ही व्हाण सोदतालीं ती मेळिल्ल्यान आतां आमी घरा वतात. हे वाटेनूच वतात आमी'' अशें म्हणून हाताचे कुरवेन वयवाटेची वाट दाखयली.

ती वाट राजवाड्याच्या उपवनाच्या ध्वजस्थंभा मुखावयल्यानवताली. राजाचो इश्ट तिगेल्या म्हणण्याचो अर्थ समजलो. ''बरें आसा, खोशेची गजाल अशें म्हणून भोवमानान बागवून अभिवादन करून रोखडोच राजा म्हऱ्यांत आयलो. घडिल्ली गजाल सांगत ताका ध्यवजस्थंभा म्हऱ्यांत घेवन आयलो. तो वेळ मेरेन सगळ्यो तरणाट्यो अस्तुऱ्यो तुरतुरीत चलत ते सुवातेर पावल्यो. दासीचे मुखार चलताली ते अस्तुरेची ती व्हाण म्हणपाचें इश्टान राजाक सांगलें राजान तिका बरेभशेन पळयली. तिणे इल्ल्याशा संकोचान पूण मोठे खोश्येन ताका पळोवन बी मान बागयली. राजान इश्टाक म्हळें 'हिका आज सानची राजवाड्यांत हाडपाची वेवस्था कर. हांव हिचेकडेन लग्न जातां!''

गिरेस्त घराण्यांतली बाला 'आसेट' त्या दिसा सानची शास्त्रोक्त रितीन टेहू टिमीसाची धाकटी राणी जाली. तिचेकडेन लग्न जावचे पयलीं राजान आपले व्हडले भयणी म्हऱ्यांत वचून आपणे केल्ल्या निश्चेवाची तिका खबर दिली. हाटशेप सिटू ताची ती खबर आयकून बेजारली पूण तिणे आपणाल्या उलोवण्यांत तशें कांयच दाखयलें ना. तिणे म्हळे, 'तूं राजा, कितेंय करपाची तुका मेकळीक आसा. तुज्यान जाय जाल्यार धाकटी राणी हाडूं येता.''

लग्नाचो सरळ सादो सुवाळो त्याच दिसा सानच्या वेळार जालो. व्हडली राणी सुवाळ्याक हाजीर रावली ना. मागीर बी येत म्हळें जाल्यारूय ना. धाकटी राणी कोण, खंयची तेंय बी तिणे पळयलें ना. कांयच घडुनाशिल्ले भशेन आपली आपूण कडेक रावली.

वर्सा उपरांत धाकटे राणयेगेर एक चलो भुरगो जल्माक आयलो. तो चार वर्सांचो जालो. तोवेर मेरेन तिणे ताचेर नदर घालूं नाशिल्ली. ''धाकटी राणी, तिगेलो भुरगो वा तिगेल्या नात्यांतले कोणूय लोक व्हडले राणयेच्या भवनात कोणेच येवंक फावना ''अशी तिणे सुचोवणी दिल्ली.

टेहू टीमीस हिगेल्या वर्तनान सामको दुखाविल्लो म्हण सांगची गरज ना. व्हडले राणयेक शांत करपाखातीरुय म्हूण ताणे कांयच केलें ना. सदच्या वेव्हारांत सदचीच चलणूक आपणावन तो तिगेर वतालो, येतालो आनी धाकटे राणयेचो संवसार हो आपणालो स्वताचो वेव्हार कसो सामको वेगळेपणी चलोवंक लागिल्लो.

IV

राजा राणये मदले थोडेभोव शांततायेकयबी हे फावटी धक्को लागलो. राश्ट्राचे एके शिमेवयल्या जन समुदायान राजकारबाराक विरोध करून शेजारच्या सिरिया देसाक आदार दिवपाची येवजण आंखली. टेहू टीमीस स्वता सेनेचें फुडारपण घेवन युद्धार गेलो. दुस्मानाचे सेनेक हारोवन ताणे तांकां धांवडावन घाले. बंड केल्ल्या लोकांच्या गुंड

फुडाऱ्यांक बंदखणेत घालून राजा जैत जोडून राज्यांत परतलो. विजयोत्सव मनोवपाची येवजण तयार केली. देवाचे सासायेंत रावून जैत देवाक ओपून देवाचे कृपेचो, हार गळ्यांत घालून घेवप हें राजाचे मोठे भाग्य. ह्या दबाज्यांत दादल्याक चड म्हत्व आशिल्ल्या, कारणान राजा दर कार्यांत मुखार आसता आनी राणयेन ताचे कुशीक मातशे फाटीं रावचें पडटा. राणयेक हें पसंत नाशिल्ले. उपाय ना जाल्ल्यान तिणे आपणाली सहमती दाखयली. त्या दबाज्याक आपूणय हाजीर रावून बांटो घेतलीं म्हूण धाकटे राणयेनय इत्सा उगतायली. राजाकयबी तशेंजाल्ले जाय आशिल्ले. व्हडली राणी नाखूश जाल्ली. भासाभास जाली. अर्चक, पुरोयत, मंत्री, जाण्टे सल्लागारबी सगळ्यांनी मेळून धाकटे राणयेन उत्सवांत वाटेकार जावप समा जातलें असो निर्णय दिलो. ती आनी तिगेलो पुतूय उत्सावाक हाजीर रावली. राजा कुशीक राविल्ली राणी नाखोश्येचें चेपण सोंसूक जायना जावनय सोंसून घेवन रोखडीच आपणाल्या भवनात कडसरली. ह्या उपरांत आपूण राजाचें तोंड लेगीत पळोंवची ना असो तिणे निश्चेव केला.

दुर्दैवान म्हणटात तसो राजा दुसरेच दिसा जोरान न्हिदलो. युद्धाचो थकवो, परतता आसतनाचे वाटेर गरजेची सुविधा मेळनाजाल्ल्यान जाल्ले त्रास, विजयोत्सव नमोवपांत कुडीक जाल्ले श्रम अशें सगळें मेळून ताका खूब पुरो जाल्लें. वैद्यानयबी पयलीं बरो ना जावपाचें हेंच कारण सांगलें पूण धा दीस जाले तरीय बी जोर देंवलो ना. रोग-पिडेकडेन झगडत, आशिल्लो राजा एक दीस निसणो स्वास घेता काय कितें इतली भिरांत उपरासली.

राजा भोवतेक वेळार आपणाले व्हडले भयणी मुखार धाकूटपण घेवन दर खेपेक तिचो पुराय अधिकाराचो हट्ट मानून घेवंक शकतालो. पूण हे फावटी, आपूण हट्टान राविल्लो अशें दिसतालें. ''आपूण जितलो मोव रावतां तितली ती चड निबर जाता. हे गर्वीश्ट अस्तुरेक शीम मेर खबर ना? ती जितली म्हजी राणी, तितलींच म्हजी राणी आशिल्ले दुसरे एके अस्तुरेक अशे तरेन नदरेआड करून उडोवपी हिका हांव कित्याक इतलो मान दींव?'' अशें चिंतून ताणे आपणालें मन घट केल्लें. धाकटे राणयेन, ताचे कुशीक बसून ताची सेवा करता आसतना ताचो हो हट्ट कुशीक सारलो.

''कितलेंय जालें तरी त्यो व्हडल्यो-मात एक बायलमनीस इतलीच खबर. पूण बुदवंत काय दादल्याची. तांकांच बापूय वा व्हडल्या भावा समान मानल्यार तातूंत उणेपण कसलें? म्हाका घरांत हाडले उपरांत तुमी तांचेकडेन इल्लें दुर्लक्ष केलें. त्याखातीर तांका मातसो राग आयला. खालतेपण घेवन आमी तो पयस करूंक जाय.''

''आनी तो पयस केलोना जाल्यार कितें? जाय तशेंच घडलां म्हणून आसूं तशेंचं.''

''तुमची धूव आनी पूत फुडाराची राजाराणी जावपाचीं आसात. तांचे लग्न जावपाक जाय. अक्कान तें करून घेवंक नाका?''

''ना करून कितें करतली ती? केन्ना काळांतल्यान चलत आइल्ली परंपरा ती. ती कोण आडायतलो?''

''आडांव ना जाल्यार चालू दवरूं. आमची तातूंत आडखळ नाका. तुमच्या आंगाक जोर आसा. सांगून धाडात. एकदां न्हीं, दोन फावटी विनवणी करात. ती आयले उपरांत भुरग्यांचें लग्न रोखडेंच जावंक जाय. ते विशीं तांकां विचारात. तें जावन पडूं एकदांचे. आमच्या पुताचो फुडार थारायल्लेबरी जालें मागीर.''

''पुतापरस तुजो राजवाड्यांत घुस्मटमार जाला तो म्हाका म्हत्वाचो दिसता. बरें आसा हावें अक्काक विनवणी केल्या असो रकाद धाड.''

हांच्या ह्या निर्णयाप्रमाण राजाच्या आप्त सचिवान राणी हाटशेप सिटू म्हऱ्यांत येवन राजाची विनवणी कळीत केली. हे विशीं कथेचे सुरवातेक सांगिल्लेंच आसा.

V

राणयेन त्या खिणार चितलें, ''हांव वचून कितें जातलें? हांव ह्यावेळार ताचेकडेन बरेभशेन दोन उतरां उलोवंक शकचें ना. ताचेकडच्यानूय म्हाका कितेंय आयकून घेवपाची गरजशी दिसना. राजा-राणी सांगातान आसपाचो कायदो ना. फुडारांतलो मुखेली आजून जल्माक येवंना. जोडपें तयार जाल्ले ना'' सचिवाक तिणे फक्त 'बरें आसा' इतलीच जाप दिली आनी आपणालें काम करीत रावली. याचकांची गर्दी कमी जाली. सचीव परतून आयलो आनी ताणे म्हळें 'सरकार, ध्यानात घेतलां न्हीं तुमी?' राणयेन म्हळें 'बरें, येव या' अशें म्हणून दुसऱ्या कसल्या तरी कामांक लागली. अहमीस परतलो आनी राजाक घडिल्ली गजाल सांगली.

घटकाभर गेली तरी राणी आयलीना. धाकटे राणयेन राजाक म्हळें 'परतून एक फावट वचून आफयल्यार योग्य जावचें ना?'' खीण भर राजा शान्त रावलो, 'हय, खरें तुजें सांगून धाड.'' अक्का रागान पुताक अव्वल अधिकाराचें पद मेळना जावपाची तजवीज करूंये घडये, असो ताका दुबाव आयलो.

अहमीसान परत वचून राणयेक म्हळें ''म्हाराज सामके अशक्त जाल्यात. तुमी खीण भर येवन तांची भेट घेवपाची दया दाखोवची अशी तांची विनवणी आसा.''

ह्या वेळार राणी मातशी मोव पडिल्लेवरी दिसली. ती येवजूंक पडलीं हो भाव आपणाकडेन सरसकट बरेभशेनूच चलला. भोंवतणच्या सांगात्यांनी ताका नश्टी बुद्द दिल्ली. इतल्याच खातीर व्हडली भयण आशिल्ली आपूण जोरान तळमळटल्या आपणाल्या धाकट्या भावाक मेळनासतना रावप बरें जावचें ना. आपणाली चलणूक समा न्हीं. फाल्यां कितेंय वायट घडलें जाल्यार सदांच म्हज्या मनाक खातलें. वयल्यान हांव लजेक म्हारग

जातलें. सगळे तरेन चिंतून मेकळी जाल्ली राणी भावाक मेळपाक गेली.

ती येवपाच्या वेळार राजाल्या पलंगाकडेन तिचे खातीर एक राजासन हाडून दवरिल्लें. राणी येवन राजा मुखार उबी रावली. राजान तिका योग्य तरेन अभिवादन केले. त्या आसनावटेन कुरू करून बसपाक सांगले. थंय बसता आसतना ''जोर देवूं नातर आजून'' अशें म्हणून तिणे राजाच्या कपलाक हात लावन पळयलो.

ह्या वेळार राजान तिचे कडेन कितें उलोवपाचे तें मनातले मनात थारावन दवरिल्लें.

''जोर देंवपाचो दुबाव, हांवूच देंवता काय दिसूंक लागलां. त्याच खातीर सांगून धाडलें.''

'राजवैद्यानी धीर घालोवपासारकें कितें सांगले?''

'' ना, ना, म्हाकाच आतां धीर ना जावन पडला. गेल्ल्या एक दोन दिसां भितर श्वास अशक्त जाला. त्या खातीर संवसाराचो निरोप घेवचे आदीं एक इत्सा आसा ती चलणुकेंत घालपाविशीं विचारूंक सोदतालों.''

''इजिप्ताचो राजा म्हाका आनी कितें विचारूंक सोदता? ताचे इत्छेप्रमाण जाय तशें घडटाच न्ही?''

''राजाकूय बी ताचे राणयेन आपणाक मान्य आसा अशें म्हणपाक नाका?''

''घडलां तें सगळें म्हाका विचारुनूच घडलां काय कितें?''

''विचारिनासतना एकूय गजाल घडिल्ली ना.''

''कित्याक आसची ना तर? राजाक जायतें बरेभशेन घडिल्लें आसा.''

''अक्काची मान्यताय नाशिल्लें पूण म्हाका जाय जाल्लें हावें किस्कुटाय देंय काम केल्लें ना. अक्कान मात जाय तेन्ना भावाक विचारिनासतना जाय जाल्ली गजाल केल्ली आसा. तें चूक म्हणपाचेंना. अक्का आपणाल्या अधिकारान जायतशें करूंक शकता.''

''भावाक नाका आशिल्ली आनी आपणाक जाय आशिल्ली कसली गजाल केली म्हणटा अक्कान?''

''ते विशीं कित्याक उलोवंक जाय आतां? हांगा येवपाची विनवणी केल्ली ती एका वेगळ्या कारणाखातीर.''

''तरी पूण ती गजाल सोपोवपाक सोदतां हांव. भावाक नाका आशिल्लें अशें कसलें काम केलें अक्कान?''

''म्हाका तशें कांय म्हणपाचेंना. कितें जायतें करपाचो पूर्ण अधिकार आसा अक्काक.''

''हें पळय तम्माजी, (धाकट्या भावा) आयुश्य सोपलें म्हणटा तूं. ह्या वेळार तुजे सामकार म्हजे धुवेच्या माथ्यार हात दवरून सांगतां, लग्न जालें म्हणून देवान हें सगळें

घडोवन हाडलें. तुज्या वांट्याक हांव बायल म्हणून आयलें. मागीर हांव बायल म्हणून चललें. गादयेक वारस आसचो अशें चिंतून तुजे धुवेक जल्म दिलो. हेर आयुश्य दादल्यावरी जगलें. संवसारांतल्या दादल्यांखातीर हांव एक दादलोच म्हूण रावलें. आजमेरेन राजा सोडून दुसऱ्या कोणाच खातीर हांव बायलमनीस न्हीं.''

''म्हाकायबी चड बायलांचो सांगात ना. एकेच बायलेचो सांगाती आशिल्लों इतलीं वर्सां.''

''तें खरें. हांवूय बी रंगयाळें पिसोळें जालेंना. तुका तें जाय जालें.''

''अक्का हांव एक दादलो. बायलमनशेची धिटाय दादल्याक कशी येतली?''

''धिटाय नाका, जल्मान जी राजकुमारी न्हीं अशी अस्तुरी हाडपाची गरज आशिल्ली?''

''आसूं तें आतां. जालें तें जालें. आनी अशें जालें म्हणून तुजेविशी ती केन्ना एक दीस वांकडें उलोंवना. तूं कितेंय रागान उलयल्यार ती तुज्या पांयाचेर घालून घेताली. तूं बेजारली जाल्यार कांचवेवन फाटीं रावताली. म्हाका सूख दिवपाखातीर तूंच दुसरे कुडीच्या रूपान आयल्या काय कितें अशें म्हणपा इतली चलणूक तिणे आपणायल्या. सगळे प्रजेचो सांबाळ करपी तुवें तिचोयबी सांबाळ करूंक जाय.

''म्हजे इतली तीय बी राणी. हावें आनी तिका सांबाळप म्हणटा तें कितें?''

''घरांत आइल्ली अस्तुरी अक्का इतली हक्कदार राणी कशी जावंक शकता? कितलीय जाल्यार ती भायल्यान आइल्ली एक बायलमनीस. अक्का ही एक देवान राणीपद भेटयल्ली राणी आनी ही एक हावें राणीपद भेटयल्ली राणी.''

दोगांय पुराय सतर्कतायेन उलयतालीं. इतलें उलोवणें जाय मेरेन राणयेचें मन धाकट्या भावा वयले अनुकंपेन सामकें मोव पडिल्लें. टेहू टीमीसाचें जोरान शिणिल्लें मुखामळ आनी ताची दोळेभर नितळ निर्विकार अशी नदर पळोवन एक सान भुरगोच आड पडला असो राणयेक भास जालो. ल्हानपणांत तिणें ताका धरिल्लो, ताचेवांगडा ती खेळिल्ली. तरणाटे पिरायेर ताचेकडेन लग्न जाल्ली आनी घडये आपूण ताची घरकान्न म्हणपाचें ध्यानांत येतकच ताचेकडेन घरकाराच्या रूपान पळोवन ताचो सहवास घेतिल्लो. लोक आपणाक पुरूशी अस्तुरी म्हणटात हें ती जाणा आशिल्ली. ही राणी घरकान्नीच्या रूपान वाट्याक आइल्ल्यान राजाक सूख आनी कितें मेळटलें अशें लोक दुबावान उलयताले तेंय तिणे आयकल्लें. केन्ना केन्नाय आपूण अशी आशिल्ल्यान ताचे विशीं चिंतून तिका काकुळटय येताली. त्या सान भुरग्यावरी पडिल्ल्या भावावटेन पळोवन तिच्या मनात मायेचो उमाळो आयलो. आपूण देवान नेमिल्ली राणी हीं ताचीं उतरां आयकून राणी सामकी विरगळून गेल्ली. तिणे म्हळें ''तुजो जोराचो थकवो थोडो आशिल्ले भशेन हावें आनी तुका

खूब उलोंवक लायलो. हांव येवं आतां?''

''तुजी कांय आडखळ ना जाल्यार ज्या कारणाखातीर तुका आफोवंक धाडिल्ली ती गजाल सांगून सोपयतां. ती कानार घालून म्हज्यान मागीर निरोप घेवं येता.''

''कसली गजाल ती?''

''आमच्या पिताश्रीचीं आमी दोन संतान राणी आनी राजा जाल्यांत. म्हज्या वांट्याक आइल्लीं म्हजी धूव आनी म्हजो पूत तशींच राणी आनी राजा जावंचीं अशी आस्त आसा. अक्कान हें मानून घेवचें अशें मागतां.''

अशे तरेचें उलोवणें येवं येता. म्हणपाचें राणयेक हांगा येवचे पयलींच दिशिल्लें. खबर आयली जाल्यार सद्याक ती खबर नाका अशें सांगपाचो निर्णय मनात थारावन ती आइल्ली. पूण हांगा आयले उपरांत जाल्ल्या उलोवण्या वेळार राजान दाखयल्ली विनयशील चलणूक, तेच प्रमाण धाकटी राणी पुताक घेवन तोंड लेगीत दाखय नासतना पड्ड्या फाटल्यान कुशीक राविल्ल्यान ही खोशी जाल्ली. तेच प्रसन्न मनस्थितींत खिणा उपरांत तिणे म्हळें ''देवान थारायल्ल्या राणी-राजाक हावें आनी मानून घेवपाचें कांय ना. जावनी थारिल्लें आसा तें.''

राजाच्या मुखामळार कृतज्ञतायेचो भाव उजळिल्लो दिसलो. आनंद आनी मोगान ताणे आपणाले दोनूय हात राणये वटेन उखलून धल्ले. राणयेन आपणालें तोंड लागीं व्हेलें. राजान दोनूय हातानीं कासुनलांकडेन धरून तिचें तोंड आपणावटेन ओडलें.

ही प्रसन्नतायेन वावुरताती पळोवन पड्ड्याभितर आशिल्ली धाकटी राणी आपणाल्या पुताक घेवन लागीं आयली. व्हडली उठून 'आतां हांव येवं?' अशें म्हणत उबी रावताली तेन्नाच धाकटेन पुताक हिगेल्या पांयार घालो. आपणे दिमी मारून हिगेल्या पांयांक हात लायलो. अनपेक्षीतपणान घडून आइल्ल्या ह्या प्रसंगान राजाक एक कल्पना सुचली. ताणे राणयेक म्हळें ''वेळ बरो आसा. आमचे धुवेक आफोवन घेवन हांचो संबंध निश्चीत करून तांकां आशिर्वाद दी.''

ना म्हणपाक राणयेमुखार कसलेंच कारण उरूंक नाशिल्लें. ह्या वेळार सचीव अहमीस ते कुडींत आइल्लो. राणयेक उद्देशून ताणे विचाल्लें ''सरकार, घेवन येवं हांव धाकटे युवराज्ञीक?''

राणयेन ताका मान्यताय दिली. सचीव वचून तांचे धुवेक घेवन आयलो. अक्का आनी धाकटो भाव आशिल्ल्या त्या दोगां भुरग्यांनी तो वेळमेरेन एकामेकाक पळोंवं नाशिल्लें. तीं दोगांय भुरगीं जाणट्यांमुखार एक दांपत्य जावपाचो विधी घडून आयलो.

उपरांत राणायेन राजाची संमती घेतली. धाकटे राणयेकडेन दोन उतरां उलयली, पुताच्या माथ्यार हात दवरून आशिर्वाद दिलो आनी आपणाल्या भवनांत परतली.

VI

परतून वता आसतना तिच्या मनांत एके तरेचो विचारांचो खवदळ सुरू जाल्लो. ही राज पदवेची गतूच अशी. आपूण एका सामान्य घराण्यांत जल्मल्लें जाल्यार एक सामान्य अस्तुरी कशी सुखान जगतलें आशिल्लें. खरी पुण्याय आशिल्ली जाल्यार हे धाकटे राणयेवरी एका राजाची राणी जावन जगतलें आशिल्लें. आपणाल्या उदरांत जल्मल्ले आपणाले धुवेच्या वांटचाकूयबी असलेंच सूख येतलें आशिल्लें. राणयेचो अधिकार आसा पूण बायलमनशेच्या वांट्याचें सूख ना. आसूं तें. हें देवानूच दिलां. ताचे इच्छे आड कोण येतलो? अशें आसलें तरी आपणालो भाव आपणाकडेन बरेतरेनूच चलिल्लो. ताच्या पुतान आपणाले धुवेक अशेच तरेन सांबाळ्ळी जाल्यार खूब जालें. दोगांय भुरग्यांक इजीप्त देशाचें राजपद दिवपाखातीर जल्माक घालून तांकां दांपत्याच्या बंधनात जोडपी दैवान आपणाले धुवेक तिच्या जिवितांत आपणाक दिलां तितलें सूख दिवपाची कृपा केल्यार पुरो.

VII

राजा तीन दिसांनी भायर पडलो. राणयेन एकटेनूच राज्य चलयलें ना. तिणे धाकट्या टेहू टीमीसाक आपणा वांगडा गादयेर घेतलो. ताचे वतीनूच राज्य चलयलें. नवो राजा पंचवीस वर्सांचो तरणांटो जायमेरेन राजाराणी दोगांयनी राजकारबार सांबाळ्ळो. राणयेन आपूण एक दक्ष सम्राज्ञी म्हणून येस मेळोवन आपली जीण सोपयली.

☆☆☆

11.
भ्रश्ट काळ

शार रुपी राज्य आनी शाराचो मुखेली होच जंय राजा आसतालो अशा रोम शारान एका काळार अत्युत्तम अशी राश्ट्रीय संस्कृताय निर्माण केली. मागीर तें एक राज्य जालें आनी कालक्रमाप्रमाण एक साम्राज्य जालें. ऐश्वर्य आनी आधिकाराच्या उपभोगाच्या परिणामातल्यान थंयच्या लोकांचे जिवीत भ्रश्ट जावन गेलें.

धा जाण मेळून स्वार्थ विसरून राश्ट्र हिताखातीर वावरप आनी अनिवार्यपणान मेळिल्ल्या गौरवांत आमचो वांटो ना अशें म्हणपी लोकांचो काळ फाटीं पडलो. आपणाक फुडारपण जाय, आपणाल्या मनशांक फुडारपण जाय अशें म्हणून प्रमुख लोक पुंजुले पुंजुले करून पदव्यां पुरस्कारांखातीर सर्त करपाचो काळ येवन पावलो.

निर्लेपपणान, सत्यमार्गान आनी संयमान नित्याची जीण सारून वैयक्तीक जीण हारशावरी नितळ राखून आशिल्ले फुडारी कोनशाक पडले. भ्रश्टपणाचो वीट येनाशिल्ले, असत्याक कांचवे नाशिल्ले संयमांत विश्वास नाशिल्ले अशे बळीश्ट लोक फुडारी जाले. अधिपत्याचे बळी थारिल्ल्या परकी लोकांच्या असहायतेचो फायदो घेवन ऐश्वर्यवंत जावन आपणाल्या देशांत येवन आढ्यतायेन जगपी लोकांची संख्या वाडली.

II

अशा काळांत रोमाच्या शेजराक लारीनो नांवांच्या गांवांत ओपियानिकस घराण्यांतलो स्टेशियस नांवांचो एक महनीय मनीस आशिल्लो. ताका कयस नांवांचो एकटो भाव आशिल्लो.

त्याच गांवांत इतलींच गिरेस्त आशिल्लीं अशीं क्लुयेंटिआय आनी औरिआय नांवांची दोन घराणी आशिल्लीं.

ह्या दोनूय घराण्याचे मुखेली भायर पडिल्ले. क्लुयेंटिआय घराण्याचे मुखेली अस्तुरेचें

नांवं आशिल्लें सासिया आनी औरिआय घराण्याचे मुखेली अस्तुरेचें नांवं आशिल्लें दायनिया. सासियादेवीक एकटो ऑरस नांवांचो पूत आनी क्लुयेंटिया नांवांची धूव, अशीं दोन भुरगीं आशिल्लीं. दायनियादेवीक मार्कस, नुमरेरियस आनी नेयस अशे तीन पूत आशिल्ले आनी मॅजिया नांवांची एक धूव आशिल्ली.

मार्कस हो युद्धांत सोपलो अशी खबर पातळ्ळी. तेन्ना नुमेरियस आस्पतीचो अधिकारी जालो.

तरणाटे मॅजियाचें स्टेशियसाचो धाकटो भाव कयस हाचे कडेन लग्न जाल्लें.

III

स्टेशियस हो सत्यान चलपी मनीस नाशिल्लो. सुरवातेच्यान ताणे चुकीची वाट आपणायल्ली. पयलीं आपणाल्या दोगजाण बायलांक सोडून दिल्लीं आनी तिसरेकडेन लग्न जाल्लो. पयले बायलेक ताणे वीख घालून मारिल्ली अशें लोक उलयताले आनी दुसरे बायलेक ताणे बुडोवन मारिल्ली. आतां ताचे वांगडा नंदताली ती बायल ताणे तिसऱ्या लग्नातल्यान हाडिल्ली.

फोल्गी जीण सारून ताणे आपणाल्या वांट्याची आस्पत फुकून हात रिते केल्ले. जगपाखातीर कितेंय तरी वाट काडपाक जाय आशिल्ली.

लारीनो गांवांत असीनियस नांवांचो एकटो गिरेस्त तरणाटो रावतालो. स्टेशियस ओपियानिकसान ताचेकडेन इश्टागत वाडयली. एका प्रौढ जाणट्या मनशान एका अज्ञान भुरग्याचो सांबाळ करचो ते तरेचो वेव्हार ताणे त्या तरणाट्याकडेन सुरू केलो. आपणाल्या सांगाताक ताणे आनी एका इश्टाक घेतलो. तरणाट्याक शाराची वळख करून दिवया अशें म्हणून ताका रोम शारांत घेवन गेलो.

सगळे हे इश्ट शारांत थोडे दीस रावल्या उपरांत दुसरो इश्ट मातसो जिवाक बरें ना जावन हांतरुणार पडलो. ओपियानिकस एका अनवळखी नोटरीक आनी वांगडा चार तिरायतांक घेवन पिडेस्त इश्टा म्हऱ्यांत आयलो. त्या इश्टान एक मृत्युपत्र तयार करून घेतलें. 'म्हजो मोगाळ इश्ट ओपियानिकस महाशयाक म्हजी सगळी आस्पत सोडल्या' अशी सुचोवणी तातूंत आसपावन घेतली. त्या मृत्युपत्राचेर असिनियसाच्या नावान ताणे फटींची निशाणी केली. मृत्युपत्र कायद्याप्रमाण चलणुकेंत आयलें.

IV

दुसरे दिसा तो इश्ट सदांभशेन निरोगी जालो. ताचे उपरांत दोन तीन दिसांनी कोणेतरी असिनियसाचो खून केलो.

मृत्युपत्र दाखोवन ओपियानिकसान भायर पडिल्ल्या इश्टाची सगळी आस्पत आपणे हातासली.

ही आस्पत जे तरेन ताच्या वांट्याक आयली ती तरा पळोवन लोकांक दुबाव आयलो. कोणेतरी न्यायालयांत कागाळ केली. फटीची निशाणी केल्ल्या इश्टाक न्यायालया सामकार हाडलो. ताणे आपणे केल्ली चूक कबूल केली. ताचो परिणाम म्हळ्यार आपसूक ओपियानिकसाक न्यायालयामुखार हाजीर रावचें पडलें.

पूण न्यायाधीश हो एक आपलो फायदो पळोवपी मनीस आशिल्लो. ओपियानिकसान अचळय गुपीत रितीन ताका रकाद धाडून आस्पतींतलो अर्द वांटो ताका दिवपाचें उतर दिलें. न्यायाधिशान ओपियानिकसाक निर्दोश म्हणून सोडून दिलो.

V

ओपियानिकस एक व्हडलो आस्पतदार म्हणून गावांत परतलो. तो रूपान बरो सोबीत आशिल्लो. त्या भायर उलोवपांत मोठो फिशाल. वागाक स्वताचे 'रान किते आनी दुसरें रान किते, सारकीचं. हो दिसपाक सोबीत आनी उलोवपाक फिशाल. ताणे धाकट्या भावाची बायल मॅजियाक आपणाल्या नादाक लायली.

इतले मजगतीं तिगेलो एकटो व्हडलो भाव नुमेरियस भायर पडलो. मरणाआदीं ताणे आपणाली आस्पत आपणालो धाकटो भाव नेयसाच्या नांवांर केली.

थोड्याच दिसांनी तोयबी बरोना जालो. आपूण कसो बरोना जालों आसत काय हाजेविशीं ताका दुबाव आयलो जावंक जाय. आपूण जगचों ना हेंय बी ताका कळिल्लें जावंये. तेन्ना मॅजिया गुरवार आशिल्ली. नेयसाक आपणाले भयणीची चलणूक सारकी ना म्हणपाचो दुबाव आयलो आसपाक जाय. ताणे तिका आफोवन हाडली. आपणे वांकडें पावल मारूं ना, आपणाल्या गर्भांतलें भुरगे घोवालेंच, तें देरालें न्हीं अशें तिणे भावाक सांगलें. नेयसान आपणाली आनी भावाकडच्यान मेळिल्ली आस्पत मेळून सगळीच तिगेलें जल्माक येवपाचें आशिल्ल्या भुरग्याक मेळची आनी भुरगें जगलेंना जाल्यार आपणाले आवयक आनी भयणीक मेळची अशी सुचोवणी करून मृत्युपत्र तयार केलें. ओपियानिकस ते आस्पतीचेर कब्जो करूंक सोदपाची शक्यताय आशिल्ल्यान ताणे आपणाली आवय दायनियाक त्या भुरग्याची पालक म्हूण नेमली. हें जाले उपरांत थोड्या दिसांनी तो भायर पडलो.

नेयस मेले उपरांत थोड्या दिसांनी ओपियानिकसान मॅजियाक फुसलावन करून तिका गर्भ नासोवपाखातीर वखद दिवपाची वेवस्था केली. तेन्ना आस्पतीक कोण मालक नाशिल्लेवरीच जालें. विधवा आशिल्ली दायनियादेवी आनी आपणाल्या जाळ्यांत फारवल्ली

मॅजिया हांची आस्पत आनी आपणाली आस्पत हातूंत कांय वेगळेचार ना हाची तो खात्री बाळगून आशिल्लो.

VI

मर्दी केन्नातरी दायनियाचो व्हडलोपूत मार्कस जितो आसा म्हणपाची खबर आयली. ताका सोदून हाडपाखातीर दायनियान आपणाले कांय मनीस धाडून दिले. तो आयलो जाल्यार आस्पतीचो तो धनी जातलो हें चितून ओपियानिकसान आपणालेय कांय मनीस धाडले. तांकां सांगून दायनियान धाडिल्ल्या दुतांक चुकीचे वाटेन व्हरपाची मांडणी केली. तो व्हडलो पूत जितो आसल्यारुय बी घरा पावना जावपाची वेवस्था केली. भोवतेक ताचो खून घडोवन हाडलो आसपाक जाय.

दायनिया बरी ना जावन हांतरुणार पडली. ओपिया निकसान वैद्याक हाडलो. तिका ताचो दुबाव आयलो. तिणे दुसऱ्या वैद्याक आफोवन घेतलो. ओपियानिकसान ताकायबी आपणाल्या चपक्यांत घेतलो. ताका चार हजार पौंड दिवन ताचेकडच्यान दायनियाक वीख घालून घेतले.

ती मेली. मरपापयलीं तिणे आपणाल्या बांट्याचे आस्पतीविशीं मृत्युपत्र करून दवल्लें. ओपियानिकसान तें कशेंतरी मेळयलें. ती मेली तेन्ना तें लासून उडयलें.

आतां सगळे आस्पतीची मॅजिया हीच मालकीण जाली.

हें सगळें घडटालें त्या दिसांनीं मॅजियाचो घोव भायर पडलो. ओपियानिकसान आपणाले बायलेक सोडली. धाकट्या भावाची बायल मॅजियाकडेन लग्न जालो. तिचे सगळे आस्पतिचेर आपणे अधिकार मेळयलो.

हो इतले सगळें करतालो तातूंतली कितेंय खबर गावांतल्या लोकांक कळ्ळेबगर रावता! गांवांत वेगळेवेगळे गूट आनी प्रतिगूट आसतात. ह्या मनशाचो जांकां राग आशिल्लो ताणी ताची सरकार दरबारांत कागाळ केली. मेलीनस नांवांच्या एका सज्जनाक ह्या कामाचें मुखेलीपण दिलें.

VII

मेलीनस हो एक बरे चलणुकेचो मनीस आशिल्लो अशेंय बी म्हणपाक वाट नाशिल्ली. कांय वर्सा आदीं हो सासिया देवीचे धुवेकडेन लग्न जाल्लो. सासिया ही एक दुश्ट बुद्दी बायल मनीस आशिल्ली. तिणे आपणाल्या जांवया वांगडा सुख भोगाचे खेळ सुरू केले. रोमाच्या इतिहासाच्या सुवर्ण काळांत लग्न ही एक पवित्र अशी संवस्था मानताले. काळ फुडें सरलो तशी तशी ही पवित्रताय उणी जायत गेली. ओपियानिकसाच्या चरित्राच्या आधारान ही गजाल सिद्ध जाता. मेलिनसान हे नव्या काळांतले सुविधेचो लाब घेतलो.

आपणाली लग्नाची घरकान्न आशिल्ले क्लुर्येटियाक सोडली आनी सासियाकडेन लग्न जालो.

ह्या अगम्य अशा गमनातल्यान गांवचो लोक अस्वस्थ जालो. पूण त्या दादल्यान आनी ते बायलमनशेन आपणाले अशीश्ट संबंध दवरूंक फावना अशें सांगपी कायदो नाशिल्ल्या कारणान कोणाल्या म्हणण्यान कितें जातलें? लोकांमदीं आपणाल्या कर्तुपाक लागून जी अस्वस्थताय उपरासल्या तिची खरसाण इल्ली उणी करपाखातीर मेलीनस ओपियानिकसाची कागाळ घेवन शारांत गेलो.

VIII

गांवच्या लोकाक आपणालो संताप आयला तें पळोवन ओपियानिकस पयलींच रोमाक पाविल्लो आनी थंय नगर प्रमुखाकडेन ताणे बरेपण जोडिल्लें.

रोमांत मुख्याधिकारी पदाक लागून दोन पंगडांमदीं झगडें चलतालें. एक पंगडाचो मुखेली आशिल्लो 'सल्ला' तेन्ना तोच सर्वाधिकारी आशिल्लो. ओपियानिकस सल्लाच्या पंगडाक मेळ्ळो. मुखेलाच्या विस्वासांतलो जालो. तुगेले विरोधक आमच्या गांवांत जायते जाण आसात अशें ताणे सल्लाक सांगले.

सल्लान म्हळे 'तांची एक पटी दी.' ओपियानिकसान आपणाल्या विरोधकांचीं सगळीं नांवां बरोवन एक पटी ताका दिली. 'ह्या सगळ्यांक मारून उडय' असो ताणे हुकूम दिलो. तें काम करून घेवपाची जापसालदारकी ताणे ओपियानिकसाचेर सोपयली.

IX

अशें आसतना, फाटीं फुडें पळयनासतना कसली चौकशी करीनासतना असलो हुकूम तो सर्वाधिकारी चलणुकेंत घालून घेतलो हय तर अशें लोक विचारूंक लागतात. एका देशाचें भवितव्य इतल्या मोठ्या प्रमाणात इबाडून वचुंये अशे तरेचो राजकारबार जावन पडटातो.

सर्वाधिकाऱ्याकडच्यान मेळिल्ल्या अधिकाराचो फायदो घेवन ओपियानिकसान सगळ्या दुस्मानांक सोपोवपाक लायले. तेच प्रमाण आपणाक पाडीं कर्तुपां करपाक आदार दिल्ले आनी आपणालो पंगड सोडून वंचपाची शक्यताय आशिल्ले अशा आपणाल्या सांगात्याच्याय कथांचो ताणे शेवट केलो.

राश्ट्राखातीर ताणे केल्ले सेवेचो मोबदलो म्हूण राश्ट्रद्रोह्यांचे आस्पतिचो फावो तितलो वांटो ताका मेळ्ळो.

X

हे घटके मेरेन ताका मॅजियाचोय बी वीट आइल्लो. हागेल्या कर्तुपांनी मेलिनसाक जीव व्हगडावचो पडिल्ल्यान सासिया आतां एकटी पडिल्ली.

ओपियानिकसान मॅजियाचो त्याग केलो. सासियाकडेन लग्न जावपाची ताका उमळशीक लागली.

सासिया ही गिरेस्तकाय वेंगावपी बायलमनीस. लग्न जावचे पयलीं आपणाक हें जाय, तें जाय अशें म्हणून कळाव करपाचें तिणे थारायलें आनी ताका हयकार दिवपाक वेळ काडलो.

ओपियानिकसाक तीन भुरगी 'आशिल्ली'. सासियान, तातूंतल्या, भोवतेक व्हडल्याक आसुंये, दवरून हेरांक मारून उडयल्यारूच आपूण ताचेकडेन लग्न जायन अशें ताका सांगलें.

ओपियानिकस तशें करपाक तयार जालो. तो तिगेल्या रूपाक भुललो काय तिगेल्या ऐश्वर्याक हें सांगप कठीण. घेडये तिगेल्या त्या वेळार दिसून आइल्ले काळजाचे निबरसाणेचेर तो खोशी जाल्लो काय कितें तेंयबी सांगप कठीण. एक दीस एका भुरग्याचो जीव घेतलो. दुबाव घेवपाक वा विचार करपाक संद नाका म्हणून ताची कूड लासून उडयली. दोन दिसां उपरांत आनी एका भुरग्याचीय बी तीच गत केली.

हो शिशुहोम सोपयल्या उपरांत सासिया तागेली धर्मपत्नी जाली.

XI

हो सगळो अन्याय पळोवन लोक सामके उबगून गेले. पूण सर्वाधिकारी सल्लाचो राजकारबार चालू आसतना ताच्या प्रतिनिधींक कोण हात लावंक शकतालो? कितेंच करप शक्य नाशिल्लें तरीयबी पुराय गांव ताचेकडच्यान पयस रावलो. सगळ्यां परस चड सासियाचो पूत क्लुयेंटियसान आपणाले आवयच्या मोगी इश्टाक चडूच पयस दवरलो, तिचेर आपूण नदर लेगीत घालचों ना असो ताणे निश्चेव केलो.

सल्ला भायर पडलो. लोकांक परतून उलोवंक मेळपासारकी परिस्थिती निर्माण जाली. सर्वाधिकाऱ्यान गांवांगांवांतल्यान काडून घेतिल्ल्यो कांय सुविधा परतून मेळोवपाखातीर तांचे प्रमूख रोमाक वचपाक भायर सरले. तांचो मुखेली जावन क्लुयें - टियस गेलो.

क्लुयेंटियसाक सोपयलो जाल्यार आपणाली वाट सुरक्षीत जातली हें ओपियानिकस चिंतून आशिल्लो. क्लुयेंटियस रोमांत पावून मातसो बरो ना जालो. ताचेर एक वैद्य उपचार करतालो. ओपियानिकसान त्या वैद्याच्या चाकराक पिडेस्ताक वीख घालात असो संदेश

एका तिसऱ्या मनशाकडच्यान पावयलो.

मोठ्या मोठ्या मनशांनी जंय असलीं करतुपां करपाक पावल फाटीं घेवंनाशिल्लें असल्या काळांत वैद्यकी व्यवसायाकडेन संबंधीत आशिल्ल्या मनशान अशें पाडें काम करपाचें मनार घेतलें ना. आपणाक आइल्लो संदेश ताणे आपणाल्या मालकाक सांगलो. त्या वैद्यान ती खबर क्लुयेंटियसाक सांगली. ताणे ती खबर राज्य शासनातल्या आपणाल्या एकट्या बरें मागत्या सभासदाक सांगली.

ती खरी काय कितें तें समजून घेवपाखातीर तपासणी जाली. ओपियानिकसान पयशे दिले आनी विखूय दिलें. तो हें काम करता आसतना प्रामाणीक आनी विस्वासू अशे चौगजाण मनीस पड्डच्याभितर रावून ताका पळयताले. हाका लागून ओपियानिकसाक परतून एक फावट न्यायालयांत उबें रावचें पडलें.

XII

ह्या न्यायालयांत शासनाच्या बत्तीस सभासदांनी निर्णय दिवपाचो आसतालो. सगळेच सत्याक धरून चलपी नाशिल्ले. खूब फावटी तातूंतल्या अर्दवांटो लोकाक पयसो आडको दिवन अपराधी मनीस निर्णय आपणावटेन फिरावन घेतालो.

हे विशीं सगळ्यांक खबर आसताली. एकटोच न्यायाधीश आसल्यार कोणाचेरूय अन्याय करीत अशें म्हणून शासन कर्त्यांनी बत्तीस जाणाचेर जापसाल दारकी सोपयल्ली. हातूंतल्या सोळा जाणांनी भ्रश्ट मार्ग आपणायलो जाल्यार न्यायाचें रक्षण कशें जावं येतालें?

बत्तीस जाण न्यायाधिकाऱ्यांमदलो एकटो ओपियानिकसाच्या भांगरा पोवनांक आशेलो. आनी पंदरा जाणांक नीट मार्गार हाडया म्हणूंक लागलो. हाचेकडच्यान एकेकट्याक चारशीं पोवना प्रमाण स हजार चारशीं पोवनां ताणे भायर काडलीं; आपणा वांगडा येवपाचे आशिल्ल्यांक पंदरा जाणांक पोवनांची आस दाखोवन तांका पटयलें.

XIII

पूण मागीर इतलो दुडू हेरांक दिवन आपणे फकत चारशीं पोवनां दवरप म्हळ्यार तो एक अविवेकी निर्णय कसो ताका दिसलो. कसोय करून दुडू हातांत आयलो. दुंडू आजून मेळूंना अशें सांगले जाल्यार हे पंदरा जाण रागान अपराध्याविरुद्ध निर्णय दितले. हेरांचोय निर्णय विरुद्धच आसतलो हें थारिल्लेंच आसा. न्यायालय ओपियानिकसाचेर आरोप दवरतलें हाची पुराय खात्री. न्यायालयान ताचे विरुद्ध निर्णय दिले उपरांत परतून विचार जावचो अशें मागणें करपाक ओपियानिकसाक धीर जावचो ना. ताका अपराधाची

ख्यास्त जावन तो देश भ्रश्ट जातलो. हातांत आइल्लो दुडू आपणाक आनी अपराध्याक, अपराधाची ख्यास्त.

पोवनां घेतिल्ल्या शासनाच्या न्यायाधिकारी सभासदान हो असो विचार केलो. तेचप्रमाण ताणे पावलां माल्लीं, न्यायालयान ओपियानिकसाक अपराधी थारायलो.

ताणे आपल्याक कांय लोकांनी फटयलो म्हूण बोब माल्ली ती कोणेच आयकली ना. दुसरो कांय उपाय ना जाल्ल्यान ओपियानिकस नगर आनी देशांतल्यान बहिश्कृत जावन इटली देशांत हेडीत रावलो.

सासिया ताचे फाटल्यान गेली, निराधार अशी मरणापाश्ट जीण म्हळ्यार दैवगतीच अशें तिणे मानलें. ओपियानिकस जिणेतल्या निरशेणेच्या तळ नाशिल्ल्या पाताळांत पावलो.

एक दीस खंयतरी घोड्यार बसून वता आसतना तो सकयल पडलो, खूब मार लागिल्ल्यान तांतूतच सोपलो.

XIV

ह्या विवादांत एकट्याच्या हातांतल्यान दुडू भायर सरला अशी खबर लोकांमदीं पातळ्ळी. कोणाल्या हातांतल्यान म्हणपाचें निश्चीत जावंक नाशिल्लें. ओपियानिकस निर्दोश आशिल्लो, न्यायालयाच्या सभासदांनी क्लुयेंटियसाकंडच्यान दुडू घेवन अन्यायान ताका अपराधी थारायला अशी खबर भायर सल्ली. ती भायर घालपा फाटल्यान सासियाचो हात आशिल्लो. आपणाल्या पुतान आपणालो त्याग केल्लो ते खातीर ताका बुद्द शिकोवपाचो तिचो डाव आशिल्लो.

लांच घेतिल्ल्याखातीर न्यायाधिकाऱ्याचेर आनी दिल्ल्या खातीर क्लुयेंटियसाचेर खटलो चललो. पळोंवना जाल्यारूय पळयलां म्हणपी साक्षिदार उणे नात. जायत्या शासन सभासदांक ख्यास्त जाली. मोठ्या घराण्यांतलो मनीस म्हणपाच्या कारणाक लागून क्लुयेंटियसाक ख्यास्त जावंक पावली ना.

XV

आस्पतिचे आशेन आपणाल्या पुतान आपणाल्या इश्टाक सोपयलो अशी सासियान कागाळ केली. ती फट थारली. ताणे ओपियानिकसाच्या पुताक मारूंक लायला अशी तिणे आनी एक कागाळ केली. हीय बी फट थारली. तिसरो येत्न करतना तिणे ओपियानिकस घोड्यावयल्यान पडूंन मरूं ना तर क्लुयेंटियसान कोणांक तरी सांगून ताका बीख घालून दिल्ली रोटी खावन तो मेलो अशी एक कागाळ तिणे तयार केली. तीय बी

फट म्हूण निर्णय जालो.

तीन वर्सां उपरांत दुश्ट लोकांक प्रिय आशिल्लो असो हॉर्टेन्सीयस नांवांचो एकटो अधिकारी मुखेल न्यायाधीश जालो. तेन्ना सासियान ओपियानिकसाच्या पुताक आपणाल्या पुताचेर आनी एक कागाळ घालूंक लायली. तिची चौकशी जावपाच्या वेळार ताचेवतीन उलोवपी सिसेरो महाशयाक सासियाच्या पूर्वचरित्राचेर उजवाड घालचो पडलो. सासिया ही एक दुश्ट मनोवृत्तीची बायलमनीस म्हणपाचें लोक जाणा आशिल्ले. क्लुयेंटियसाक ख्यास्त जावंक फावना म्हूण गांवागावांतल्यान गांवप्रमूख येवन ताणी रोमांत चळवळ चलयली.

क्लुयेंटियस निर्दोश सुटलो काय ना तें इतिहासान सांगू ना. तो सुटलो आसतलो असो आमी निश्कर्श काडूंक शकतात. हें घडल्या उपरांत थोड्या वर्सां भितर रोमांतली प्रजातंत्र वेवस्था कोसळून पडली. तेन्नाच्यानूच थंयचो राजकारबार थंयच्या सेना नायकान हातांत घेतलो अशें इतिहास सांगता. तो सेना नायक रोमाच्या चक्रवर्त्यां मदलो पयलो चक्रवर्ती आशिल्लो. रोमान परतून केन्ना प्रजातंत्र पळयलें ना.

☆☆☆

12.

नेशहुवल कोयोटल

दक्षीण अमेरिका खंड पश्चिमी लोकांच्या हातांत पडचे पयलीं. आतां आमी मेक्सिको नावान वळखतात त्या भागांत जायत्यो जमाती घरां बांदून रावताल्यो. तेशकूको नांवांचें शार तातूंतले एके जमातीचें राजपाटण आशिल्लें. इतिहासांन ते जमातीच्या लोकांक त्या शाराच्या नांवांवयल्यान तेशकूकी लोक अशें नांवं दिलां. अस्तंतेचे लोक, बंदूक, गुळयो, दारू असलीं शस्त्रां वापरूंक जाणा जाल्ले आशिल्ल्या कारणान दक्षीण अमेरिकेचे ते लोक तांचेकडेन लडाय करूंक शकले नात आनी रोखडेच हरले. देवामुखार नरबळी दिवप आनी तसल्याच कांय क्षुद्र धर्मीक रूढींचे तें आचरण करताले. अशें आशिल्ल्या-नूयबी हे लोक ख्रिस्त धर्माचे अनुयायी आशिल्ल्या अस्तंती लोकां परस मागाशिल्ले लोक अशें मानप जाता. तरीय बी त्या लोकांचे जिवीत जायत्या तरांनी सुसंस्कृत अशें आशिल्लें, हांचे राजा लोक उदात्त आनी उंचेलीं ध्येयां गाठपाखातीर वावुरताले. तेशकूको लोकांचो श्रेश्ठ राजा नेशहुवल कोयोटलाचें जिवीत ते जिणेचें थोड्या प्रमाणांत दर्शन घडयता.

II

नेशहुवल कोयोटलाच्या बापायन जितलो काळ राज्य चलयलें तितलोय काळ ताणे लोकप्रियताय जोडली. ह्या राजाचें अंतःपूर खूब व्हडलें आशिल्लें. तरीपूण ताका एकूच राणी आशिल्ली. हे राणयेच्या भुरग्याकूच फकत राजपदाचो अधिकार आशिल्लो. राणयेचो पयलो पूत आशिल्ल्यान युवराज जाल्लो नेशहुवल कोयोटल पंदरा वर्सांचो तरणाटो जालो तेन्ना हांगेले जमातीची दुस्मान आशिल्ले तेपनेक जमातीच्या राजान हांचेर आक्रमण केलें. युद्धांत हांकां हारोवन, हांच्या राजाक कैद करून धा जाणाच्या सामकार स्वता हातान ताचो जीव घेतलो. दुस्मान राजवाड्याचेर घुरी घालूंक आयले तेन्ना युवराजान तांकां चुकोवन धांव माल्ली आनी तो लिपचौरयां एका झाडाचेर चडलो. लिपिल्ल्या

जाग्यावयल्यान बापायचो जीव घेतात तो पळयत असायपणान तो बसून आशिल्लो. रात जाली तेन्ना झाडावयल्यान देंवून गांवांतल्यान पळून वचून आपणाल्या देशाच्या रानांत भूमिगत जावन ताणे थोडो काळ घालयलो.

मेक्सिको, तेशकूको आनी तेपनेक ह्यो परस्पर संबंध आशिल्ल्यो जमाती. मेक्सिकोचो राजा हो एकेतरेन सार्वभौम राजा आशिल्लो. तेन्नाच्या सार्वभौम राजान तेशकूको आनी तेपनेक प्रदेशांतल्या त्या जमातींच्या झगड्यांत मध्यस्ती करून जैतिवंत तेपने राजाक शांततायेचो संदेश दिवन, राज्य तागेल्या अधिकारांत आसूं पूण हरिल्ल्या राजाचो वंवशज आशिल्ल्या ताच्या व्हडल्या पुतान आपणाल्या घरांत रावचें पूण जैतिवंताच्या अधिकारांत आसचें अशे तरेचो समझोतो घडोवन हाडलो. तेपनेक राजाक हें मान्य नाशिल्लें. पूण सार्वभौम राजान तशी सुचोवणी केल्ली. उपाय ना जाल्ल्यान ताणे ती मानून घेतिल्ली. नेशहुवल कोयोटल आपणाल्या राजवाड्यांत येवन राजाय न्हीं आनी युवराजय न्ही तर एक सादो नागरीक कसो रावंक लागलों.

जैतिवंत राजा दुश्ट आशिल्लो, जाल्यार हो राजकुमार एकदम गुणेस्तू आशिल्लो. आपूण एक राजकुमार नासून सामान्य नागरिकांतलो एक सामान्य नागरीक जाल्लेवरी आपणाल्या लोकांवांगडा सादेपणान वागतालो. अशे तरेन हो लोकांमदी प्रिय जाल्लो जैतिवंत राजाच्यान पळोव नजो जालें. हो जगलो जाल्यार आपूण उरचों ना अशी भिरांत ताच्या मनांत निर्माण जाली. कितेंय तरी मांडणी करून हाका सोपोवपाक जाय असों ताणे निश्चेव केलो.

एक दीस युवराज आपणाल्या राजवाड्याच्या आंगणांत इश्टांवांगडा पेल्लान खेळटालो. इतल्यान जैतिवंत राजाचे चारजाण दूत ताचे म्हऱ्यांत आयले. राजान मेळपाक आफयला असो संदेश ताणीं हाका दिलो. त्या राजान आपणाचो घात करपाचें चिंतलां म्हणपाची हाका हे आदींच खबर मेळिल्ली. नेशहुवल कोयोटलान त्या दुतांक ''म्हाराजांनी हुकूम दिला?'' असो प्रस्न तांका विचाल्लो. ''बसात, कपडे घालून येतां'' अशें म्हणून भितर वचून चार फावटी हांचे नदरेक पडपासारको हेवटेन तेवटेन यो वच केलें आनी फट्ट करून घरांत गेलो.

दुतांनी खूब वेळ वाट पळयली. हाचो पत्तो ना तेन्ना थंय हाजीर आशिल्ल्यांक हो खंय गेलो काय म्हूण विचाल्लें. युवराजाच्या सेवकांनी म्हळें ''हांगाच आशिल्लो न्हीं आतां?'' दुतानी म्हळें ''ते भितर गेल्यात. तांकां घेवन वचपाक आयल्यात आमी. ते आपूण जावन आयल्यार बरें जालें ना जाल्यार भितर वचून सोदून काडटात आमी तांकां.'' सेवकांनी म्हळें ''तुमकां जाय तशें करात. राजाचे दूत तुमी. तुमकां कोण आडायतलो?''

दूत घरांत घुसलें. पुराय घरभर ताणीं ताका सोदलो. युवराज नाशिल्लो. कितलेंय

विचाल्लें तरी सेवकां भितरलो कोणूच ताचे विशीं कितेंच सांगपाक तयार जालो ना.

दुतांनी ती खबर वचून आपणाल्या राजाक सांगली. आपणालो संताप आडावंक शक नाशिल्लो राजा स्वता ह्या राजवाड्याकडेन आयलो. घरांतल्या वयर साकून सकयल मेरेन एकान एक चाकराक विचाल्लें. 'युवराजाचें कितें जालें तें सांगतात काय तुमचीं तकली धड वेगळीं करूं?'' तांचेमदल्या दर एकल्यान म्हळें ''आमच्या राजाविशीं आमी कांयच सांगचे नात. आमची गोमटी मारपाक तुमी मेकळे आसात.'' राजान एकट्या चाकराचो सगळ्यां सामकार जीव घेतलो. उरिल्ल्यांक विचारलें ''आतां तरी सांगतात?'' हेरांनी सांगलें ''ना, आमी सांगचे नात.'' राजान दुसऱ्याची गोमटी उडयली. ''आतां?'' राजान विचाल्लें. तेन्नाय बी तीच जाप मेळ्ळी. चार जाणांच्यो गोमट्यो धडावेगळ्यो केल्यो. तरीयबी कोणूच युवराजाची फाटराखण सोडपाक तयार ना तें पळोवन ताणे म्हळें ''तुमकां सगळ्यांक एके हारीन गोळाकलायतां, रावात तुमी.'' अशें धमकावन तो आपणाल्या राजवाड्यावटेन परतलो.

युवराज दुतांचे नदरे आड जावन थोड्या खिणांभितर थंयच्यान तांकां चुकोवन भायर सरून गेल्लो. भायल्या एका तळ्यांतल्यान राजवाड्यांत उदक हाडपाची एक अशीर अशी भुंयारी वाट आशिल्ली. ते वाटेंतल्यान भायर सरून तो एक गुप्त कुडींत लिपिल्लो. रात जाली तेन्ना भायर येवन एका सामान्य मनशाचो भेस करून नगरांतल्यान पळून गेलो आनी रानांत वचून लिपलो.

नेशहुवल कोयोटल चार वर्सां अशे तरेन अज्ञातवसांत रावलो. जैतिवंतान ताका सोदपाखातीर हजारभर लोकांक नेमले, ताका सोदून दितल्याक एक हजार पोवनां बक्षीस दिवपाचें जाहीर केलें. चार वर्सां जावन गेली. तरीयबी त्या तरणाट्याक धरप शक्य जालें ना.

III

लोकांच्या प्रेमान दैवत जावन, वज्रकवच जावन युवराजाची राखण केली.

जैतिवंताच्या सैन्य दळाचो एक पंगड फाटलाव करीत आयलो तेन्ना नेशहुवल कोयोटल तांकां चुकोवन धांवत वतना एका गांवांभायल्या उगत्या मळार नाच करतल्या सैनिकांचो एक पंगड ताका दिसलो. तातूंतले थोडे जाण हाका वळखताले. तरी पूण तो आपणालो राजा, भूमिगत जाला, ताका वाटावपाक जाय अशें ताणी थारायलें. युवराजान म्हळें ''दुस्मान फाटलाव करीत येता.'' ते नाचताले त्या रिंगणात मदीं ताणी एक बल्ल दवरिल्लें. युवराजाक ताणीं ताचे पोंदा लिपपाक सांगून आपणालो नाच चालूच दवल्लो. फाटलाव करपी लोक थंय पावले तेन्ना एकेवटेन बोट दाखोवन, तेवटेन कोण तरी चलून

वतालो अशें तांकां सांगून मुखार धाडले.

आनी एक फावट युवराजान शेतांत उबो आशिल्ल्या एका शेतकाराक विचाल्लें "तुमच्या राजाच्या पुताक तूं वळखता?" ताणे म्हळें 'ना? "ताका धरून दिल्यार एक हजार पोवनां मेळटलीं, जाणा तूं?" युवराजान विचाल्लें. "जाणा हांव. अशें म्हणटाले कोणतरी?" ताणे जाप दिली.

"तो तुका दिसलो जाल्यार ताका धरून दिता?"

"शे, शे! अशें करूंयेता?"

"कित्याक? हजार पोवनां नाकात?"

"नाका. हजार पोवना, म्हणटा?"

"हय, हय! हजार पोवनां! पळय अप्पय्या, हांव तो राजाचो पूत. म्हाका धरून दिलो जाल्यार तुका हजार पोवनां मेळटलीं."

"कितें? म्हजो राजा? मेळूं तीं मेळूं! हात जोडटां तुमकां लिपात वचून तेवटेन."

युवराजाक अजाप जालें.

आनी एक फावट दुस्मानाक चुकोवन बता आसतना तो एका शेतांत पावलो. शेतांत एक तरणाटी अस्तुरी लुंविल्ल्या भाताच्यो मोवळ्यो राशीर मांडटाली थंय तो पावलो. "दुस्मान म्हजो फाटलाव करता, हांव हेवटेन गेलां म्हणपाचें तांकां सांगु नाका आं." अशी विनवणी क़रून तो मुखार वतालो. ते तरणाटेन "खंय वतात तुमी? खरशेतात सामके! हांगाच आड पडात!" अशें म्हणून तिणें एके राशीवटेन बोट दाखयलें. 'हय, खरें तुगेलें' अशे म्हणून हो ते राशीर न्हिदलों. तिणे ताका त्रास जावचे नात अशे तरेन धायेक मोवळ्यो मांडून ताका लिपयलो. शेतांत दुसरे कडेन मोवळ्यो मांडीत सवकसायेन काम करीत रावली. फाटलाव करपी पंगड थंय पावलो. 'हेवटेन कोणूय धांवून बी आयला?' ताणी तिका विचाल्लें. 'हय, असो येवन तेवटेन धांवला.' तिणे तोंडामुखार बोट दाखोवन तांका जाप दिली. तांची भिरांत ना अशें दिसतकच हाका सांगलें 'आतां उठात, गेले ते!' तें आयकून युवराज राशीवयल्यान देंवलो आनी म्हळें "हांव कोण तो जाणा?"

तिणे म्हळें "आमच्या म्हाराजांचो पूत न्हीं?"

ताणे 'हय' म्हळें. 'तुवें म्हजी राखण केली.' तिणे जाप दिली 'तुमीय बी आमचे राजा जावन आमची राखण करात.' अशें म्हणून तिणे ताका वंदन केलें.

IV

ह्या चार वर्सां भितर जैतिवंत राजाच्या क्रौर्याक लागून ताचे हजार दुस्मान निर्माण

जाले. ताचे सामकार तकली बागोवान रावले तरीय बी अंतरांतल्यान युवराजाच्या पंगडांतले आशिल्ल्या लोकांनी संद पळोवन आपणालो पंगड प्रबळ करून, दंगे घडोवून हाडून क्रूर जैतिवंत राजाक लडायेंत हरोवन ताका सोपयलो. भूमिगत जावन राविल्ल्या युवराजाक आफोवन हाडून गादयेर बसयलो. मेक्सिको जमातीच्या सार्वभौम राजान ह्या वेव्हारांत चूक कांय ना अशें म्हणून आपणे मान्यताय दिली. नेशहुवल कोयोटलान तेन्नाच्यान पयलीं बत्तीस वर्सां राजकारभार चलोवन एक आदर्श राजा म्हणून नामना मेळयली.

ह्यांच्या बंवशांत हागेले इतले पिरायेचेर लग्न जावन एक दोन भुरगीं जातालीं. अशी तांची परंपरा आशिल्ली. जिवाचेर संकश्ट आशिल्ल्यान जीव वाटावन लिपून रावपाची गरज उपराशिल्ल्यान हाका राजा जातकच लग्न जावचें पडलें. राजाचो खून जावचे पयलीं. राजघराण्याच्या भावबंदांच्या घराण्यांतली एक सुंदर कन्या हाका व्हंकल म्हणून जाणट्यांनी थारावन दवरिल्ली. राजा जालो तेन्ना हाणे तिका आपणाकडेन लग्न जावपाविशीं विचाल्लें. तिणे ''एका तरणाट्यान म्हजें मन जिखलां. हावें ताका हयकार दिला. तुमी म्हजेर बळजबरी करूं नाकात'' अशी तिणें ताका विनवणी केली. असल्या प्रसंगाचेर दादल्यान घराण्यांतले दादल्यांचे पंचायतीकडेन निवाडो मागप अशी तांची प्रथा आशिल्ली. चली भुरगें सोबीत आशिल्ले. ताका सोडप राजाच्या जिवार आइल्लें. ताणे पंचायती सामकार वचून न्याय मागलो. पंचायतीन तें चली आनी त्या मोगी तरणाट्याचें म्हणणे आयकून घेतलें. ताणीं एक निर्णय दिलो. ''युवराज राजवाड्यांत सुखान आशिल्लो जाल्यार ती चली दुसरो विचार करची नाशिल्ली. जाणट्यांचे म्हणणे मानून घेतली आशिल्ली. राजाचो खून जालो आनी युवराजाक गांव सोडून वनवासांत लिपून रावचें पडलें तेन्ना ते अस्तुरेन दुसऱ्या तरणाट्या कडेन आपणाले प्रेमसंबंद जुळयले हातूंत चूक कांय ना. त्या दोगांयनी लग्न जावपाचें एकामेकाक उतरूयबी दिलां. राजाच्या सौकर्या खातीर असली कबलात मोडपाचो नेम ना. ह्याखातीर राजान हे कन्येचो विचार सोडप समा जातलें.''

राजाक हो निर्णय मानवपासारको नाशिल्लो. तरीपूण तो एक योग्य निर्णय म्हणपाचें तो जाणा आशिल्लो. पंचायत आपणांक जाय तशें करपाचो निर्णय दितली अशी ताच्या मनांत थोडी आस्त आसुनूय बी निर्णय कळळे उपरांत ताणे तांची सत्यनिश्ठा आनी निपक्षपातीपणाची तोखणाय केली. ती सोबीत बुदवंत अस्तुरी तिच्या मोग्याक दिवपाक लावन तांचो लग्नसुवाळोय बी घडोवन हाडलो.

ह्या विशयांत इतली बरे तरेची चलणूक दाखोवपी राजा आपणाली राणी मेळोवपाच्या विशयांत मात चुकीच्या मार्गान वचपासारकी एक खेदाची गजाल घडली.

जें घडलें तें अशें - हाच्या राज्याच्या मांडलीक राजांमदीं एकटो तरणाटी पिराय

सोपिल्लो असो एक राजा आशिल्लो. नवोच राजा जाल्लो तेन्ना हो युवराज एक दीस तांगेर पावणाचाराक गेल्लो. त्या दिसा येजमानी राजान एके खूब म्हळ्यार खुबूच सुंदर अशे एके तरणाटेचे हस्तुकीं युवराजाक अल्पोपहार भेटयलो. युवराज तिचे सोबतीकायेन मंत्रमुग्ध जालो. ताणे तिचे विशी खबर काडली. ती अंतःपुरांत दवरून घेवपाक हाडिल्ली एका मांडलीक राजाच्या वंवशांतली कन्या म्हणपाचें ताका कळ्ळे. ती आपणाक जाय अशें नीट मागणे करपाक राजाक बरें. दिसलें ना. ताणे मागणे न्हयकारलें जाल्यार आपणाक तें अपमानाचे दिसतलें. राजा थोडे दीस शांत रावलो. थोडया म्हयन्या उपरांत शेजारच्या प्रदेशांतल्या जमातीकडेन एक तंटो उपरासलो. तेन्ना हाणे सैन्याचे फुडारपण त्या प्रौढ राजाकडेन दिले. कर्तव्यदक्ष आनी धिटायेचे हेर इतले तरणाटे आसतना राजान आपणाचेर ही जापसालदारकी घाल्या ते विशीं राजाक अजाप जालें. पूण राजाचो हुकूम पाळपाबगर उपाय नाशिल्लो. तो लडायेर गेलो. दुस्मानाकडच्यान ताका मरण आयलें. ही घडणूक घडल्या उपरांत फाव तितले दीस रावून राजान त्या मरण आइल्ल्या राजाच्या घरांतलीं तरणाटीं चलीभुरगीं आपणाल्या राजवाड्यांत पावपासारको एका उत्सवाचो दबाजो घडोवन हाडलो. त्या दबाज्याक ती सोबीत अस्तुरी पावसाखातीर पयलींच मांडणी करून दवल्ली. वांगडच्या अस्तुऱ्यांमदीं ती उबी आशिल्ली तेन्ना तिका आपणे पयलीं केन्ना पळोंवनाशिल्ले भशेन नाटक करून तिचे विशीं म्हायती घेतली. हें नाटक म्हणपाचें ते चलयेक कळ्ळें. तिकायबी राणी जावपाची उमळशी लागिल्ली. लागसारांत आशिल्ल्या मनशांनी परिचय करून दिलो. राजान रोखडीच ती आपणाली राणी जावची अशी इत्सा उलोवन दाखयली. तो राजा जितो नाशिल्ल्यान ताच्या अंतःपुराच्या बंधनात ती नाशिल्ली. त्या खातीर ती कन्या राणी जावपाक योग्य थारली. ही सोबीत कन्या राणी म्हणून मेळोवपाखातीर राजान आपणायल्लें तंत्र थोड्यांक खबर आशिल्लें. थोड्या जाणांनी तर्कान ते विशीं पारखून घेतलें. तरी पूण ही चलणूक इल्ली अन्यायाची कशी जावनूय बी सामकी नेमाभायलीशी जावंनाशिल्ली. कोणाक तें योग्य न्हीं. म्हणपाक धीर जालोना. ती सुंदरी राणी जाली; राजाच्या जिवितांतलो उजवाड जावन चकचकली.

V

नेशहुवल कोयोटेल हो एक आदर्श राजा जालो अशें म्हणटात. तो जल्मतनाच बुदवंत काय घेवन आइल्लो. सान पिरायचेर खूब कश्ट सोसून मेळिल्ल्या सामान्या भायल्या अशा अणभवान खूब परिपक्व जाल्लो. राजा जालो तरीयबी तो मनान सुखलोलूप नाशिल्लो. घराण्याचे प्रथेप्रमाण व्हडले अंतःपूर सांबाळिल्लें. धा पंदरा मोगी अस्तुऱ्यांगेर धा पंदरा भुरगींय बी जल्माक आयलीं. पूण केन्ना तो अविचारान वागलो ना. तीक्ष्ण बुद्धी

वांगडाच तो मनान भावुकय बी आशिल्लो. जिणे संबंदान तो खूब खोलायेन चिंततालो. विचारां बांगडाच ताचेकडेन वाणीची समर्थताय आशिल्ली. लोकांचो जाचेर भावार्थ आशिल्लो त्याच दैवताचेर भावार्थ दवरून ताची भक्ती करतनाच ताणे देवासंबंदान आपणाली हक कल्पना चलणुकेंत घाली. लोक आपणाल्या दैवताक खोशी करपाक नरबळी दिताले. हे प्रथेन घटमूट मुळावण घेतिल्लें. राजाक ती योग्य न्हीं अशे दिसलें. जनतेच्या दैवताचो अपमान करिनासतना आपणाले कल्पनेतल्या दैवताचे पुजेखातीर एक मंदीर बांदून घेतले. थंयची पुजा, फुलां, फळां आनी सुगंधी वस्तू अर्पण करून पूर्ण जावची असो ताणे नेम केलो. आपणाल्या ह्या दैवताक तो अगोचर दैवत म्हणूंक लागलो. ताका मूर्तीचो आकार दिवप योग्य न्हीं अशें तो सांगतालो. देवा धर्माच्या कामांत लोकांमदी 'भरसुनयबी तांचे पातळे परस वयले पातळेचेर रावलो. ह्या राज्यांत वर्साक एक फावट कवी संमेलन जातालें. दर वर्सा अत्युत्तम अशे कवितेक राजान दवरिल्ली तस्त्रीप मेळटाली. हेरां वांगडा राजाय बी आपणाली कविता ते सर्तीत घालतालो. समाजाची जी पंचायत आशिल्ली तशेच तरेंचे सत्य निश्ठ आनी निपक्षपाती वांगडी हे सर्तीचे पंचायतींत आशिल्ले. खूब वर्सां राजाचे कवितेक तस्त्रीप मेळ्ळी ना.

राजा तेखातीर निरशेलो ना. एका वर्सा ताका तस्त्रीप मेळ्ळी. हेर कवींवरी राजान ती स्विकारली. निर्णय दिल्ल्या मनशांक वंदन केले. सन्मान फावो जाल्ले कवितेचो सारांवश असो-

चड चिंता करूं नाका रे, आरे पिशा मनशा
मोग चड करूं नाका जिणेचे सावळेचेर
सूख सदांकाळ तिगना म्हणून रडपी पिशा,
श्वासोश्वासाची सगळी संपत खर्चून सुखाची सावळी
बंदखणीत घालूंक तूं भायर सल्ला म्हळ्ळें जाणा जा;
इल्लें तूं येवजून पळय. तुका सत्य समजतलें.
श्वासोश्वासूच अनित्य, सुख ताचे परस चड तर?
सूख सदांच तुजें जांव अशें म्हणपी पिशा,
कश्टय तुजेच जावन आसूं म्हण तूं,
नित्य कश्टाक येवकार दिवप हेंच तुजें शाणेपण?
माळा गुथून; देवळासरीं वच;
प्रायेच्या वसंतकाळाचो रोस चिंवून घे.
सगळें सोपल्यारूय धर्म उरतलो हें जाणा जा.
पळयलें, धर्मातच सदांकाळ चलतलो तूं

दीस एक येतलो, तो आइल्ल्या वेळार तूं
मेळनाशिल्ल्या सुखाक तकली वयर काडून
मान मोडून घेता, कसो व्यर्थ आशेता तूं : नाका जीण.
आयज तूं सुखान आसा देवाची तुस्त कर.
राजपद उरचें ना, विसरतले वायटपण
काळ म्हळ्यार धारेच्या शिंगाचो मेंढरो.
शिंगां घुसोवन तुझो खेळ सोपयतलो तेन्ना
उरतलें कितें? जिणेचो एक भाग
उरतलीं 'होमनीस धर्मान चल्लो.'
इतलींच उतरां; एकशें एक भुरग्यांक
जल्मदिवपी मनशान 'यश' नांवाच्या भुरग्याक
जल्म दिवंक जाय. यशाच्या उजवाडांत
पळोवचें देवाचें मुखामळ
बरें हें उ ', बरो हो देखावो
अशें भोगपाचे रितींत आसा विवेक
माती, भंवर, रान, उदक शृंगार
पळय आकाश राजाची नखेत्रमाळ

नेशहुवल कोयोटल राजकारभारय बी हेच उन्नत भावनेन करतालो. ह्या संबंदांतल्यो चार गजारी सांगपा सारक्यो आसात.

गादयेर बसतकच थीरताय आयले उपरांत थोड्या दिसांनी अज्ञातवासांत आसतना घडिल्ल्या घडणुकांची याद जाली. जे अस्तुरेन ताका दुस्मानाकडेन सोपयनासतना ताची राखण केल्ली तिगेल्या गावांत तो गेलो. थंय तिगेल्या आवयबापाय सामकार तिणे केल्ल्या उपकारांची याद काडून तिची तोखणाय केली. "तुका मान्य आसा जाल्यार म्हजी प्रेयसी म्हूण हांव तुजो सांबाळ करतां. तूं राजवाड्यांत येता?" ताणे तिका असो प्रस्न केलो. राजाची प्रेयसी जावप खूबशां चली भुरग्यांक जाय शें दिसपाची शक्यताय आसता. हे तरणाटेच्या मनांत तशें नाशिल्ले. तिणे प्रेयसी जावपाची आपणाक इत्सा ना म्हळें. राजाक राग. बी येत म्हूण आवय-बापूय भिलीं. पूण ताका राग आयलो ना. ताणे हांसत विचाल्ले. "कित्याक म्हणटा? अप्पा-अम्मा धाडूंक तयार नात? तांकांय बी घेवन यो." तरणाटेन जाप दिली. "ना, त्या खातीर न्ही. म्हाका म्हजें स्वताचें घर जाय." राजान म्हळें 'राजवाडो तुजो जावचो ना?' तिणे सांगले "राजवाडो, राणी जावन येता तिचो जाता." राजान विचाल्ले 'तशें जाल्यार कितें जाता?" तराणाटेन म्हळें, "कितें जाता म्हणटा?

म्हजेर आनी राजवाड्याचेर तुमची सत्ता आसतली. राजवाडो आनी तुमचेर तांची सत्ता आसतली.'' ती तरणाटी अस्तुरी बरी बुदवंद आशिल्ली तिगेलें हें निश्कपटपणाचे उलोवणें आयकून राजा खोशी जालो. ताका अजापूय जालें. ताणे म्हळें ''संकश्टांत आसतना तुवें म्हजो जीव वाटायलो. सुखांत आसताय बा तुवें म्हजी राखण करची अशें चितून हांव तुका आफोवंक आयलो. लग्न जावन घोवा वांगडा राजवाड्यांत येशीत?'' तिणे जाप दिली ''घोवूय बी तयार आसल्यार येन.'' राजान तिच्या आवय-बापायच्या हातार थोडीं पोवनां दवरली आनी फाटीं परतलो. परतता आसतना तो गांवच्या त्या तरणाट्याक मेळपाक गेलो जाणे ''पयशांचे आशेक राजाच्या पुताक दुस्मानाच्या हातांत दिवचों ना'' म्हणिल्लें. ताका ताणे शेजारच्या गांवांतले ते तरणाटे चलयेक वळखता बी जाल्यार विचाल्लें. ताणे आपूण तिका वळखतां म्हूण सांगलें. राजान ताका तिणे केल्ल्या उपकाराची खबर सांगली. ताणे मागीर म्हळें. ''तूं तिचेकडेन लग्न जावन म्हजे म्हऱ्यांत कामाक रावता?'' त्या तरणाट्यान म्हळे, ''तिका विचारतां. तिणे मानलें जाल्यार तुमचे इच्छेप्रमाण जावपाक आडखळ ना.'' ''राजान ताच्या घरच्या एका जाणट्या मनशाक धाडून लग्न जुळयलें आनी आपणेच फुडाकारान तें करून घेतलें. त्या जोडप्याक राजवाड्यांत व्हरून घोवाक आपणाल्या अंगरक्षकांमदीं भरती केलो आनी ताचे ते घरकान्नीक राजाच्या जेवणाची वेवस्था पळोवपी बायलांमदीं कामाक लायली. तीं दोगांय अखेर मेरेन राजाचे सेवेंत रावलीं.

VII

राज्याचो भोव मोठो रानाचो वाठार सुरक्षीतपणान सांबाळिल्लो. त्या रानाक राजाचें रान अशें म्हणटाले. रानाकुशीच्या गांवांतल्या लोकांक ह्या रानांत वचूंक मनाय आशिल्ली. कोणूय गेलो जाल्यार रानाचे राखणदार तांकां दंड घालताले आनी ख्यास्त करताले. राजाक एक फावट अशा रानाभायर एक गांवांतलो भुरगो चार बडयो पुंजायता आसतना सामको घामेवन गेल्लो दिश्टी पडलो. राजान ताका म्हळें ''अशें कितेंरे बाबा? येथंय भितर इतलो सुको जळोव आसतना तूं हांगा कितें पुंजायता? तो घेवचो न्हीं आशिल्लो?'' अशें ताणे रानावटेन बोट दाखोवन विचारलें. त्या भुरग्यान ''राजान घेयात म्हळ्यार घेवपाचें न्हीं तें? पूण आमचे त्रास राजाक कशे कळटले?'' अशी जाप दिली. आपणाकडेन उलयता तो राजा म्हणपाचें ताका खबर नाशिल्लें. जायते जाण हाचेवरीच चिंततात आसतले अशें राजाक दिसले. तो राजवाड्यांत परतलो आनी ताणे आपणाल्या कायद्यांत बदल केलो. अशें करून ताणे राना भोंवतणच्या लोकांक जाय तितलो जळोव व्हरपाची मेकळीक आसतली म्हणपाचें कळीत केलें.

एक फावट जाणटे पिरायेचें एक जोडपें व्यापार पेठेंत मदल्या पेडार जळोव घेवन विकपाक बशिल्लें. त्या पेडाच्या मध्यार कामगारांखातीर एक माळी तयार करून कूड तयार केल्ली. राजा केन्नाय मना येता तेन्ना भेस बदलून ते विसव घेवपाचे कुडींत उबो रावून लोकांचो सगळो वेव्हार समजून घेतालो. त्या दिसा हो ते सुवातेर उबो आसतना ह्या जोडप्याचें उलोवणें ताच्या कानार पडलें. ''दिसूयभर घाम गळोवन आमी हांगा आयलीं जाल्यार हातार कितें पडटा आमच्या? हेवटेन घेतात म्हणटासर तेवटेन सोंपतात. जें कितें मेळटा ते एका दिसाच्या पोटाक पावूंक कठीण. राजा लोकांचें बरें, पिल्लें उदक हालनासतना राजवाड्यांत सुखान रावतात.'' हीं जालीं दादल्याचीं उतरां. बायलेन म्हळें ''कितें उलयता तूं? कोणूय आयकत बी. राजा कडेन कागाळ केली जाल्यार जीव व्हगडावयाचो.'' रोखडेच एका राजसेवकान येवन म्हळें ''म्हाराज आफयतात तुमकां, चलात.'' जोडप्याक आतां आपणालो खेळ सोपलोच शें दिसलें. तीं त्या सेवका फाटोफाट चलूंक लागलीं. राजान तांका विचारलें, ''कितें उलयतालीं तुमी थंय?'' बायलेन म्हळें, ''म्हज्या घोवाक इल्लें गिन्यान उणें. खंय कितें उलोवंचें ताका कांयच समजना. रागार जावं नाकात तुमी धनयानू. दीसभर इतलें काम करुनय पोटभर खावपाक मेळना. त्याखातीर उलयलोतो.'' अशे तरेन तिणे राजाक समजावपाचो येत्न केलो. राजान विचाल्लें ''राजाविशीं कितें उलयतालीं?'' ''तो कितें नाकाजाल्लेंच उलयता. आमच्या वांट्यांक आसा तें आमकां मेळटलें, राजाच्या वांट्याचें राजाक.'' ''तिणे म्हळें. राजान तिची शाणेपणाचीं उतरां आयकलीं. ताणे तोखणायेन तांच्या हाताचेर बचकभर पोवनां घालून म्हळें . ''जोड पावना तेन्ना हांचो उपेग करात. इतलो दुडू सोपतकच परतून येयात. म्हज्या देशांत कोणेच पोटाक पावना म्हणपाक जायना. राजा आपणाच्या हातान जाता तितलो आदार दिवपाचो येत्न करतलो. राजवाड्यांत दुडू आनी दाणो गोटो खूब आसा. तें खावपाक लोकूय आसात. हांवूय बी एक गरीब दुबळोच. बरें येयात तर.''

VIII

नेश हुवल कोयोटलाच्या घराण्याचे प्रथेप्रमाण एके राणये वांगडा जायत्यो प्रेयसी आशिल्लें अंतःपूर ताणेय बी सांबाळिल्लें. त्या प्रेयसींकडच्यान हागेर खूब भुरगीं जल्माक येवनय बी खूब वर्सां राणयेगेर भुरगें जल्माक आयलें ना. ही चिंता राजाचें मन पोखरताली. परंपरावादी पुरोयत म्हणूंक लागले ''पुर्वज पुजताले त्या दैवतांचो अनादर जाला. हेंच तुमचे चिंतेचें कारण. म्हाराज, त्या दैवतांची पुजा करूंक जाय, तेन्ना मागीर राणी तुमच्या पुताक जल्म दिवंक पावतली.'' राजा ना म्हणपाक शकनाशिल्लो. ताणे पुर्वजांच्या दैवतांची पुरोहीत सांगतात ते तरेन पुजा केली. दोन वर्सां गेलीं तरी भुरगें जल्माक आयलें ना.

''म्हज्या मनाक पाटिल्ल्या देवाक सोडून हावें ही जी पुजा केली ती आपणाली चूक जाली. म्हजो भावार्थ आशिल्ल्या देवाकडेनूच हांव मागणें करतलों. म्हगेर तोच म्हज्या पुताक जल्माक हाडटलो.'' अशें ताणे आपणाभितरूच थारायलें. आपणे बांदून घेतिल्ल्या मंदिरांत ताणे पुजा-पाठ घडोवन हाडलीं. देवाचें स्मरण करून उपासतापास केले. हागेल्या भावार्थाप्रमाण राणी मागीर गर्भार जाली आनी राजाच्या उत्तराधिकाऱ्याच्या रुपान राणयेन एका पुताक जल्म दिलो.

नेशहुवल कोयोटलान घराण्यांतलो लोक मानीत आइल्ल्या देवांवयली भक्ती सोडून दिल्ली. पूण पयलींच्यान चलत आइल्ले राजघराण्यातले एके रुढीचो ताणे त्याग करूंनाशिल्लो. ती ताणे चालू दवरिल्ली.

ते चलत आइल्ले रुढी प्रमाण राजा ज्या दिसा गादयेर बशिल्लो त्या दिसा एक परंपरेक धरून विधी जातालो. त्या दिसा राजवाड्या मुखावयल्या आंगणांत स्वता राजा आनी हेर राज्यांचे राजा एकठांय जाताले. त्या दिसा ताणी आपणालो सदांचो राज-पोशाक घालपाक मनाय आसताली. राज्यांतले सामान्य लोक वापरताले तसली मुस्तायकी, घालून ताणीं येवचें पडटालें. राजाच्या मुखेल पुरोयतान देवधर्मा संबंदान आनी गिरेस्त लोकांच्या कर्तव्यांसंबंदान विस्तारान निवेदन करून उपदेशाचीं चार उतरां जमिल्ल्या लोकाक सांगची पडटाली. सम्राटान वा हेर राजांनी वर्साभितर दिसपडटे जिणेंत कसलीय चूक वा अपराध केल्लो आसल्यार ती खबर आपणाल्या कानार पडिल्ली आसल्यार वा हेर सांगाती पुरोयतांच्या कानार पडिल्ली आसत जाल्यार ती गजाल ताणे सगळ्यां मुखार उगतेपणी सांगची पडटाली. परतून आनी केन्ना तशे तरेचें कांयच करचें न्ही अशी तोच सुचोवणी दितालो. हे वेवस्थेचें म्हत्व कितलें तें सांगपाची गरज ना. पुरोयत हो आपणालो अधिकार बरे तरेन उपेगांत हाडटालो. इतलेंच न्हीं तर दोश दाखोवन दिता आसतनाचें ताचें उलोवणे कोणाचोच अपमान जावचो ना हाची जतनाय घेवन केल्लें आसतालें. सदांच्या पुरोयतान हें काम भोव बरे तरेन केल्लें देखून नेशहुवल कोयोटलान ताची खूब तोखणाय केली.

IX

बत्तीस वर्सांच्या आपणाल्या राजकारबाराच्या काळांत नेशहुवल कोयोटल अशे तरेन उदात्त अशा मार्गान चल्लो. सदांच्या वेव्हरांतल्यान थोडो विसव जाय सो दिसतकच एकांतांत रावपाखातीर ताणे राजधानयेकडच्यान इल्लें पयस सुमार तीन मैलांच्या अंतारचेर दाट रानांन भरिल्ल्या एका पर्वताचे देंवणेचेर एक भवन बांदून घेतलें. पर्वताच्या माथ्यार एक व्हडलें तळें बांदून घेवन एक उद्यान तयार केलें. दोंगराच्या माथ्यार एके सपाट सुवातेर आनी जंयजंय शक्य आशिल्लें थंय थंय उद्यानां तयार केलीं. त्या उद्यानांमदीं थोडीं ल्हान

तळीं तयार करून घेतलीं. दोंगरा माथ्यावयल्या तळ्यांतलें उदक कृत्रीम वज्रांच्या रुपान ह्या तळ्यांक मेळटालें. वज्रांतल्यान भायर सरपी बारीक तुशारांनी वारें थंड जातालें आनी त्या वाऱ्याक लागून पुराय विहार प्रदेश थंड उरतालो. राजा केन्नाय वयल्या उद्यानांत, केन्नाय सकयल्या उद्यानांत राणी, प्रेयसी, भुरगीं पुरोयत, हेर राजा, लोकप्रतिनिधी अशे तरेन विंगड विंगड प्रसंगार विंगड विंगड लोकांवांगडा उलयत, विनोद, भासाभास बी करीत वेळ घालयतालो. थोड्या भितर पळयलें जाल्यार राजा आपणाली जीण कलात्मक रितीन सोबीत तरेन सारतालो.

एक फावट वर्सुकी सभेवेळार राजाक अशें कित्याक लागून तरी, आपूण फुडल्या वर्सा ह्या संवसारांत उरचों ना अशें दिसलें. पूण तेन्ना कांय सांगिनासतना मागीर म्हयन्या भरयान एक दीस श्वास मंदावला सो दिसतकच राणी आनी प्रेयसी वांगडा विहार भवनांत आयलो. पुरोयतांक आफोवन व्हेले आनी ते रातीकडेन सगळ्यां सामकार राणयेक आपणाले कुशीक बसोवन, प्रेयसींक भोंवतणी बसपाक सांगून णव वर्सां पिरायेच्या युवराजाक मांडयेर बसोवन प्रेयसींच्या भुरग्यांमदल्या प्रिय आशिल्ल्या व्हडल्या पुताक म्हऱ्यांत आफोवन ताका म्हळें ''हें पळय पुता, हांव आतां चड दीस उरचों ना. ह्या खिणासावन हो तुजो धाकटो भाव राजा जाला अशें हांव जाहीर करतां. तूं ताचो राखणकर्तो. हाची फावो ती पिराय जाय मेरेन हाचेवतीन तुवें राजकारभार चलोवंक जाय. कळ्ळे तुका?'' ताणे ताका सांगलें. तो प्रेयसीचो पूत पिरायेन तसों प्रौढ आशिल्लो. ताणे पिरायेचीं पंचवीस वर्सां हुपिल्लीं. एक ना एक दीस ताका हें काम करचेंच पडटलें अशें चितुनूच राजान ताका आपणाले तालमेंत वाडयल्लो. ताणे म्हळें ''देवाचे इच्छेन जें घडून आयलां ते काम हांवं अगत्यान करपाचें मानून घेतां. कसलोच द्रोह करिनासतना तें हांव तडीक पावयतां. पूण ती खबर आतां कित्याक जाय?'' ''फाल्यां दितलो तें उतर आज दी. इतलीच म्हजी अपेक्षा.'' राजान राणयेक आनी पुरोयताक म्हळें ''म्हजो हो व्हडलो पूत एकदम गुणेस्त. तो आपणाल्या कर्तव्याचे पालन करतलो. तुमी ताका बरो सांगात दिवंक जाय. राणयेन आनी पुरोयतान राजाक 'बरें आसा, पावलें आमकां,' अशें म्हणून उतर दिलें.

हे घडणुके उपरांत तीन दिसांनी नेशहुवल कोयोटल भायर पडलो. ताचे आदीं ताणे एक पद्य बरोवन भुरग्यांक वाचून दाखयलें. तेंच तांकां गांवक लावन आपणे आयकलें.

सगळेंच नाश जातलें हे धरतेर आशिल्लें.
ह्या संवसारांत नश्ट जायनासली एकूय वस्त ना.
चकचकीत लकलकीत असली जीण जगतल्यांच्या

मर्दीं घुसतलो एक दीस मृत्यू;
बळहीण जावन पडटले ते सगळे, दोळे
धांपतले, विसरतले, मेळटले मातयेंत
गोलाकारांत दिसपी ही सृश्टी
एक पुरचेलो फोंड, मसण समश्टी
हिच्या हड्ड्यार जियेतात म्हळ्यार कितें,
सगळें हें गिळून उडयतली, उरतली आपूण.
वजरे, व्हाळ, नदी, म्हानदी, रानां जलाशयां,
व्हांवन, आतुरतायेन धांवत नीट
दर्याचे पोट खोलायेंत मेळून पराजीत जातले
परतून पळोवचो ना तो तांचें मूळ.
काल जियेल्लें सत्व आयज पळोवंक मेळना
आयज दिसता तें फाल्यांक दिसचें ना
उरिल्लें सगळें मसणीत मेळून वतलें
सृश्टी म्हळ्यार घाणेन भरिल्लें एक कुंड
वेदी भरून, संमेलनां भरोवन
सेनाधिपत्यान हेरांची भूंय इबाडून
वैभवाच्या मोठेपणान फुगून गेल्लीं पोटां
खंय? कुसत आसात मातयेंत
इतिहास सांगत आसा अशें आशिल्लें म्हूण
ताची उतरां कसलीं? तितल्यांत त्या तुज्या
अग्नी देवाच्या तोंडांतल्यान भायर सरिल्लो
धुंवर गरगरून पातळ्ळा दूर दूर.
जाण्टे बुजुर्ग बुदवंत, जाणकार, अय्यो
खंय ते? खंय आसात? जाणा ज़ा हें सत्य
मातयेंत मेळून गेले, आमकांय तीच सुवात
ते सांगतले फुडें येवचेली पिढी
हें समजून घेवन हावें सांगचें सत्य
जाण्टे नेण्टे, शहरवासी ग्रामीण
सर्वांनी समजून घेवन धीर धरून
जाणटेल्यांक समजल्ले सत्याचे वाटेर चलून

मसणांतले हे सगळे भयंकर
सूर्य देवाल्या पाळण्यावरी समजून घे हें गुपीत
मृत्यू एक काळी सावळी
काळें हांगा. नखेत्रांक उजवाड उजवाड.
अशी म्हजी इश्टागत भुंये वांगडा, लोकांनो
म्हजीं उतरां आयकात, हेंच म्हजें मागणें
निश्कलंक शाश्वत सत्य
तें मागपी आमी, तें एकूच नित्य सत्य.

नेशहुवल कोयोटलांचे हे चरीत्र इतलें सुंदर आसा. हें चरीत्र काय कथा असो प्रस्न आमचे सारके विचारतात. हें एक चरीत्रच. परंपरेने सांगत आइल्ले रुढ पद्धतीन तें तागेल्या एका वंवशजान बरोवन दवल्ले. राजाचे हयातींत शिल्पकारांनी भांगर, लोखण, लांकूड, पाशाण अशा वेगळ्या वेगळ्या चार पदार्थांच्यो मुर्ती तयार केल्यो. पाशाणासारक्या फातरांत तयार केल्ली ताची मुर्ती पर्वतावयल्या ताच्या निवासाकडल्या तळ्याचे धडेर देवाचे एके मुर्तीच्या सामकार उबो राविल्ले स्थितींत निर्मिल्ली आशिल्ली. हेर मुर्तीपरस ही मुर्ती आपणाल्या रुपाची चड बरी प्रतिकृती अशें राजा म्हणटालो खंय.

आतां तो फातरुय ना आनी ते लोकूय नात. राजाचो उल्लेख मात इतिहासांत आसा. तागेले लोक तितले नामनेक पाविल्ले नाशिल्ल्या कारणान लोकांक तो इतिहास सांबाळून दवरुपाची जागरूकताय ना जाली. तांकां ताचें म्हत्व कळ्ळें ना.

☆☆☆

13.

विचित्र प्रेम

फ्रान्स देसाचो नामनेचो साहित्यिक वॉल्टायरान थंयचें मुखेल शार पॅरिसांत एक दीस सानच्या वेळार विनोदाच्या एका मेळाव्यांत वांटो घेतिल्लो. त्या वेळार राजाचो एक दूत ताका मेळून कसली तरी खबर सांगूंक सोदता अशें चाकरान येवन ताका सांगलें. वॉल्टायरान दारांत वचून त्या दुताक येवपाचें कारण विचारलें. त्या दुतान जाप दिली, ''चेटलायट म्हाराजांचो तुमकां एक रकाद आसा. तांची म्हाराणी काल बाळंत जाल्या आनी तिची भलायकी सामकी इबाडल्या. तुमकां ती मेळूंक सोदता अशें सांगपाक ताणीन म्हाका धाडला.''

वॉल्टायराच्या काळजाक धक्को बसलो. चेटलायट म्हाराणी दोन वर्सां आदींच तागेली मोगिका आशिल्ली. कितलींशींच वर्सां आपणाले जिणेचोच सांगाती जाल्लो एकटो दादलो फकत एक दादलोच म्हणून न्हीं तर एक बुदवंत आनी चतुर अशी व्यक्ती आशिल्लो तो. आपणालो घरकार आशिल्लेवरीच तिणे ताच्या सांगातांत रावून ताचे जिणेंत खोस हादिल्ली. ताची जीण सामकी सुखान भरिल्ली. थोडीं वर्सां अशे तरेन सुखान सरलीं. आनी एक दीस ती जीव ओतून दिल्लो मोग अकस्मात आटोवन बसली. वॉल्टायराक खूब दुख्ख जालें. जिणेचो आसरो ना जावन तो सामको शेणिल्ले वरी जालो. अप्रीय जाल्ले अस्तुरे वांगडा रावपाची मनाची तयारी ना जाल्ल्यान तिचेकडच्यान वेगळो जालो.

थोड्या दिसां भितरूच ताका आपणाले मोगिकेच्या आटून गेल्ल्या मोगाचें कारण कळ्ळें. एक तरणाटो मोगी, सेंट लॅंबर्ट नावांचो राजालो इश्ट जावन आइल्लो. हिणे त्या तरणाट्याक लागीं करून आपणाक कुशीन सारला म्हणपाचें तो समजलो.

सेन्ट लॅंबर्ट तरणाटो आशिल्लो आनी रुपान भोव सोबीत दिसतालो. आपूण तरणाटोय ना आनी दिसपाक्रय सुंदर ना. राणयेन ताच्या रुपाचेर भाळून कुरुपाचो त्याग केलो जाल्यार अजाप कसलें? पूण ज्या दिसा आपणाचेर तिचें मन बसलें तेन्ना आपूण

मार रुपवान नाशिल्लो. तेन्नाय आपूण कुरुपच आशिल्लों. रुपेस्त तरणाटे, रायकुंवर बी जायते तरणाटे आसतना हिणे आपणाकूच कित्याक वेंचून काडलो? कित्याक असो तिणे जीव लायलो? कित्याक नाचली ती म्हजे वांगडा? इतलो जीव लायलो, इतली नाचली, जायतीं वर्सा सांगात केलो आनी फट्ट करून सोडून कित्याक दिलो?

तेन्ना इतली निश्करुणेन चलून आपणाक दुखयलो, एका कसाया इतली निश्ठूर जाली आनी आतां तीच अस्तुरी म्हाका मेळपाक आशेल्या? वचपाचें थंय हांवें? तिचो घोव थंय आसतलो. ताका मेळप? सेंट लँबर्टूयबी थंयच आसूंक शकता. ताकाय मेळप? गेले उपरांत त्या सगळ्यांकडेन उलोवचें पडलें. त्या घरकाराक, त्या मोग्याक आनी मोग आटोवन पयसाविल्ले आनी आतां मरणा धडेर पाविल्ले मोगिकेक कितें सांगचें हावें?

अशे सगळे प्रस्न खिणाभितर विजेच्या वेगान ताच्या मनात उबे रावले. वॉल्टायरान त्या दुताक म्हळें ''खूब उपकार केले तुवें ख़बर हाडून. तूं वच. म्हाराजांक म्हजो नमस्कार सांग. हांव तुजे फाटोफाट येतां असोतांका संदेश दी.

परतून त्या विनोदाच्या मेळाव्यांत वचून, मुखेल जाळवणदाराची मान्यताय घेवन तो आपणाल्या घरा गेलो आनी जाता तितलो बेगीन तयार जावन चेटलायटाच्या राजवाड्यावटेन वचपाक भायर सरलो.

वाटेर वता आसतना तो ते मोगिके वांगडा सारिल्ल्या दिसांच्यो यादी मनांत घोळयतालो. ती एक राणी आशिल्ली. फकत ताका जीव लावपी मोगिकाच नाशिल्ली. ती तागेल्या विचारांची तोखणाय करताली. ताच्या विचारांइतलेच मोलादीक विचार बुदवंतकायेन मांडटाली. हें बरय, तें बरय अशें म्हणून ताका प्रेरणा दिताली; बरयले उपरांत तें बरप सगळ्यां आदीं आयकून तातूंतलें अमकें विधान काड, अमकें विधान जोड अशो हुशारकायेन सुचोवण्यो करताली. ताचे आवडीच्या भौतीक शास्त्रांतल्या प्रयोगाखातीर राजवाड्यांत एक प्रयोगशाळा घालपाक सगळे तरेचो आदार दिल्लो. थंय ताचे वांगडा तिणेय प्रयोग करपांत वांटो, घेतिल्लो. जायते फावटी हाच्या निरीक्षणांतल्यान सुटिल्ल्यो गजाली आपणे दाखोवन दिल्ल्यो. हांचे दोगांयचे जिणेचो सांगात फकत कुडींच्या आकर्शणांतल्यान जाल्लो नाशिल्लो तर दोगांयच्या विचारधारांचे पाट एकामेकांत भरसून ताचो एकजीव असो एक प्रवाह जाल्लो.

चेटलायटीच्या राजवाड्याचेर पावनाफुडें म्हाराजानी ताका मुखार येवन जिवाभावाच्या इश्टाक दिवचो तसो येवकार दिलो आनी म्हळें, ''देवी सामकी त्राण ना जावन पडल्या; जगपाक कठीण. हो अदमास लागिल्ल्यान तुमकां मेळपाक वथरेवंक लागली. हावें त्याचखातीर तुमकां रकाद धाडलो. आपणाले घरकान्नीक आपणाकडच्यान पयसावपी हो एक दुश्ट मनीस अशा अर्थाचे कसलेच भाव ताच्या उलोवपांत नाशिल्ले.

पतिव्रते सारके एके अस्तुरेन शूरवीर अशा आपणाल्या एका भावाक मेळपाची इत्सा प्रगटावची आनी तेन्ना तिचो घरकार जशे तरेन वागतलो ते तरेन राजा वागतालो अशें वॉल्टयराक दिसलें.

वॉल्टायराची जीण क्रमबद्ध रितीन चलताली. तो स्वता एके शिस्तीन जगिल्लो. मानवी वर्तनाविशीं ताका अपरुप दिसप हीच एक अपरुप अशी गजाल. आपणाले मोगिकेचो घरकार आशिल्लया ह्या राजान ह्या वेळार दाखयल्ली शांत सोशीकताय वॉल्टायराक मोठी अजापांचीच दिसली.

भितर गेलो जाल्यार हाणे अपेक्षा केल्ली तसोच सेंट लँबर्ट दिश्टी पडलो. चेटलायट राजान लँबर्टाक म्हळें ''मानादिकांनी येवपाची कृपा केल्या. वेळ व्हंगडावन उपकरचें ना. मातसो तांकां भितर घेवन वता?'' सेंट लँबर्ट मुखार आयलो. वॉल्टायर आपणा परस पिरायेन खूब व्हड म्हणपाची कोणाकूय जाणविकाय जावची अशें रितीन मान बागोवन तांकां ताणे अभिवादन केलें.

वॉल्टायरान योग्य रितीन प्रतिअभिवादन करून ताका हात दिलो आनी म्हळें ''कशे आस्त?'' जापेची वाट पळयनासतना ताणे देवीचे भलायकेची खबर घेतली. दोगांयमदीं ही विनयवार्ता चालू आसतनाच राजा भायर गेल्लो. सेंट लँबर्टान सांगले ''देवी जगपाची आसत ना. त्याचखातीर तुमकां मेळपाक सोदता.

वॉल्टायरान म्हळें ''हांव यमराज न्हीं?'' अशें म्हणून हांसलो. सेंट लँबर्टान म्हळें ''देवीन तुमी स्वताक उद्देशून उलयल्ल्या उतरांची याद काडली. तुमी एक फावट जें कितें उलयल्ले ते तिणे पयलीं. एक फावट म्हाका सांगिल्लें. ते विशीं आमकां दोगांकूय याद जाली.''

''कितें सांगिल्लें तिणे?'

''संकोच दिसता सांगपाक.''

''संकोच सो कित्याक? ती म्हाका उमो दिताली तेन्ना, केन्ना केन्नाय प्राण मृत्यूक उमो दिता अशेंच म्हाका दिसतालें. ते विशीं हावें तिका सांगिल्ले. ती गजाल सांगली तिणे?''

''हय''

''आनी कितें सांगताली?''

''तें सांगपाकूय बी संकोच दिसता''

''प्राण मर्त्य न्हीं. मर्त्य सौंदर्य अमर्त्य सौंदर्याक उमो दिता अशी तिणे म्हाका जाप दिल्ली. ती खबर सांगली तिणे?'

''हय. आपणालें आनी म्हजें सौंदर्य हें चिकणमातयेचें सौंदर्य खंय. तुमचे सौंदर्य

हें तांचे बुद्धीचे सौंदर्य अशें तांचें तत्व.''

''तरीयबी त्या सौंदर्यान ह्या सौंदर्याचो त्याग केलो.''

तीं म्हणटाली ''मर्त्याक मर्त्य जोडिदार आसता, अमार्त्य न्हीं. हांव तुजी जोडिदार जावंक शकतां पूण हांव वॉल्टायराची जोडिदार जावंक शकना.''

वॉल्टायरान उरफाटें कांयच म्हळें ना. देवी आपणासंबंदान जें कितें उलयली ते खरेपणी तिगेल्या मनातले उत्फरके म्हणपाचें ताकां खबर आशिल्ले.

देवी एक सोबीत अस्तुरी आशिल्ली आनी जितली बद्धीन खर तितली धिटायेचीय बी आशिल्ली. गिरेस्तागेर जल्म घेवन गिरेस्ताकडेनच लग्न जाली. घोवा बायले मर्दी पिरायेचें खूब अंतर आशिल्ले. तांच्या सामाजांत अशें स्थितींत एखादे बायलेन आपणालें पसंतीच्या परकी दादल्याकडेन बरेपण सांबाळ्ळें जाल्यार तो अपराध थारना. लोकांचे नदरेक पडत इतली उगतेपणी अविवेकी चलणूक आपणायनात जातकच जालें. आपणाक शक्य आसातितले स्वताच्या घोवाक प्रेम दितनाच ताचो आपणाचेरूय मोग उरचोहाची तिणे जतनाय घेतिल्ली. अशें आसतना आपणाक जाणे प्रेम दिवन लागीं केलें ताकाच सोडून तिणे आतां सेंट लँबर्टाक मोगाच्या विळख्यांत ओडिल्लो. आजुनूय तिणे घोवाचो मोग उणो जावंक दिवनाशिल्लो. खऱ्यानीचती जितली सुंदर तितलीच चतूर आनी तितलीच धिरीश्ट आशिल्ली.

आसूं; आपणाक सोडून वर्सावयर काळ गेलो. पयसायल्ल्या आपणांक परतून आपणासरीं कित्याक आफयला आसत तिणें?

वॉल्टायर असल्या विचारांनी घुस्पल्लो आसतना सेंट लँबर्टान देवीचे कुडीच्या दारांत बचून दासीक म्हळें

''देवी जागी जातली तेन्ना तांका वॉल्टायर महाशय आयल्यात म्हण सांग.''

देवी जागीच आशिल्ली. हाचें उलोवणें आयकून क्षीण स्वरान मोठे खोश्येन आनी मातशें मोठ्यानूच म्हळें ''आयल्यात? बेगीन आफय भितर.''

दासीन वेगळें आनी कांय सागलें ना. सेंट लँबर्टान वॉल्टायरा म्हऱ्यांत वचून देवीची इत्सा सांगली. वॉल्टायर भितर गेलो.

देवी न्हिदिल्ली ते खाटीकडेन हो वता थंयच आसा तिणे आपणाल्या दोळ्यांतल्यान आदरभाव फसफसावन म्हळें ''आयलो तूं फ्रान्सोआ? म्हजेर रागार जावन आपूण येवंक शकचों ना अशें म्हणटलो काय कितें असो म्हाका मातसो हुसको जाल्लो.'' अशें म्हणत आपणाले दोनूय हात ताचेवटेन लांबोवन धरले.

वॉल्टायर तिचो क्षीण स्वर आयकून सामको विरगळ्ळो. किणकिणीत घांटीचो कसो आवाज, लिकलिकीत दोळे, कांतायल्ल्यो भुंवयो आनी ओंठांचेर गोड हांसो अशें

तिचें ओडलायणे व्यक्तीत्व आशिल्लें जें वॉल्टायराच्या यादीं कोठयेंत बशिल्लें. तो उत्साह आनी ती उर्बा आतां अशे आवतिकायेक पाविल्ली . म्हऱ्यांत वचून दोनूय हातांचे उमे घेवन ताणे म्हळें. ''तुवें आफोवंक धाडल्यार हांव येनासतना कसो रावन?'' देवीन खाटीकुशीक आशिल्ल्या कदेलावटेन बोट दाखोवन कुरु केली. तो ताचेर बसलो.

देवीन म्हळें ''म्हाका तशेंच दिशिल्ले. तुजे उदात्त विचार आनी लोकांची क्षुद्र मनोवृत्ती हांचे मदीं कितलें अन्तर आसा तें हांव वळखून नकळो?''

''तू समजता तितलो हांव व्हड मनीस न्हीं. हे मुखामळ जितलें कुरूप तितलेंच म्हजें मन विरूप. बुद्दीन इल्लो खरपूण तितल्यान सगळ्यो शुभगजाली घडून येवच्यो नात.''

''खरें, चेरोकुरूप, मनूय विरूप बुद्दूय दड्डयाची; हो जालो सामन्यातलो एक मनीस. दुर्भागी अशा ह्या संवसारांत तुजेसारको मनीस उजवाडाचो खांबो जावंक पावता.''

''आसूं तें, आतां कशें दिसता तुका?''

''हाचे मुखार अशें दिसता आनी तशें दिसता म्हणपाक वेळना. तूं येतलो म्हणपाचे प्रतिक्षेत श्वास एक दीस तिगून उल्लो. हाचे उपरांत ताचें काम सोपलें.''

''शे शे, असो धीर सोडल्यार कशें जातलें.''

''ना, धिराचो प्रस्न ना. सेंट लँबर्टाचो चेरो आशिल्ल्या एका भुरग्याची आवय जावपाची उमळशीक लागली.भुरग्याक जल्म दिलो. तें संवसार सोडून गेले. इतले दीस वांज आशिल्लें तें हे पिरायेचेर आवयपणाक आशेलें. ती एक चूक जाली. जिणेन म्हाका मरणाची ख्यास्त दिल्या. ती हावें स्विकारल्या.''

देवीचें तें उलोवणे आयकत राविल्ल्या वॉल्टयराची ती सगळें सत्य तेंच उलयता म्हणपाची खात्री जाली. सौंदर्याचो राबितो नाशिल्ल्या अशा घरांतल्या सोबीत बुद्द्धीक लागून तिणे ताका चवदा वर्सां खोस दिल्ली. हागेल्या जिवितांत आल्हादाची झर व्हांवयल्ली. हिगेले बद्दीचेर कपट, कुटिलताय, फटकिरे पण डावपेंच असल्या कसल्याचेंच आवरण ना. ही अस्तुरी सभाव आनी विचारान कितल्या ऊंच पांवड्याची म्हणपाचें आपणे केन्ना नसमजून घेतलेंच ना अशें वॉल्टायराक दिसलें. तिणे आपणाक पयसावन सेंट लँबर्टाक लागसार ओडलो हे गजालीचो राग सान अवशेश रुपान ताच्या मनांत उरिल्लो. हे नवे जाणविकायेन तो खंयचे खंय ना जालो आनी ताचें मन ल्हव जाले.

ही आपणाक मोगाचे वेंगेंत ओडपी एक अस्तुरी आशिल्ली हे गजालीचो ताचे बुद्दीक विसर पडलो. सादी सामान्य अशी एक अस्तुरी, सुंदर, चतुर धिरीश्ट मनाची, यौवन सोपचे आदींच मृत्यूचें दार धाडायता अशा एक दुख्खाच्या उमाळ्यान ताचें मन आकूळ-पिकूळ जालें.

रोखडेंच ताणे म्हळें ''तुका हे स्थितींत पळोवपाचें दुर्भाग्य म्हज्या वांट्याक

घालपाक कित्याक आफयलो तुवें म्हाका?

"दोळे धापचे पयलीं म्हज्या जिवितांत म्हाका सुखांत बुडोवपी तुमकां तिगांकूय एकेच फावटी पळोवचेशे दिसलें."

"तुका तशें दिसलें तें समा दिसता. पूण त्या तिगां विशी चिंतलां तुवें?"

चिंतलां हावें. तूं एक बुदवंतकायेचो खंड. ते विशीं तुका कसलो अहंकार ना. सेंट लँबर्ट हो एका निरागस भुरग्यावरी. म्हाका जें पसंत तें ताका पसंत आसता. त्याच्या मनात कसलो स्वार्थ ना. म्हजो घरकार उदार बुद्दीचो. लग्न जाल्लें त्याच दिसा ताणे म्हाका सांगिल्लें. "म्हजी घरकान्न आयल्या अशें हांव समजूं ना. दादलो-बायलेच्या विशयांत आमची आजी एक सूत्र सांगतना म्हणटाली. 'दादल्या खातीर जी एखाद्री चलणूक समा आसता ती बायल मनशेकूय बी आसूंक जाय.' तिगेलें म्हणणे म्हाकायबी समा दिसता."

"हावें म्हळें 'हें सूत्र न्यायाक धरून आसा. एके बायल मनशेन केल्लें विधान दुसरे बायलमनशेक चूक कशें दिसतलें?' पूण दादलो तें मानून घेवंक शकतलो?"

प्रभून म्हळें 'मानलें हावें, पळयशीत तूं' अशें म्हणून म्हज्या हातार हात दवल्लो. हावें विचारलें 'जितलें सोपेपणी मानून घेतलां तितलें चलणुकेंत हाडप सोपें तें?" तेन्ना ताणी जाप दिली 'तितलें सोपें नासूं तें पूण हांव ती चलणूक आपणायतलों' अशें म्हणून ताणी परतून म्हज्या हातार हात दवल्लो."

"ही खबर तुवें म्हाका पयलीं केन्नाच सांगली ना न्हीं?"

"तुवें असो विशय केन्ना काडलोच ना आनी हांवूय ते विशीं केन्ना उलयलें ना."

"तूं एक असामान्य अस्तुरी हें हांव जाणां आशिल्लों पूण कितली असाधारण हें म्हाका आज मेरेन खबर नाशिल्लें. आनी तुगेलो घरकारूय कितलो असामान्य तेंयबी म्हाका खबर नाशिल्लें."

"ते खुबूच असामान्य म्हणूंक जाय. आमी एक वर्सभर सांगातान रावलीं. उपरांत एक दीस तांकां आपणाल्या सेनेवांगडा खंयतरी प्रवासाक वचचें पडलें. तेन्ना ताणीं आपूण जावन एक दीस म्हाका विचाल्लें 'तुका वॉल्टायर म्हळ्यार सामको प्रिय न्हीं? आमच्या राजवाड्यांत अतिथी जावन राव म्हणया ताका?" त्या तांच्या उलोवण्याच्या आधाराचे रूच हावें मागीर तुकां आफोवन घेतलो तो. म्हयनोभर तुजी ऊठ बस केली आनी ते सेनेवांगडा वचपाक गेले. हांव घोवाक वंचीत करपी कुलटा न्हीं. आनी घरकान्नीचें दुर्वर्तन असहायपणान सोंसून घेतिल्ले अशे ते घरकारय न्हीं."

"तांचे संबंदांतली ही म्हायती हांव पयलेच फावट आयकतां. आतां म्हज्या ध्यानांत आयलें, घटके आदीं हांव जेन्ना हांगा आयलों तेन्ना ताणीं म्हाका कसल्याच किल्मिशा विरयत येवकार दिल्लो तो कसो आनी सेंट लँबर्ट भितल्लेकुडींत बसून आसा तो

कसो कितें म्हणटात तें.''

''हय. म्हजे प्रभू हलक्या मनोवृत्तीचे आशिल्ले जाल्यार म्हजे जिणेची तरा वेगळी आसची नाशिल्ली. पूण हांव ह्या घरांत रावचें नाशिल्ले.'

''रावचें नाशिल्लें?''

''ते म्हाका घरांत दवरचे नाशिल्ले अशें कांय न्हीं. ताणीं धाडचे पयलींच हांव भायर सरून वतलें आशिल्ले.''

''ह्या तुझ्या म्हणण्याचेर विस्वास दवरप शक्य आसा.''

''बरे दिसले आयकून. हांव मानव जातींतल्या अस्तुऱ्यां मदली अस्तुरी न्हीं. तिच्या वांट्याक आइल्ले दादले सुण्यावरी घांस काडपी न्हीं. तूं एक फावट उलयल्लो ती गजाल याद आसा म्हाका. सगळ्या बायलांनी आनी सगळ्या दादल्यांनी मतींत धरचीं अशे तरेचीं उतरां तीं. तीं मतींत धरल्यार खूब बरें जावंये.''

''खयचीं उतरां म्हणटां तूं?''

''इत्सा उगतायली ना, जोडयेक म्हाका अस्तुरी ना; उमेद दाखयली ना, जोडयेक तुका दादलो ना.''

''खरें.''

''म्हजो स्वास आतां आडखळूंक लागला. फायची सकाळ येवचे आदीं हाचें काम सोंपतलें. आयचो दीस तूं रावूंक शकता जाल्यार राव.''

''रावतां.''

''हांव बेगीन हो संवसार सोडून वतां हाचें म्हाका दुख्ख ना. एक अस्तुरी ज्या ज्या बऱ्या गजालीं खातीर आवंडेता तितल्यांचोय हावें अणभव घेतलो.

''अशें दिसता तुका?''

''अशें न्हीं तर? म्हज्या घरकारान म्हाका 'राणी' ही पदवी दिली. तुवें म्हाका बुद्धिमत्तेचो सांगात दिलो.''

''आनी?''

''सांगू? सेंट लँबर्टान सोबीत रुपाचो अणभव दिलो. हांव तृप्त जालें.''

देवीन परतून आपणाले हात वॉल्टायरावटेन लांबोवन धल्ले. परतून ताणे तांचे उमे घेतले. ते आपणाल्या दोळ्यांक तेंकोवन धल्ले. देवीन प्रेमान ताचे सुरकाटिल्ले गाल पोशेले.

तिचो मोग वॉल्टायराक चुरचुऱ्यांचो व्हांवतो पाट कसो दिसलो. तो कुडींतल्यान उठून भायर गेलो. देवीच्या उलोवण्यान ताचे बुद्धीक, प्लेटोन आपणाल्या आदर्श राष्ट्राच्या जाणटेल्यांक तांच्या अस्तुरेविशींचे मनोवृत्तीक लागून हिणसायल्ले ते मनोवृत्तीची याद करून दिली.

तें रातीकडेन देवीचो अंत जालो. पयलींच खबर कळीत केल्ल्यान सकाळच्या वेळार लागीचो नात्यांतलो लोक येवन पाविल्लो. त्या दिसा तिचो देह मातयेक लावपाची वेवस्था जाली. वॉल्टायर तिची अंत्ययात्रा राजवाड्यांतल्यान भायर सरपा मेरेन प्रभू चेटलायट आनी सेंट लँबर्ट हांचे वांगडा रावलो. ती भायर सरली तेन्ना आपणे पॅरिसावटेन प्रयाण सुरू केलें.

भायर सरपापयलीं ताणे प्रभू चेटलायटांक म्हळें ''तुमी कितले असाधारण मनोवृत्तीचे तें देवीन म्हाका सांगलें'' प्रभूंनी म्हळें ''ती बुदवंत आशिल्ली. हें उदार बी म्हणटात तें फकत सद्वर्तन. तिणे म्हाकायबी आपलेपण दिल्लें. हे तिचे औदार्य.'' खिणा उपरांत ताणीं म्हळें ''तुजो एकूच दोश म्हळ्यार तूं एक बायलमनीस अशें तुमचे सारक्या फ्रान्स देशाच्या अत्यंत्व बुद्धिमान मनशान म्हळें खंय,'' मागीर काय खिणा उपरांत ''हय, बायलमनीस आशिल्ली तोच एक दोश जावन पडलो.'' अशें म्हणटा आसतना तांच्या दोळ्यांत भरून आइल्लीं. दुकां आडायत ताणी तोंड दुसरेवटेन फिरायले.

वॉल्टायराच्या दोळ्यांतल्यानूय दुकां आयलीं. ताणे तीं आडावपाचो येत्न केलो. प्रभूचो हात हातांत घेवन ताकां आदर दाखोवन चार पांवलां पयस उबो आशिल्ल्या सेंट लँबर्टा म्हऱ्यांत आयलो. सेंट लँबर्टान ताका म्हळें ''तुमी आयले तें खूब बरें जाले; देवी दोळे धापपा वेळार खूब शांत आनी समाधानी आशिल्ली.''

''अशें म्हणटात?''

''हय, तुमकां सांगून धाडलें तेन्नाच म्हाका म्हणूंक लागली. 'वॉल्टायर आयलो जाल्यार म्हाका एके गजालीची खात्री जातली. हो संवसार चलयतलो परमात्मा नांवांची एक शक्ती आसा हें हांव जाणा. ती जितली बळीश्ट तितली क्षमाशील. हांव समजतां ते मेरेन हांवं प्रामाणिकपणान चललें. योग्य तरेनच अशें म्हणूंक शक ना. समाज ही तरा योग्य अशें म्हणचो ना. पूण संवसार चलोवपी शक्तेन आमकां अशीं केली. समाज जें कितें योग्य म्हण मानीत आयला तेंच समाजाक योग्यशें दिसता. देवासामकार एकूच गजाल योग्य थारप शक्य आसा. ती म्हळ्यार प्रामाणिकपण. वॉल्टायरान म्हका माफ केलें जाल्यार दैव म्हाका माफ करतलें ही खात्री. प्रामाणिकपणान वागुनूयबी हावें तुमकां त्रास दिलें. हावे दैवाक कसलेच कश्ट दिवंक नात. कश्ट सोंशिल्ल्या बुदवंत मनशानूच म्हाका क्षमेचे नदरेन पळयलें जाल्यार प्रत्यक्ष आवय बापूय जाल्ले दैव रागार जातलें?''

वाल्टायरान म्हळें ''अशें म्हणटाली? देवी गणीत शास्त्रांत पारंगत आशिल्ली. अशे बुद्धीक आकलन जाल्लो विशय खरो आसूंक जाय. पूण हें जें सगळें तुमी तोंडपाठ आशिल्लेवरी सांगतात तें कितें तुमी घट्ट मतींत धल्लां?''

''तिणे ही गजाल चार फावटी सांगली. आपशींच पाठ जाली. त्या शिवाय असले

गजालीची म्हाकायबी गोडी आसा.''

'तें बरोबर आसा. कोणाकूय आयकन दिसपासारकींच गजाल ती.''

अशें म्हणून वॉल्टायरान सेंट लँबर्टाचो हात हातांत घेतलो. आदरान घट्ट धरून ताची अनुमती घेवन पॅरिसाक बचपाक भायर सरलो. दैवाक उद्देशून देवीन उच्चारिल्ल्या उद्गारांनी ताचें काळीज सुयेन भरिल्लें.

☆☆☆

14.
नर्तकीचो पराजय

विख्यात नर्तकी इसडोरा डंकन त्या सप्तकांत शारांत येतली अशी मॉस्को निवास्यां मदीं खबर पातळ्ळी. सामान्य लोकांमदी कुतुहल, विलासी लोकांमदीं उत्साह आनी संभ्रम आनी संवसारी लोकांमदीं तळमळे निर्माण जाले. इसडोरा ज्या ज्या गावांत पावपाची आसताली त्या त्या गावांत हे तिनूय तरेचे भाव ल्हारावरी वयरसरप हो एक नेम कसोच जावन पडिल्लो. मॉस्को नगराच्या लोकांमदींय बी असले भाव पातळ्ळे. हेर नगरां परस मॉस्को नगराची चड रसीक म्हूण नामना जाल्ली आशिल्ली. त्या खातीर घडये हांगा कुतुहल, संभ्रम, तळमळे अशा तिनायची खरसाण हेरकडचे परस चडूच जाणवताली.

विख्यात नर्तकी येता आसत जाल्यार कुतुहल निर्माण जावप ही सभावीक गजाल. संभ्रम आनी तळमळे कित्याक? ताचें कारण अशें : इसडोरा एक विलासी नर्तकी आशिल्ली इतलेंच न्हीं तर ती स्वैर प्रेमाची प्रवर्तक आशिल्ली. तिच्या संपर्कात आइल्ल्या खंयच्याय एका दादल्याचेर तिचें मन बसलें जाल्यार ती ताचेकडेन आपणाली इत्सा कसलोच संकोच धरिनासतना उलोवन दाखयताली. त्या मनशाची स्थिती, गती, मती असल्या कित्याचोच विचार करिनासतना ताचो सहवास ती भोगताली. एक सप्तक भर, धा दीस, म्हयनो भर आपणाल्या मनाक येता तितले दीस ताच्या सांगतांत रावून सगळें सूख अर्पून तितल्याच निस्संकोचपणान फुडें ताका आपणे सोडून दिला म्हणपाचेंय बी जाहीर करताली. कोणूच दादलो तिका आनीक थोडे दीस तुजो सांगात दी अशें म्हणूक शकनाशिल्लो. तिणे इत्सा दाखयल्यार येवपाचें, तिणे निरित्सा दाखयल्यार वचपाचें. आपणाल्या कायेमनाची ती राणी. तिणे स्वता आफयनाशिल्ल्या कोणाकूच ती आपणाक तेंकपाकूय दिनाशिल्ली. आफोवपाच्या वा सोडपाच्या निर्णयांत तिचें उतर निमणें आसतालें. भारतीय राजकुमाऱ्यो आपणालो सांगाती वेंचपाखातीर स्वयंवर घडोवन हाडटाल्यो तसले तरेचो हो प्रकार आशिल्लो. फरक आशिल्लो तो म्हळ्यार भारतीय स्वयंवरांत वधू एकफावट जो दादलो

पती रूपान वेंचताली ताची ती जीवीतभर धर्म पत्नी जावन रावताली. इसडोराक ती जिवीतभर सांगात दिवपाची गजाल मान्य नाशिल्ली. एक सप्तक वा एक पंदरावडोभर मोगिकेची जीण सारप असो तिगेलो नेम आशिल्लो. सप्तक वा पंदरावडो सोपलो म्हणटकच ताणे आपणाली वाट धरपाची आनी हिणे आपणाली.

जशें तिगेलें प्रेम स्वैर चलतालें तसोच तिचो हात दुडू मोडपांत स्वैर आनी सरळ आशिल्लो. जो दादलो जितले दीस तिच्या सांगातांत आसतालो तितले दीस ताच्या बोलसांत ताका जाय तितलो दुडू घोळटालो. तशें पळयल्यार तो हिसपाभायर आसतालो. हिका सोडून गेले उपरांत ताका धा वर्सां कितेंय जोडून हाडपाचो हुसको नासतालो. तिकाय बी दुडवांक कांय उणे नासतालें. नर्तनाच्या म्हालवजार तिणे लाखांनी जोड केल्ली. तिगेले थोडे मोगीयबी मोठे दुडवांकार आशिल्ल्या कारणान ही हेरांक दिताली तशे दोगजाण हिका दिताले. जितली ती दिवपाक तयार आसताली तितलीच घेवपाकय बी तयार आसताली. त्या खातीर नगरा नगरांतले दुबळे धाकटे आपूण तिगेले नदरेक पडल्यार पुरो म्हूण उमळशिकेन रावताले. अशे तरेची ही इसडोरा मॉस्को नगरांत पावपाच्या दिसा थंयच्या दादल्यांची आवतिकाय सामकी उत्तेजीत जाल्ली आसताली. कांय लोकांच्या कुटुंबांत हुसको कित्याक आसतालो काय म्हणटात? बरेभशेन संवसार घेवन आशिल्ल्या खंयच्याय दादल्याचेर हिगेली नदर पडची ना मूं? आपणालो घरकार आपणाल्या हातांत आसा अशें म्हणपाक मनात इल्लोय दुबाव दवरिनाशिल्ल्यो सुंदर तरणाट्यो घरकान्नी ही मोहिनी येवन तिणे आपणाल्या दादल्याक मोहीत केलो जाल्यार कशें जातलें म्हणपाच्या हुसक्यांत पडटालीं. अशा हुसक्यांतूय बी एक भरवंसो बाळगुपाक तांकां एक आदार दिवपी गजाल आशिल्ली. तशेंच कितेंय घडलें जाल्यार ती घडणूक एक सप्तक वा एक म्हयनोभर तिगपी जोराभशेन आसताली, चड न्हीं. तितले दीस सोपले म्हणटकच जोराच्या चपक्यांत फारवल्लो दादलो मेकळो जातालो. तिणे कितेंय करून निरशेणी हाडली तरी तो परतून घरचे घरकान्नी म्हऱ्यांत येतलो इतली आस्त जिती उरताली. उज्या कींट पडली पूण घर उज्या भकीक पडलें ना होच व्हडलो लाब म्हणपाचो.

II

अशे तरेन शारांतल्या लोकांचीं मनां विविध तरेन उत्तेजीत जाल्लीं आसतना इसडोरा शारांत पावली. आइल्ली त्या दिसा तिणे विसव घेतलो आनी दुसरे दिसा आपणाले नर्तनाचे कार्यावळीक सुरवात केली. जशें हेर कडेन जाता तेच तरेन हांगाय बी आपणाल्या नर्तनाच्या विलासान तिणे जाणट्या-नेण्ट्यांक दादले-बायलांक, गिरेस्त-दुबळ्याक मंत्रमुग्ध केले. सगळ्यांची मना जिखलीं.

खंयचोच गांव भूल पडनासतना आनी मंत्रमुग्ध जायनासतना रावंक शकनाशिल्लो. सोबीत मुर्ती, सोबीत आकृती आनी दोळे दिपकावपी भेस चडोवन ती रंगमाचयेर उबी रावल्यारूच पुरो तिगेली पुराय सोबीतकाय पळोवन सगळे चकासूर जाताले.

मोतयां कशे चकचकीत दांत, मनभुलोवणें मुखामळ, नखेत्रां कशे दोन दोळे, ते ओंठ, ते पोले, तें नाक, त्यो भुंवयोः कितें ती सोबीत काय! आजून तिगून आशिल्ली कुडीची वक्रताय! कूड सामकी शिडशिडितूय बी न्हीं, पूण तिगेल्या उबी रावपाच्या सोबीत ढंगाक लागून ती स्थूल कशी दिसनाशिल्ली. नृत्य सुरू जालें जाल्यार पळयतल्यान ती एक मानवी आकृती म्हणपाचेंच विसरून वचचें. किन्नरी, फुलपाको, देवदूत, हंस अशे तरेकवार नृत्य प्रकार ती रंगमाचयेर हाडटाली. दर एका नव्या प्रकाराचें रूपदर्शन घडोवपा वेळार ती पुराय विरगळून गेली आनी नवें रूप घेतलें ना मूं अशें दिसतालें. सकाळच्या मंद वाऱ्यांत, नितळ उजवाडांत एके वाली वयल्यान दुसरे वालीर उडपी फुलपाक्याचें अनुकरण करून ती नाचताली तेन्ना तिगेले अंगविक्षेप, हावभाव, इतले सहजतायेन जाताले ते पळोवन नदरे खामकार नाचता ती एक अस्तुरी नासून सदच्या आकारा परस व्हड एखाद्रो फुलपाकोच काय कितें अशें दिसतालें. देवदूत जावन ऊंच उडिल्लेवरी दाखयताली तेन्ना कांय खीण जमीन सोडून अंतराळांत उबी आसा आनी चड चड वयर वता असो भास जातालो. किन्नरी जाताली तेन्ना खरीच एक किन्नरी कशी दिसताली. हंस जाताली तेन्ना खरोच एक हंस नदरेमुखार उबो जातालो. किन्नरी म्हळ्यार कितें तें दाखोवचें जाल्यार तिणेच. हंसाचे पेंवप दाखयताली तें पळयल्यार हंसान खरें अशेंच पेंवपाक जाय अशें पळोवप्याक दिसतालें. ही तिगेली भोव सोबीत निर्मिती, ही मृत्यु लोकांतली घडणूक न्ही तर ही एक अप्सरा आनी ती जंय नाचताली ती रंगमाची म्हळ्यार इंद्राच्या दरबारांतलीच रंगमाची असो भास जातालो. हें नृत्य पळोवपी आमी नंदनवनात ना मूं अशें दिसतालें. नर्तिकेच्यो मुद्रा, पदलालित्य आनी डौल पळयतल्याच्या मनाक जें समाधान मेळटालें ताका शीम मेर नासताली. हें नृत्य पळयल्ले रसीक लोक भू लोक सोडून सर्गांत विहार करताले आनी नृत्य थांबपामेरेन त्या वातावरणात उरताले.

III

इसडोराच्या नृत्यान प्रभावीत जाल्ले लोक सभावीकपणान तिचे म्हऱ्यांत खीणभर रावंक मेळचें, संद मेळ्ळ्यार तिचेकडेन दोन उतरां उलोवंची अशे म्हणून ते आशेताले. नर्तकीचो पेशा आपणायलो तेन्ना सुरवातेक हें सगळें पळोवन तिणे एक येवजण तयार केल्ली. ते येवजणे प्रमाण मॉस्को नगरांतयबी वेवस्था जाल्ली ती अशी आशिल्ली. जे संवस्थेन तिका आमंत्रण दिवन हाडिल्ली ते संवस्थेच्या जाळवणदारांक आनी कांय रसिकांक तिणे

आपणा वांगडा अल्पोपहाराक आनी जेवणावळी खातीर आमंत्रण दिल्लें. जेवणावळीक आसलें जाल्यार एके फावटीक धा जाणांक आनी अल्पोपहाराक आसल्यार फावटीक शंबर जाण आसताले. दोना भितर एकेय कार्यावळीक हाजीर रावपाचें आमंत्रण नाशिल्ले लोक सगळी सकाळभर आनी सगळी सांजवेळभर ही विहाराखातीर भायर सरपाचे आदीं हिगेल्या निवासाभायर उबे रावून वाट पळयताले. तिणे एका छज्जांत येवन तांकां आपणालें दर्शन दिलें, सगळ्यांक अभिवादन केलें. इसडोरा मॉस्कोंत आइल्ली त्या पांच-स दिसांनी अशे तरेच्या कार्यावळींनी जायत्यो म्हाजनांच्या मुलाखतींच्यो कार्यावळी जाल्यो. अशे तरेन इसडोरा आपणाल्या नर्तनानच न्हीं तर त्या भायर आपणाल्या सौजन्यानयबी नगरवासियांक खूब प्रीय जाली.

तिगेल्या त्या दोन कार्यावळींक हाजीर आशिल्ल्या भोवतेकजाणाक ती स्वैर प्रेमाचो पांखो घेवन उलोवपी म्हण खबर आशिल्लें. तातूंतल्या थोड्या जाणानी तो विशय काडून ती लज-भीड नासतना कितें उलयता बी जाल्यार ध्यान दिवन रावलें. तशें कितेंय उलोवपाक ती लज-भीड बाळगिनाशिल्ली. पूण अशा लोकांमदल्या कोणाकूच तिचेकडेन चड सलगी करप शक्य नाशिल्लें. तसलो विशय भासाभाशेक आयलो जाल्यार संकोच धरिनासतना ती भासाभाशेक तयार जाताली. तेच भशेन ती भासाभास वेंगळें मोडण घेता अशें दिसलें जाल्यार रोखडीच तसलें उलोवणें खोडून काडटाली. हें तिगेलें खाशेलेंपण पयल्याच अल्पोपहाराच्या वेळार जाल्ले भासाभाशेवेळार स्पश्ट जालें. जमिल्ल्या अतिथीं मदल्या एकट्यान विचाल्लें ''तुमी स्वैर प्रणय मानून घेवन ताचें प्रतिपादन करपी अशें आमी आयकलां ती खरी खबर?''

''स्वैर प्रणय म्हणून जें म्हणटात, तितले भितर आमचो अर्थ स्पश्ट जावचो ना. दादलो आनी बायलमनशेच्या संबंदान समाजान घालून दवरिल्ले कांय निर्बंध आतां सोपपाक जाय असो आमचो अभिप्राय आसा. आमी ताचेंच प्रतिपादन करतात.''

''हेंच तुमी आनीक मातशें फोडणिशी करून सांगशात?''

''बरेंभशेन. तुमी आनी हांगा भोवसंखेन आशिल्ल्या सगळ्या जाणकारांनी आमच्या म्हणण्याचो अर्थ योग्य तरेन समजून घेवपाचो येत्न करपाक जाय अशें म्हाका दिसता.''

''योग्य तरेन समजप म्हणटात तें कशें?''

''तुमच्या मनात आशिल्ल्या पुर्वग्रहाच्या आदारान आशयाची कल्पना करूंक फावना. आमी जितलें म्हणटात तितलेंच समजून घेवचें.''

''तें तुमचें म्हणणें न्याय्य आसा.''

''अशें म्हणपी हावें नृत्य कला शिकून घेतल्या तशी भासा भास करपाची कला

शिकून घेवंक ना. म्हाका येता तशें हांव उलयतां. लोक जो स्वैर प्रणय म्हणटात तो विचार अस्तुरेक जाय तितलें स्वातंत्र्य आसचें अशे मूळ भावनेतल्यान वाडीक लागला. सद्याक जें स्वातंत्र्य आसा तें फकत दादल्याच्या वांट्याक आइल्लें आसा. अस्तुरेक त्या स्वातंत्र्याचो इल्लोय लाव जाल्लो ना. अशे स्थितींत अस्तुरेचे जातीक खूब ख्यास्त भोगची पडटा.

"देख दिवन सांगशात?"

"हें सुधारणेच्या मूळ मंत्राचें प्रतिपादन करपी आसा एक फ्रेंच लेखिका म्हणपाचें तुमकां खबर आसतले."

"जॉर्ज सान?"

"हय. तिगेली जिणूच एक बरी देख थारल्या. तिचें फावो ते पिरायचेर बरेभशेन लग्न जालें. घरकार वायट चलणुकेचे भकीक पडलो. ही सोसून घेवन रावूं येता तितले दीस रावली. निमाणें ताचेकडच्यान वेगळी जाले बगर आपूण जगूंक शकची ना हें तिका कळ्ळें. अशे स्थितींत आसतना खंयचेय अस्तुरेक सोडचीट दिवपाचो हक्क मेळपाक जाय असो वाद घालपाक तिणे सुरवात केली."

"वाद तितल्यामेरेन थांबलो ना न्हीं?"

"ना, पूण अशे तरेची मेकळीक आसपाक जाय म्हणपाक जें मूळ कारण आशिल्लें ताचे वांगडा हेर प्रस्नां संबंदानूय अस्तुरेक स्वातंत्र्य आसप गरजेचें असो विचार वयर आयलो. जॉर्ज सानान तो मुखार व्हेलो. लोकांचे मत परिवर्तन करपाचो तिणे येत्न केलो."

"तांच्या मता प्रमाण चलले जाल्यार 'लग्न' नावाचे एके सामाजिक वेवस्थेचें पावित्र्य ना नपयत जातलें अशें प्रतिपक्षान म्हणिल्लें तेंय बी आयकल्लें."

"दादलो बायलेच्या संबंदांच्या संदर्भांत ज्यो मुळाव्यो भावना आसतात त्यो भावना 'लग्न' नांवाची संस्था नावारुपाक येवपा फाटलें कारण थारल्यो. पूण हे लग्नाचे वेवस्थेन त्या भावनांक पुरायपणान न्याय दिवंक ना. त्या भावनांचो आदर जातलो जाल्यार ते वेवस्थेंत सुधार घडोवन हाडप गरजेचें आसा. सद्याकती पुरायपणान पवित्र जाल्ली ना. भविश्यांत ती अशी जावप गरजेचें."

"दादल्याक बांयलमनीस जाय आनी बायल मनशेक दादलो जाय दिसप ही इत्सा, उदक जाय दिसपाचे इत्छेवरीच एक इत्सा, ती गरज दिसता तेन्ना भागोवन घेवं येता, लग्न वेवस्थेची त्या खातीर गरज ना अशें जॉर्ज सान म्हणटाली म्हणपाचें आमी आयकल्लें."

इतलो वेळ मेरेन तो प्रस्न विचारपी आनी इसडोरा हांचे मदींच उलोवणें चलिल्लें. त्या मनशाचीं तीं उतरां आयकून हेर अतिथीं मदल्या एकल्यान म्हळें "जॉर्ज सानान अशें

केन्नाच म्हणुनाशिल्लें. तिगेल्या विरोधकांनी तिगेल्या उतरांचो विपर्यास करून स्वार्थ सादोवन घेतिल्ल्या थोड्या लोकांचे कर्तुप तें, तिचेर आरोप करपाक काडिल्लीं वांकडीं उतरां.''

इसडोरान म्हळें '' खरी खबर ती. आमकां याद करून दिल्ले खातीर धन्यवाद तुमकां.''

ही खबर सांगिल्ली तो आशिल्लो एक प्रख्यात नट 'स्टेनिस्लाव्स्की.' तो एक बरो नट आशिल्लोच, त्याभायर आधुनीक विचारांसंबंदान ताणे खूब वाचन केल्लें आशिल्ले. इसडोरान ताचे उपकार मानिल्ले ताची जाप दितना ताणे म्हळें ''उपकार मानपाक कांयच कारण ना. जॉर्ज सानाची निंदा केल्ली हांगा कोणाकूच पसंत ना. तांचे विशीं खबर आशिल्ली सत्य म्हायती कोणेय तरी सांगपाक जाय. तें ताचें कर्तव्यच थारता.''

ताचे बांगडा बशिल्ली तागेली इश्टीण नटी ओल्गान म्हळें ''तें खरें पूण सगळेच आपणालें कर्तव्य करतले हाची खात्री दिवं नजो. तुमी केलें तें तुमचें कर्तव्यच. तरी पूण तातूंतल्यान मानादीक कुंवरींक इल्ली मजत जाली त्या खातीर तीं तुमचे उपकार मानतात.''

इसडोरान लागींच आशिल्ल्या व्यक्तींकडच्यान तिचें नांव समजून घेतलें आनी मागीर म्हळें 'खरें तुमचें ओल्गा ताई, म्हजेवतीन तुमी उलयल्लेखातीर तुमकाय बी धन्यवाद.''

मागीर जाल्ले भासाभाशेंत इसडोरान चडवेळ स्टेनिस्लाव्स्कीक दिलो. ताणीयबी ती जापसालदारकी खोश्येन सांबाळ्ळी आनी अतिथी लोकांक त्या आधुनीक विचारा संबंदान थोडीभोव म्हायती विस्कावन सांगली.

''मनीस जातीन समाज जिणेक सुरुवात केली तेन्नाच्यान समाजाच्या हिताखातीर अनेक नेम केले. त्या नेमां मदलो लग्न वेवस्था हो एक नेम. असले हे नेमूच, आमी जाका नागरीकता नावान पाचारतात त्या नव्य परिश्करणाचें काळीज म्हणूंक जाय. समाज जीण आजून पुरायपणान निर्दोश जाल्या अशें म्हणूंक येवचें ना. ती आनीक इल्ली सुदारपाची गरज आसा. खंयचीं खंयचीं तासां कशीं कशीं सुदारपाक जाय हाचेर जाणकारांनी विचार करचो पडटलो. दादल्याचो आनी बायल मनशेचो सैमीक सभावगूण समजून घेवन तांचें हीत साध्य करपाच्या उद्देशान गरजेच्यो दिसतात त्यो सगळ्यो सुधारणा सगळ्यांचे संमतीन घडोवन हाडूंक जाय. आनी तांचो दिसपडटे जिणेत आसपाव करपाक जाय. जॉर्ज सानाचे विचार हे फकत स्त्रीवर्गावतीन केल्लें उलोवप नाशिल्लें. त्या मताक तांचो इश्ट आनी प्रमुख लेखक आशिल्ल्या मनशान अनुमोदन दिल्ले, ताचें आपणेय बी प्रतिपादन केल्ले. उणाक मानसीकतेच्या थोड्याशा लोकांनी आपणाक जाय तसो अपप्रचार केलो म्हणून सुधारकाचो हेतू दुश्ट जावचोना. तो चलणुकेंत हाडपाच्या वेळार जागरुकताय गरजेची म्हणपाचें तितलें आमी मतींत धरपाक जाय. लग्नसंस्था घडयल्ली ती बऱ्या खातीर

अशें आसतनाय तिचो दुरुपेग जालोच. खंयचोय बरो विचार दुश्ट हेतू साध्य करून घेवपाक कोणूय वापरून घेवप शक्य आसा. असले लोक जॉर्ज सानाचें म्हणणें आपणाक जाय तशें फिरावन घेवंक शकतात.

''लज-भीड नाशिल्ले लोक खंयच्याय काळार आनी खंयच्याय थळार आसूंक शकतात. तेन्नाच्या निलाजऱ्या लोकांक कडेक दवरून समाजाक वाटावपाखातीर लग्नविधीची वेवस्था घडयली. आतांयबी निलाजरे लोक आसात. पूत गुंड जालो जाल्यार अभिमान बाळगुपी बापूयूय आसात.

'आमचो कोंबो भायर सल्ला, तुमच्या कोंबयांक सांबाळात गा' अशा अर्थाची एक म्हण फ्रान्स देशाच्या एका प्रदेशांत चलता. पयसुल्ल्या इंडिया देशांत हजारभर वर्सां आदीं अशे तरेचें वर्तन आशिल्लें म्हणपाच्या तांच्या कालिदासान आपणाल्या शाकुंतलांतल्या दुश्यंताचे करणेच्या आदारान दाखोवन दिलां. धर्मात्मा म्हणोवन घेवपी एखाद्या राजान अशेतरेची चलणूक आपणायली जाल्यार एखाद्या निलाजऱ्या अनागरीक वृत्तीच्या मनशान कित्याक आपणावची न्हीं?'

मदीं मदीं एकेकटो भासाभाशेंत वांटेकार जालो आनी ती भासाभास एका पेण्यार पावतनाच अल्पोपहाराची कार्यावळ सोपली. येजमान्नीचो निरोप घेवन अतिथी वचपाक गेले.

हाचे उपरांत जाल्ल्या अल्पोपहार आनी जेवणावळी वेळारयबी स्वैर प्रणयाच्या संदर्भात उल्लेख जालो. त्या वेळार इसडोरान सांगले ''ह्या विशयाचेर थोड्या दिसांआदीं भासाभास जाल्या. ह्या वादाच्या मूळ प्रवर्तकांनी आस्त बाळगिल्ली ती स्वातंत्र्याची, स्वैराचाराची न्हीं. हे विशीं म्हान नट स्टेनिस्लाव्स्की हाणी त्या दिसा सगळ्यांक स्पश्टपणान सांगलें. तुमकां कोणाक जाय जाल्यार तांचेकडेन भासाभास करूंक शकतात. ते त्या विशयांतले बरे जाणकार. म्हजेपरस ते तुमकां बरी विस्कावणी करून सांगतले. इतलें सांगून तिणे उलोवणें थांबयलें. दुस्वास करतल्यांनी म्हळें, ''आं, अशें? स्टेनिस्लाव्स्की हिगेलो शिश्य जाला?''

स्टेनिस्लाव्स्की स्त्री-पुरुश संबंदातल्या विशयांत आधुनिक विचारांचो पुरस्कार करपी मनीस म्हणपाचें ताका वळखुपी लोक जाणा आशिल्ले. तांकां ताची चलणुकयबी कशी तीय बी खबर आशिल्ली. त्या खातीर ते ताचे विशीं वायट उलयनाशिल्ले. पूण ताका लागींच्यान जे पळोवन नकळो आशिल्ले ते ताका नितिमत्तेचो दुस्मान म्हूण समजताले. ताचे ओल्गाकडेन अनैतीक संबंद आसात अशेंयबी ते समजताले. ताका आपणाल्या घरांत येवपाची मोकळीक दिली जाल्यार आपणाले प्रतिश्ठेक दाग लागतलो असोय बी तांकां दुबाव येतालो. ह्या आधुनीक विचारांचो पांखो घेवपी लोकांची योग्यताय बी

तितलीच अशी तांची खात्री जाल्ली. भास उदात्त वापरतात पूण चलणूक उणाक तरेची असो तांचे विशीं विश्वासूच तयार जाल्लो. इसडोरा असल्याच लोकांमदल्या आपणाले नदरेंत भरिल्ल्या कोणाय एकट्या दादल्याक आपणागेर आफोवन व्हरता, चार दीस ताचे वांगडा सहवास करता आनी ताका सोडून दुसऱ्या सांगात्याक आफयता. हेर गांवांनी असले चाळे करून आइल्ली बायलमनीस हांगा आपणालीं कर्तुपां करपाचीं सोडटा? अशो यादी घोळयत आनी अशा अर्थाच्यो कुचुकुचू करून खबरों कानार पडटल्यो म्हणपाची ते वाट पळयत आशिल्ले.

सप्तक सोपलें, धा दीस जाले, पंदरा दीस जाले, इसडोरान कोणाकूच आफयलो ना. त्या सगळ्यांक अजाप जाले. ते निरशेलेय बी. हेर कोणाकय आफयतली अशें धरून आशिल्ल्या लोकां परस चड, आपूण रुपवान, आपणाकूच ती आफयतली म्हूण वाट पळयत आशिल्ल्या गिरेस्त धनिकांच्यां वांट्याक चड निरशेणी आयली. पंदरा दिसांभितर उपहार जेवणावळीच्यो जायत्यो बसका जाल्यो. नर्तकी विशीं कसलेंच वायट उलोवणें वयर आयलें ना.

ह्यो अल्पोपहार आनी जेवणावळींच्यो कार्यावळी सगळ्योच तिगेल्या निवासांत जाल्यो नात. नगरांतल्या कांय प्रतिश्ठितांनी, नाट्यकलाकारांनी, गायक, नर्तक आनी समाज प्रवर्तकांनी सत्कार करपाच्या निमित्तान तिका आमंत्रण दिलें आनी वांगडाच कलाप्रेमी लोकांकय बी आदाराखातीर उलो माल्लो. तिका ह्या सगळ्या लोकांचो परिचय घडयलो. असल्या वेळार ती खूबदां स्टेनिस्लाव्स्की ओल्गा आनी तांच्या नाट्यमंदिराक नाटकां बरोवन दिवपी चेकोव हांकांय बी मेळ्ळी. त्या सगळ्यांकडेन उलयली, स्टेनिस्लाव्स्कीची खूब तोखणाय केली.

निमाणे एक दीस तिणे त्या तिगांक रातीकडेन आपणागेर जेवणाचें आमंत्रण दिलें. चेकोव त्या जेवणाक हाजीर रावलो ना. भलायकी बरी ना, माफ करात अशें म्हणून वचपाचें वाटायलें. ओल्गा आनी स्टेनिस्लाव्स्की दोगांच गेलीं.

जेवणाक सुरवात करचे पयलीं मेजाकडेन बसलीं तेन्ना स्त्री जातीच्या स्वातंत्र्या संबंदान उलोवणें आयलें. तातूंत ओल्गा इसडोराल्या अभिप्रायाक विरोध करून दोन उतरां उलयली.

इसडोरान म्हळें ''तुमचें हें मत म्हळ्यार पोरणे आदर्श. आधुनीक विचाराची जाणविकाय आशिल्लीं तुमी अशें उलयतात म्हळ्यार म्हका अजाप दिसता.''

ओल्गान म्हळें ''आधुनीक विचारांची एकूच वट पळोवन उपेग ना. तो चारूयवटांनी विचार करून खंयची योग्य दिसता ती फुडें व्हरूंक जाय.''

''दादल्यांक आतां ज्यो गजाली अनुकूल आसात तातूंतली खंयचीच उणी जावंक

फावना अशें दिसता ते लोक अशें उलोवन सुधारणेक आडखळी हाडटात.'' ''पुरुश जात आनी स्त्री जात अशें म्हणून आमी जातींचीच भास उलोवंक लागलीं जाल्यार आमी वाट चुकतलीं हातूंत दुबाव ना. पुराय मनीसजातीच्या हिताची भास जाली जाल्यार मात योग्य वाटेन हो प्रश्न फुडें सरतलो.''

''म्हळ्यार हो एक तोलून मापून पळोवपासारको विशय जालो. सद्याक अनुकूल आशिल्ले मुद्दे तागडेचे एके ताटलेंत पडल्यात आनी दुसरे ताटलेंत अनुकूल आसूं येत अशी शक्यताय आशिल्ले मुद्दे घालूंक जाय.''

''त्या तत्वाक कांय आडखळ ना पूण ते अनुकूल अशे जे मुद्दे म्हणटात तांचेर विचार करपाक जाय.''

''आमचे लोक सद्याक म्हणटात तें अशें – एक दादलो, एक बायलमनीस दोगांकूय एकामेकाचो सांगात मान्य आसल्यारूच सांगातान रावपाचें. अशीं रावता आसतना दादल्याक जावं बायलेक हो सहवास पुरो अशें दिसलें जाल्यार ताणीं तशें दुसऱ्याक सांगचें आनी आपणालो सहवास सोपोवचो.''

''तत्वाचे नदरेन हो मुद्दो योग्य दिसप शक्य आसा. वेव्हारांत हो केद्या व्हडल्या अनर्थाक आमंत्रण दिवंक शकत तें मात सांगूं नजो.''

स्टेनिस्लाव्स्कीन म्हळें ''वोल्गा आधुनीक विचारां संबंदानूच उलयतात. मनशांचे सभाव एकेच तरेचे नासतात. थोड्या लोकांची भूक मोटी आसता, थोड्यांची ल्हान. तेच तरेन थोड्यांक वासना चड आसता थोड्यांक उणी. सगळ्यांक एकूच नेम लावंक मेळचो ना. सुधारणा ही पावला पावलान फुडें सरपाक जाय असो हांचो अभिप्राय.''

इसडोरान म्हळें ''अशें जाल्यार आमी आंवडेतात ती सुधारणा घडून येवपाक हजार वर्सां पुरो जावंची नात.'' स्टेनिस्लाव्स्कीन म्हळें ''शक्य आसा. पूण लग्न संस्थेक सुरवातेचे स्थितींतल्यान आयचे स्थितींत येवपाक हजारानी वर्सां लागली. तिका आपणाली मोख पुरायपणान हातासपाखातीर आजून हजारभर वर्सां जाय आसत जाल्यार आमी तयार आसपाक जाय.''

ओल्गान म्हळें ''वेवस्था बदल्ली म्हणून सभाव बदलाचे नात. समाजांतल्या लोकांचे सभाव मतींत धरून वेवस्था कशी आसची तें थारावंक जाय. तें विसरून केल्ली वेवस्था नांवांखातीरूच उरतली. सभाव आपणाले खेळ खेळतच रावतलो– सभाव सुदरपाची गरज आसा. हें काम सवकसायेन जाता. सभाव ही भायली वेवस्था न्हीं; भितल्ली सुदारणायबी घडून येवपाची आसता. हें घडून येतलें जाल्यार हजार वर्सां पावचीं नात घडये.''

इसडोरान म्हळें ''तो वेळ मेरेन कितले कोट लोकांक कितले त्रास सोसचे पडटले

जायत कोणाक खबर.''

स्टेनिस्लाव्स्कीन म्हळें ''तुमी सुचयतात ती सुधारणा रोखड्या रोखडी चलणुकेंत हाडली जाल्यार तितलेच कोट मनीसजीव तितल्याच त्रासांत पडटले. एक जोडपें आसा– घोव म्हणटा 'म्हाका तुजो सहवास नाका.' जालीं दोगांय वेगळीं. दुसरें जोडपें आसा – बायल म्हणटा 'हांव रावचीं ना तुज्या सांगाताक' जालीं दोगांय वेगळीं. ते बायलेक आनी ह्या घोवाक त्रास सोसचे पडले. ते बायलेन दुसरो घोव सोदचो पडलो. ह्या घोवान दुसरी बायल सोदची पडली. पिराय ल्हान आसल्यार कशेंय जायत. चड पिराय जाल्ली आसल्यार तांका सांगाती मेळूंक शकतले? अशे तरेन सगळीच फाटाफूट जावन गेली जाल्यार समाज कसले दशेक पावतलो? त्या खातीर लग्न म्हळ्यार फकत दादलो बायलेची सुख-लालसा पूर्ण करपाक केल्ली वेवस्था न्हीं. तिचो उद्देश संवसार एकसंघ दवरपाचो आसता. तातूंत घोव-बायलेच्या सुखा इतलेंच तांच्या भुरग्यांचे सूख होय बी एक मुखेल हेतू आसता.''

''मुखेल हेतू आसूंक शकता. पूण सांगात जोडूंक सोदपी दादलो बायल त्या विशयाचेर चितीत रावचीं नात.'' ''रावचीं नात ही गजाल खरी, पूण रावप गरजेचें. समाजान हाची जतनाय घेवपूय गरजेचें. ताचें कारण म्हळ्यार समाजांतल्या आयच्या व्यक्तींच्या हिताचे राखणे इतलीच ताणे आपणाल्या भविश्याची राखण करपाक जाय.''

हें सगळें उलोवणें खूब विश्वासाचे आनी आपलेपणाचे भावनेन जालें. ही भासाभास सर्तीच्या रुपान नाशिल्ले कारणान कोण जिखता, कोण हरता असो तिचो कसलोच हेतू नाशिल्लो. जिखल्यार भोवमान आनी हरल्यार अपमान अशें कांयच नाशिल्लें. सगळें उलोवणे अल्पोपहाराच्या वेळार जालें. तें इश्टागतीच्या वातावरणांत मनरिजवणेच्या रुपान जालें. खावप-पिवप सोपतकच हेर कांय गजाली जाल्यो आनी अतिथिनी वचपाक अनुमती मागली.

वचपाच्या वेळार इसडोरान ओल्गाक पळोवन म्हळें,

''तुमकां सवड आसल्यार फाल्यां दनपरां परतून येयात म्हणटालें.''

ओल्गान म्हळें ''म्हाका एक म्हत्वाचें काम आसा. आनी केन्नाय येन मागीर.''

इसडोरान मागीर स्टेनिस्लाव्स्कीक म्हळें, ''तुमकां सवड आसल्यार तुमी येयात.''

स्टेनिस्लाव्स्कीन खिणाभरयान म्हळें ''येतां.''

दोगांय वचपाक गेली.

IV

दुसरे दिसा दनपरां स्टेनिस्लाव्स्की आयलो तेन्ना इसडोरा एकटीच आशिल्ली. दारांत येवन येवकार दिवन ताका ती भितल्ले कुडींत घेवन गेली.

दुसरे कोणूच अतिथी नात म्हणपाचें स्टेनिस्लाव्स्कीक कळ्ळें. ही अस्तुरी कितें म्हणत काय असो ताका दुबाव आयलो. अशे आसतनायबी तो तिचेकडेन थंडसाणेन वागलो. भितर व्हरून इसडोरान ताका मोव गादयेच्या कदेलाचेर बसयलो. आपूण भितर गेली आनी बऱ्या किमती मद्याचीं दोन कोपां ट्रेंत दवरून घेवन आयली. ट्रे ताचेमुखार एका सुपुल्ल्या मेजाचेर दवरून आपूण ताचे कुशीक बसली.

खिणा उपरांत एक कोप उखलून ताच्या हातांत दिलें आनी दुसरें आपणाल्या हातांत घेवन म्हळें, ''रूच पळयात; हें एक कमायल्लें फ्रेंच मद्य. भोव रुचीक आसता.''

स्टेनिस्लाव्स्कीन कोप उखलून ताची रूच घेतली ''हय खरेंच बरें रूचीक आसा.''

थोड्या वेळान ताणे विचाल्लें ''हेर अतिथी येवचे नात?'' इसडोरान म्हळें ''ना, खासा तुमचे खातीर.''

स्टेनिस्लाव्स्की हे जापेचो अर्थ समजून घेवपाचे मोखीन खीणभर तिचेवटेन पळयत रावलो. मागीर कांयच म्हणनासतना दुसरेवटेन पळोवंक लागलो. परतून कांय मिनटां मद्य चाखून बी इसडोरान म्हळें ''भितर वचुया?'' स्टेनिस्लाव्स्कीन मोठ्यान् ''नाका'' म्हळें.

''नाका म्हळें तुमी?''

स्टेनिस्लाव्स्कीन हय म्हणपाक तकली हालयली.

नर्तकीक व्हडलें अजाप जालें.

''तुमकां म्हज्या सहवासाची इत्सां ना?''

''इत्सा आसा''

''मागीर?'

''ह्या विशयाचेर भासाभास जाय?''

''तुमकां मान्य आसल्यार म्हांका तुमच्या मनातलो विचार जाणा जावपाक जाय.''

''भोव खोश्येन सांगन हांव. दोन कारणांक लागून हावें इत्सा आडावन धल्ल्या.''

''कसलीं तीं?''

''सहवास जाले उपरांत तुमचो सांगात म्हाका जायसो दिसतलो. तेन्ना तुमी म्हाका सोडून वचूंक शकतात. तेन्ना जें दुख्ख जावपाची शक्यताय आसा तें मागोवन घेवप म्हाका मान्य ना.''

''तुमीय बी म्हाका सोडून वचपाची शक्यताय ना?''

''हांव तसल्या सभावाचो मनीस न्हीं.''

''दुसरें कारण कितें?''

''आमगेर एक भुरगे जालें जाल्यार ताचें भवितव्य कितें?''

‘‘जातलें तेन्नाची खबर ती.’’

‘‘हांव तसल्याय बी सभावाचो मनीस न्हीं. म्हज्या भुरग्याक ताचे आवयच्या मोगाच्या कळवळ्याचें पोशण मेळूंक जाय. म्हाकायबी ताची अर्थ अपूरबाय करपाची संद मेळूंक जाय. हें घडून येवपाचो संभव आसत जाल्यारुच हांव तुमचे इच्छेक पाळो दीन. तें साध्य जावचें ना. त्या खातीर हांव ती गजाल मनार घेवंक शकना.’’

‘‘विचित्रच मनीस दिसतात तुमी म्हाका.’’

‘‘आधुनीक मनीस विचित्रूच आसतात.’’

‘‘हांव आधुनीक न्हीं?’’

‘‘थोडींशीं आधुनीक; जाय तितली न्ही.’’

‘‘हाचे आदीं हावें मनात हाडिल्ल्या खंयच्याच दादल्यान म्हाका ना म्हणू ना, जाणात तुमी?’’

‘‘ते कोणूच सभावान म्हजे सारके नाशिल्ले. हें ताचें कारण.’’

इसडोरा ओगी रावली. थोडो वेळ तशीच बसली.

‘‘हांव मर्यादा वळखनाशिल्ली अस्तुरी अशें समजुंना मूं तुमी?’’

‘‘ना.’’

‘‘खरेंच?’’

‘‘हांव पुराय आधुनीक मनीस.’’

‘‘मातशें विसकावन सांगशात?’’

‘‘बरें आसा. जो पुराय आधुनीक आसता तो वांगडच्या मनशांक वायट नांवां दवरून तांकां अशें तशें कितेंय म्हणून मोलावणी करचो ना. ते जशे आसतात तशेच तांकां तो स्विकारता. तांकां जशें आसचें शें दिसता तशें ते आसतले आनी आसचें अशी भूमिका तो आपणायता. तो कोणाक दोशी वा पातकी अशें मानीना.’’

‘‘तशें जाल्यार, हांव अशें उलोवनूयबी तुमकां म्हजे विशीं पयलीं इतलोच आदर आसा?’’

‘‘पयलीं इतलोच आसा.’’

‘‘म्हळ्यार तो चड ना, अशें जालें ना तें?’’

‘‘तो चालू विशया संबंदान ना न्हीं?’’

नर्तकीक आपणालो मोठो अपमान जालो सो दिसलो. खूब कोपीश्ट अशे नदरेन तिणे ताचेवटेन पळयलें. ताच्या कानसुलाचेर एक सणसणीत थापट फुलोवचें अशें तिका दिसलें. पूण तें शक्य नाशिल्लें.

परतून दोन मिनटां गेलीं. स्टेनिस्लाव्स्कीन उठून ‘हांव वतां’ म्हळें.

इसडोरान 'बरें आसा' म्हळें.

तो भायर सरून गेले उपरांत ती भितर आयली. येवचे येवन दोगांयनी मद्य पियेवन रितीं केल्लीं तीं दोन काचेचीं कोपां उखलून झुम्म करून जमनीर मोखून माल्ली. तीं फुटून तांचो चुरो जालो.

कवची फुटिल्ल्याचो आवाज आयकून घरांतले चाकर बायलेन दारांत येवन पळयलें. मालकिणीचें रौद्र रूप पळोवन ती भियेवन फाटीं सल्ली.

इसडोरा दिसूयभर सामकी पिशी कशी जावन उल्ली. ते रातीकडेन ती खूब मद्य पिली. दार उगडलें ते सोपेपणी घसरलें ना म्हणून तें मोडलें. मद्य बरें ना अशें म्हणून दोन कोपां जमनीर मारून फोडली. जेवण बरें जांवंना म्हणून रांदपिणीक माल्ली. न्हीद येना जाल्ल्यान हांतरुणाचेर लोळत रावून अपमान पचोवन करून दुसरे दिसा केन्नातरी इसडोरा जावन उठली.

खूब वर्सां उपरान्त इसडोरान एक ल्हानशेंच आत्मचरित्र बरयलें. तातूंत तिणे आपणाचेर मोगाचो शिवर घाल्ल्या खूबशा प्रख्यात कलाकारांची नांवां घालून तांचे मदल्या स्टेनिस्लाव्स्कीन आपणे केल्लें मागणे कुशीक सारिल्लें ती खबर आनी त्या खातीर ताणे दिल्ल्या दुसऱ्या कारणाचो उल्लेख केलो. त्या उल्लेखांत त्या दिसा आपणे गिळिल्ल्या कोडवासाणेचो आसपाव केलो ना. एकट्यान आपणाले इच्छेचो अपमान केलो तरी धा जाणांनी इच्छेचो भोवमान केलो म्हणपाचे तृप्ततायेच्या गर्वान भरिल्लो भाव तातूंत दिसलो.

☆☆☆

15.
चवथो अध्याय

(विश्वनाथय्या हो एक निवृत्त सरकारी अधिकारी आशिल्लो. ताची घरकान्न सावित्री अम्मा. चलो प्रसाद, दामोदर न्हयेवयल्या धरण प्रकल्पाचेर नव्यानूच कामाक लागला. चली गिरिज्या बी. ए. पास जालां आनी आतां लग्नाचें जालां. प्रसादाक हांगा आफोवन घेवपाक जाय, ताका लग्न करपाक जाय, चलयेक न्हवरो सोदूंक सुरवात करूंक जाय अशें बापूय येवजिता आसतनाच प्रसादान आपणे रेवा नांवाचें एक पंजाबी चली पसंत केलां म्हणपाची खबर कळोवन भयणीक पत्र बरयलां. हो संबंद आडावपाक जाय असो आवय बापायचो विचार चल्ला. गिरिजाली इश्टीण मिनाक्षी भोव सुंदर अशें चली. हें चली तांकां केल्यार जातलें आशिल्लें अशें विश्वनाथय्यान चिंतलां.

श्रीनिरंजन, श्री कस्तुरी, सौभाग्यवती वाणी, हाणीं आपणाल्या एकेका अध्यायांत इतली कथा सांगली. हो आतां निमणो अध्याय.)

शिक्षण सोपोवन कामाक लागिल्लो चलो प्रसादान बापूय रिटायर जाले उपरांत संवसाराची जबाबदारी आपणे घेवंक जाय आशिल्ली. ताणे आंकवार आशिल्ले आपणाले धाकटे भयणीक पत्र बरोवन आपणालो लग्न जावपाचो निर्णय कळोवपा भायर आपणा इतलें वाडून व्हंकल जाल्ले धाकटे भयणीखातीर एक चलो पळोवपाची खबर काडिल्ली ना; हाचें काम न्हीं हें? विश्वनाथय्याचे तकलेंत हो प्रस्न सहजतायेन उबो रावलो.

पुतान आपणे जावन पसंत केल्लें चली ताका सांगात दितलें म्हणपाविशीं आवयक समादान दिसपा वांगडाच खंयच्या देसाचें कोण काय तें अशी एक चिंता तिका धोंसताली.

गिरिजा हें आधुनीक काळांतलें चली ही गजाल खरी पूण ताचे तकलेंतूय बी एक वेगळो विचार येवन गेलो. ''सगळे जाण तशेच. आपणालें काम आपूण सादोवन घेतात. प्रसादान स्वताखाती रेवा मेळयलें पूण म्हाका प्रसाद खंयचो. हाचो ताणे विचारूच करूंना

न्ही?''

त्या दिसा सानच्या वेळार विश्वनाथय्या शाक-भाजी बी हाडपाक बाजारांत गेल्लो. गिरिजा सालांत बसून आपणाले आवडीची कादंबरी वाचतालें. कोणतरी भायल्यान येवन दारांतल्यान येवपी उजवाडाआड उबो रावलो.

गिरिजान नदरवरशी करून पळयले. दारांत एकटो अनवळखी तरणाटो उबो आशिल्लो. आधुनीक तरेची मुस्तायकी आनी न्हेसपाचीय बी आधुनीक तरा. कॉलगेट वा मॅक्लिनान चकचकीत केल्ले दांत. तांचे वयर ते पिरायेक इल्ल्यो चडशो दिसपी भायर सरिल्ल्यो अशो मिश्यो.

गिरिजान नदर वयर करून पळोवपा वेळार तो तरणाटो हांसून ताचेवटेन पळयतालो. चलयेन तकली वयर करतनाच ताणे म्हळें ''नमस्कार ताई, हें विश्वनाथ बाबांचे घर मूं?''

बरो दादल्याचो आवाज ताच्या कानार पडलो. गिरिज्या उठून उबें रावलें आनी तोखणायेचे नदरेन पळयत ताणे म्हळें ''हय?''

''ते घरांत नाशे दिसतात.''

''ना.''

तरणाटो खीणभर रावलो आनी फाट करून वचपाक लागलो. इतल्यान सावित्री अम्मा भितल्ल्यान भायर आयली. ''कोण जाय खंय गो गिरिज्या?'' अशें म्हणत ती धुवे कुशीक येवन उबी रावली.

तरणाट्यान म्हळें ''हांव हांगाच Air Craft Factory त कामाक आसतां ताई. म्हजें नांव शर्मा. म्हज्या एका इश्टान तुमच्या मिस्टरांक मेळपाक सांगिल्ले. त्या खातीर आइल्लो.''

गिरिजान विचाल्लें ''आमच्या अप्पाक Air Craft Factory त अकावन्टण्टाचें बी काम मेळ्ळां काय कितें?'' प्रस्ना फाटल्यो मोखी आशिल्ल्यो दोन. एक खरी जाप आनी दुसरी म्हळ्यार आइल्ल्या तरणाट्याक थोडो वेळ थांबोवन धरून ताचें उलोवणें आयकप ही दुसरी.

घरकाराच्या हातांत आनी इल्लो दुडू लागपाचो योग आयला जाल्यार नाका कित्याक म्हणटलीं? अशें चिंतून आवयन म्हळें ''मार्केटांत गेल्यात. चड उशीर जांवचो ना; येतले, बसात मातशे.''

तरणाटो मातसो चिंतपाक लागलो शें दिसलें. रोखडोच निर्णय घेवन ताणे म्हळें ''ना, परतून येतां मागीर'' अशें म्हणून नमस्कार करून तो वचपाक गेलो.

सावित्री अम्मान म्हळें ''कोण काय हो भुरगो? बरो आसा. आमच्या समाजांतलो

आसत आनी पसंती दाखयत जाल्यार तुमचो अप्पा घर विकून लेगीत लग्न लावन दीत. पूण तुगेले पत्रिकेंत आसपाक जाय न्हीं योग!''

गिरिज्यान कांयच म्हळें ना. ताका आवयचीं उतरां खरीं दिसलीं.

विश्वनाथय्या मार्केटांतल्यान आयले उपरांत सावित्रीन एक तरणाटो तांकां सोदपाक आइल्लो म्हणपाची खबर सांगली.

''नांव 'शर्मा' म्हणटालो?''

''हय.''

''कन्नड उलयतालो?''

''ऊं.''

गिरिजान म्हळें ''म्हळ्यार तागेली कन्नड आमचे शिमेभायलीशी दिसताली, अप्पा.''

विश्वनाथय्यान म्हळें Air Craft Factory त विंगड विंगड प्रदेशांतले लोक आसात. शर्मा हे पंजाब धरून मद्रास मेरेने खंय जाय थंय मेळपी नांवं. काम मेळटा थंय वतात, चार भासो शिकतात. कन्नड कितें म्हणटा तूं, आपणाली घरची भासूय ते शिमेभायली कशी करून उडयतात.''

गिरिज्याक खंयचीच गजाल मुखेलपणान जाणवूं नशिल्ली.

थोडोसो वेळ एकामेकासामकार उबीं आशिल्लीं तितलो वेळ तो आपणाक खूब कुतुहलान पळयत आशिल्लो तें तिका कळिल्लें. तागेली ती नदर तिका सुखावन गेल्ली. त्याखातीर वा ते यादीन ती सांज तिका खोस दिणी थारिल्ली.

आपणाले पसंतेक पडिल्ले कादंबरीचो नायक असल्याच हांशाचो, असल्याच आवाजाचो आनी अशीच ढब आशिल्लो आसल्यार अजाप ना.

न्हिंदपाक वचचे पयलीं आवयन म्हळें ''मागीर परतून येतां म्हणून गेला. केन्ना येतलो तें विचारपाक जाय आशिल्लें, विसल्लीं. तो येतलो तेन्ना परतून तुमी घरा ना जाले जाल्यार परतून आनी त्रास.''

''काम आसल्यार येतलो.'' विश्वनाथय्यान म्हळें.

''तें खरें, तरीयबी सकाळीं हांगां खयीं लागींच रावल्यार जालें.''

''कोण एकटो मानेस्त भुरगो आयला म्हणून तूं म्हाका एक दीस घरांत बंदखणींत घालूंक सोदता काय कितें?''

''घाले म्हणून कितें जालें? मना सारकी घरकान्न आनी छातयेमेरेन वाडिल्ली धूव सांगाताक आशिल्ली बंदखण ही. पुण्याय न्ही तर ही?''

''म्हजी पुण्याय खंयची तर ही? सगळी पुण्याय ही तुगेलीच.

हड्ड्या मेरेन वाडिल्ली धूव, माथ्यामेरेन वाडिल्लो पूत. त्या पुतान हे धुवे विशीं चिंतुकूच ना. हाचे परस व्हडली पुण्याय ती खंयची?

तरीय बी विश्वनाथय्या दुसरे दिसा खंयच भायर सल्लोना. सानचो आदले दिसाच्या त्याच वेळार सुमार तो तरणाटो आयलो. ताचे वांगडा चडसो ताचेच सारको दिसपी आनी एक तरणाटो आशिल्लो.

विश्वनाथय्यान ते येतात ते पयसुल्ल्यानूच पळयले आनी दारांत वचून उबो रावलो. ''येयात, येयात. काल आइल्ले खंय तुमी, हांव नाशिल्लों.'' ताणे तांका येवकार दीत म्हळें.

''हय, आइल्लों, खाशेलें अशें एक काम आशिल्लें. काल रावपाक जमलें ना. म्हजें नांवं शर्मा. हांगां एयर क्राफ्ट फॅक्टरींत असां''

''आं, अशें? येयात, भितर येयात, बसांत. हे तुमचे इश्ट दिसता.''

''हो म्हजो cousin होयबी एयर क्राफ्ट फॅक्टरींतच आसा.''

सालांत सगळेजाण खुर्च्यांचेर बसतकच विश्वनाथय्यान ''कॉफी हाडटामूं थोडी?'' अशे घरांत पळयत विचाल्लें? सावित्री अम्मान 'हाडली'. म्हळें.

इतल्यान मिनाक्षी गिरिज्याक सोदींत आयलें. सालांत बशिल्ल्या दादल्यांक पळोवन थोडेंशें पूण आधुनीक काळांतलें जाल्ल्यान भोव थोडें संकोच्यान शें मातशी मान बागोवन भितर गेले. पिराय जाल्ल्या विश्वनाथय्याक सोबीत दिशिल्लें तें चली त्या तरणाट्यांक भोव सोबीत दिशिल्लें हातूंत अजाप ना.

थोड्या वेळान विश्वनाथय्यान म्हळें ''आमकां मेळपाक येवपाचें कारण कितें? म्हाका तुमचो परिचय ना न्हीं?

''म्हजो परिचय ना जालो तरी तुमकां आमच्या बापायचो परिचय आसा. हाल्गेरे वेंकटरामय्या तुमचे वांगडाच शिकताले खंय.''

''हय, तांचे पूत तुमी?''

''हांगा नोकरी मेळ्ळी ना तेन्ना आमचे अप्पा पयलीं मुंबय आनी थंयच्यान पंजाबक गेले. हांगाची नावां थंय विचीत्र दिसतात म्हणून 'शर्मा' नांव दिवन कामाक रावले. आमी थंयच व्हड जाले.''

''थंय वाडिल्ले आसतनाय कन्नड बरी सारकी उलयतात न्हीं?''

''घरांत सगळी कन्नड उलयतात. तुमकां इल्लें विच्चित्र दिसुये, पूण आवयबापाय-कडेन कन्नड उलयल्ल्यान आमची भास जिती उल्ली.''

''वा, खूब बरें दिसलें. वेंकटरामय्या आनी हांव, व्हडलो भाव आनी धाकटो भाव कशे वाडले. मागीरतो व्हडल्या अधिकार पदार पावलो आनी हेवटेन आयलोच

ना. कोणाच कडेन पत्र वेव्हारूय दवल्लो ना ताणे.''

''तांची एक व्हडली कथा. रिटायर जावन हांगा येवन रावपाचो खूब आदीं निश्चेव केल्लो ताणी.''

''आतां तो रिटायर जालो दिसता न्ही?''

''रिटायर जाले. पूण एक सल्लागार इंजिनियर म्हणून दामोदर प्रोजेक्टाचेर काम करतात.''

''दामोदर प्रोजेक्टाचेर? आमचो प्रसाद आसा थंय.''

हांगा चलताल्यो त्यो खबरी गिरिजा आनी मिनाक्षी दाराआड रावून आयकतालीं.

भितल्ल्यान सावित्री अम्मान म्हळें ''ही कॉफी व्हरून दी गो बाय'' मिनटा भितर गिरिजान एक पेलो आनी मिनाक्षीन एक पेलो अशी कॉफी हाडून अतिथीं मुखार दवल्ली. गिरिजान बापायक म्हळें ''अप्पा, हें आमचे मिना आं!'' विश्वनाथय्यान म्हळें ''तुमचें मिना बरी सुंदरी मुगो.''

तें चली लजेलें. तरणाटे मर्यादिनूच मोठ्यान हांसले. कॉफयेक लागून थांबिल्ले उलोवणे विश्वनाथय्यान परतून सुरू केलें. ''आमचो चलो प्रसाद दामोदर प्रोजेक्टार आसता आमचो वेंकटरामय्या थंय आसा अशें कळिल्लें जाल्यार ताका मेळ म्हूण सांगतलों आशिल्लों.

''प्रसादाक आमी सगळे वळखतात. हे फावटी हांव आनी कडले...''

''तुमचें नांव कडले?''

''हय, सांगूंक विसल्लों.... म्हजो कझन, हाचें नांव कडले. एका म्हयन्याची रजा काडून थंय गेल्ले. तेन्ना ताची वळख जाली. तुमचीं भुरगीं टेनीस एकदम बरीं खेळटात आं.''

विश्वनाथय्या ती खबर काडचो नाशिल्लो. ह्या टेनीस खेळांतूच न्हीं आमच्या ह्या युवराजान रेवा सुंदरेक पळयली ती आनी आपणाली संगळी जबाबदारी विसल्लो तो!

''ओ हो! तशी वळख जाली तुमची? त्याच खातीर आमकां मेळपाक आयले दिसता.''

''हय, पयरूच हांगा परतले. प्रसादाक ताच्या कुटुंबाविशीं विचाल्लें तेन्ना आमच्या बापायक तुमच्या आनी तांच्या भुरगेपणांतली याद जाली. ताणीं आमकां तुमची भेट घेयातूच म्हणून सांगलां आनी तुमकां हें पत्र दिलां.''

अशें म्हणून त्या तरणाट्यान विश्वनाथय्योच्या हातांत तें पत्र दिलें. विश्वनाथय्यान म्हळें 'वॉक्ल हातांत ना , हें वाच गो गिरिजा'' गिरिजान येवन पत्र वाचलें.

ल्हानपणांतल्या इश्टाचें पत्र अशें आशिल्लें.

""My dear Vishwanathiah\"

""I am sure you will forgive my not callig you "Mr. Vishwanathiah.' We have not been in touch with each other. But we were too familiar with each other at college to permit of my using "Mr.' to you even after this length of time.

""My son Mohan who brings this letter will tell you everything about me."

""Your son has already written to you for blessings for his marriage with my daughter Reva. This letter is for asking you to give your daughter Sou Girija in marriage to my son.

""I know the anxieties of a father of a daughter come to marriageable years. Your son relieved me of this anxiety and proposes to relieve you also if you agree.

""Reva and Mohan's mother died four rears ago. She told me when leaving us that the children should be settled in life soon. I have no clear idea whether there is or is not a "God'. But if these Children are settled as it appears they will be I shall not object to any one saying that it was all God's decree.

""Please give my respects to your wife. I saw her just once the day you married her. She was then half the size my daughter Reva is now. May she and you be always happy!

Your's faithfully
Venkatramaiah

पत्र आयकून विश्वनाथय्याक कितली उमेद जाली हें सांगपाची गरज ना.

ताणीं म्हळें ''खूब बरें दिसले मोहनराव, प्रसादान धाकटे भयणीच्या लग्नाचो विचार करिनासतना आपणाखातीर एक चली पळयलां म्हणपाची खबर आयकून हांव नाखूश जाल्लों. पूण ताणे ती चूक करूं ना. ताका जल्म दिवन जाल्ल्या पुण्यान तुमकां हांगा हाडले.''

इतल्याभितर मिनान पत्रांतली खबर कितें म्हणटात ती सावित्री अम्माक सांगिल्ली. ''मागीर त्या पत्रांत ताणे तें चली पंजाबी अशें बरयलां न्हीं.''

गिरिज्यान म्हळें ''ह्या पत्राच्या शेवटाक प्रसादान म्हाका चार उतरां बरयल्यांत पळय अम्मा. तातूंत ताणे अशें बरयलां.''

''कितें म्हणटा?''

''मोगाळ गिरिज्या, हावें रेवा हें पंजाबी चली म्हणिल्ले. तें बेश्टेंच, फकणा करपाक अशें म्हणून अम्माक सांग. तुका हावें रॉबीन हूड धाडला. तुगेल्या मिनीक 'कडले' जाय जाल्यार विचार.''

"प्रसाद"

"परतून बरयलां, आनी एक फावट अम्माक भियेंव नाका म्हण. रेवाची आवय पुराय शंबरांतले शंबर वांटे कर्नाटकी म्हणचें."

"प्रसाद"

आडावं नज जाल्लो हांसो कसोतरी आडावन धरून गिरिज्यान पत्र वाचून सोपयलें आनी हातान तोंड घट्ट बंद करून भितर गेलें.

मोहनान म्हळें, "प्रसादान म्हाका हांगा धाडला इतलेंच न्हीं तर तुमचे धुवेक हांव पसंत आसां काय ना तें तिगेल्याच तोंडांतल्यान समजून घे आनी मागीरूच फुडलीं उलोवणी करपाची म्हणलां. तुमी उपकार करून ती वेवस्था करची पडटली.

घरचे येजमान्नीन दाराकुशीच्यान म्हळें "चली घेवन वतल्यांनी चली पसंत करपाक जाय अशें आसा. चली भुरगें न्हवरो पसंत ना म्हणून कितें करतलें? जाच्या हातांत सोपयतलीं तागेर वतलें.

मोहनान म्हळें "आपणाले भयणीचें अशें जावंक फावना हाचो ताणे हट्ट धल्ला. तागेले भयणीन चारा जाणां सामकार हांव पसंत आसां जाल्यार सांगूक जाय अशें ताणे सांगलां. तिरायत आसचो म्हणून हावें कडलेक आफोवन हाडला.

मोहन आनी कडले दोगूय जाण हांसताले. विश्वनाथय्यान म्हळें, "बेश्टो तिरायत म्हणुनूच कित्याक? ताचेंयबी लग्न जावंना न्हीं? मिनाचीं आवय बापूय दोन तीन मिनटांनीं येतलीं. कितें म्हणटात कडलेबाब?"

मोहनान म्हळें "गिरिज्यान इश्टिणीची तोखणाय करून भावाक पत्र बरयल्लें. अशें कितेंय तरी घडटलें हाची कल्पना करूनूच कडले म्हजे वांगडा आयला."

भितर दोगांय इश्टिणी हांशिल्ल्याचो आवाज कानार पडलो. विश्वनाथय्यान "हांगा यो गो गिरिज्या. मोहन बाबांक, "तुमी म्हाका पसंत आसात 'अशें सांग पळोवया." अशें म्हणून धुवेक भायर आफयली.

गिरिजान भायर येवन तांचे मुखार उबें रावून प्रस्न केलो "व्हंकल पसंत आसा अशें न्हवऱ्यान सांगूंक नाका पयलीं, अप्पा?"

मोहनान म्हळें "काल पळोवन पसंत पडिल्ल्यानूच आज हांगा पावलों. ना जाल्यार येवचो नाशिल्लों."

विश्वनाथय्यान म्हळें "तशें जाल्यार हें पत्र?"

मोहन "तें हांव अप्पाक परतें धाडून दितलों आशिल्लों."

"भयणीचें लग्नूय बी आडावन?"

"तो तांचो प्रस्न."

सावित्री अम्मान म्हळें ''सगळें बरें घडून आयलां आसतना न्हयकाराची भास कित्याक बयर काडटात ती? एक पावल मारून मिनाल्या बापायक आफोवन हाडूंक नाका आशिल्लें?''

विश्वनाथय्या उठून दारावटेन गेलो. गिरिज्या भितर गेलें.

मोहनान इश्टाक म्हळें ''कितें रे तूं तोंडूच उगडलें ना मरे? मौन रावुनूच मिनाक पसंत केलें आनी पसंतीयबी मेळयली?

कडलेन म्हळें ''चार जाणांचे तुका एकट्याकूच उलोवंक जाय जाल्यार हांवें आनी कित्याक तोंड उगतें करपाक जाय?''

''तूं इतलो मोव रावलो जाल्यार तुजें मिना कितें करतलें तें हांव जाणां.''

''कितें करतलें सांग पळोवया.''

''कितें करतलें? कितें करतलें म्हणटा? तूं एक चणो (कडले) आसुनूयबी भाजिनासतनाच गिळटलें तुका.''

''अशें न्हीं? तशें जाल्यार तुजें गिरिज्या तुका कितें करतलें जाणा जावपाक जाय? कितें? सांग!''

''तूं शर्मा. तुका सोलतलें धरून.''

''शर्मा!''

''शर्मा, चर्मा. 'श' आनी 'च' थोडोसोच फरक. भितर दोगीय चलयो 'खो ऽऽ' करून मोठ्यान हांशिल्ल्याचो आवाज आयलो. सावित्री अम्मान विचाल्लें ''कितें जालें गो अशीं हांसतात तीं?

त्याच वेळार विश्वनाथय्या मिनाल्या बापायवांगडा भितर सरलो.

***

[illegible] - 2

1.

नावांक मरण ना

ग्रीस आनी रोम ह्या राष्ट्रांच्या म्हापुरसांचीं जीवन चरित्रां बरोवन मागीर नामनेक पाविल्लो प्लुटार्क आपणाल्या सुमार सोळव्या वर्सा उच्च शिक्षण घेवपाखातीर येथेन्स शारांत पावलो. इतिहासांत जाका मागीर क्रिस्तशक हें नांव पडलें. त्या कालमानाप्रमाण तें सात्सश्टावें वर्स आशिल्ले. म्हळ्यार ही आतां १९०० वर्सां आदली खबर.

प्लुटार्काचो बोईशिया प्रांतात जल्म जाल्लो आनी थंयच तो वाडिल्लो. बोईशियाचे लोक चलणुकेन आनी उलोवपांत बी इल्ली जतनाय बाळगुपी लोक आशिल्ले. आनी तेच खातीर तांकां बारीकसाणेचे लोक म्हण वळखताले. स्वताक बुदवंत समजुपी लोक त्या लोकांक दड्डे म्हण समजताले. हेर लोक कशेय आसले तरी प्लुटार्क मातपसून दड्डो नाशिल्लो. खरें म्हळ्यार तो बुदवंतांमदलो चडांत चड असो बुदवंत आशिल्लो.

त्या दिसांनी येथेन्स शारांत अम्मोनियस नावांचो एक तत्वगिन्यानी प्रमूख अध्यापक म्हूण नामना जोडून आशिल्लो. ताचो आश्रय मेळपाची आस्त बाळगून प्लूटार्क थंय आयलो. अम्मोनियसान ह्या अणभव नाशिल्ल्या तरणाट्याक आपणालो शिश्य करून घेवचे पयलीं ताका जाय ते प्रस्न विचाल्ले. ताणे दिल्ल्यो जापो आयकून ताचे घरचे वडील लोक कांय पिडयां आदींसाकून विद्येचे उपासक आशिल्ले अशें कळ्ळे उपरांत हो शिश्यूय बी रोखडोच फाव तितल्या विशयांचे गिन्यान जोडपाची तांक आशिल्लो तरणाटो म्हणपाची खात्री करून घेवन ताका आपणालो शिश्य केलो.

गुरून आपल्याक शिश्य करून घेवपाक जी इतली परिक्षा घेतली ते गजालीचें प्लुटार्काक अजाप जालें. तो ताचे म्हन्यांत पावलो तेन्ना गुरू व्याख्यान दितालो आनी तें आयकत ताचे सामकार खूब लोक बशिल्ले. तो चिंतूंक पडलों. हे सगळेजाण आपणासारके काय आपणा परस चड शिकून विद्वान जाल्ले? पूण मागीर व्याख्यान आयकताले ते लोक ताचे सारके विद्यार्थी नासून तें आयकुपाक हेरलोकय येवंक शकतात

हें ताका कळ्ळे.

त्या लोकांमदीं एकटो आशिल्लो तो खुब गिरेस्त कसो दिसतालो. ताचो भेस एका गिरेस्ताचो कसो आशिल्लो. ताचे फाटल्यान ताच्यो गरजेच्यो दोन-तीन वस्तू घेवन एकटो चाकर चलतालो. लोकांची गर्दी इल्ली पातळ जाले उपरांत प्लुटार्कान आपणा वांगडच्या एका विद्यार्थ्याक तो कोण काय म्हण विचाल्लें. तो थेमिस्टॉक्लीस म्हूण हाका कळ्ळे.

''थेमिस्टॉक्लीस? इतिहासांतलो म्हापुरुस थेमिस्टॉक्लीस आनी हाचो कितेंय संबंद आसा?''

''हय, हो त्या म्हान पुरसाच्याच वंवशांतलो आयचो वारस.''

''कांय न्हीं म्हळयार म्हाका दिसता पंदरा-वीस तरी पिडयो जावन गेल्यो जातल्यो.''

''हय.''

थेमिसस्टॉक्लीस हो खूब नावाजतो असो म्हापुरुस जावन गेलो. तागेल्यो एका वंवशजाक पळोवन प्लुटार्क त्या म्हापुरसाक पळयल्लेवरीच उत्साहीत जालो. दुसऱ्या खिणाक तागेले ते ख्यातीक दशिल्ल्या कळंकाची याद जावन इल्लो निरशेलोय बी.

थेमिस्टॉक्लीस हो धिरीश्ट वीर तसोच बुद्दीनयबी फीन आशिल्लो. देशाची ताणे व्हड सेवा केल्ली. पूण मागीर त्याच मनशान अधिकाराचो दुरुपेग केलो आनी अन्याय करून दुडू जोडलो. देशद्रोही जालो आनी देस सोडून परदेसांत पळून गेलो. दुस्मानाकडेन इश्टागत जोडून थंय एक जाणकार सल्लागार जावन रावलो. परतून थंय तसोच दुडू जोडलो. थंयच तो मेलो आनी समाधिस्त जालो.

त्या मनशाचो साबार पिडयां उपरांतलो वारस आज प्लुटार्कान पळयल्लो. त्या मनशान अन्यायाच्या मार्गान जोडिल्ले गिरेस्तकायेच्या आदारान आज गिरेस्तकायेंत लोळटा!

त्या संबंदान आपणें पयलींच विचारपाक जाय आशिल्लें अशें प्लुटार्काक दिसलें. पूण तें समा जावचे ना म्हूण तो ओगी रावलो. मनांत आनी एक प्रस्न उबो रावलो. थेमिस्टॉक्लिसा वांगडचो तो सत्यवंत अरीस्टॅडिसाच्या वंवशांतले लोकूय बी आजून आसतले? तांची स्थिती कितें जाल्ली आसतली?

थेमिस्टॉक्लिसाविशीं हाका म्हायती सांगपी तो तरणाटो शारांतले मुखेल पेठेंतल्या एका दुकानदाराचो पूत आशिल्लो. त्याच तरणाट्यान मागीर प्लुटार्काक हेर प्रस्नांसंबंदानय सगळी म्हायती सांगली.

आतांचो थेमिस्टॉक्लीस जें ऐश्वर्य भोगतालो तें ताचो तिसावो पणजो थेमिस्टॉक्लिसान जोडिल्लें ऐश्वर्यच आशिल्लें. हें घराणे तेन्नाच्यान मोटें ऐश्वर्य भोगीत

आइल्लें.

अॅरीस्टॅंडिसाचे जिणेतली एक घडणूक सगळ्यांक खबर आसा. ताचे विरोधक ताका परदेशी थारावंक उबे जाल्ले. त्या खातीर ताणीं मतां पुंजावपाची वेवस्था केल्ली. तें मतदान घेताले त्या दिसा अॅरीस्टॅंडीस चावडे सामकार उबो आशिल्लो. ताका निश्कासीत करपाक जाय म्हणपी लोकांनी ताचें नावं एका तिजुल्याच्या कुडक्याचेर बरोवन तो एके पेटयेंत घालपाची वेवस्था केल्ली. त्या मतदानाक आपणायल्ली ती पद्धत आशिल्ली. वाचूंक बरोवंक येना आशिल्लो आनी अरीस्टॅंडिसाक पळोवंक नाशिल्लो एकटो मतदार ताचे म्हऱ्यांत आयलो आनी हातांतलो तिजुलो ताचेकडेन दीत ताणे म्हळें ''हाचेर 'अरीस्टॅंडीस' अशें नावं बरोवन दी पळोवया'' अरीस्टेडीसान ताका विचाल्ले ''तूं ताका वळखता?'' ताणे म्हळें 'ना.' अरीस्टॅंडिसान विचाल्लें ''तशें जाल्यार ताका हद्दपार करात अशें कित्याक सांगता?'' त्या मतदारान जाप दिली ''अरीस्टॅंडीस हो एक धर्मात्मो, धर्मात्मो अशें लोक म्हणटात तें आयकू आयकून वाज आयलो. अरीस्टेडिसान त्या तिजुल्याचेर आपणालेंच नाव बरोवन दिले. तें बरोवन दिवन ताणे आपूण कितलो निश्ठूर धर्मात्मो म्हणपाचें दाखोवन दिलें. तेच पद्धतीच्या धर्माची निमाणे मेरेन चलणूक आपणावन दुर्बळ कायेंत संवसाराक अंतरलो. भुरग्यांक दुर्बळकायेंतच सोडून गेलो.

घराणें कशेंय तरी जगत आइल्लें. तीन पिड्यांआदीं त्या घराण्यांतलो एकटो वंवशज ग्रहजोतिशाचो पट घेवन गांवचे पेठेंत उबो रावून येवपी वचपी लोकांमदल्या कोणेय भविश्य पळोवपाची इत्सा उगतायली जाल्यार भविश्य पळोवन सांगतालो, कोणाकय स्वप्न फळाविशीं विसकावन सांगतालो आनी अशे तरेन थोडो दुडू जोडून जीण सारतालो. ताचो नातू आतं घरांतूच रावून तसलेंच काम करता.

अरीस्टॅंडीस सत्याक धरून चललो आनी दुर्बळकायेंत मेलो. त्याखातीर नगराची पंचायत त्याच्या वंवशाच्या लोकांक वर्साक चार होन्न बिदागी दिवंक लागली. ती कांयकाळ चलली कांय काळ बंद उल्ली. आतां ती परतून चालू जाल्ली. बंवशाच्या आतांच्या वारसाचें नावं लायसिमॅकस.

इतली सगळी विस्तारान म्हायती मेळटकच प्लुटार्क अरिस्टॅंडिसाच्या त्या वंवशजाक पळोवंक आशेलो. व्यापारी इश्टाच्या आदारान ताणे ताचो राबितो सोदून काडलो. एक दीस ताच्या घरा गेलो.

त्या घरांत लायसिमॅकसा वांगडा रावतालीं तीं दोगांच ताची सासू-मांय आनी ताची घरकान्न. प्लुटार्कान ताच्या घराण्याचो मानभोवमान आनी जोडिल्ले किर्तीची तोखणाय केली. आनी तांकां खोशी केलीं. लायसिमकस हो भोव सरळ सभावाचो तरणाटो आशिल्लो. ताची मांय सांतिपो, हो तिगेल्या धाकट्या भावाचो पूत, त्या भावाच्या

घराण्याचें नांव सांबाळपा खातीरुच जल्माक आयला आसतलो अशे भावनेनच उलयली. ताचे बायलेचो तसो कांय आग्रो नाशिल्लो. तरी पूण घराण्याचो पूर्वज अरीस्टॅडिसान जें बरें नांव मेळयल्लें तीच घराण्याची आस्पत आनी तिचो सांबाळ करून जगप ही आपणाली जापसालदारकी अशें ते तरणाटेक मनापासून दिसतालें.

‘‘आमी गरीब आशिल्ल्याची आमकां लज दिसना. पूण जो अधिकाराचेर आशिल्लो तेन्नाय दुर्बळ आशिल्ल्याची लज दिसली ना. आतां आमकां कसली लज? आमी कितें गिरेस्तकाय सोपून गरीब जाल्लीं नात. आशिल्ले आस्पतिची आमी उधळपट्टी केली ना. आमकां आज्यान दिल्ली आस्पत म्हणटात ती बरो नावलोकीक आनी ही दुर्बळ काय. दोनायचो आमी बरेभशेन सांबाळ केला.’’

हें जालें सासू-मांयचें उलोवप.

‘‘दुर्बळकायेंत जल्मल्ले दुडवांकार जाले जाल्यार तो दुडू कसो आयलो काय म्हूण कोणूय विचारूंक शकता. अन्यायाच्या मार्गान आयलो जाल्यार कोणूय हिणसांवकूय शकतात. निर्धन तायेंत जल्मून निर्धनूच रावलीं जाल्यार कोण कितें नावां दवरतलो म्हणपाची भिरांत ना.’’

हीं जालीं सुनेचीं उतरां

उलयतां उलयतां सांतिपेन एक खबर सांगली. आतांच्या थेमिस्टॉक्लिसाच्या आज्याच्या काळांत तें घराणे ह्या घराण्याकडेन संबंध जोडपाक पळयतालें. हाणीं तें मानून घेतलें ना. ताणीं रागान हांचें पाड घालपाचें चिंतलें. तांचें सांगणें आयकून शारांत अधिकारपदाचेर आशिल्ल्या एकट्या मानेस्तान हांच्या घरांत येवपी वेतन थांबयलें. ‘‘कोणा जाणटेल्यान खंयच्या काळार देशाची सेवा केल्ली. त्याखातीर कितलो काळ हांकां वेतन दिवपाचें?’’ असो कोणेतरी प्रस्न उपरासायलो. हाणीं कांयच म्हळें ना. तो जाणटेलो अधिकारी निवृत्त जाले उपरांत जो दुसरो मनीस अधिकाराचेर आयलो ताणे त्या आदल्यान थांबयल्लें तेन्नाच्यान सगळें बर्सुकी वेतन बंद करूंक फावनाशिल्लें म्हणून परतून सुरू करपाक लायलें. तें आजून चालू आसा.’’

‘‘आतां आसा तो थेमिस्टॉक्लीस कसो कितें?’’ प्लुटार्कान विचाल्लें. लायसिमॅकसान म्हळें ‘‘हो सज्जन मनीस, आनी आमचेकडेन खूब बरेतरेन वागुंये अशें म्हाका दिसता. पूण आमची सासू-मांय तांचो आमकां संपर्कूच नाका म्हणटा.’’

ताचे बायलेन म्हळें ‘‘आनी कितें करतलीं? जांव, आसूं अशें म्हणून लागीं गेलीं जाल्यार तीं हें दिवया, तें दिवया अशें म्हणटलीं. आमी हें हाड्या, तें खावया, हें वापरया अशें म्हणटली. विखाळ रुखाच्या फळाचो आमकां वांटो कित्याक जाय? पयस आसात तीं बरीं आसात.’’

प्लुटार्कान म्हळें ''तें कितेंय आसूं. खरें म्हळ्यार, आजेपणजे मरून पांचशीं वर्सां जालीं तरीय बी तेन्नाचो विरोध आजून जितो आसा अशें जालें ना?''

लायसिमॅकसान जाप दिली. ''आजे पणजे मेले ही खरी गजाल पूण तांचें नांव मरूं ना.''

मागीर चिंतून पळयलें तेन्ना प्लुटार्काक घराण्यासंबंदांतलो हो स्वाभिमान एके तरेन अती जाल्लेवरी दिसलो तरी दुसरे तरेन सज्जनपणाचो सो दिसलो. ताणे मागीर थेमिस्टॉक्लिसाकडेनूय परिचय करून घेतलो. ताका आपणाली आस्पत अन्यायाच्या मार्गान आइल्ली म्हणपा विशीं लजेची भावना नाशिल्ली वा तें विशीं गर्व भावनाय बी नाशिल्ली अशें दिसलें.

प्लुटार्कान एक दीस आपणालो गुरू अम्मोनियसाकडेन त्या दोन घराण्यांसंबंदान उल्लेख केलो. अरिस्टेडिसाविशीं गुरुक खबर आशिल्ली. त्या घराण्यांतले लोक शाराभायल्या गावांत आसात अशें आयकून जाणा आशिल्लो. पूण इतले दीस जाले तरी तांचो परिचक करून घेतलो ना. प्लुटार्कान सांगिल्ली म्हायती आयकून ताणीं म्हळें ''असल्या घराण्यांतल्या बायल मनशांनीच आपणाले श्रद्धेच्या बळग्याचेर आमच्या लोकांचो निती-धर्म आतां मेरेन सांबाळून दवल्ला.'' मागीर ताणी म्हळें ''तूं अशेतरेच्या विशयाचेर ध्यान दिवन त्या संबंदान म्हायती पुंजावंक गेलो ही एक बरी गजाल. असले विशय तुका प्रिय आसात दिसता म्हाका.''

''हय.''

अम्मोनियसान म्हळें ''तशें जाल्यार आमच्या राष्ट्राच्या मानेस्त कर्तुत्वी फुडाऱ्यांविशीं लोकांनी बरोवन दवरिल्ल्यो गजाली चार-चौगांनी सांगिल्ल्यो खबरी अशे सगळे म्हायतीचो आसपाव करून तांची जीवन चरित्रां बरयलीं जाल्यार एक बरो वावर जावन पडटलो.''

''हांव तत्वगिन्यानाचो अभ्यास करपाचो निश्चेव करून आइल्लो आसा. हे काम दुसरे तरेचें जालें न्हीं.''

अम्मोनियसान म्हळें ''दुसरे तरेचे न्हीं. तेंच काम.'' आपणाक कितें म्हणपाचें आसा तें मागीर अशे तरेन ताणी विस्कावन सांगले.

''नांवां कुशीक दवर. कितें उरता मागीर? हो सत्यवंत, हो अयोग्य. हांचे जिणेंतल्यान दिश्टी पडटा तें कितें? दुडू आसूंक जाय म्हणटा तो सत्याचो त्याग करता. सत्याक धरून रावता तो दुडवांचो त्याग करता. अपहाराशिवाय आस्पत मेळना. दुर्बळकाय ही क्लेश न्हीं. कोण काव्यांतल्यान हिचे गोडवे गायता; एखाद्रो हिचेर कथा रचून सांगता; कोण एकटो चरीत्र म्हणून बरयता; आनी एकटो कोण तें तत्व म्हणून उपदेश

करता. सगळ्यांचो हेतू एकूच. मनीस जातीक वाट दाखवप.''

खिणा उपरांत अम्मोनियसान परतून म्हळें ''वडील लोक मेले, नांव मरूंना, अशें लायसिमॅकसान म्हळें म्हणटा न्हीं तूं, तीं उतरां खूब मोलादीक. फकत नांव व्हगडायल्लो जितो आसून मेला, नांवं सांबळिल्लो मरुनयबी जितो आसा. पूण दोगांयचीं नावां तशींच उल्ल्यांत. दोनूय बांगडाच मनीस जातीक वाट दाखोवपी दिवे जाल्यांत. इबाडिल्लें नांवं जागरुकतायेची सुचोवणी दिता. बरें नांव आस्त निर्माण करता. नांवांक मरण ना हो एक आमी लोकाक समजावन दिवपासारको विशय.''

गुरुचो उपदेश प्लुटार्काक मनातल्यान पटलो. तांचे प्रेरणेनूच तो ग्रीक आनी रोमन म्हापुरसांच्या जीवन चरित्रांचो लेखक जावंक पावलो.

☆☆☆

2.
शाळेचे आचार्य

सुमार एकशें तीस वर्सां आदीं म्हज्या साली नावाच्या इश्टाचो आजो ब्रह्मश्री रामचंद्राचार्य सिरिगुंदांतल्या राजवाड्यांत संवस्थानीक देसायांच्या पुताक शिकोवपाखातीर गुरूच्या नात्यान रावताले.

हे आचार्य बरे सदाचारी आनी वैदीक परंपरा सांबाळपी आशिल्ले. हांच्या सदाचाराची व्हडविकाय जाणा जावनच देसायांनी आपणाल्या कुमाराक विद्यादान करपाखातीर तांकां विनंती करून तांची नेमणूक केल्ली. राजघराणेयबी खूब जुने परंपरेंतलें आशिल्ले. आच्यार्यांकय बी तांची व्हडविकाय दिसताली. स्वता पंडीत आसले तरी देसाय कुमारांक बालपाठ भोव खोश्येन शिकयताले. फुडारांत राजा जावपाचो आशिल्लो तो किशोर आपणाले तालमींत एक गुणेस्त आनी विद्यावंत प्रौढ जावचो असो तांचो आंवडो आशिल्लो. देवान त्या खातीर कृपा करची अशी मना मनांत प्रार्थना करीत ताणीं आपणालें कर्तव्य निभायलें.

ह्या आचार्य-शिश्याच्या विद्यादान आनी विद्याग्रहण करपाच्या नात्याक परंपरेन एक कांटेकोरपणाचे अशें रूप दिल्ले. नेमान सकाळफुडें कुमार न्हावनधुवन पुस्तक-पाटी घेवन आचार्यांगेर येतालो. ताचे वांगडा एक सेवक आचार्यांक त्या दिसा संवसाराक आनी निवेद्याक बी जाय आशिल्ली सगळी सामुग्री चार ताटांनी घालून घेवन येतालो. शिश्य आचार्यांक साश्टांग नमस्कार करून हाडिल्ल्यो वस्तू तांकां अर्पण करतालो. मागीर पाठ सुरू जातालो. शिश्य हाडिल्ल्यो वस्तू अर्पण करिनासतना पाठाक सुरवात करपाक सांगनाशिल्लो. आचार्य त्या दिसाक जाय ताचे परस चड सामुग्री दवरून घेनाशिल्ले. आपणाल्या धर्माचे निश्ठेन पालन करपी ब्राह्मणाचें दारिद्य हें पयलें लक्षण. आचार्य ते गजालीचें भोव निश्ठूरतायेन पालन करीत आइल्ले.

त्या दिसाची गरजेक जाय तितली सामुग्री येवन जातकच आचार्यांगेर कोणूय

अतिथी आयले जाल्यार तांची घरकान्न राजवाड्याचेर सांगून धाडटाली. जितलीं मनशां आसतालीं तितल्या मनशांखातीर जाय तितलीच सामुग्री हाडून घेताली.

हीं चड मागचीं नात आनी ताणीं चड धाडपाची गरज ना.

कुमार देसायांचें शिक्षण पूर्ण जाले उपरांत जाणट्यांनी आचार्यांकडेन ताणीं आपणागेरूच रावचें अशें मागणें केलें. राजवाड्याकडेन संबंदीत रघराण्यांतल्या भुरग्यांक शिकयात अशी तांकां विनंती केली. कुमाराचें शिक्षण चालू आशिल्लें. त्या दिसांनी जशे तरेन आचार्यां म्हच्यांत सामुग्री पावोवपाचे क्रम चलतालो तो मुखारूय चालूच दवल्लो. अशेतरेन राजवाड्याचे आचार्य शाळेचे आचार्य जाले. तांचें घर राजवाड्याचोच एक वांटो जावन पडलें.

कुमार देसायांचे बापूय भायर पडले तेन्ना कुमारांकडेन घराण्याचें फुडारपण आयलें. बापूय दाखयतालो ताचे परस चड माया आनी भक्तीन पूत आचार्यांचो मान राखतालो.

एक दीस आचार्यांच्या घराकडच्यान एक सेवक आयलो आनी ताणे आचार्यांगेर आइल्ल्या दोगजाण अतिथींखातीर जेवणाची सामुग्री जाय म्हणपाची खबर हाडली. गरजेक जाय तितली सामुग्री पावयली. देसायानी मनात म्हळें 'आमच्या आचार्यांक असले गरजेवेळार उपेग जावपाखातीर कितेंयतरी वेवस्था आसपाक जाय. आचार्यांकडेन ते संबंदान प्रस्ताव मांडपाक जाय आनी त्या खातीर वेळ थारावंक जाय.'

परतून दोन फावटी अशें जाले उपरांत कुमार देसायान आवय कडेन हो प्रस्न मांडलो. तिणे म्हळें "तुज्या बापायन अशी एक येवजण जेन्ना केल्ली तेन्ना आचार्यांनी तशी कांय गरज ना म्हळें. तेन्ना हाणीं ती सोडून दिली. तूंय बी विचारून पळय. कांयच आडखळ ना. पूण तांचेकडेन तसो आग्रो मात धरूं नाका. दिसाक जाय ताचे परस चड सामुग्री आपणाल्या घरांत आसूंक फावना असो नेम ताणीं केला. ताका आमी मोडो घालूंक फावना.

आनी एक फावट अतिथी आयले तेन्ना सामुग्रीखातीर आचार्यांच्या घरच्यान संदेश आयलो. त्या वेळार देसायान आचार्यांकडेन तसो प्रस्ताव मांडलो "तुमी म्हाका अक्षर वळख करून दिवपी म्हजे गुरू. म्हाका तुमी बापाय समान. तुमचे सारको मानेस्त म्हज्या सांगाताक आसप हें हांव म्हजें मोठें भाग्य समजतां. अशा मानेस्तांक देसायांच्या वाड्यांत असहाय स्थितींत पळोवप हाचें म्हाका वायट दिसता. राजवाड्यांत आसा ती समृद्धी तुमच्या घरांतूय आसूंक जाय. तुमी हें मानून घेवंक जाय गुरुदेव"

आचार्यांनी म्हळें "राजवाड्यांतली समृद्धी आमच्याय घरांत आसूंक जाय जाल्यार आतां आसा तीच व्यवस्था पुरो. दुसरी कसलीच येवजण इतली निर्दोश आसची ना."

देसायांनीं म्हळें ''देवाकृपेन आमची खूब शेतजमीन आसा. तुमकां मानवता जाल्यार तातूंतली अमकी अशी निर्धारीत करून भेट रुपान तुमच्या नांवार करतां. राजवाड्यांत धान्य येता तशेंच तें तुमच्या घरांत येतलें. तुमच्या घरच्यांनी तें जाय तेन्ना जाय तशें वापरूं येता. रकाद धाडून पड-अर्दपड मागोवन घेवपाची गरज पडची ना मागीर.''

आचार्यांनी जाप दिली ''म्हजें घर हें म्हजे आचार-विचार, पुजा-पाठ इतल्याच खातीर म्हजें. जेवणाखाणाच्या विशयांत तें राजवाड्याच्या अतिथीगृहाचोच एक वांटो अशें हांव मानतां. तुमची धान्य कोठी तीच म्हजी धान्यकोठी अशें म्हाका दिसता. म्हाका कांयच उणें ना.''

देसायानीं म्हळें ''पूण राजवाड्यांत रकाद धाडून ते हाडलें ना जाल्यार गरज भागना इतली स्थिती आसपा मेरेन घर कित्याक रितें आसपाक जाय?''

आचार्यांनी म्हळें ''ह्या विशयाचेर तुगेल्या बापायकडेन उलोवन जाल्लें. ताणी म्हजें म्हणणे मानून घेतिल्लें. तीच खबर परतून सांगूं जाल्यार सांगतां.''

देसायान म्हळें ''हय, तुमी सांगली जाल्यार म्हाकाय बी कळपाक बरें जातलें.'' आचार्यांनी सांगूंक सुरवात केली.

''हें पळयात प्रभू, हांव एक वैदीक ब्राह्मण. म्हजेमुखार एक आदर्श आसा तो म्हळ्यार दर दिसाचें जेवण त्या त्या दिसां घरांत येवपाक जाय. अन्नाचो चड सांठो घरांत आसूंक फावना. हो आमच्या जाणटेल्यांनी घालून दिल्लो आदर्श. तो आतां चलपाचो ना अशें म्हणून सगळ्यांनी सोडला. हांव एकटो भाग्यवान. तुमच्या बापायन म्हाका नेमलो तेन्ना हें बंधन मानून घेतलें. त्या दिसाच्यान हो नेम जालो. हुसक्या विरयत आमची जीण सुरू जाली. तुमीयबी मनार घेतलें जाल्यार म्हजो नेम तिगून उरूंक शकतलो ना जाल्यार तो भंगतलो. आनी लुकसाणूच जातलेन.

'कशें तें?'

''आतां पळयात, म्हाका अन्नाची कसली चिंता ना. राजवाड्यांत लक्ष्मीचें तांडव नृत्य चलता. म्हजें घर ताकाच जोडिल्लें आसा. आतां तुमी म्हाका शेतजमीन दिली अशें धरया. तुमी म्हाका धाडटात ते सामुग्रींतलो धान्याचो प्रस्न सुट्टलो. हेर ज्यो वस्तू जाय त्यो खंयच्यान येतल्यो? ती गरज मेटोवपाकूय तुमी जमीन दितले. तिची सगळी मशागत करची पडली. ती मशागत करपाक कोण आसा? तुच्याच मनशांनी ती करची पडली. म्हणटकच राजवाड्याची ती व्हडली जमीन, आचार्याची ती धाकटी जमीन असो वेगळेचार करुनय बी वयल्यान म्हजे सुविधेंत कांय वाड जावची ना आनी तुमचे त्रास

कांय चुकचे नात.''

''खरें तुमचें.''

आतां समजा एक वर्स पावस पडलोना जाल्यार हांव निश्चींत बसून रावतां. म्हाका वेगळी अशी शेत जमीन मेळ्ळी जाल्यार कितें करूं सायबा आतां? अशी म्हाका चिंता. पीक आयलें ना जाल्यार राजवाड्यांत सांगून धाडचेंच पडलें. आमी मागूंक चुकचे नात आनी तुमी दिवपाचें तें तुमकां चुकचेंना.

''खरें!''

''शेत कसून दिवपी त्रास दिलेबगर रावचे नात. आतां वेव्हार चलता तो तुमचे तांचे मदीं. म्हजें शेत म्हणपाचें कळटकच ते त्रास चार पटिनीं वाडपाची शक्यताय आसा. हें केस्तांव जाग्यार घालात म्हण हावें तुमकांच सांगचें पडटलें. तुमच्या मुकादमाक आनी तुमच्याच कारकुनाक देखरेख आनी हिशोब सांबाळचो पडटलो. आतां म्हाका ही कसलीच चिंता ना. नवे येवजणेन मात हांव एक सामान्य संवसारी मनीस जावन पडटलों. शेत कसपी लोकांकडेन वेव्हार करपी एक शेतकार जतलों आनी इतलें सगळें जातकच एका गुरूचें गुरुस्थान होगडाल्लेवरी जातलें. नांवाचो गुरू पूण चलणूक बाजारांतल्या एखाद्या संवसारी मनशाची.''

''खरेंच गुरुदेव!''

''हाडिल्ल्या धान्याभितर पोल-कचोप बी आसलें जाल्यार मनांत गोंदळ. आइल्लें धान्य सुकून बी उणें जालें जाल्यार चिंता. कितले जंदळे दिल्ले आनी कितलें पीठ आयलें? कितलें भात दिल्लें आनी कितले तांदूळ जाले. हें सगळे करपाखातीर वेवस्था जाय पडली, हिशोब सांबाळचो पडलो. असलो अणभव आमकां ना. मोट्या मोठ्यान उलोवंक जाय. घरांत हें सगळें चलता आसतना हांव वेदांताचेर चिंतन करतलों हाचें खरेपण आसा?''

''तुमी म्हणटात तें खरें आचार्य''

''निमाणी आनी एक गजाल आसा पळय. फकाण कशें दिसत पूण फकाण न्हीं. सद्याक तुमच्या धान्य कोठारांतलें जायतें धान्य हुंदीर-कोळ हुंदीर खातात. तें कितलें आसूंये? म्हजो ताचो कांय संबंध ना. धरया संबंध आशिल्लो, तर तो हांव आनी ते, खावपांतले वांटेकार आशिल्ले म्हणपाचो. तुमचे वांगडा आमी तुमचे आसपतीचो उपभोग घेवपी. म्हळ्यार हांव आंतां तांचो वांगडी; तुमी आमच्या विरोधांत. जमीन म्हजी जावन धान्य म्हज्या घरांत येतलें तेन्ना कितें ते म्हज्या घरांत येतले. वांट्याक उबे रावतले. ते एका पंगडांत आनी हांव तांच्या विरोधांत. तुमचे चाकर हुंदरां-कोळहुंदरांक आळाबंद घालपाक जे उपाय करतात ते हावेंय करचे पडले. राजवाड्यांत हें सगळें जावपाची गरज

आसा, पर्याय ना. गुरु घरांतय जावपाक जाय?''

देसाय हांसले, ''मानलें हावें गुरुदेव, आतां आसा तशेंच चलूं दी.''

आचार्यांनीं म्हळें ''बरें दिसलें प्रभू, तुमी मानून घेतलें तें. म्हाका खात्री आशिल्लीच तशीं. त्याच खातीर हांव इतलें सगळें उलयलों. हाचे भायर म्हजी आनी एक मोख आसा ती धापून दवरप म्हाका पसंत ना. ती गजालय तुमकां सांगूक सोदता.

''कांयच आडखळ ना. सांगात तुमी.''

''हांव जाणा प्रभू, तुमी सद्दां जेवपाक बसतकच आचार्यांगेर सामुग्री पावली मूं म्हणून तुमच्या चाकरांकडेन चौकशी करतात. सद्दां नासलें तरी सप्तकांतल्यान तीन फावटीं तरी विचारतात. हय मूं?

''हय. तुमी जाणात तें?''

''हय, तुमचेच चाकर सांगतात. ''आमी तुमची फावो ती ऊठ-बस करपांत कांयच उणें करीनात अशें आमच्या धनयाक एक फावट सांगात तुमी गुरुदेव'' अशी विनवणी करतात ते म्हाका. हाचो अर्थ प्रभूंक अदीं मदीं आमचे विशीं हुसको जाल्लो आसता आनी आमचे विशीं तांच्या मनात आपलेपण भल्लां हाची आमकां खात्री आसा. तेच बरोबर आनी एक आसा; दर दिसा आमकां सामुग्री येता आशिल्ल्यान, म्हाका ही सामुग्री धाडपी घर आमचे खातीर राजवाडो. आमी हांचें अन्न खातात म्हणून आमी हांचे रुणी. आमकां अशे तरेन सांबाळपी घर सुखान आसचें अशी आमची देवाकडेन प्रार्थना; कसलोच अहंकार बाळगिनासतना हें आमची देखभाल करता, आमचें मन निर्विकार, दवरता. शेत जमीन आमची, धान्य आमचें. वर्साक एकदां येवपाचें इतलेंच म्हणल्यार जालें? तुमी आमकां विसल्ले जाल्यार आमी विसरूं नाकात म्हणप ना? तुमची नदर आमचेर आसपाक नाका?

''आसा ती?''

''ना म्हणात तुमी. तुमी सज्जन मनीस, तुमच्यानी तें जावचें ना. पूण हांव? म्हजी घरकान्न? आमचें अन्न आमी खातात, हाची कित्याक पांग धरपाक जाय? अशें म्हणून तुमचेर दुर्लक्ष केल्यार जालें? अन्न दितल्या हातांक विसरून आमी कसलें शुभकार्य करूंक पावतलीं? मनशान कसोय आसल्यार जाता पूण अहंकारी आसूंक फावना. तातूंत हांव एक ब्राह्मण आशिल्ल्यान हांव अहंकारी जालों जाल्यार चांडाळ थारतलों. असलो मनीस दुर्गतीक पावता. ताच्या जाणटेल्यांची सर्गच्युती जाता.''

''शिव शिव.''

''त्याचखातीर पळयात तुमी, तुमच्या पिताश्रीनीं म्हजें म्हणणें त्या दिसा मानून

घेतलें. तुमीयबी तांची चलणूक अशेच तरेन आपणायात. हांव तुमचोच जावन रावतां सदांच देवासामकार तुमचें नांव घेतां. तुमीयबी म्हाका तुमचोच मानूंन चलात. सदांच म्हजी काळजी घेयात. गिताचार्यांनी म्हणून दवल्लां ''परस्परम् भावयंतः श्रेयः परमवाप्स्यथ' अशें मत दिल्लें आसा तें चलूं दी.''

देसायांनी गुरुचें म्हणणे मानून घेतलें. आचार्यांनी निमाणेमेरेन दारिद्र्याच्या व्रताचें पालन केलें.

☆☆☆

3.
न्याय रक्षक फिटस् स्टीफन्

रायबाबू इंग्लंडाचे भोंवडेर आशिल्ले त्या दिसांनी एक फावट ऑक्सफर्ड विश्वविद्यालयाच्या भारतीय विद्यार्थी संघांत वचून आयले. त्या दिसा थंय विख्यात निबंधलेखक रॉबर्ट लींड हांचेकडेन तांचो परिचय जालो. लिंडाचो जल्म आयरलँडांत जाल्लो. सगळ्या आयरीश विचारवंताभशेन होय बी उदारमतवादी मनीस आशिल्लो. इंग्लंडान भारताक स्वतंत्रताय दिवपाक जाय अशा मताचो तो आशिल्लो. ''जर्मन लोकांनी इंग्लंडाक स्वतंत्र केलें जाल्यार'' अशा शिर्शकान इंग्लंडान भारतांत चलयल्ल्या सगळ्या अन्यायाचेर अन्योक्तीचे शैलीन टिका केल्ली. रायबाबूंकडेन उलयता आसतना ताणे आमचे संस्कृतायेक उद्देशून गौरवाचे उद्गार काडले. साबार विशयांचेर उलोवप जालें. रायबाबूंनी, न्यायनिश्ठ न्यायाधिशांचो जेन्ना विशय आयलो तेन्ना त्या संबंदांतली वाल्मिकींची एक काव्यपंक्ती देखी रूपान दिली ती अशी आशिल्ली. ''प्राप्त काले यथादंडम् धारयेऽयुः सुतेऽश्वपि, अहितंचापि पुरुषम् विहिंस्युः अदूषकम्'' ताचो अर्थ समजल्या उपरांत लिंडान म्हळें ''खूब उदात्त अशी ही कल्पना. हीच कल्पना आमच्यांतूयबी आसा. तुमचीं हीं वाक्यां काव्यांत आसात. जिणेत केन्ना ताचो अणभव आयला काय कितें सांगूं नज. आतांयबी अशे लोक आसूं ये. आमकां खबर ना. पूण आयरलँडांत चारशीं वर्सां आदीं एका न्यायाधिशान आपणाल्या पुतान अपराध केलो तेन्ना आपणेच ताचेर आरोप दवरून ताका मरणाची ख्यास्त फरमावन स्वता हातान ताका फासार चडयल्ल्याची इतिहासांत एक नोंद आसा.'' रायबाबूंनी ते विशीं जाणून घेवपाची उमळशीक दाखयली. लिंडाने ते घडणुकेचें पुराय विवरण दिलें.

''आयरलँडांत ग्यालवे नांवाचो एक खेडेगांव आसा. तसो तो गांव व्हडलो. पूण तो नामनेक पावपाचें कारण म्हळ्यार थंय घोड्यांच्या धावपाच्या सतीचीं मैदाना आशिल्लीं. इंग्लंडांत जशें डर्बी तशें आयरलँडांत ग्यालवे. त्या शारांत आतांच्यान सुमार चारशीं वर्सां

आदीं एक फावट जेम्स् लिंच फिटस् स्टीफन नांवचो शाराचो मुखेली जावन गेलो.

फिटस् स्टीफन हो आयरलँड आनी स्पेना मजगतीं चलतल्या व्यापारांत कार्यरत आशिल्लो. एक अग्रणी, त्या काळांत स्पेनातूच कांयकाळ जीण सारिल्लो मनीस तो. जोड बरी आशिल्ल्या कारणान तेन्ना मेरेन तो बरोआस्पतदार जाल्लो. थोड्या वर्सां आदीं ताची बायल भायर पडिल्ली. हो नगराध्यक्ष जाले उपरांत हागेल्या कुटुंबांत हो आनी हागेलो पूत अशे दोगूच जाण आशिल्ले.

तो चलो सभावान शांत आनी चलणुकेन बरो आशिल्लो. बापायचो धंदो तो फुडें चलोंवक लागलो. लोकांकूयबी जाय जायसो जालो.

बापूय एक फावट स्पेनाक वचून परतता आसतना थंयच्या एका वळखिच्या मनशाच्या पुताक थोडोकाळ आपणाल्या देशांत रावपाखातीर म्हणून घेवन आयलो.

तो तरणाटो हागेल्या पुताचे पिरायेचोच सो आशिल्लो. सभावानूय ताचेच सारको. दोगांचीय इश्टागत जावपाक वेळ लागलो ना. वांगडाच भोंवताले करताले आनी कांयकाळ बरे विस्वासान चलले.

पूण दोगांयचें एकेच सोबीत चलयेचेर मन बसलें आनी तांचे मदीं संघर्श निर्माण जावन मनस्ताप उपरासलो.

''हावें तिका पयलीं पळयल्ली आसतना तुवेंयबी तिचेर दोळो दवरप ही तुजी चूक. तूं तिची खबर सोड.'' अशें घरच्या तरणाट्यान आपणाल्या इश्टाक सांगलें.

ताणे म्हळें ''तुवें तिका पयलीं पळयल्ली ही गजाल खरी. तेन्ना तिच्याय मनात तूं भरलो अशें आसूंयेता. पूण आतां तिचें म्हजेर मन बसलां. ते खातीर तुवें तिचो विचार सोडूंक जाय. तिका त्या आदल्याच उतरान बांदून घेवंक फावना.''

चार दीस मेरेन असो हो वाद चलत रावलो. ती तरणाटी चली स्पेनाच्या तरणाट्याकडेन घट रावली. फिटस् स्टीफनाच्या पुताक तिणे आपणालो निर्णय सांगलो.

हो तिका सोडपाक कसोच तयार नाशिल्लो. ताणे इश्टाक म्हळें ''आमचीं आमी खोशी आसतना तूं मदीं पडलो आनी म्हजें तुवें पाड घालें. अस्तुरी चोर खयचे कडलो.''

त्या तरणाट्याक राग आयलो. ताणे म्हळें ''चोर बीर म्हणूं नाका आं तूं. कसलो अन्याय केला हावें? तिणे म्हाका पळयलो आनी म्हजी सांगातीण जावपाक ती आशेली. त्या खातीर हांव कसो जापसालदार?'' उतरान उतर वाडलें आनी केंस्तवार पडलें. फिटस् स्टीफनाच्या पुतान सुरो तोपून इश्टाचो खून केलो. त्या आघातान तो मेलो.

चवकशी करपाची आनी कितें गरज? तरणाट्यान आपणाली चूक कबूल केली. ते चलयेन हांचे मदीं झगडीं जाल्लीं ती पळयल्लीं. तिणे ते संबंदान साक्ष दिली. असल्या अपराधाखातीर फांसार चडवप ही थारिल्ली एकूच ख्यास्त. न्यायाक धरून बापायन पुताक

मरण ख्यास्त फरमायली. कोतवालाक ती कारवाय करपाची जापसालदारकी दिवन थंड मनान घरा गेलो.

पूत फिटस् स्टीफन लोकांक प्रिय आशिल्लो असो तरणाटो. तो मरप हें गांवच्या लोकांक नाका आशिल्लें. धा जाण एकठांय जावन घरा येवन बापायक मेळ्ळे. ताणीं म्हळें ''ही ख्यास्त कितेंय जाता तें करून वाटायात. ताका खूब पश्चताप जाला. असल्या वेळार माफ करप समा जातलें.'' ताणीं सगळ्यांनी विनवणी केली. बापायन म्हळें ''म्हाका पुताक मारिल्लो जाय अशें उपकार करून समजूं नाकात. माफी दिवपाची संद आशिल्ली जाल्यार म्हज्यान माफी दिवं येताली. त्या भायर तुमी सगळे तशी अपेक्षा धरतात म्हणटकच हावें कांचवेवंक फावनासलें. पूण अशे तरेच्या अपराधाक कायद्यांत हाचे परस उणी ख्यास्त ना. हावें दिल्या ती ख्यास्त जावपाकूच जाय.''

ते लोक बाविल्लें तोंड घेवन तकली सकयल घालून परतले. पूण न्यायाधीश आशिल्ल्या त्या नगर-मुखेल्याच्यो अडचणी सोंपुनाशिल्ल्यो. तरणाट्याक फासार चडोवपी मनशान म्हळें ''हांव ह्या भुरग्याक ल्हान आसतना साकून पळयत आयलां, ताका धल्ला, खेळयला. आनी कोणाकय सांगून तुमी ताका फासार दियात. म्हज्यान तें काम जावचेंना.''

अध्यक्ष न्यायाधिशान अनीक कोणूय तें काम करूंक शकत काय म्हण विचारून पळयलें. कोणूच तें करपाक तयार ना तें पळोवन बापूय तें काम सोडून दिवंये अशें चिंतून काय कितें पुराय गांवांत हागेली ख्यास्त तडीक व्हरपाक एकटोय मनीस मेळ्ळो ना.

''देवा परमेश्वरा, तुजी इत्सा.'' अशें म्हणून बापायन स्वता आपणाल्या पुताक फांसार दिवपाचे सुवातेर व्हेलो. ताच्या गळ्याक आपणेच फांस घालून ताका गोळाक लायलो. प्राण गेलो तेन्ना ताका सकयल देंवोवपाखातीर हेरांक आदाराक आफोवन घेतले. आनी उपरांत कुडीचेर निमणी क्रिया केली.

आपणाल्याच पुताक फांसार चडोवपी थीर बुद्दीचो न्यायाधीश म्हणून गांव आजून ताची व्हडविकाय सांगता. आयरलँडांत ताचें बरेंच नांव गाजता.

अजापांत घालपी हें आख्यान आयकून रायबाबून म्हळें ''लींड महाशय ही विस्वास बसूंक कठीण अशीच एक कथा. ही घडिल्ली घडणूक अशें म्हणटात तुमी?''

''पुराय वर्णन दर एका घडिल्ल्या प्रसंगाचेंच, हातूंत दुबावाक सुवातना.''

''हो बापूय एक श्रेश्ठ असो सत्यनिश्ठ मनीस आशिल्लो. मागीर तरी ताका आपणाली करणी सोंसपाक खूब कठीण अशें दिसलें हय तर?''

''अशें कितेंय घडिल्ल्याची कांय म्हायतीना. हे घडणुके संबंदान कोणाकूच ताचे कडेन कितेंय उलोवपाची इत्सा जाली ना. ताच्या एका सामको काळजाचो इश्ट

आशिल्ल्या मनशान म्हळें ''ह्या गांवांतल्या लोकांनी तुजेकडच्यान असलें काम करून घेवंक फावनाशिल्लें.'' तेन्ना हाणे म्हळें ''हावें तें केलें. म्हजोपूत असो प्रस्न हांगा उबो जावप चूक. एका मनशान हो अपराध केलो, आनी एका मनशान ताका कायद्याक धरून ख्यास्त फरमावंक जाय आशिल्ली ती ताणे फरमायली, एकट्यान ती तडीक व्हरपाक जाय आशिल्ली, ती ताणे व्हेली. अशी ही प्रसंगाचे गरजेंतल्यान घडून आइल्ली कृती. न्याय चलपाकूच जाय म्हज्या हातांतल्यान तो चललो जाल्यार चूक, दुसऱ्या कोणाच्याय हातांतल्यान चललो जाल्यार तो समा म्हणप काय कितें?'' ताचें मन निमाणे मेरेन निश्चल उरलें.

रायबाबून म्हळें ''असलो एक मनीस आशिल्लो अशें सांगपी काव्य आसूंक शकता. असलो एक मनीस खऱ्यानीच आशिल्लो म्हणप ही एक अद्‌भूत अशी गजाल.''

लिंडान म्हळें ''विस्वास दवरप कठीण अशे तरेचें सदवर्तन आनी न्यायनिश्ठताय खंयतरी आनी केन्नातरी एकदां मनीस जातीच्या अणभवाक आइल्लीं. तसलो अणभव फुडारांत घेवंक मेळटलो म्हणपाचे अपेक्षेक ही घडणूक बळगें दिता. अशें नाशिल्लें जाल्यार संवसारांत सुखाचे अपेक्षेक सुवात मेळची नाशिल्ली.

☆☆☆

4.
मुयांचो संवसार

व्हडली राणी कौसल्येक भुरगें जालें नाशिल्ल्या कारणान सुमित्रा देवीक दुसरे राणयेच्या रूपान हाडली. तिकायबी संतानाचो लाब जालो ना. त्या खातीर चक्रवर्ती दशरथ राजान, केकय देशाचो राजा अश्वपती हाचे कैकई नावाचे धुवेक आपणाली तिसरी राणी करपाचें थारावन तिका मागणी घालपाखातीर त्या राजा म्हऱ्यांत गेलो.

अश्वपती हो फकत एक सादो राजा आशिल्लो. जाल्यार दशरथ आशिल्लो एक चक्रवर्ती राजा. ताका दोन राणयो आशिल्ल्यो आनी ताची पिरायूय बी चड जाल्ली. पूण कितें? ताका भुरगें नाशिल्लें. राजाची पिराय कितलीय आसली तरी ताका म्हातारो म्हणपाचो नासता. आपणाले धुवेचो पूत चक्रवर्ती जावपाचो आशिल्ल्यान अश्वपतीक हो संबंध मान्य जालो. तरीपूण ताणे दशरथाक एक प्रस्न विचाल्लो "तुमची चक्रवर्ती ही पदवी आमचे राजकुंवरीच्या संतानाक मेळटली हातूंत दुबावना न्हीं?"

दशरथान म्हळें "म्हाका दुसरीं आनी भुरगीं नात. तुमचे राजकुंवरीगैर जल्मल्लो भुरगोच चक्रवर्ती जावचो पडलो."

अशे तरेन बऱ्यांतली बरी अशी राजशुल्काची कबलात मानून घेवन केकयाच्या राजान दशरथाकडेन आपणाले धुवेचें लग्न लावन दिलें.

लग्न जालें त्या दिसा सानच्या वेळार राजवाड्याच्या उपवनांत मांव आनी जांवयान चाऱ्यांत बसून थोडो वेळ गजाली करीत घालयलो. तांचे सामकार वसीश्ठ महर्षी, जाबाली महर्षी सुमंतबी आपापणाल्या आसनाचेर बशिल्ले.

उलयतां उलयतां जाबाली महर्षीन केकय राजाक संबोदून म्हळें "तुमकां एका तपस्व्याच्या वरदानाक लागून सगळ्या मोनजातींतल्या जिवांची भास कळटा अशें आमी आयकलां. त्या विशया संबंदान आमकां कितेंय सांगप शक्य आसल्यार सांगपाची कृपा जावची."

तेन्ना वसीशठ रूशीन म्हळें ''ती खबर आमी आयकप समा जावचें ना. ती आयकली जाल्यार म्हाराज़ांचें आयुश्य उणें जावंयेता अशें हावें आयकलां.''

केकय राजान जाप दिली, ''अ।यकात तुमी. तशी कांय आडखळ ना. हांव हेर जिवांच्यो भासो जाणां अशें म्हणलें जाल्यार आयुश्य उणे जावचें ना. एखाद्या जिवान कितेंय म्हळें जाल्यार तेन्ना म्हज्या कोणेय सांगात्यान 'ताणे कितें म्हळें?' असो प्रस्न विचारूंक फावना. विचाल्लो जाल्यार हावें सांगूंक फावना. सांगलें जाल्यार आयुश्य उणें जावंयेता.''

वसीशठ रुशीनीं म्हळें ''इतली सगळी म्हायती आमकां खबर नाशिल्ली. तुमी आतां अशें म्हणटात जाल्यार प्रत्यक्ष जाबाली महर्षीनी केल्ले विनंतीक तुमी मान दिवंयेता.''

केकय राजान विचाल्लें ''जाबाली महर्षी कितें जाणा जावंक सोदतात?''

जाबाली रूशीन म्हळे ''म्हाराजांक हेर जीव समुहांची भास कळटा काय कितें इतलेंच जाणा जावपाचें आशिल्लें. ती गजाल आतां आमकां कळिल्लीच आसा. आतां खंयच्याय जिवान कितेंय म्हणिल्लें आसल्यार ताचो तुमी जो अर्थ लायला त्या संबंदान तुमी कितेंय सांगूक शकतात जाल्यार तें आयकून घेवचें अशी आमची इत्सा आसा.''

केकय राजान सांगूंक सुरवात केली. ''ह्या खिणाक अमक्या एका जिवान अशें अशें म्हळें अशी गजाल हावें सांगूंक फावना अशें आसलें तरीयबी एखाद्या जीव समुहाचे भाशेंतल्यान तांचे जिणे संबंदांतली जी म्हायती म्हाका मेळ्ळ्या तिचे विशीं सांगपाक म्हाका कांयच आडखळ ना. इतलेंच न्हीं तर त्या तपस्व्यान म्हाका जो वर दिला ताचे फाटलो उद्देश म्हाका एक अद्भूत अशी शक्त दिवन लोकांक अजाप भरीत करपी एक मनीस निर्माण करप असो नाशिल्लो. ते भाशेंच्या माध्यमातल्यान सत्य समजून घेवन जीण समृद्ध आनी अर्थपूर्ण करून घेवची असो आशिल्लो. हें म्हज्या वांट्याक आइल्लें वरदान म्हाका खूब फायद्याचें थारलां.

''देख दिवची जाली जाल्यार हावें मुयांची भास समजून घेवन तांचे जिणेची जी म्हायती पुंजायल्या ती सांगूक शकतां. हांकां लागुनूच हांव आनी म्हजे राणये मदीं एक विवाद उपराशिल्लो. ही खबर तुमचे मेरेन पावल्याच आसतली.''

केकयान दशरथावटेन पळयलें. दशरथान म्हळें ''ना, आमकां ते विशीं कांयच खबर ना.''

केकयान मागीर ती खबर सांगली. ''एक फावट हांव आनी ती अशींच बशिल्ली आसतना दोन मुयी कितेंतरी उलयल्यो. तें आयकून हांव हांसलों. तिणे म्हाका कित्याक हांसता काय म्हण विचाल्लें. ''मुयांचें उलोवणे आयकून हांसूंक आयलें'' ''कितें म्हणटात त्यो?'' तिणे विचाल्लें. हावें म्हळें ''तें सांगूंक फावना. सांगलें जाल्यार हांव मरतलों.''

तेन्ना ती म्हणूंक लागली ''ना, तुमी म्हर्जीं फकणां करून हांसल्यात आनी तें लिपोवपाखातीर अशें कित्याय कितें सांगतात. तुमी आपूण मरतलों म्हणटात तेंय बी फट. सांगात पयलीं कितें तें म्हाका. कितली समजायली तरी ती मानपाक तयार ना जाली. तुमी सांगनात जाल्यार आपूण जीव दितलीं म्हणूंक लागली. हावें गुरुजींक विचाल्लें. ते म्हणूंक लागले ''तिका समजिकाय इल्ली उणी. तिचे धमकेचेर उपाय ना. तुका जायतशें कर म्हणून तो विशय थंयच सोपोवपाचो.'' असो ताणी सल्लो दिलो. आपूण जीव दितलेंच अशें म्हणून ती हट्टाक पेटली. ही खबर गुरुजींक सांगली. ते म्हणूंक लागले ''जीव दिवपाचो तिचो इरादो खरो करपाक हेर खूब वाटो आसात. एक वर्स तिणे तुमकां तोंड दाखय नासतना, तुमकां पळय नासतना कुशीन सरून पयस रावूं येता. तशें करप म्हळ्यार तिचो इरादो खरो केल्लेवरी जातलो. राणयेक ही वाट आपणावची पडली.

दशरथान म्हळें ''ना, ही गजाल आमी आयकुंनाशिल्ली. केकय राजा फुडें सांगूंक लागलो ''मुयांच्यो मनशां सारक्योच अनेक जाती आसात. व्हडल्यो मुयो धरून एकदम बारीक मुयां मेरेन आकाराच्या मानान शंबर दोनशीं जाती आसूं ये. एके सारकी दुसरी ना. जिवान मोट्यो आनी घटमूट अशो धरून वास येवपी मुयां मेरेन जाती आसात. तांच्यो जगपाच्यो तराय बी साबार तरांच्यो. भोव करून त्यो वेगळे वेगळे समुदाय करून रावतात. सामान्यतायेन एकटी दुसरेच्या सांगातान चलता. झगडीं करिनात. एके जातीचे मुयेक दुसरे जातीची मूय दिसता तेन्ना ती एकामेकाक स्पर्श करून स्नेह दाखयतात. एकामेकाक विस्वास दाखोवपी अशें तांचें उलोवणें जाता.

दशरथान म्हळें ''खरेंच?'' हें मोठें अजापूच म्हणपाचें. केकयान म्हळें ''खूब मायेमोगान चलतात त्यो. एकामेकाच्या सुखा-दुख्खाची खबर घेतात. मेळिल्ली जाप कुतुहलान आयकतात.

''थोड्यांचे पुंजुले ल्हान आसतात. सुमार शंबरदोनशीं मुयो आसुंये तातूंत. थोडे पुंजुले व्हडले आसतात. धायेक हजार सुमार मुयो एका माल्यांत आसतात.

''असलीं मोठे संखेन रावपी जातीच्या मुयांचीं मालीं खूब विस्तारिल्लीं आसतात. असल्या समुदायांतल्या मुयांची संख्या मागीर आनिकूय वाडटा. हें विस्तारिल्लें नगर तांकां तेन्ना पावना जाल्ल्यान थोड्यो मुयो वेगळ्यो जातात आनी लागींच दुसरें एक मालें तयार करतात.

''थंय वता आसतना त्यो हांगाच्यान आपणाक गरजेक जाय तितलो आहार घेवन वतात. थंय वचून वस्ती केले उपरांतूय आवयमाल्या कडलो संबंद जिवो दवरून थोड्यो एकेक फावट हांगा येतात. हांगाच्यान थोड्यो तांचे वांगडा नव्या माल्यांत वस्तेखातीर वचून परततात.''

''बरे इश्टागतीन रावपी मुयांवरीच झगडीं करपी जातींतल्यो मुयोयबी आसतात. ह्यो मुयो चड बळीश्ट आसल्यो जाल्यार आपणा सामकार आसपी मुयांक मार बडय करून हारयतात आनी आपणाल्यो गुलाम करून दवरतात. त्यो मुयो हरतकच दुसरो उपाय नाशिल्ल्यान तांचे पांगेंत खालतेपण घेवन रावतात. तांच्या माल्याभितर गुलामांचीं कामा करतात.''

''खंयच्याय माल्या भितर चाकर मुयो मोठे संखेन आसतातूच. राणी मूय आसता ती त्या माल्याची आवय. ती कसलेंच काम करिना. एका माल्यांत थोड्यो दादले मुयो, थोड्यो बायल मुयो आनी मोठे संखेन शंढ वा नपुसक मुयो आसतात. शंढ नाका जाल्यार कुमारिका म्हणया. सगळें आंग बायल मुयेचें पूण तांकां प्रौढत्व येना. जितले दीस जगतात तितले दीस माल्याखातीर कश्ट करप हें तांचें काम.

हेर मुयां भितर थोड्यो झुजारी मुयो आसतात. हांच्या तकल्यांची वांकडीं कुसां मोटी आसतात. त्यो इल्ल्यो चडूच बळीश्ट आसतात. लडाय झगडें करपाचो प्रसंग येता तेन्ना लडाय झगडें करप आनी हरशिल्ल्या वेळार माल्याची राखण करप हें हांचें काम.

''माल्याभितर हांचें रावप-करप एका सुसंस्कृत कुटुंबांत आसचें तशेंच आसता. तांतले तातूंत चड सुदारिल्ल्या कुटुंबांतलें कशेंच. दर एक मूय आपणाक जितली गरज आसता तितलोच आहार घेता. एकटी दुसरेचो आहार बळजबरेन काडून घेना.

''थोडे फावटी कसलोय बरो आहार चड मेळ्ळो जाल्यार आपणाल्या दर्ज्या प्रमाण वांट्याक येवपाचो आसता तितलोच खातात. तांकां दोन पोटां आसतात. एक खरें पोट आनी दुसरें आसता तें आहार सांठोवन दवरपा खातीर, जेन्ना चड आहार मेळटा तेन्ना थोडोच आपूण खातात आनी चडसो साठोवपाच्या पोटांत घेतात. माल्यांत परततात तेन्ना थोडो थोडो भायर काडून माल्यांत आशिल्ल्या सांगाती मुयांक तो वांटून दितात.''

''मुयांनी थोड्य कृमी-किड्यांच्या आंगांतल्यान निस्तून येवपी रोस पियेवन ते रुचीक आसतात म्हणपाचो अदमास घेतला. तातूंतल्यान पसवण जावं येता हेंय बी त्यो जाणात. त्या खातीर असल्या किड्यांक हाडून माल्यांत दवरून तांचो सांबाळ करतात आनी त्या बदल्यांत तांचे कडच्यान तो रोस मेळयतात. हे किडे म्हळ्यार मुयांच्यो गायोन्न म्हणपाच्यो.''

मुयो मनशांवरी शेतकामत करतात. एकेतरेची बुरशी त्यो आहार म्हणून खातात. ते बुरशेची एके तरेच्या पानाचेर वाड जाता. तीं पानां हाडून त्यो आपणाल्या माल्या भितर दवरतात. तांचेर बुरशी पसवता. ती बुरशी त्यो खातात....''

हें सगळें आयकून दशरथाक खूब अजाप जालें. ताणे म्हळें ''तुमी म्हणटात तें सगळें आयकून घडये ही एक कल्पना न्हीं मूं? अशें दिसपासारकें अजाप जाता. आमच्या

गुरु म्हाराजांक कितेंशे दिसता?'' अशें म्हणून ताणे वसिश्ठांवटेन पळयलें.

वसीश्ठ रूशींनी म्हळें ''हो तसो अजापीत करपी असो विशय न्हीं. सृश्टीकर्त्यान साबारतरेचे जीव निर्मिल्यात. त्या सगळयांक जांच्या तांच्या जिणेचें क्षेत्र आनी जिणेच्या क्रमा प्रमाण फावो सारकी बुद्द वा गरज थंय प्रवृत्ती भेटयल्या. हेर जिवां भितर बुद्दीचें प्रमाण इल्लें उणें पूण तांच्यो प्रवृत्ती सामक्यो तीव्र आसतात. मनशाभितर बुद्द चड पूण प्रवृत्ती मातशो कमजोर आसतात. आमी मनशां चितून करून हीत अहीत जोखून मापून निर्णय घेतात. मूय सैमीक सहजतायेन तेंच काम प्रवृतींतल्यान करता, इतलोच फरक.''

केकयान म्हळें ''तें खरें. आतां पळयात, एक फावट दुकळ पडिल्ल्या दिसांनी हावें म्हज्या प्रजेमदल्या सधन लोकांक तुमी तुमचेकडलो दाणो गोटो गरिबांक आपूण जावन वांटून दिवचो पडटलो अशें सांगलें. तुमी दिनात जाल्यार म्हज्या अधिकाऱ्यांकडेन सोपोवचो पडटलो ना जाल्यार लोकांनी तुमच्या सांठ्यांचेर घुरी घालून तो तुमचेकडच्यान बळान काडून घेवचो पडटलो. तुमकां कितें पसंत पडटलें तें म्हाका सांगात म्हळें. ताणी आपूण जावन दाणोगोटो वांटून दिलो.

मुयो असलीं कामा सहज प्रवृत्तींतल्यान करतात. मनशांमदीं हें काम एके येवजणेच्या निर्णयाच्या रूपान जाता. रोखडीच ताणे आपणाली खबर मुखार सांगपाक सुरवात केली. ''आतां इतलेंय जें कितें हावें सांगलां ती एके सत्यस्थितीची बरी वट. पूण हे बरे वटेक तितल्याच तोलाची दुसरी वटूय आसा. ह्या सवंसारांत गुलामगिरी सारके कांय वायट अंवशूय आसात. भोव दुश्टपणान भरिल्ली कशी दिसपी एक गजाल सांगून म्हजी खबर सोपयतां.''

''हांचेमदीं एक जात अशी आसा जी दुसरे एके जातीक पुराय गिळून ना-नपयत करून उडयता. त्या संदर्भांतली एक खबर सांगतां.''

''आकारान मोटी अशी एक जात आसा. दुसरी एक बारीक आकाराची जात आसा. मोटे जातीची राणी माल्याभितर आपणाल्या पिलांचो सांबाळ करीत आसता. हिगेल्या माल्यांत सोय-सुविधा बऱ्यो आसतात. बारीक जातीची राणी हें सगळें पळयता आनी माल्याचो ताबो आपणे मेळोवपाचो निश्चेव करता. एक दीस ती ह्या माल्यांत येता. तिच्या आंगाचो वास वेगळे तरेचो आसता. हांगा राखणेक आसपी मुयो तिचेर घुरी घालतात. ती हेवटे-तेवटेन धांवत रावून तांकां चुकोवन माल्याच्या मध्यार येता आनी थंय आशिल्ले माल्याचे राणयेचे फाटीर उडी मारता. हे राणयेच्या आंगाचो वास चड खर आसता. नवे राणयेच्या आंगाचो वास त्या वासांत भरसून वता आनी नवी राणी खंय गेली, तिचें कितें जालें तें त्या रक्षक मुयांक कांयच कळूंक पावना. त्यो थंड पडटात. व्हडले राणयेकूयबी खंय कितें घडलां तें कांयच कळना जावन तीय बी शांत रावता.''

‘‘नवी राणी वयल्यान आपणाल्या धारेच्या कुसांनी व्हडले राणयेची गोमटी कातरूंक सुरवात करता. थोडी थोडी कातरीत रावून तीन दिसां भितर तिचो जीव घेता. तिचे सुवातेर मागीर आपूण रावता. इतल्या वेळाभितर नवे राणयेच्या आंगाक ते व्हडले राणयेच्या आंगाचो वास येवंक लागता. माल्यांतल्या मुयांक ती दुसरी राणी म्हणपाचें कांयच कळूंक पावना. ही नवी राणी तांतयां घालून नव्या पिलांक जल्म दीत रावता आनी सगळें मालें हिगेल्या पिलांनीच भरून वता. पयलीं जल्माक आइल्लीं पिलां मरून वतात आनी माल्यांत उरता ती फकत नवे राणयेची संतत. व्हडले राणयेची कसलीच कुरू यादीक उरना.’’

केकय राजा जेन्ना व्हडली राणी, धाकटी राणी म्हणटालो तेन्ना दशरथाच्या मनांक भाले तोपिल्लेवरी जातालें. ताच्या मुखामळार ते दुखीचे भाव उदेताले. हें सगळें सुमंताक जाणवतालें. ताणे वसीश्ठांवटेन पळयलें. तांच्यायबी नदरेंतल्यान तें सुटूंक ना म्हणपाचें ताका कळ्ळें. ताणे तो विशय विसरायेर घालपा खातीर म्हळें ‘‘आमी फाल्यां सकाळीं परते वचपाक भायर सरया न्हीं प्रभुदेव?’’ हो नवो विशय आयलो आनी तो मुयांचो विशय विसरायेर पडलो.

रातीकडेन सुमंतान वसीश्ठ रुशींक म्हळें ‘‘केकय राजान ती व्हडली राणी आनी धाकटे राणयेची खबर सांगूक फावनाशिल्ली न्ही?’’

वसीश्ठ रुशींनी म्हळें ‘‘सांगली तातूंत वायट अशें कांय ना. त्या वेळार चक्रवर्तीच्या मनाक इल्लें लागलें आसलें तरीय बी फुडाराक राणयांमदीं जो दुस्वास वाडपाचो संभव आसा ताची जापसालदारकी तांचेर आसा ही जाणविकाय नव्या मांवान तांकां करून दिल्लेवरी जालें. ही एक बरी गजाल म्हणचें पडटलें.

सुमंतान म्हळें ‘‘ही खबर ताणीं पयलींच सांगिल्ली जाल्यार हे राणयेक हाडपाचो ते आनी विचारच करचे नाशिल्ले.’’

वसिश्टांनी म्हळें ‘‘तें शक्यच ना. घडपाचें आशिल्लें तें घडलें. जें घडपाचें आसता तें घडत रावता. तें बदलप हाचे आदीं केन्ना कोणाक शक्य जावंना आतांय शक्य ना आनी फुडारांतूयबी शक्य जावचें ना. विधातो मनशाक मुयेपरस व्हड लेखिना. मानव संवसार आनी मुयांचो संवसार हांचे मदीं ताचे नदरेन ऊंच-उणाक असो वेगळेचार ना.’’

☆☆☆

5.

दांपत्याची नवी तरा

थोड्या दिसां आदीं हांव, म्हजो धाकलो काका, म्हजी धाकटी भयण आनी तिचो घोव श्री राम स्वामी अशीं चवगां जाणां रमण महर्षीशें दर्शन घेवपाखातीर अरुणाचलांतल्या तांच्या आश्रमात गेल्लीं. तेन्नाच भोव विख्यात असो आंग्ल लेखक सॉमरसेट मॉम थंय आइल्लो. हावें मॉम हांची एक कथा, एक कादंबरी आनी एक नाटक पयलीं केन्नातरी वाचिल्लीं. कथा-कादंबरेचें कितेंय आसूं पूण म्हाका तांचें नाटक बरें मानवल्लें. अशा नाटकाचो लेखक (ध्यानी मनी नासतना) म्हाका थंय मेळ्ळो हाची म्हाका व्हडविकाय दिसली. हांव जावन ताचे म्हऱ्यांत गेलों आनी ताचेकडेन उलोवन करून बरो परिचय करून घेतलो. तो भोव सरळ सभावाचो मनीस कसो म्हाका दिसलो. आपूण एक गोरो मनीस म्हणपाची अहंकाराची भावना ताचेकडेन नाशिल्ली. आपूण एक नामनेचो जाणटो लेखक म्हणपाचो ताचो अभिमान मात ताच्या उलोवण्यांतल्यान जाणवतालो. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार तो एक जागरूक विचारवंत म्हणपाचें म्हाका चार फावटी ताचेकडेन उलयलों तातूंतल्यान जाणवलें. आमचे मदीं थोड्या विशयांचेर उलोवणें जालें. तातूंतलो एक म्हळ्यार लग्नकारणासंबंदांतलो एक आधुनीक विचार. आतां हांव त्या उलोवण्याविशीं थोडें विस्तारान सांगतां.

म्हजी धाकटी भयण ही एक शिकिल्लें सवरिल्लें चली भुरगें. कांय कथायबी ताणे बरयल्ल्यो. रामस्वामी इंजिनियर आशिल्लो. ताकायबी साहित्याची आवड आशिल्ली. ह्या जोडप्याचो संवसार सुखा समादानान चलतालो. जया इल्लें मेकळ्या सभावाचें मनीस. कोणूय कितेंय वांकडें उलयलो जाल्यार तें हांशार घालतालें आनी आपूण तोंडभर उलयतालें. रामस्वामी हो इल्लो थोडें उलोवपी आशिल्लो. पूण जया उलयतालें तेन्ना तो मन लावन आयकतालो. अशे तरेन हीं दोगांय उलयत वांगडा चलता आसतना पळयतल्या कोणाकूय तांची तोखणाय दिसताली. दोगांयचो संवसार सुखान चल्ला अशें दिसतालें.

कोणाकूय अशे तरेचें जोडपें पळोवन समाधान जातालें. जया म्हजी भयण आशिल्ल्यान हांवूयबी खोश्येन फुलतालों. आमची वळख जावन थोड्याच वेळान हावें मॉम सायबाक म्हजो काका, भयण आनी रामस्वामी हांची वळख करून दिली. धाकटी भयण जया एक कथाकार, रामस्वामी एक साहित्यमोगी म्हणपांचें ताका सांगलें. तो मोठे खोश्येन तांचेकडेन उलयलो. इतल्या सज्जन मनशांचो परिचय जावप हें आपणालें भाग्य समजतां अशें ताणे म्हळें.

दुसरे दिसा आमी दोगूच जाण उलयत बशिल्ले आसतना मॉम सायबान म्हळें ''हांव विचारतां म्हणून वायट धरूं नाकात आं, ही तुगेली भयण आनी रामस्वामी हांगेलो प्रेम विवाह (Love marriage) जाला आसतलो न्हीं?'' हावें म्हळें ''म्हळ्यार, लग्ना पयलीं तांका एकामेकाचें आकर्शण जावन तीं मोगांत पडून लग्न जाल्यांत काय कितें अशें विचारपाचें आसा न्हीं तुमकां?

ताणे म्हळें 'हय, तशेंच.'

हावें म्हळें ''तशीं तीं मोगाचे ओडीन एकामेकाक लागीं आयलीं अशें म्हणपूय उचीत जावचें ना. एकामेकाक पसंत पडलीं ही गजाल खरी. आमचे मर्दी एक चाल आसा दोनूयवटेंतल्यान जाणट्यांनी मानून घेतले उपरांत, चलो आनी चली एक फावट एकामेकाक पळयतात. दोगांनीयबी हयकार दिलो जाल्यार मागीर लग्न थारायतात. तांचे पुण्यायेक फावसारकीं दोगांय सुखान संवसार करतात. अशेंच सुखा-समादानान संवसार करपी हें एक अपरूप अशें जोडपें.''

मॉमसायबान म्हळें ''खऱ्यानीच इतलें जुळोवन घेवन सांगातान रावप खंयूय जाली जाल्यार एक अपरूप अशी गजाल. आमच्या समाजांतूयबी थोड्या वर्सां आदीं लग्न संवस्था फावो तितल्या प्रमाणांत नितीच्या मार्गान चलताली. हालीं हालीं तिची वाट लागल्या.''

हावें विचाल्लें ''कारण कितें अशें जावपा फाटलें?'' मॉमसायबान जाप दिली ''हाचे आदीं दादलो केन्ना केन्नाय जर तर अविवेकीपणान वागलो जाल्यार बायलेन सोंसून घेवप असो एक आपसूकपणान समाजान मानून घेतिल्लो संकेत आशिल्लो. त्या संकेताची मर्यादा हुपून बायलमनशेन सोंसून घेवंक फावना अशे तरेचो एक विचार बळीश्ट जावंक लागलो. थंयच्यान सुरू जावन मागीर दादल्याक आसपी सगळी स्वतंत्रताय बायलमन-शेकूयबी मेळूंक जाय अशें म्हणपामेरेन पावल पडलें. ताचे उपरांत थोडीं समजिकायेन चलपी एखाद्र्या जोडप्या मदल्या बायलमनशेन आपणाल्या मनाक जाय जाल्लें केलें जाल्यार दादल्यान ते करणेचो सानुभुतीन विचार करूंक जाय अशें एक विचार सूत्र फुडें सल्लें. एक विचार सूत्र म्हणून तें चूक अशें म्हणूक जावचें ना. म्हजी बायल ती, अशें

म्हणून हक्क सांगून एके बायल मनशेच्या मनाक बंधन घालप शक्य ना. पूण तसलें बंधन आपणाचेर नाशिल्लेकारणान एक अस्तुरी जरतर आपूण आपणाल्या मनाक जाय जाल्लें करतलें अशें म्हणत जाल्यार तिगेलो घोव जितलो व्हड मनीस आसता तितलो चड दुख्खाचे भकीक पडटा. आमचो सुदारिल्लो समाज अशे तरेन ह्या म्हत्वाच्या विशयांत वांकड्या मार्गाक लागला अशें म्हाका दिसता.''

इतल्यान आमचो काका आमी बशिल्ले थंय आयलो. मॉमसायबाक अभिवादन करून म्हजे कुशीक बसलो. मॉम सायबानय प्रतिअभिवादन केले उपरांत हावें विचाल्लें ''अशे तरेचे लोक आसात हय तर?'' ताणी मागीर जाप दिली ती अशी आशिल्ली.

''सांगतां आयकात. म्हजो एक इश्ट आसा. तो बरो बुद्धिमान.......'' (आमच्या काकाक संबोदून ताणी सांगलें 'म्हज्या एका इश्टाच्या संवसारांत उपराशिल्ल्या मनस्ताप दिवपी प्रसंगाची खबर सांगतां. हाचे फुडें सांगतां त्या खबरेंतल्यान आमच्या संवादाचें स्वरूप तुमकां कळटलें) ''तो खूब बुद्धिमान आशिल्लो. दुर्बळकायेंत जल्मल्लो पूण सुरवातेच्या शिक्षणा वेळारूच ताची हुशारकाय दिसून आइल्ल्यानच ताका शिश्यवृत्ती मेळ्ळी आनी खऱ्या भाग्यवंताकूच शक्य जावचें अशा विश्वविद्यालयांत ताका प्रवेश मेळ्ळो. थंयूय बी बरे श्रेणींत येस संपादप शक्य आशिल्लें पूण शिकप अर्दारूच सोडून लेखक जावपाचें चिंतून तो घरा परतलो. मागीर शेक्सपियर, कीटस् अशा श्रेश्ठ कवींच्या साहित्याचो खोलायेन अभ्यास करून आपणाले खर अशे प्रतिभेन फकत पंडीतच आत्मसात करूंक शकत अशा जायत्या विशयांचें गिन्यान ग्रहण करून ताचें हेरांक दर्शन घडयलें. जिवितांत जैत म्हळ्यार कितें तें हाका विचारचें अशें म्हणपामेरेन वांगडच्या लेखकांमदीं ताणे मान्यताय मेळयली.

विश्वविद्यालयांतल्यान भायर सरतकच साहित्यिक बरप करपाक लागलो त्या दिसांनी ताचो कथा लेखिका म्हण नांव मेळयल्ले एके तरणाटे लेखिके कडेन परिचय जालो. ती न्यूझिलेंडांत जल्मल्ली. ल्हानपणांतूच समाज सुधारणेची गोडी लागून स्वतंत्र विचारांची पसवण जाल्ली. ही अस्तुरी किशोर पिरायेंत विद्याभ्यासा खातीर इंग्लंडाक येवन राविल्ली. मागीर परतून न्यूझिलँडाक वचून थंयचें वातावरण बरें मानवना जाल्ल्यान आवय बापायची मान्यताय घेवन परतून इंग्लंडाक गेली. ताचे आदीं थंय आपणाल्या देशांत लग्नाच्या नात्याचे संबंद नासतनाय एका युवकाच्या सहवासांत राविल्ली खंय. हें कळ्ळें तेन्ना तिचीं आवय बापूय बेचैन जाल्लीं. जावं, इंग्लंडांत सुखान रावता जाल्यार रावूं अशें तांकां दिसलें. बापूय तिका वर्साक शंबर पौंड खर्चाक धाडटालो. इंग्लंडांत तिणे आपणावरीच न्यूझिलँडासाकून आइल्ल्या दोगां तरणाट्यांक पळयले. ते आशिल्ले दोगजाण-भाव. व्हडल्या भावाकडेन तिचो पयलीं परिचय जावन मोगाचे संबंदूय आइल्ले खंय. हांगा तिचो

ताचे वयलो मोग आटलो पूण ती धाकट्या भावाच्या मोगांत पडली. तातूंतलो कोणच तिचेकडेन लग्न जावपाक तयार नाशिल्लो. बापायन धाडिल्लो दुडू तिका पावना जाल्ल्यान त्रास जावंक लागले. एका संगीतकारान तिचेकडेन लग्न जावपाची इत्सा प्रगटायली. तिणेय बी ताका हयकार दिलो. दोगांय लग्न जालीं. ते रातीकडेन ताणे तिच्या सहवासाची इत्सा उगतायली. ही तयार जाली ना. ताचो विरस जालो. तीन दिसांनी हिणे ताका सोडलो. ती वेगळी रावंक लागली. अशे स्थितींत आसतना हिका, हावें पयलीं सांगिल्लो तो आमचो इश्ट विश्वविद्यालय सोडून लेखनाच्या मळार वावरूंक लागिल्लो ताचे कडेन तिची वळख जाली. दोगांयचो परिचय वाडलो. आमचो हो इश्ट सरळ आनी साद्या सभावाचो मनीस. मनान सामको नितळ आशिल्लो तो. अस्तुरेक स्वतंत्रताय आसूंक जाय अशें तोयबी मानतालो. ती ताच्या मनात भल्ली. आपणाक रावपाखातीर तो एक कूड सोदतालो. हिणे केल्ले सुचोवणेप्रमाण ती रावताली ते इमारती कुशीक आशिल्ले एके कुडींत तो रावपाक आयलो. दोगांयचो एकामेकावयलो विश्वास वाडलो. दिसूयभर दोगांय आपापणाल्या कामांत गुल्ल आसतालीं. सानच्यावेळार आपापणाल्या कुडिनी परतल्या उपरांत सांगातान बसून वेळाचें भान नासतना उलय उलय उलयतालीं. एक दीस तिणे ताका म्हळें "तुवें म्हाका तुजे जिणेची सांगातीण करून घेतल्यार जावचें ना?" ताणे जाप दिली. "तशें केल्यार ती एक मोठी चूक जावची ना?" तिणे म्हळें "हय, तशें जांवयेता." तिणे मागीर ती खबर सोडली. आपणे जावन मागणे करूनयबी ताणे अशी जाप दिल्लोखातीर ती ताचेर रागार जाली. ही एका दादल्याची घरकान्न म्हणटकच तो आनी कितें करूंक शकतालो? आपणाक सोड चीट दिवन लग्न मोडिल्ल्याचो कायदोबंद आदेश घे म्हणपाचें तिणे घोवाक कळीत केलें. तिका त्रास जावचे अशें चिंतूनच घडये ताणे रोखड्या रोखडें तशें केलेंना. बेश्टोच वेळ काडीत रावलो. सुमार वर्साभरयान कायद्याचो आदेश घेवन ताणे तिका मेकळी केली. मागीर हो आमचो इश्ट तिचेकडेन लग्न जालो.

"त्या वेळार आमच्य इश्टाक फावसारकें एक बरें काम मेळ्ळें. त्या खातीर ताणे पॅरिसांत रावप गरजेचें आशिल्लें. तीं दोगांय पॅरिसाक गेलीं. थंय घोवाचो एक इश्ट रावतालो. घोवान तिची ताचेकडेन वळख करून दिली. चार दिसांनी तिचें त्या इश्टाचेर मन बसलें. घोवान ही तिची चलणूक पळयली. नव्या विचाराप्रमाण घोवान असल्या संदर्भांत बायलमनशेक आडावंक फावना अशें चिंतून कांयच म्हळेंना. इतले मजगतीं हागेल्या कामात कितें तरी अडचण आयली आनी हाका इंग्लंडाक परतुचें पडलें. दोगांय परतलीं. थोड्या दिसांनी तिणे आपूण त्या पॅरिसांतल्या इश्टाक मेळपाक वतां म्हण घोवाक सांगलें. ताका दुख्ख जालें आसतलें पूण ताणे तिका नाका म्हळें ना. बरें आसा, वच म्हळें आनी धाडून दिली. ती फ्रान्साक गेली. त्या इश्टावांगडा चार दीस रावून थंयचे

जिणेक विटून आपूण परतून येतां अशें म्हणून घोवाक तार धाडली.

‘‘परतून आयली त्या दिसा हो तिका धक्याचेर हाडपाक गेलो आनी घरा घेवन आयलो. येता आसतना तिणे घोवाक सांगलें ‘‘हांव तुजेखातीर म्हणून येवं ना, दुसरे कडेन खंयच रावपासारकी सुवात ना. त्याखातीर तुजेवांगडा रावतां.’’ घोवाक खूब दुख्ख जालें.

ती तरणाटी अस्तुरी दुडू कशाय कसो गरजेभायर मोडटाली. बापूय आतां देडशीं पौंड धाडटालो. हिकायबी स्वताची येणावळ येताली. अशें आसुनूय तिका तितलो दुडू पावनाशिल्लो. आपणे मागलेबगर घोवान पयशे दिवपाक जाय अशी तिची अपेक्षा आसताली. तो तशें करिनाशिल्लो. तो इल्लो काटकसरी आशिल्लो काय दुसऱ्या कसल्याय कारणाक लागून तो तशें करतालो तें सांगप कठीण. हिका राग येतालो. एक फावट हात बरपांतली एक कथा धाडून एक सोबीत बरी प्रत तयार करून घे म्हळें आनी ताचे खातीर पयशे धाडून दितां म्हळें. अशे तरेन तांचेमदीं दिसान दीस तणाव वाडत रावलो.

ह्या वेळार तिका बारीक जोराची (T.B.) पिडा जाली. त्याखातीर दुसऱ्यांच्या मनाचेर शेक गाजवप तिचे तांकी भायली गजाल जावन पडली.

एक क्षयरोगान पिडिल्ली बायलमनीस आशिल्ल्यान एका हॉस्पिटलांत रावप गरजेचें आशिल्लें. दोतोरान तशी सुचोवणी दिल्ली. तें तिच्या मना आयलें ना. घोवाक विचाल्लें तेन्ना ताणे तिगेल्या म्हणण्याक तेंको दिलो.

थोड्या दिसां उपरांत आदाराक एके बायल मनशेक घेवन हॉस्पिटलांत रावली. ती बायलमनीस एक नर्स आशिल्ली आनी त्या भायर तिगेली इश्टीण. ही तिचेकडेन खूब तुसडेपणान चलताली. ती खूब सोंशीक आनी समजिकायेची आशिल्ल्यान हिचे चलणुकेकडेन आड नदर करताली. एक संवसारी बायलमनीस म्हणपाचें चिंतून तिणे हिची मायेन सेवा केली. जाता तितले तिगेले हट्ट पुरयले.’’

‘‘चार वर्सां अशी उरून ही लेखिका भायर पडली. त्या जिविताची कथा तितल्याचेर सोपली.’’

‘‘आदल्या काळांतल्या घरकारांनी आपणायल्ली पद्धत योग्य नाशिल्ली म्हणपाचें मत मानून घेतिल्ल्या लोकांनी नव्या विचार सुत्राक वाट मेकळी केल्ल्या कारणान एका जोडप्याच्या जिवितांत ताणे अशें रूप घेतलें.

III

कांय खीण आमी सगळींच कांयच उलयलीं नात. मागीर हावें म्हळें ‘‘ही सगळी एक घडिल्ली ग़जाल तुमी सांगली. पूण अशें नाशिल्लें जाल्यार इतलें सगळें सोसून घेवपी

एखाद्रो घरकार आसूंक शकता हाचेर हांव विस्वासूच दवरूंचो नाशिल्लो.''

इतल्यान म्हज्या काकान म्हळें ''आदल्या काळार जे तरेच्यो अस्तुऱ्यो आशिल्ल्यो तेच तरेचे दादले आतांच्या काळार आसूंक शकतात. पतीक पयलो मान आशिल्ल्या समाजाभितर अस्तुरेन सोंसून घेवचें पडटालें. पत्नीक पयलो मान दिवपी समाजाभितर पती सोसून रावता. दोनूय स्थितींक मन जापसालदार.''

☆☆☆

6.

आंग्ल-भारतीय आवय

(अँग्लो इंडियन आवय)

कांय वर्सां आदीं हुबळिच्यान बेंगळुराक रेल्वेन येता आसतना हांव दुसऱ्या वर्गाच्या डब्यांत बसलों. ताचे पयली थंय तीग जाण प्रवासी आशिल्ले. सानवेळां दावणगिरीक पावून सकाळीं बेंगळुराक पावपी अशी ती रेल्वे आशिल्ली. त्या कंपार्टमेंटांत बसका आसात म्हणपाची खात्री करून घेतली आनी हांव एका बांकड्यार बसलो.

गाडयेंतले ते प्रवासी आशिल्ले आंग्ल-भारतीय जमातीचे. तांचेकडेन आमचो भारतीय लोक सामान्यपणान एके तिरस्काराचे भावनेन पळयता. म्हजे किशोर पिरायेंत लोक तांकां 'फिर्गीं कपडेकार (चट्टेकरा) नावान पाचारताले. 'चट्टेकारा' हें तमीळ उतर. 'चट्टे' म्हळ्यार पँट, कोट, इंग्लीश हॅट बूट बी मेळून जाता तो पोशाक. मुळांत असलो पोशाक करपी लोक हे इंग्लीश. तांका फिंर्गी वा सूट-बूटकार म्हणपाची प्रथा. जल्मान फिर्गी नासतनायबी असलो पोशाक करपी प्रवासांतले ते लोक आमच्या देशांल्या असहाय अशा अस्तुऱ्यांनी जल्माक घाल्लीं फिंर्गी दादल्यांची फिंर्गी भुरगीं. तांकांच (चट्टेकरा) आंग्ल-भारतीय अशें म्हणटाले.

चट्टेकार, म्हणटनाच एके तरेचो तिरस्कार निर्माण जाता ताचे फाटलें कारण हेंच. ह्या भुरग्यांचे ते आंग्ल जनक तांकां आपणालीं भुरगीं मानपाक तयार नासताले. ती आवय आमच्या देशाची एक अस्तुरी आसताली. तिची जात मागीर खंयचीय आसली तरीयबी असल्या भुरग्यांक जल्म दितकच समाजांतल्या निमण्या पांवड्याबयली जात तिणे आपणायल्लेवरी जातालें. बायलमनशेचो जल्म घेवपाचें पातक केलें जाल्यार आवय जावचें पडटा. आवय जावपाचें पातक केलें जाल्यार तकली बागोवन रावचें पडटा. कितें तरी करून जीण सारची पडटा. समाजांत असल्या भुरग्यांचें स्थान कितें आसचें तें सांगपाचें प्रयोजन हांगा ना.

ब्रिटीश सरकारान असल्या भुरग्यां संबंदान सानुभुतीचें धोरण आपणावन त्या

लोकांच्या शिक्षणाची थोडी वेवस्था केल्ले कारणान ते लोक थोडेंभोव शिक्षण घेवन फुडें सरूंक पावले. रेल्वे खात्यांत जायते जाणाक तिकेट कलेक्टर, गार्ड आनी हेर कांय सरकारी रोजगारांत तांचे खातीर राखींव वांटो दवरून खूब जाणाच्या रोजगाराची वेवस्था केल्ली. पूण वांट्याक आइल्लो जनक हात फाफडून गेलो जाल्यार गुलाम जाल्ले आवयन सांबाळ करून वाडयल्ल्या त्या लोकांनी खालतेपणाचे भावनेची वाड जावंक दिली ना ही एक अजापाची गजाल. इतलेंच न्ही तर तांचे मदीं तिकेट कलेक्टर आशिल्ले कांय लोक बुरश्या इंग्लीश उतरांचो उपेग करून प्रवाशांकडच्यान अन्यायान चार पयशे जोडून, हेर कांय जाण अशेच तरेची चलणूक आपणावन आपले आपूण देशांतल्या मुखेल समाजाकडेन आपणालो कसलोच संबंध नाशिल्ले वरी एक वेगळो समाज अशें मानून जगत आयल्यात.

ह्या समाजाच्या थोड्या लोकांक हांवें ल्हानपणांतल्यान पळयल्ले आसात. ते आपूण वेगळे अशें धरून पयस पयसूच रावताले. मागीर लेगीत तांचेमदल्या कांयजाणाचो वेव्हाराक लागून हेरांकडेन संबंद आयलो जाल्यारूय बी तांची चलणूक बदलली ना.

गाडयेंत आशिल्ल्या त्या तिगाजाणांतलो एकटो कसली तरी खबर सांगतालो. दुसरे दोगूय जाण आयकताले. त्या दोगांयमदलो एकटो मातसो पिरायेन व्हडलो आनी दुसरो तरणाटे पिरायेचो आशिल्लो. सगळे जाण इंग्लिशींत उलयताले म्हणपाचें आनी सांगपाची गरज ना. तीय बी तांची खाशेले शैलीची इंग्लीश दिसताली. हावें तांच्या उलोवण्याक कान दिनासतना म्हजो हांव एक पुस्तक काडून वाचीत रावलों. धायेक मिनटां उपरांत हांवे बशिल्लों त्याच बांकड्याचेर पांय पातलायले.

सकयल तीन बर्थ आशिल्ले. नेमाप्रमाण हावें वयल्या एका बर्थाचेर वचपाचें. हावे बशिल्लों त्या बांकड्यार पांय पातलायले तेन्ना तांचे मदल्या तरणाट्यान मातशें वेगळेच तरेन म्हजेवटेन पळयलें.

तें पळोवन हावें म्हळें "I shall take one of the upper berths when you gentlemen spread your beds on these berths." (तुमी ह्या बर्थाचेर न्हिदपाचें करतले तेन्ना हांव वयल्या एका बर्थाचेर वतां)

एकटो जो उलयतालो त्या मनशान म्हळें "Oh, no, Sir, you are welcome to use that berth. One of us will go up. We are all younger." (शे, शे. नाका तुमी तोच बर्थ घेयात. आमचे मदलो कोणूय एकटो वयर वतलो. आमी सगळे तुमचे परस तरणाटे आसात. तें आयकून हावें म्हळें "Really? How good you are! Thank you very much." (अशें? शाबास. बरें केलें तुमी उपकार जाले तुमचे.) हांचेकडेनूय सज्जनताय आसा तर! अशें म्हणून हांव परतून पुस्तक वाचूंक लागलों.

एका मिनटा उपरांत त्याच मनशाचें एक वाक्य आयकून दुसऱ्यान विचाल्लें "Your

mother did this?" (तुजे आवयन केल्लें हें?)

पयल्यान म्हळें "Yes, she did. She told the superintendent 'If you push these boys to a strike you will be merely telling your superiors that you can not manage things. When I tell these fellows anything reasonable they always obey. They will surely do so if you order anything reasonable. Don't tell them to starve. That is not reasonable. Guarantee them a full meal as you do yourself and they will answer your whistle. Would you believe it? He said 'you speak sense, Mrs. Whiton. Tell them not to think of a strike. I shall see what I can do to meet their present difficulties.' My mother asked us to be patient and wait for three days. We wailed. The superintendent ordered the opening of a fair price store in the colony. The trouble blew over." (हय, तिणेच केल्लें. तिणे सुपरिंटेंडेंटाक सांगलें ''तुवें जर तर त्या तरणाट्यांक संप करपाबगर वाट ना अशेतरेची स्थिती निर्माण केली जाल्यार तूं तुजे वयल्या अधिकाऱ्यांक आपूण कारबार साबांळपाक लायक ना हेंच दाखोवन दितलो. हांव जेन्ना तांकां कितेंय पटपासारकी गजाल सांगतां तेन्ना ते तोंड धापून आयकतात. तुवेंय जरतर तांकां पटपासारके कितेंय सांगलें जाल्यार ते तुजेंयबी आयकतले. तांका उपाशीं पोटार वावराक लावं नाका. ती गजाल पटपासारकी न्हीं. तांकां पोटभर अन्नाची खात्री दी आनी मागीर पळय ते तुजें उतर सकयल दवरतात जाल्यार. खरें दिसचेंना तुका, ताणे जाप दिली 'तुगेल्या म्हणण्यात तथ्य आसा मिसेस व्हीटन, तांकां संप करपाचो विचार सोडात म्हण. तांचो प्रस्न सोडोवपाक कितें करप शक्य आसा तें हांव पळयतां.' म्हजे आवयन आमकां तीन दीस वाट पळोवंक सांगलें. आमी रावले. सुपरिन्टेंडेंटान आमचे कॉलनीत एक नियमीत मोलाम गरजेच्यो वस्तू विकपाचें दुकान उगडपाची वेवस्था केली. तापिल्लें वातावरण थंडावले.)

दुसऱ्यान 'मदर' (आवय) हें उतर उच्चारिल्लें तेन्ना म्हजें ध्यान पयल्याचे खबरेचेर गेल्लें. मागीर हावें ताची पुराय जाप आयकली. हो आनी हेर सांगाती कामगारांनी संप करपाची एक येवजण आंखिल्ली. तेन्ना हांचे आवयन अधिकाऱ्या म्हऱ्यांत वचून तो आडावपाखातीर येत्न केले म्हणपाचो अर्थ हावें काडलो. कामगारांचे एके वस्तींत अशे तरेची बुदवंत अस्तुरी आसप हाचें म्हाका समादान जालें. हावें म्हळें ''माफ करात आं, एक विचारतां. तुमचे फॅक्टरींत संप जावपाचो आशिल्लो. तुमचे आवयन तो वाटायलो, अशें म्हणलें तुमी? तुमच्या उलोवण्याचो कल असो दिसलो म्हाका.'' अशे तरेन विशय समजून घेवपाचो येत्न हावें केलो. म्हजो प्रस्न आनी ताची जाप इंग्लिशिंतच जालीं. आमचे मदीं कितें उलोवप जालें तें अर्थरूपान सांगतां.

म्हज्या प्रस्नाक जाप दितना ताणे म्हळें ''हय स्वामी, तशेंच घडलें.''

“हांव तुमच्या खाजगी उलोवपांत तोंड घालतां. खरें म्हळ्यार तें समा न्ही. माफ करात म्हाका. चूक करतां हाची जाणविकाय आसुनूयबी दोन उतरां उलयन दिसता. हाचें कारण तुमचे आवय संबंदांतल्या विशयान म्हज्या मनांत कुतुहल निर्माण केलां. तशें पळयल्यार तुमची ही आवय एक असादारण व्यक्तिमत्वाची कशी म्हाका दिसता. असादारणच न्हीं तर अपूर्व अशा व्यक्तिमत्वाची अस्तुरी अशें म्हळ्यार फट जावचें ना.”

“हय, खरें तुमचें. आमची आवय ही एक सामान्य अस्तुरी न्हीं. खरेंच, तुमी जो अभिप्राय दिला तशी अपूर्व अशे तरेचीच बायलमनीस ती. जाय जाल्यार तिच्या कर्तुत्वाच्यो आनीकूय कांय गजाली हाव सांगन तुमकां.

हावें म्हळें “तशें हावें विचारप म्हळ्यार तुमच्या खाजगी उलोवण्यांत हावें मर्दीं पडिल्लेभशेन जातलें.”

तेन्ना दुसऱ्या एकट्यान म्हळें “ना, ना, तशें समजूं नाकात तुमी, आमी खरें म्हळ्यार ते आवयचे संबंदानूच खबरो आयकताले, म्हजे हे इश्ट कितलेशेच फावटी तिणे कशे तरेन असले तरेचे कठीण प्रस्न सोडयले तांचे विशीं खबरी सांगताले. आमच्या उलोवण्यात आडखळ येवपाचो प्रस्नूच ना. तें चालू उरतलें.”

हावें म्हळें, “तशें जाल्यार म्हाका असल्या अपरूप अस्तुरेविशीं म्हायती मेळोवप ही एक खोशेची गजालशी दिसता. त्या भायर ही बायलमनीस तुमची आवय म्हणटात तें आयकून चडूच खोस जाली.”

ताणे मागीर जायत्या घडणुकां विशीं खबरी सांगल्यो. तातूंतल्यो थोड्यो हांव आतां सांगतां.

II

तांचो बापूय मद्रास शारांत रेल्वे वर्कशॉपांत काम करतालो. फावसारको पगार मेळटालो. हे तीगजाण पूत आनी एक धाकटी भयण आशिल्ली. संवसार बरे तरेन चलतालो. अशे स्थितींत बापूय कोणाले तरी लगाटीन खूब सोरो पिवपाक लागलो आनी सामको बेबदो जालो. ताचे पयलीं तो पितालो पूण ताका एक शीम आशिल्ली. मागीर ताणे शीम हुपली. घरांत संवसाराक पयशे पावनात जाले. तांची आवय घरांतल्या दिसपडट्या खर्चाक पयशे मागू मागून थकली. चार म्हयने जाले उपरांत एकदीस तिणे घोवाक विचाल्लें “म्हाका तू पयशे दिता काय ह्या भुरग्यांक तूंच सांबाळटा?” ताणे विचाल्लें “दिलेनात जाल्यार तूं कितें करतलें?” तिणे सांगलें “हांव कितेंय तरी दुसरी वाट सोदतलें.” “म्हाका आनी भुरग्यांक सोडून वतलें?” “हय, घरतुजें, भुरगीं तुजीं, तांकां सांबाळपाक म्हाका दवल्लां तुवें? हावें सांबाळ्ळीं तीं पुरो अशें तुका दिसता जाल्यार हांव

वतां तोंड घेवन.'' घोव मातसो शिटकावलो. दोन म्हयने मेरेन पगारांतलो अर्दवांटो घरांत दितालो. तिसऱ्या म्हयन्यात तशें घडलें ना. तांचे आवयन घोवाक सांगलें ''तुजो अर्द पगार घरांतल्या खर्चाक येना जाल्यार हांव ओगी रावचें ना. हांव तुज्या ऑफिसांत येतां. तुज्या सुपरीन्टेंडेंटाक सांगून पगाराच्या दिसा तुज्या पगाराचो अर्दवांटो तुज्या हातांत आनी अर्दवांटो म्हज्या हातांत येवपाची वेवस्था कर.''

तेन्ना ताणे जाप दिली ''अशें केल्यार म्हजी प्रतिशठा इबाडटली!''

तिणे म्हळें ''बरें आसा. पूण भुरगीं खावपा जेवपाक ना जावन उपाशीं मेलीं वा भीक मागूंक लागलीं जाल्यार तुजी प्रतिशठा खंय आसतली?'' थोडें तोंडाक तोंड जालें आनी तिणे सांगिल्ली तशीं वेवस्था करपाचें ताणे मानून घेतलें.

चार वर्सां गेलीं. आवयन भुरग्यांक शाळेंत घाली. तांच्या शिकपाची वेवस्था जाली. दोन वर्सांनी व्हडल्या पुताक बापायच्या वर्कशॉपांत काम शिकपाखातीर भरती केलो. चार वर्सां सोपतकच ताका थंयच काम मेळपाखातीरूय तिणे येत्न केले. त्या वर्सा हो सोऱ्यान बेबदो जाल्लो घोव भायर पडलो.

ताचो फंडाचो आशिल्लो तो दुडू मेळ्ळो. पूण म्हयन्या म्हयन्याक येवपी पगार बंद जालो. फंडाचो दुडू कळंतराक दवरून ताचेवयलें कळंतर आनी व्हडल्या पुताच्या थोड्याशा पगारांतल्यान ती संवसार चलोवंक लागली. आपणाल्या दुसऱ्या पुताक घेवन एके अनाथ भुरग्यांखातीर आशिल्ले संवस्थेच्या मुखेल्या म्हऱ्यांत गेली. आपूण एक विधवा, व्हडल्या पुताचो पगार संवसाराक पावना, हो भुरगो आनी दुसरो एक शाळेंत वचपाचे आसात. आनीक एक धूव आसा, आपणाक कितेंय तरी आदार दियात अशें तिणे मागलें. ताणे म्हळें ''ही अनाथ भुरग्यांखातीर काम करपी संवस्था. जांचो सांबाळ करपी मनशां आसात तांच्या भुरग्यांक आमी हांगा भरती करून घेनात.'' तेन्ना तिणे म्हळें ''हो भुरगो एकटोच येवन ताणे आपणाक कोणाचोच आदार ना अशें सांगिल्लें जाल्यार तुमी कितें करतले आशिल्ले?''

''सगळी बरी खबर काडून कोणूच ना म्हणपाची खात्री जातकच ताका दवरून घेतले आशिल्ले. ''सांबाळ करपी कोण ना म्हण कळपाक जाय म्हणटात न्ही तुमी? कोणूच ना हें ताणे सांगचें पडलें. 'हो आमचो भुरगो' अशें म्हणपी कोणूच आसूंक फावना. अशें न्हीं तें? म्हळ्यार ताणे आनी हावें एक एक फट मारली जाल्यार आमी तुमचो आदार मेळपाक पात्र थारतात न्हीं? पूण आतां आमी खरें तें सागतात आशिल्ल्यान तुमचो आदार मेळप शक्य ना.'' तो हांसलो आनी म्हणूंक लागलो ''तुमी अशीं तशी आयकून घेवपी अस्तुरी न्हीं दिसता म्हाका. तीन दिसांनी येयात, कितें करप शक्य आसा तें चिंतून पळयतां.'' तीन दिसांनी गेले उपरांत ताणे म्हळें ''अनाथ अशें म्हणूंक शकनात. दुर्बळ

म्हणून ताका दवरून घेवचो असो निर्णय घेतला हावें. दुर्बळ म्हणून दवरपाक तयार आसात तर तुमी?'' ताणे विचाल्लें.

हिणे सांगलें ''दुर्बळ जाल्लींच आसात आमी तेन्ना तशें नांव दिलें जाल्यार आमचें कितें लुकसाण जावचें पडलां? तुमकां जाय तें नांव दियात पूण आदार दिवपाचें मात पळयात.''

अशे तरेन भुरग्यांच्या शिकपाची वेवस्था जाली. तो ते शाळेंत शिकता आसतना सप्तकांतल्यान दोन दीस आवय म्हन्यांत येवन वतालो आनी ते शाळेंत शिकतालो.

एक दीस हांगेल्या एका वळखीच्या मनशाकडेन उलोवणें चालू आसतना तांचे आवयन संवसार चलोवपाक आपणाक जो त्रास जातलो ते विशी खबर काडली. तेन्ना त्या परिचितान म्हळें ''तूं दिसपाक इतली सुंदर आसा. अशें आसतना तुज्या वांट्याक इतले कश्ट येवपाची गरज नाशिल्ली.'' तिणे जाप दिली ''परतून लग्न कर म्हणटात म्हाका? ह्या भुरग्यांक वांगडा हाडटां म्हणल्यार खंयचो कोण दादलो म्हजेकडेन लग्न जावंक तयार जातलो?'' तो भितल्ले भितरशें कितें तरी उलयलो. तिणे म्हळें ''अशे तरेन भितल्ले भितर अस्पश्ट उलोवन उपेग कितें? उगतेपणान सांगूंक जाय कितें तें उगतेपणी सांगूक फाटी सरतात ताणीं असली खबर काडूंक फावना.'' खिणा उपरांत तिणे म्हळें ''हांव तुमची भयण अशें समजून म्हाका कितें सांगप शक्य आसा तें सांगात. हांवूय बी तुमची भयण आशिल्लें जाल्यार तुमकां कितें सांगूंक शकतालें तें सांगतां. म्हजे आयचे स्थितींत म्हज्या भुरग्यांक लज दिसपा सारकी कसलीच चलणूक हावें आपणावंक फावना असो निश्चेव हावें मनात बाळगिला. हे म्हजे पिरायेर सूख भोगपाक हांव आशेंव ना. सूख दिवंक शकन अशेंय बी म्हाका दिसना. कितें म्हणटात तुमी?'' तो मनीस तोंड धापून भायर सरून गेलो.

एक दीस हागेली व्हडली भावज कितेंतरी मातशी तिका लागपा सारकें उलयली. हें आयकून तिणे तिका दोन कडक अशा उतरांनी शिटकावणी दिली. ते विशीं सुनेन घोवाकडेन कागाळ केली. ताणे आवयक सांगलें ''तूं आतां ओगी रावगे मातशी. तूं आतां म्हातारी जाल्या.'' हो भावूबबी तेन्ना घडणुके वेळार थंय हाजीर आशिल्लो. हें आयकून आवयन जाप दिली ''ये, हावेंच जल्माक घाल्ल्या पुता, म्हाका अशें सांगपाक लज दिसना तुका? हांव म्हातारी जाल्यां ही खरी खबर. धा भुरग्यांक जल्म दिल्ली बायलमनीस तुरतुरीत तरणाटी कशी उरतली? कित्याक म्हातारी जाणा? अशें म्हणून आपणालें पोल्क उकतें करून आपलीं थानां हातात धरून मुखार उखलून धरीत तिणे म्हळें ''ही म्हजी छाती अशी घळघळीत जावन पडल्या त्या खातीर. हीं घळघळीत कित्याक जाल्यांत दिसता तुका? तूं आनी तुगेलींय बी जल्माक आइल्लीं भुरगीं हे

छातयेंतल्या दुदार वाडल्यांत हीं आतां अशीं जाल्लेखातीर तूं म्हजो भोवमान करता काय हो म्हजो अपराध जालो अशें म्हणून अपमान करता?'' तिणे ताका विचाल्लें. तो पूत धांवत आयलो आनी तिचे म्हऱ्यांत दिमी मोडून बसलो आनी म्हणूक लागलो ''अम्मा, चूक जाली म्हजी, माफ कर म्हाका.'' सामको लीन जावन तो चूक मागूंक लागलो.

हाणे सांगलें ''हांवूयबी तें पळोवन थंयचे थंय घट जालों. रडलों हांव ढळढळीत हावें आनी म्हज्या भावान हाजे फुडें केन्नाच अम्माक अशे तरेन कांयच म्हणप ना असो सोपूत घेतलो. अम्मा म्हणूक लागली.

''राग नारे म्हाका, तूं चिंता करूं नाका. हांव आवय ह्या नात्यान बऱ्या मार्गान चलले. तुमी भुरग्यांच्या नात्यान बऱ्या मार्गानच चलात. म्हाका आनीक कांयच नाका.'' तिणे सांगलें.

बरीं भुरगीं जावन रावात म्हणपाचो पाठ तिणे तांका सुरवातेच्यान शिकयल्लो. कठीण प्रसंगार पदराक आशिल्ल्या चार पयशांनी जीण सारची पडटाली तेन्नाती आवय जेवणावेळार भुरग्यांक आफोवन रांदिल्लें सगळें जेवण तांकां वाडटाली. चारूय जाणा मुखार जाचें ताचें ताट दवरून तांचे मुखार एक रिकामें ताट दवरताली आनी तांकां जाय तितलें त्या ताटांत वाडूंक सांगतालीं, तितलोच आपणालो वांटो म्हणटाली. भुरगीं आपापणाल्या ताटांतलें थोडें थोडें जेवण तिच्या ताटांत वाडटालीं. तें केन्नाय पोटभर आसतालें, केन्नाय नासतालेंय बी. तिणे केन्नाच आपणाक आनीक थोडें वाडात अशें म्हळें ना. अशें जातालें तेन्ना भुरगींय बी समजून ती पुरो म्हण मेरेन आपापणाल्या वांट्यांतलें तिच्या ताटांत घालतालीं.

तीग जाण पूत व्हडले जावन कामाक लागले. लग्न जावन संवसार करूंक लागले. एकटो मद्रासेंत रावतालो, एकटो हुबळी आनी हो आमचो वांगडी बेंगळुरांत आसतालो. धुवेचेंयबी लग्न जालें, ती सुखान संवसार करताली. ही आवय रोखडीच हांचे वांगडा रावपाक तयार जाली ना. ''हात पांय सारके आसात तो वेर म्हजी हांव काम करून जीण सारतां. म्हज्यान जायना शें दिसता तेन्ना तुजे म्हऱ्यांत येतां.'' अशी तिणे पुताक जाप दिली. बेंगळुरांत हागेल्या घराकडेन लागींच ती एके भाड्याचे कुडींत रावताली.

III

हाणे आनी जायत्या घडणुकांविशी सांगलें. हें सगळें म्हाका एके कथेंतले व्यक्तीचें चित्रण कशेंच दिसलें. ती व्यक्ती म्हाका एके कथेचो विशय जावंक शकता अशें दिसलें. हावें म्हळें ''तुमची आवय ही एक अपूर्व अशे तरेची अस्तुरी मि .....'' ताचें नांव हांव विसरिल्लों म्हणून मातसो रावलों. ताणे म्हळें 'व्हीटन, सर.' हावें म्हळें 'मि. व्हीटन,

तिगेली ती मनाची धिटाय तुमकांय बी आयल्याशीं दिसता म्हाका.'' ''काळजांतल्यान वंदन तुमकां स्वामी आवयसारको जावपाक सोदपी पूत हांव तिगेलो.'' ताणे खूब खोशी जावन म्हळें. हावें जाप दिली ''भोव सभावीक आसा तुमचो आंवडो. खरें म्हळ्यार तिका प्रत्यक्ष पळोवचीच अशें म्हाका मनातल्यान दिसूंक लागलां. तुमी मात म्हज्या म्हणण्याचो चुकीचो अर्थ काडयचे नात अशें हांव समजतां.'' ''ना, ना, केन्नाच ना.'' अशें जालें जाल्यार तिका तो आपणालो व्हडलो भोवमानूच केल्लेवरी दिसतलो, स्वामी.'' ताणे जाप दिली आनी आपणालो पत्तो म्हका दिलो.''

तांचे गल्लींत हांव केन्ना वचूंक पावलों ना आनी ते आवयकूय पळयली ना. ही सगळी खबर बरोवन दवरूंक जाय अशें म्हळें. बरयली मात ना.

IV

हे फावटी म्हजो एक जाणटो इश्ट मातसो बरो ना जावन थोडे दीस ताका हॉस्पिटलांत रावचें पडलें. हांव ताका मेळपाक जायते फावटी हॉस्पिटलांत वतालों. एक अँग्लो-इंडियन नर्स ताची देखभाल करताली. ती बरी गुणेस्तशी दिसताली. आपणालें काम बरें मन लावन करताली. पिडेंतल्यान सुटका जावन म्हजो इश्ट घरा येवपाच्या वेळार ताका हाडपाक हांव हॉस्पिटलांत गेल्लों.

तेन्नायबी ती तरणाटी नर्स थंय आशिल्ली. इश्टान म्हळें ''तुवें म्हजी एकदम बरी सेवा केली आं, सिस्टर. खूब मायेस्त सभाव तुजो. तुजो निरोप घेता आसतना म्हजेच एके धुवेक तिच्या फुडाराखातीर काळजांतले आंवडे भेटोवचे तेच तरेन हांव म्हणन 'तुका एकदम बऱ्या गुणांचो घोव मेळून संवसार सुखाचो जांव तुजो! बरीं भुरगीं जावन आवयपणाचें सूख मेळूं तुका, असो आशिर्वाद आसा म्हजो तुका.''

ते चलयेन म्हळें ''धन्यवाद स्वामी, तुमचो आशिर्वाद फळाक येवन म्हाका सूख मेळूं अशें म्हाकाय दिसता. पूण म्हाका बरो घोव मेळून हांव सुखी आवय जावंक पावन ही शक्यताय उणी स्वामी.''

''अशें कित्याक म्हणटा तूं?''

''आमच्या समाजांतले तरणाटे लग्न जावपाचे पिरायेर चुकनासतना सोरो पिवंक लागतात. हांव वाडलां त्या वातावरणांत सोरो बेबदो म्हणना फुडें म्हाका सामको वीट येता. त्याखातीर म्हजें लग्न जावप ही शक्यताय सामकी उणी, हें म्हज्या दुबावाचें कारण स्वामी.''

म्हज्या इश्टान म्हळें ''हीं तुजीं उतरां आयकून म्हाका वायट दिसता.'' इतलो वेळ हांव ओगी आशिल्लों. पूण तिगेली उतरां आयकून हावें म्हळें ''तूं इतलें बेगीन निराश

जावंक फावना गो बाय. तुमच्या समाजांतूयबी सोरो पिनाजाल्लो एखाद्रो भुरगो आसपाची शक्यताय आसा.''

तिणे म्हळें ''तें तुमचें खरें स्वामी, पूण तसलो भुरगो मेळोवपाक खूब सोद करचो पडटलो.''

भायर सरपाच्या वेळार हावें विचाल्लें ''तुजें नांव कितें गो बाय?''

''नेल्ली, स्वामी!''

''तें तुजें स्वताचें नांव जालें. आडनाव कितें?''

''व्हीटन, स्वामी.''

''व्हीटन हें उतर कानार पडले बरोबर म्हाका त्या दिसाच्या रेल्वेंत मेळिल्ल्या आंग्ल-भारतियांची याद जाली. हावें म्हळें ''आरे! मजेशीर योगायोग म्हणपाचो. कांय वर्सां आदीं हुबळीच्यान येता आसतना रेल्वेंत ह्याच नावाच्या एका सज्जन मनशाकडेन म्हजो परिचय जाल्लो. तो तुजो भाव आसूंक शकत घडये?''

''जॅक व्हीटन नांव आशिल्लें ताचें स्वामी? हांगाच्या रेल्वे वर्कशॉपांत फोरमन आशिल्लो तो?''

''हय.''

''तोच म्हजो बापूय!''

म्हाका खूब अजाप दिसलें. तिगेल्या आज्जेची खबर सांगून ही त्याच मनशाची धूव म्हणपाची खात्री करून घेतली. ते तरेचे आज्जेक हे तरेची नात आसप ही अजापाची गजाल न्हीं अशें म्हाका दिसलें. घरा येता आसतना हिगेल्या बापायन म्हाका सांगिल्ली सगळी खबर हावें इश्टाक सांगली. आतां ती तुमकांयबी सांगली.

☆☆☆

7.

ॲन् शेक्सपियर

आपणाले बावीस वर्सांचे पिरायेर लंडन शारांतल्या नाटक कंपन्यांक आनी पोन्न्या नाटकांक नवें चैतन्य दिवपी आनी लेखक रूपान आपणाले स्वताचे जिणेक सुरवात करपी शेक्सपियरान शेचाळीस वर्सांचे पिरायेर आंग्ल नाट्यमोग्यांचो एक अप्रतीम दृश्य कवी अशें नांव कमायलें. मागीर तो 'स्ट्रेटफोर्ड-ऑन-आव्हों' नावांच्या आपणाल्या जल्मथळार शांतपणान निवृत्त जीण सारपाखातीर परतलो. अठरा वर्सांचे पिराये मरेन गांवांत वाळेस कसो भोवपी हो भुरगो आतां गांवांच्या एका मुखेल केंद्रांतल्या आपणाल्या घरांत लॉर्ड जावन आइल्लो. तेन्ना तो आशिल्लो एक गरीब दुबळो सामान्य मनीस, आज जाल्लो एक मोटो गिरेस्त. तेन्ना कोणेय घेवपासारकें ताका नांव नाशिल्लें, आज ताचें नांव घेनाशिल्लो कोण ना. हें मोटें परिवर्तन ताका समादान दिवपी थारिल्लें. ताच्या बायल भुरग्यांक ताचो अभिमान दिसलो तशेंच सोयरे आनी बरें मागत्यांक ते गजालीन खोशी केले.

ती शान आनी तें धन पळोवन दुस्वाशी लोकांक दुखलें म्हण सांगपाची गरज ना. दुस्वाशी लोक आशिल्ले काय म्हणटात? येदें येस आनी येदी संपत मेळयल्ल्या मनशाचो दुस्वास करपी सरभोंवतणेंत नात अशें कशें जावं येता? असल्या लोकांत तातूंतच खोस मेळटा. शेक्सपियर दिसपडट्या वेव्हारांत इल्लो धांदळी आशिल्लो. कोणाक दुडू दिवन जमीन घेतली, केन्ना कसले तरी धंदे केले आनी धा जाणांक खोशी केले जाल्यार चार जाणांक त्रासांत घाले. वेव्हारांत समाधानी जाल्ले विस्वासान चलले आनी फटवल्ले चार जाण अविस्वास घट करून बसले.

गावांत सुमार सयेक वर्सां सुखान निवृत्त जीण सारली आनी कवीची १६१६ व्या वर्सा भलायकी इल्ली इबाडली. तेन्ना ताणे आपणालें मृत्युपत्र तयार करून घेतलें. थोडे म्हयने गेले उपरांत आपणालें आयुष्य कांटार पावलां अशें दिसतकच तातूंत जाय-नाका तें अदीक-उणे करून ताचेर निमाणो हात भोंवडावन घेतलो. हें इतलें जातकच थोड्या

दिसांनी ताणे आपणाली इहलोकांतली यात्रा सोपयली. ताचे संबंदान एक विचित्र असो योगायोग म्हळ्यार तो तेवीस एप्रिलाक जल्मलो आनी तेवीस एप्रिलाकूच भायर पडलो.

कवीची व्हडली धूव, सुझान गावांतूच हॉल नांवाच्या एका प्रतिशठीत दोतोराकडेन लग्न जाल्ली. तो आनी तिच्या घोवानूच कवीचो निमण्या दिसांनी सांबाळ केलो. कवीची घरकान्न, ही धूव, भयण ज्योन, धाकटी धूव ज्युडीत आनी धाकटी भयण ज्योनाची भुरगीं अशीं सगळीं कवीगेरूच आसतालीं. कवीचें दुखणे वाडूंक लागलें तेन्ना तागेली धाकटी धूव ज्युडीताचें लग्न जालें. कवीन मृत्युपत्रांत हे धूवेक आस्पतीचो फावो तो वांटो दिवपाची वेवस्था केल्ली. भयणीक आनी तिगेल्या भुरग्यांक तांकता तितलो आदार निश्चीत केल्लो. इश्टां-परिचितांक गरज पडटा तेन्ना फावो ते तरेचो सल्लो दिवप शक्य जावचें म्हणून तातूंत सुचोवण्योयबी आसपावन घेतिल्ल्यो.

हें मृत्युपत्र चलणुकेंत घालपाची जापसालदारकी ताणे आपणाली व्हडली धूव आनी तिगेल्या घोवाचेर सोपयल्ली.

ह्या मृत्युपत्रांत ताणे आपणाले घरकान्नीखातीर विशेश अशी तरतूद करूं नाशिल्ली. आपणाक जांव तिका अशेतरेची कितेंय गरज आसाशें ताका दिसलें ना. ती ताचेपरस सात वर्सांनी व्हडली आशिल्ली पूण दुखणें जावन तोच पयलीं मरणाक वेंगांवक तयार जालो. ते घटकेची प्रतिक्षा करप तिच्या वांट्याक आयलें. कशी तरी ती तेन्ना भलायकेन बरी आशिल्ली. तिगेली धूव आनी जांवय तिका मान मर्यादेन सांबाळटालीं. बापायकडच्यान आस्पतीचो वांटो मेळिल्लें सुझान तिका निमाणे मेरेन सांबाळटलें म्हणपाची खात्री आशिल्ल्यान बरोवन दवरपासारकें कितें आशिल्लें? अशें आशिल्ल्यान तातूंत तिगेलो उल्लेख आयलो ना.

मृत्युपत्राची नोंद करपाचे आदले दिसा तें धुवेक आनी जांवयाक दाखोवन घरांत तातूंतल्या तरतुदींचेर भासाभास चलिल्ली तेन्ना कवीचे घरकान्नीन म्हळें ''हांव वापरतां तो पोन्नो पलंग आनी ताका लागपी बिछानो बी म्हाका राखून दवरपा विशीं एक विधान तातूंत घालून घेयात.'' तें आयकून सुझानान म्हळें ''कित्याक जाय गे तें? पापालो बरो पलंग आसा तो तुका. तुगेलो आसा तो आमी कोणेय तरी वापरूं येता.''

जांवय, हॉलान म्हळें ''हांवूंय तेंच म्हणटां. व्हडलो पलंग एकदम बरो आसा, सामको नवोच कसो. हो खूब वर्सां आदीं घेतिल्लो आसतलो. अम्माक तो नवोच घेवं दी.''

कवीचे घरकान्नीन त्या वेळार चड भासाभास केली ना. सानच्यावेळार घोवा म्हऱ्यांत वचून ताका सांगलें ''हें पळय, तुगेल्या ह्या मृत्युपत्रांत हांव सद्याक वापरतां तोच पलंग म्हजे खातीर आसचो अशें एक विधान घाल आं.''

''ते एकेच वस्तूचें कितें घेवन बसलां तूं? मृत्युपत्रांत आस्पती विशीं जें बरोवपाक जाय आशिल्लें न्हीं तें सगळें बरोवन ती सगळी धुवेक आनी जांवयाक म्हण बरयलां. सगळें तुजेंच. तुका जें कितें जाय तें तूं दवर.''

''तें कितेंय आसूं. म्हाका सुझान आनी जांवयाकडेन हे गजाली विशीं भासाभास करपाक आवडना. हो व्हडलो पलंग म्हाका घे म्हणटात तीं. म्हाका नाका तो. त्याच खातीर हांव म्हणटां ही गजाल मृत्युपत्रांत घाली जाल्यार भासाभास जावपाक आदार उरचो ना.''

''तांकां जाय तशें कर न्हीं तूं. हो व्हडलो पलंग तुका घे.''

''नाका, नाका. म्हजे आंगवळणेक पडिल्लो आसा तो पोन्नोच म्हाका मेळपाची वेवस्था कर पळोवया.''

कवीन म्हळें ''बरें आसा. त्या खातीर मृत्युपत्रांत 'म्हजे घरकान्नीक म्हजो पोन्नो पलंग आनी ताचे वयल्यो वस्तू दिवच्यो अशें एक विधान घालून घेतां.''

दुसरे दिसा हें वाचतकच धुवेक आनी जांवयाक मोटें अजाप जालें. ''नवें तितलें जाय, पोन्ने नाका अशें म्हणपी मनशां आसतात. आमचे अम्माची वेगळीच तरा. ही पोन्नोच पलंग आपणाक जाय असो हट्ट धरता आनी मृत्युपत्रांतय बी तशें बरोवन घेता ती कितें म्हणून?'' अशे तरेची तांची भासाभास जाली. धुवेन आपणाले आवयक हें अशें करपा फाटलें कारण विचाल्लें.

ॲन शेक्सपियरान म्हळें ''म्हाका संवयेचो जाल्लो आसा तोच पलंग मेळचो इतलेंच बरोवन घेतलें.'' पूण खरेपणी कितेंयतरी वेगळेंच कारण आसा म्हणपाचें कळटालें. सुझानान म्हळें ''दुसरें कितेंय तरी कारण आसतलें. तूं तें सांगूंक तयार ना.''

ॲन शेक्सपियरान कांय खीण ओगी रावून म्हळें ''हय, आसूं ती खबर. आतां नाका ती.''

सुझान : ''आसूं जाल्यार आसूं! म्हाका तरी कित्याक जाय ती?''

तेन्ना तें उलोवणे थंयच थांबलें. थोड्या दिसांनी शेक्सपियर भायर पडलो. उत्तरक्रियाबी जाले उपरांत मृत्युपत्र वाचलें. त्या पलंगा संबंदान लोक उलोवंक लागले.

''शेक्सपियराक बायलेविशीं व्हडलोसो मोग नाशिल्लो. ताणे आपणाल्या मृत्युपत्रांत तिका आपणालो पोन्नो पलंग दिवपाची इत्सा उगतायल्या.''

सुझानान म्हळें ''अम्मान करून दवरिल्ले हे करणेक लागून पापाचें बेश्टें नांव खतावलें, अन्याय जालो ताचेर.'' घोवाकडेनूय ताणे आपणाली खंत उलोवन दाखयली.

ॲन शेक्सपियरीन तो पलंग आनीक सात वर्सां वापरलो. आनी आपलीयबी जीवन यात्रा सोपयली.

निमणो स्वास घेवपाचे आदले दिसा आपणाले धुवेक आफोवन तिणे म्हळें ‘‘तुका एक खबर सांगपाची आसा. आतां म्हजे दीस सोपल्यात. ती खबर हांव तुका सांगून उडयतां.’’

‘‘सांग पळोवया.’’

‘‘तुजो पापा भायर पडपा वेंळार म्हाका होच पलंग जाय अशें हावें मृत्युपत्रांत बरोवन घेतलें. तुवें आनी तुगेल्या घोवान नाका म्हणलें, हावें आयकलें ना. तुवें ते बरोवन घेवपा फाटलें कारण विचाल्लें; हावें तेन्ना तें तुका सांगलें ना आनी केन्नातरी सांगतां म्हणलें. आतां सांगतां हांव ती खबर.

‘‘सांग, सांग.’’

‘‘हें पळय, हे दोनूय पलंग आमच्या घरांत आमची भाग्यदेवता भितर सल्ली तेन्नाच आयले. तुगेल्या पापान हो आपणाक आनी म्हाका आनी तो आपणाल्या आवय आनी बापायखातीर हाडलो.’’

‘‘बरें, मागीर?’’

‘‘ताचो बापूय भायर पडलो तेन्ना, अम्मान, हो आतां म्हाका कित्याक जाय. तुकाच दवर तो अशें म्हणून पापाक दिवन उडयलो. तुगेल्या पापान तो घेतलो तेन्ना हावें हो म्हाका घेतां म्हणलें आनी तेन्नाच्यान हांव होच वापरतालें. अदीं मदीं केन्नाय हांव त्या पलंगाचेर न्हिदतालें. एक दीस असो एक प्रसंग घडलो आनी तेदीसच्यान त्या पलंगाक तेंकपाची लेगीत म्हाका वानसा उल्ली ना.’’

‘‘अशें कितें घडलें तर?’’

‘‘ते काळसारशे एके बायलमनशेक तुमी सगळीं वळखतात न्हीं? तुगेल्या पापाली बी नाटक कंपनी एक फावट हांगा आइल्ली. तेन्ना ती बायलमनीस आनी तिचे एके सांगातिणीचो तांचेकडेन दाट परिचय जालो. तीं ताच्या बिराडाक आसताली. हांगा येवन वताली. एक दीस सकाळीं हांव उठून तुगेल्या पापाचे कुडींत गेलें जाल्यार ती बायलमनीस हाचे कुशक पलंगाचेर न्हिदिल्ली म्हाका दिश्टी पडंली.’’

‘‘आवयस्स म्हजे!’’

‘‘...... पळयलें, दोळ्यांचेर हात धल्लो आनी फाटींसल्लें आनी तोंड धापून रावलें. सकाळीं हेर लोक आनी आमी सगळीं उठचे आदीं ती उठून भायर सरून गेल्ली. ती हांगा आइल्ली म्हणपाचें हांव सोडून कोणाकूच खबर ना.’’

‘‘अशें न्हीं?’’

‘‘बायलमनशेन दुसऱ्या दादल्याकडेन निती भायरे संबंद दवरचे न्हीं म्हणटात. त्याच न्यायान दादल्यान दुसरे बायलमनशेकडेन अशे निती भायरे संबंध दवरचे न्हीं अशें हांव

म्हणूक शकलें ना पळयलें मुगो? पूण म्हज्या घरांतूच अशे तरेन एक बायलमनीस येवन म्हज्याच घोवाच्या बिछान्यात न्हिदिल्ली तें म्हज्यान सोसूंक जालेंना. त्या पलंगाची याद जाल्यारूच म्हाका वीट येवपाक लागलो. ताका हांव केन्ना तेंकचें लेगीत ना अशें हावें थारायलें आनी तशेंच केलें. ''तुवें हट्ट धरिल्लो तो कित्याखातीर तें पापाक कळ्ळें आसतलें न्हीं?''

''कशें कळटलें? हावें तो विशय केन्ना काडलोच ना.''

''अम्मा, कितली सोशीक गे तूं? तुवें पापाले असले करणे विशीं केन्ना तिडक उगतायलीच ना न्हीं?''

''तुमचो पापा एक प्रतिश्ठीत मनीस आशिल्लो मुगो बाय. हांव एक अडाणी सामान्य मनीस. लग्ना पयलीं हाचेर जीव ओतलो. आमचे कुडी-मनाचे संबंद आयले आनी म्हाका दीस गेले. दुसरो कोणूय आशिल्लो जाल्यार कितें करतलो आशिल्लो कोणाक खबर. तुजो पापायबी मातसो फाटी-फुडें जातालो. दुसऱ्या कोणायकडच्यान म्हाका दीस गेल्ले आसत काय अशा दुबावान. उलोवन मात दाखयलें ना ताणें. म्हाका कळटालें. हावें सोपूत घेवन सांगलें 'तूं सोडून केन्ना दुसऱ्या दादल्याक पळोंवक लेगीत ना हावें.' ताणे विस्वास दवल्लो. आनी आमचें लग्न जालें. म्हजी अब्रू राखली ताणे. लग्ना उपरांत पांच म्हयन्यानी तुजो जल्म जालो. तुजो तोंडावळो, नाक, दोळे, ओंठबी पळोवन, ताकाच कित्याक पुराय भोंवतणच्या वाठाराक तूं ताचीच धूव म्हणपाचें कळ्ळें. मागीर सगळ्यांचीं तोंडां बंद जालीं. ताचेंय बी समादान जालें. दर आंगान पापासारकी दिसपी आनी म्हाका उपाट खोस दिल्ली म्हजी धूव तूं.''

''हेर गजालींचें म्हाका खबर ना. पूण हांव सामकें पापासारकें दिसतां अशें सगळेच जाण म्हणटात.''

''हय मुगो?''

''बेन अंकल एक दीस पापाक म्हणटालो 'जांणा विल्यम, ॲन् देवीन तुका सगळ्या सगळो गिळून बायलमनीस करून भायर हाडला काय दिसता, सुझानाक पळयल्यार!' अशें म्हणून.''

''जालें ना? मागीर? तूं तुज्या पापासारकें दिशिल्ल्यानच आमचो संवसार तिगलो. तूं जल्मल्लें तो दिसूच बरो आशिल्लो. तुमच्या पापाक दुडू मेळ्ळो, नांव मेळ्ळें, पापाचें रीण सोपलें, ताणे नवें घर घेतलें, एक प्रतिश्ठीत नागरीक म्हणून जगलो तो. असलो घरकार मेळप म्हळ्यार हावें पुण्य केल्लें म्हणपाचें.''

''अम्मा, खरेंच तूं एक खूब सोशीक अस्तुरी. म्हगेल्या घोवान अशें कितेंय केलें जाल्यार हांव इतलें सोंसून घेवंक शकतलें काय कितें म्हज्यान सांगूं नज.''

“आगो पिशा! तुगेलो घोव तसलो न्हीं आं, तूं अशें म्हणटा तें. तो तसलो जालो जाल्यार तूंय बी सोंशीकूच जातलें.”

“अशें म्हणटा तूं?”

“हय, अशेंच! सोडती खबर. म्हजो जांवंय एक प्रामाणीक मनीस आनी तूंयबी भाग्यवान. सुखान संवसार करात अशें म्हणटां म्हणून हांव स्वताक दुर्भागी समजतां अशें मात तूं समजूं नाका. हांवूय बी भाग्यवानूच.”

हें उलोवणें जाले उपरांत दुसऱ्याच दिसा ॲन् शेक्सपियर हो संवसार सोडून गेली. तिगेलीयबी कूड घोवाले समाधी कुशीक दफन करून थंय तिची समाधी बांदली.

☆☆☆

8.
टॉल्सटॉय महर्षिंचे भोजवृक्ष

धनिकाचो पूत म्हण जल्म घेवन, धनीक तरणाट्यावरी अनितिचें जिवीत सारून, एक सैनीक म्हण नांव कमावन, अप्रतीम अशे ग्रंथ रचून, साहित्य केसरी अशी नामना मेळोवन वडलांचे आसपतीचो मुखेली ह्या नात्यान ती वाडोवन, एक संवसारी मनीस जावन, सूख भोगून व्हडविकाय अणभवून मेकळो जाल्ल्या रईस लियो टॉल्सटॉयाच्या जिवितांत मध्यम पिरायेचेर खूब खर अशी निरशेणी आयली. प्राणत्यागाबगर दुसरी सुटका वाट ना अशें तिव्रतायेन दिसपा मेरेन तो वैराग्याचे भकीक पडलो.

कुटुंबीक दायजांतल्यान आस्तीक मनोधर्माच्या वातावरणांत वाडिल्लो तरणाटो, विद्यार्थी दशेंत चिंतनाची प्रवृत्ती निर्माण जाली आनी अनिश्चिततायेंत घुसपलो आनी देव ना म्हणपाच्या निर्णयामेरेन पावलो. अशे स्थितींत जगप सोपें न्हीं हो विचार मनात घट जालो. सुखासमाधानान दीस सारप हो. सामान्य मनशाचो मनोधर्म होच एक योग्य असो मनोधर्म म्हणपाची थारावणी ताणे मनात थीर केली. धनीक, सुखान जगपी आनी भलायकेन बरे आशिल्ले लोक कशेतरी अतृप्त उरतात आनी मनःशांती व्हगडावन बसतात. जाल्यार दुसरेवटेन धनदुर्बळ, मोट्या कश्टांनी दीस सारपी आनी भलायकी बरी नाशिल्ले सामान्य लोक इतल्या सगळ्याक खरें जिवीत मानून मोटे खोश्येन ताका वेंगायतात. होच खरो मनोधर्म, जिवीत हेंच दैव, अशें मानून घेवपांतूच शाणपण आसा. हेंच सांसणांचें थीर अशें सत्य म्हणपाचें गिरेस्त लियोच्या ध्यानांत आयलें.

असल्या सरळ साद्या मनशांक गुलामपणांत दवरून अपणासारक्या गिरेस्त लोकांनी त्या भोवसंख्य लोकांच्या कश्टांची जोड आपणासारक्या थोड्यांच्या गरजांखातीर खर्चुवप हो अन्याय. तो असोच चालू उरचो म्हणून गिरेस्तकाय जोडप, ती तिगून उरपाखातीर तिची राखण जावपाक कायदे घडोवप, ते चलणुकेंत हाडपाखातीर अल्पसंखेन आशिल्ल्या जाळवणदारांनी आपणालेंच सरकार घडोवप, शासन चलोवप शक्य जावचें म्हणून

सैन्याचो उपेग करप, अशे तरेन राष्ट्रा फाटल्यान राष्ट्रां निर्माण जावन थोड्यांमदीं विवाद-तंटे जावन झुजां सुरू जावप. अशें हें दुश्ट चक्र नागरीकतेक एक पिडा जावन पडलां. हाचो अंत दिसना जाल्ल्यान मनीस जातीच्या वांट्याक शांतताय येवंक पावना. हो लियोन काडिल्लो निमणो निश्कर्श आशिल्लो.

सांगपाचें म्हळ्यार आस्पत ही मनीस कुळयेच्या कल्याणाक आडखळ थारिल्ली सगळयांत पयली व्याधी.

म्हणटकच आपणे हाचेमुखार आपणाली वारसो हक्कान मेळिल्ली आस्पत वापरूंक फावना. आपणे जोडिल्ली जोड लेगीत आपणाली अशें म्हणून सांबाळून दवरूंक फावना. आपणे बरयल्लीं पुस्तकां आपणालो हक्क सांबाळपाखातीर तीं दुसरे छापूंक सोदलले तेन्ना आडखळ हाडूंक जायना. म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार हाचेफुडें कसलेय परिस्थितींत हें म्हजें अशें म्हणून हावें म्हजो हक्क सांगूंक फावना.

अशा निश्चेवाचेर पाविल्ल्या टॉलस्टॉयान आपणे हक्काचे सगळे आस्पतीचो त्याग केलो अशें उगतेपणी सांगून सोडलें. ही खबर लोकांक कळची म्हणून जाहीर केली. आपूण पाश्चात्य लोकांचो आधुनीक युगांतलो एक संत जालो आनी एक तत्वगिन्यानी म्हणून नांव मेळयलें. हेर धनीक लोकांनी आपणासारकेंच करपाची गरज आसा कारण लोकांची परिस्थिती सुदरपाखातीर तें करप गरजेचें. भोव संख्येन लोक अशें करूंक फुडें येतलो अशें आंवडे उगतावन ताणे आपल्या मनाक थंडाय दिली.

समाजांतल्या विचारी लोकांक श्रीमंत लियो हो एक विचारान उदार आनी निश्पाप मनाचो म्हणपाचें दिसून आयलें. तो भोव उदात्त भावनांचो मनीस अशें म्हण ताणीं ताचे विशीं मत उगतायलें. ताणे केल्ल्या त्यागाची व्हडविकाय मानून घेवन ताची तुस्त-तोखणाय केली. पूण भोवसंख्य लोक ताणे आपणायल्ली ते वाटेन वचपाक तयार जालेना. जिवितांत अशे तरेचें धोरण आपणावप एके व्यक्तीक शक्य जांवये. पूण एका जनसमुदायान आपणांव येत इतलें तें सोपें नाशिल्लें. म्हज्या हातांत आसा तें अन्न म्हजें म्हणप चूक थ.रलें जाल्यार कोणूय मनीस जेवंक कसो पावतलो? हेर लोकांचें सोडून दिवया, महर्षीच्या घरांतूच हें तत्व शंबर टक्के चलपासारकें नाशिल्लें. वाडवडलांची आस्पत नाका, आपणे जोडिल्ली आस्पत नाका, आपणाल्या पुस्तकांचेर जोडिल्ली येणावळ नाका, आपणाली स्वताची अशी जोड नाका जाल्यार घरांतली दिसपडटी जीण चलप कशी?

एकटो आशिल्लो जाल्यार 'हांव उपाशीं रावतां' अशें म्हणुयेतालें. टॉल्सटॉयाच्या घरांत ते घटके मेरेन सुखान जगून आइल्ली ताची घरकान्न सोफियादेवी आशिल्ली. तांचीं भुरगीं-तीन तरणाटे पूत आनी तीन तरणाट्यो चलयो. गिरेस्त घराण्याचे परंपरेक धरून आश्रीत जाल्ले भाव आशिल्ले. नामनेचो लेखक आशिल्ल्यान वळखिचे लेखक बी येवन

वताले. तांचे भितर आसताले दुर्बळतायेन कंगाल जाल्ले लोक, हो सावळेवरी आशिल्लो आदार सोडलो जाल्यार दुसरेकडेन अन्न मेळूंक मारामार अशे तरेचे लोक. ह्या सगळ्यांक दिसपडटें सवंयेचें जेवण मेळपाक जाय. जाची सबंय जाल्ली तें सूख मेळपाक जाय. हें सगळें चलपाक उपाय कितें?''

श्रीमंत लियोचे घरकान्नीन चितलें- घरकार कितें म्हणटा तें म्हणूं. ही आस्पत आनी ही येणावळ नाशिल्ली जाल्यार हांचे भितल्ले कोणूच जिवे उरचे नाशिल्ले. इतलें न्हीं तर घरकारूय बी उरचो नाशिल्लो अशें म्हणपाइतल्या निश्कर्शाचेर ती पावली. आस्पत नाका अशें तो म्हणूंक शकता. हांव कशें म्हणटलें? भुरगीं कशीं म्हणटलीं? अशें म्हणून तिणे घोवान सोडून दिल्ले वेव्हार आपणाल्या हातांत घेतले. महर्षी लियोन आपणालें तत्वगिन्यान प्रतिपादन करून ते प्रमाण चलणूक सुरू केली, दुसरे वटेन ताचे उरफाटें आस्पत आनी येणावळीचो सांबाळ करून ताचे घरकान्नीन घोव, भुरगीं, घोवाचे इश्ट, ताचे भाव आनी हेर इश्ट-अतिथींची ऊठ-बस चालू दवल्ली.

ह्या इश्टां मदीं चेर्टकाफ, गोर्की आनी सूलर जेट्स्के हे तीग जाण आशिल्ले. चेर्टकाफ हो खूब खर असो समतावादी आशिल्लो. आस्पत सांबाळून रावप ही समाजाचो नाश करपी अशी एक वेवस्था म्हणपाचो ताचोयबी घटमूट असो विस्वास आशिल्लो. टॉल्सटॉयान मांडिल्लो स्वामित्वाक विरोध करपी वाद उखलून धरप्यांमदली ही एक व्यक्ती आशिल्ली. गोर्कीचोय बी आस्पत सांबाळपाक विरोध आशिल्लो. पूण आस्पत आसची अशें म्हणपी तिचो दुरुपेग जावपाइतली ती आसची न्ही अशें म्हणून नव्या विचारांचे हे लोक आपणाले नितीचोच दुरुपेग करतात असो पवित्रो ताणे घेतलो. सूलर जेट्स्के थोडो हेवटेन थोडो तेवटेन धुलत रावून दोनूय वादांच्या मध्य मार्गांतली भूमिका ताणे घेतली.

महर्षी लियोच्या घराकुशीक भोजवृक्षांचें रान आशिल्लें. ह्या झाडांक तो वाठार खूब अनुकूल असो आशिल्लो जांवये. टॉल्सटॉयाचे तरणे पिरायेर ते सुवातेर थोडे रूख आशिल्ले. त्या थळाची आनी त्या रुखांची ताच्या मनाक ओड निर्माण जाली. थंयच ताणे शंबरेक नवे रुख रोवन घेतिल्ले. मागीर ते वाडत राविल्ले पळोवन तो खोशी जाल्लो. आस्पतीचो स्वता स्वामी जाल्लो तेन्ना थंयच आनीक शंबर रुख रोवन घेतिल्ले. ते बरे तरेन वाडोवन थंय एक उपवन कशेंच निर्माण केल्लें. हे गजालीचो ताका खूब अभिमान दिसतालो. कोणूय अतिथी आयले जाल्यार तांका थंय व्हरून ते आपणे वाडयल्ले रूख म्हणून अभिमानान दाखयतालो. पिराय जाली तेन्ना आदाराक कोणाकूय घेवन तो त्या उपवनांत वचून येतालो. भलायकी इबाडली तेन्नाय अशे तरेन एक फेरी मारून तो येतालो. भोंवप चडूच कठीण जालें तेन्ना मात तो पडवेंत बसून रुखांवटेन पळोवन खोशी जातालो. सगळीं प्रेम बंधनां तोडून मेकळो जाल्ल्या रुशीक एका हरणाची काकुळट येता आनी तें

ताचे मायेच्या पांख्याखाला व्हड जाता अशी एक भारतीय पुराणांत कथा आसा. तेच तरेन आस्पत आनी येणावळ समाज हिताक वायट म्हणून तांचो त्याग करून मेकळो जाल्ल्या, त्या अर्थाचें तत्वगिन्यान मांडिल्ल्या रुशितुल्य अशा लेखकाग्रणीक आपणाल्या भोजवृक्षांच्या उपवनाविशीं स्वताच्या ध्यानात येवंक पावलोना अशे तरेचो स्वाम्यभाव निर्माण जाल्लो.

घरांत खर्चाक दुडू जाय जालो तेन्ना सोफियादेवीन त्या उपवनातलीं धा झाडां विकपाचें थारायलें. बरी वाड जावन आंगान उपाट भरिल्ले रूख ते. मोल भोव बरें येवं येतालें. जायते जाण येवन पळोवन मोलावन गेल्ले. ही खबर टॉल्सटॉयाच्या कानार पडली. ताणे म्हळें ''शे, शे! कायबरें सोबीत रान तें रूख विकून तें कितें पाड घालप बरें दिसता? सगळे रूख आसूं तशे.''

हें आयकून सोफियादेवीन ती येवजण सोडून दिली. झाडां रोवन वाडोवन काडिल्लो आपणालो घरकार आतां भलायकी इबाडिल्ल्यान अडला. एका जाग्यार बसून झाडां पळोवपाचें सूख भोगता. आतां आनीक थोडे दीस हें सूख भोगूंक पावतलो काय आपणालें जिवीत सोपोवपाकडेन पावला तें सांगू नज. आतां कित्याक बेशटीं हीं झाडां कातरून ताचें मन दुखोवया?

हें अशें जालेउपरांत थोड्याच दिसांनी टॉल्सटॉयान दान केल्ल्या एका खेडेगावांतले शंबरेक कामगार लोक येवन चेर्टकाफाक मेळून सांगूंक लागले ''आमकां कोणाकूच स्वताचें घर नाः ल्हान ल्हान घरां बांदची म्हणटात. धनयाक सांगून आमकां घरांखातीर ह्या रानांतले थोडे भोजवृक्ष दिवंक लायात. घरां बांदून घेतात, ताणीं मन मोठें केलां. आपणाक आस्पत नाका म्हणटात ते कोणाचे कोणूय येवन थंयचीं झाडां कापून व्हरतले. तीं आमकां दिवंक सांगात.'' अशें ताणीं मागणे केलें.

चेर्टकाफान ही खबर टॉल्सटॉयाक सांगली. ''कशेंय आसलें तरी आस्पत नाका म्हणपी मनीस तूं. खरेपणी हो तुजो स्वताचो निर्णय. हें साबार लोकांक कळपाखातीर एक बरी संद आइल्ली आसा. ह्या कामगार लोकांचें मागणें मानून घे.'' अशी ताणे ताका सुचोवणी केली.

टॉल्सटॉयान रोखडीच तशी कांयच जाप दिली ना. चेर्टकाफान परतून एकदां ती खबर काडली. ''आस्पत नाका अशें म्हणटकच हावें आनी मत दिवपाचें कितें उल्लां? ते थंय कामगार लोक आनी हे आसात हांगा भोजरूख.'' अशें म्हणून टॉल्सटॉयान जाप दिली. हीं तागेलीं खोश्येन उलयल्लीं उतरां नाशिल्लीं. चेर्टकाफाक हें खबर आशिल्लें. पूण ताणे त्या उलोवण्याचो सुलभतायेन उपेग करून त्या लोकांक रूख कातरपाक कांय आडखळना अशें म्हणून फुडें सल्लो.

ही खबर सोफिया देवीक कळ्ळी. तिणे म्हळें ''घरकारान रोवन वाडयल्ले रूख कातरून घेवप नाका अशें म्हणून हांव ओगी रावलें. ते रूख कोणाचे कोण येवन कातरून व्हरपाची मांडणी करता?'' अशें म्हणून तिणे ते आडायले.

चेर्टकाफान म्हळें ''रुशी समान आशिल्ल्या तुज्या येजमान्याचे औदार्य तुजे करणेन निर्फळ जातलें. तुमकां बऱ्याक पडचेंना अशें केल्यार.''

तिणे जाप दिली ''म्हज्या येजमान्याचें औदार्य फळाक येवंदी म्हणपाक म्हजेपरस तुका ताची व्हडविकाय चड काय कितें? ही बळजबरी करपाची गरज ना. तुमी सगळे जाण हांगा येवन जेवता खातात पळय तें ही आस्पत ना जाल्यार खंयच्यान येवपाचें? कसो चलपाचो संवसार? आमचें कितें आसा तें आमी पळयतात. तुमी मदीं जाळवण्यो करपाक येवंनाकात.''

उतरान उतर वाडलें. तोंडाक तोंड जालें. चेर्टकाफान म्हळें ''येजमान्न सोफियाची बुद्द भ्रश्ट जाल्या.'' असो निर्णय घेवन ''ती जायतें म्हणूं, हांव घरधनयाचें मत चलणुकेंत हाडटलो.'' त्या कामगार लोकांक ताणे सांगलें ''तुमी येवन झाडां कातरून व्हरात.''

कामगार लोक आयले, झाडां कातरपाक सुरवात केली. सोफियान दुडू दिवन दुसऱ्या थोड्या लोकांक आफोवन हाडले, तांका आडावपाची वेवस्था केली. कामगारांक बरो पेट पडलो. त्या लोकांनी ही एक दुश्ट बायलमनीस अशें म्हणून तिची निंदा केली. त्या वेळार तें काम बंद जालें. दुडू दिवन हाडिल्ले चाकर परते गेल्ले आनी फाटोफाट ते कामगार परतले. ताणी झाडां कातरलीं. लोळगे, वांशे, अशें सगळें लुटून घेवन गेले. धायेक फावटी ताणी अशे तरेन झाडां कातरून व्हेलीं. तितलेय फावटी सोफियान तांकां आडावपाचो येत्न केल्लो. स म्हयने सोपतासर भोजवृक्षांचें रान शेताचे जमनीवऱी उगतें मळ जालें. थंय रान आशिल्लें म्हणपाच्यो कुरवो म्हळ्यार खरवतीन कातरून सोडिल्ले झाडांचे मुळाकडले फकत मुंडके.

हें सगळें घडटालें तेन्ना टॉल्सटॉय कितेंच उलयलो ना. रूख आशिल्ले तशे उरचे ही ताची इत्सा आशिल्ली. म्हण सोफिया जाणा आशिल्ली. पूण तिगेले सगळे येत्न फुकट गेल्ले. ती सामकी पिशीकशी जाली. टॉल्सटॉय तोंडान उलोवन दाखोंव नज अशेतरेच्या एका दुख्खाचो बळी थारलो. ताचो फकत घुस्मटमार जालो.

मागीर एकदीस तो कोणाकूच सांगनासतना घरांतल्यान भायर सरून गेलो. तो गेले उपरांत बायलभुरग्यांक कळ्ळें. ताका सोदपाखातीर कोणा कोणाक फाटल्यान धाडले. तांकां तो एका रेल्वे श्टेशनाचेर दिसलो. तेन्ना तो सामको थकिल्लो. स्टेशनाचेरूच रावलो. तो थंय आसा अशें कळटकच सरभोंवतणेंतले कांय लोक थंय पावले. थंयच्यान तांकां दुसरेकडेन व्हरपाची ताणी तजवीज केली. ही येवजण चलणुकेंत येवचे पयलीं त्या

स्टेशनाचेरूच ताणे निमणो स्वास घेतलो.

रूख ना जाल्ल्याचें दुख्ख ताच्यान सोसूं नज जालें जांव ये? घरकान्न आपणाल्या औदार्याआड आइल्ल्यान तो बेजारिल्लो बी? आस्पत आसूंक फावना अशें तत्व मांडुनूयबी त्या रुखांवयले सत्तेचो अभिमान बाळगिल्लो तो ताचें मन पोखरी नाशिल्लो मूं? खंयचेय एके दुख्खाचे भावनेन भरकटत उरून ताचो अंत जालो नामूं? काय तिनूय भावनांनी ताच्या मनात धुमशेण कांडलें?

हे विशीं कितेंय सांगपासारको आतां कोणूच ना.

☆☆☆

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002359

9.
कुचेलाचें भाग्य

"श्रीकृष्णासारको इश्ट आसतना तुमी असह्य अशी ही दुर्दशा कित्याक सांसूंक जाय काय म्हणटां हांव? वचून पळयात तरी. जें कितें तो दिता तें घेवन येयात तुमी. हुसक्याविणे दोन घांस खावया म्हणटां हांव."

सुदामा भूदेवाचे घरकान्नीन ही खबर हाचे आदीं ताका शंबर फावटी तरी सांगिल्ली. ही आतां एकशें एकावी फावट जाली आसतली.

पयलीं शंबर फावटी ताणे "ही असह्य अशी दुर्दशा म्हजे पुर्वज भोगीत आयल्यात. आमचो तो कुळधर्मच जावन पडला. तो हावेंच कित्याक सोडचो?" अशें म्हणिल्लें. त्या दिसा मात ताणे तशें म्हळेंना. ताची घरकान्न आदले राती कडेन जेविनासतना न्हिदिल्ली. आपणाल्या हट्टाकलागून तो गरीब दुबळो जीव मरचो न्हीं अशें चिंतून ताणे म्हळें "बरें आसा, वचून पळयतां."

घरकान्नीक कितें करूं कितें नाका अशें जालें. तिणे म्हळें "वतात जाल्यार रिकाम्या हातानी वचूं नाकात" आपूण ज्या घरांत कामांत हातभार लायताली त्या एका आस्पतदार अशा शेजाऱ्यागेर वचून तिणे दोन मुठी फोव हाडले आनी घोवाच्या खांदार घेवपाच्या शेल्याचे गांठीक बांदून ताका म्हळें "चलात, येयात वचून."

सुदामाक कुचेला अशें नाव पडपाक जायनाशिल्लें न्हीं? ताचें आंगावयलें वस्त्र सामकें पोन्ने आनी म्हेळें जाल्लें आसतालें. त्याखातीर लोक ताका 'कुचेला' म्हणून उलो करतालें. हेंच नाव लोकांचे संवकळीचें जालें आनी लोक ताचें सुदामा हें नावूच विसरले.

II

इश्टाक मेळपाक वचपाचे वाटेक लागलो आनी ताका दुबाव येवंक लागलो. कृष्णाक आपणाली याद आसत काय ना? कृष्णाच्या नगराच्या दरवट्यामेरेन पावलो

तरी ताचो दुबाव उणो जालो ना. तो चिंतूंक लागलो. ''हीं कसलीं पिशेपणा? राजा जाल्लो कृष्ण म्हजी आनी याद वाळगून कितें आसतलो? मुकाट्यानी घरा परतपूच समा जातलें, अशें ताका दिसलें.

कुचेला थंयच उबो रावलो. रावलो पूण फाटीं सरलो ना. कृष्णाविशीं अशें चिंतप? त्याभायर घरकान्न म्हाका कितें म्हणटली? तिणे कृष्णांक केन्ना पळोवंक ना. अशें आसतनाय तो इश्टाक वळखतलो ही तिका खात्री. आपणे इश्टाक पळयला आसतना आपणाक असलो दुबाव?

आसुंयेत कृष्ण एक राजकुमार. पूण तो केन्ना आपूण राजकुमार आशिल्ल्याच्या अहंकारान चलिल्लो? बलराम अण्णान कितलेशेच फावटी ताका संगळ्यांवागडा चड लागसारपणान चलता म्हण शिटकायल्लो. पूण कृष्णान ताका जाप दिल्ली ती एकूच ''अण्णा, हावें बरेभशेन पळयलां तांच्या आंगाची कात तुजे म्हजे काती सारकीच आसा. खंयच्याय रूखाचे काती सारकी ना तांची कात.''

''कोणे म्हणलां वेगळी कात म्हणून? वाग, सोरोप शेवणे हांची कातूय थोडी भोव अशीच आसता.''

''अशें जाल्यार वाग, सोरोप, शेवणेयबी म्हजेसारकींच अशें धरून हांव चलतां तें तुवें सोंसून घेवंक जाय.''

आपणाल्या अण्णाक अशी जाप दिल्ली त्या श्रीकृष्णाची चलणूक आतां बदलल्या आसतली? शी, शी! अशें चिंतप म्हळ्यारूच पाप शें!''

अशें म्हणून सुदामान पावल फुडें घालें. तेन्ना ताका येवजलें ''बेश्टोच फाटीं परतलों जाल्यार बायलेक आनी कितलेच फावटी उपाशीं न्हिदचें पडत.

तो स्वता जाणा आशिल्लो. न्हीद येवपाक जाय? पोट भरल्यार पुरो. हांतरुणाचीय बी गरज ना. भुकेल्ल्या पोटार न्हिदलो जाल्यार न्हीद येवप कठीण. परतून ताका दिसलें. कृष्ण विसल्लो अशें म्हणलें जाल्यार अजाप कसलें? कृष्ण सगळ्या हेरांभशेन जालो. विसल्लो ना जाल्यार तो ताचेचभशेन म्हणपाचो.

निमाणेकडेन ताच्या मनान म्हळें कृष्ण हेरां सगळ्यांबरी? कितें चितप हें? कृष्णासारको कोणूच ना. कृष्ण कोणाचभशेन न्हीं. कृष्ण हो कृष्णूच.

अशी आपणालीच खात्री करून ल्हवपीक मनान तो कृष्णाच्या नगरांत वचपाक फुडें सल्लो.

III

तो गावांत भितर सरतनाच ताका सामकारूच एक मिरवणूक येता ती दिसली.

मदीं एका धाकट्या रथार एक भुरगें बशिल्लें. ताचे भोंवतणच्यान खूब लोक चलत येताले. तो कसलो तरी उत्साव आशिल्लो.

सुदामो एके कुशीक उबो रावलो. तेन्ना ताका कृष्ण त्या रथा कुशीच्यान चलत येता तो दिसलो. तेच वांगडा कृष्णान आपणाक पळयला अशेंयबी ताका दिसलें.

पळयला आसतलो ताणे? वळखला आसतलो तो? मनात प्रस्न उटठात थंयच आसा ''अण्णय्या'' म्हणून कृष्णान उलो केल्लो ताणे आयकलो. दोनूच खिणांभितर कृष्ण ताचे म्हऱ्यांत पावलो आनी ताका वेंगेंत घेतलो. ताणे विचाल्लें ''आतांच पावला? यो, ह्या भुरग्याक मंदिरांत सोडून मागीर घरा या.'' अशें म्हणून ताणे ताका ओडून व्हेलो आनी परतून रथाकुशीच्यान चलूंक लागलो.

सुदामाक कृष्णाची ती थाव नाशिल्ली माया अणभवून खूब खूब आनंद जालो. कृष्णाच्या हातांत ताचो हात नाशिल्लो जाल्यार ते घुंवळीन तो सकयल पडूंक शकतालो. कृष्णान ताका लागीं ओडून धल्लो आनी वांगडच्या सगळ्यांक ताची वळख करून दिली. ''हो सुदाम, गुरुकुलांत आसतनाचो आमचो वडील भाव.'' मिरवणूक धायेक पावलां चलली आनी देवळामुखार पावली. कृष्णान वांगडच्यांक सांगलें ''तुमी भितर वचून पुजा सुरू करात. हांव हाका घराकडेन पावोवन परतो येतां.'' अशें म्हणून ताका घेवन घरा वचपाक गेलो.

सुदामान म्हळें ''म्हाराज, पुजा सोपयात पयलीं मागीर या आमी घरा.''

कृष्णान म्हळें ''म्हाराज न्ही, 'किच्चण्णा' आनी 'येयात' न्हीं, 'यो' म्हण.''

सुदामान म्हळें ''बरें बरें, पुजा सोपोवन यो मरे किच्चण्णा''

कृष्णान म्हळें 'आं! आतां शाणो जालो. पूण हांव म्हणटां हांव हांगा ना जालो जाल्यार पुजेंत कांय उणें जावचें ना. तूं पयसुल्ल्यान आयला. तुजी ऊठबस करप हीय बी एक पुजाच. आचार्य म्हणटाले ती याद ना तुका? 'अतिथि देवो भव' म्हणून?

सुदामान मनांत म्हळें ''हय, कृष्णासारको कोणूच ना. कृष्णाची तुळा कोणाच कडेन जायना.''

थोड्या वेळान ते एका घरामुखार पावले. सुदामाक त्या घरामुखार एक राजकुलीन बायलमनीस उबी आशिल्ली दिश्टी पडली. ते येतात ते पळोवन ती घरांत गेल्लीय बी दिसली. ताणे ती कृष्णाची राणी आसतली म्हण पारखिली. कृष्णान म्हळें ''ती रुक्मिणी. आमी येतात ते पळोवन ती भितर गेली.''

सुदामान मनात म्हळें 'सारकें तिचें. घोवावांगडा कोणूय येता आसत जाल्यार ती थंयच उबी कशी रावतली? दुसऱ्यास खिणाक तीच म्हूर्त हातांत भांगराचें पात्र घेवन परतून दारांत दिश्टी पडली.

इतल्या भितर ते बरेच लागीं पाविल्ले. कृष्णान रूक्मिणीक म्हळें ''गुरुकुलांत आसतनाची आमच्या अण्णय्याची खबर सांगिल्ली न्ही तुका, आनी केन्नातरी तो येतलो म्हणिल्लें न्हीं? हो पळय आज आयला तो.''

रूक्मिणी देवीन हांसत म्हळें ''आपूण जावन येवनी म्हणून ओगी रावल्यार अशेंच जावपाचें. आपोवणें धाडिल्लें जाल्यार ते तेन्नाच येतले आशिल्ले. पळोवपाची उमळशीक लागिल्ली. पूण केन्ना आपोवणें मात धाडलें ना. कितें चुकलें तांचें?''

कृष्णान म्हळें ''हय, सगळी चूक म्हजीच. जाणा हांव. तरीय बी आमचो अण्णा आमगेर आसतलो तो मेरेन तरी म्हाका तसलो दोश दीत रावं नाका तूं. ताका त्रास जातात तें आयकून.''

रुक्मिणीन म्हळें ''सगळें तुमचेंच चुकलें अशें जावपाक कित्याक जाय. हांव म्हजेर थोडें घेतां'' अशे म्हणून ती लागीं आयली.

''तुमी आपोवणे धाडि नासतनाय बी भावोजी आपले आपूण याद धरून आयले. तेंच व्हडलें समाधान म्हणूंक जाय.'' अशें म्हणून कुचेलाच्या पांयार तिणे उदक घालें. जमनीर व्हांविल्ल्या उदकांत हात बुडोवन तें आपणाल्या माथ्यार शिंपडायलें.

श्रीकृष्णान म्हळें ''अशीच ही बुद्द ह्या बायलांची म्हज्या माथ्यार दोन थेंबे शिंपडायल्यार हांव नाका म्हणटलों आशिल्लों?''

रुक्मिणीन म्हळें ''घोवान आपूण जावन धाकूटपण घेतलें म्हणून बायलेच्यान तें ताचेर थापूं येता हय तर?'' अशें म्हणून तिणे ताचेरुयबी तें उदक शिंपडायलें. मागीर सगळीं घरांत गेलीं.

IV

कृष्णान इश्टाक मोवमोवशा आसनाचेर व्हरून बसयलो. अण्णय्याक दुसरे कपडे दिवपाक ताणे रुक्मिणीक सांगलें. तिणे न्हेसपाक एक वालो आनी आंगाक घालपाचें एक वस्त्र हाडून दिलें. कृष्णान ताका नवे कपडे घालूंक सांगलें. रूक्मिणीन घरांत वचून भांगराच्या दोन ताटांनी फळार हाडलो आनी तांचे म्हऱ्यांत दवल्लो.

कृष्णान इश्टाचे पोन्ने कपडे घेता आसतना खांद्यावयल्या शेल्याच्या पोंताक ताका एक गांठ दिसलीं. 'हें कितें?' अशें म्हणून ताणे ती गांठ सोडयली. कृष्णाची हवेली, ताचे किमती कपडे, आपणाक दिल्ले तसलेच किमती कपडे, सामकार दवरिल्ल्या भांगराच्या ताटांतले फळाराचे जिनस पळोवन आपणाले बायलेन दिल्ले फोव हो एक खावपाचो पदार्थ म्हणपाक खूब कठीण जालें. कृष्ण मोठ्या मनाचो. तो ते पळोवन हांसचो

ना हें ताका खबर आशिल्लें. पूण रुक्मिणी देवीचें कितें? ती राजकुमारी. कृष्णाची पट्टराणी, ह्या वैभवाची धनीण. ती हांसल्याबगर रावता? हें अशें आशिल्ल्यान तो सामको थंड पडलो. 'कांय न्हीं, सोडोंव नाका तें' अशें म्हणपाचो विचार ताच्या मनात आयलो पूण तीं उतरां भायर फुटलीं ना. हातूय हाललो ना. कृष्णान ती शेल्याची गांठ सोडयली आनी ते फोव हातार घेतले. हें कितें अण्णय्या? वयनीन म्हाका दी म्हण दिल्ले फोव तूं दिवपाक विसल्लो?'' एक घांसभर फोव ताणे तोंडात घाले आनी म्हळें 'काय बरे भाजल्यात रे!' हें आयकून रुक्मिणीन म्हळें ''बरे भाजल्यात म्हणून सगळे तुमीच खावन सोपोवं नाकात.'' अशें म्हणून घोवाच्या हातांतले उरिल्ले सगळे फोव तिणे घेतले. तातूंतले थोडे तोंडांत घालून म्हळें, ''हे थोडे दवरतां, मागीर खायात ते.'' अशें म्हणून तिणे उरिल्ले फोव एके वाटयेंत घाले.

सुदामाक हें सगळें तांच्या सौजन्याचें नाटक म्हणपाचें कळपाक वेळ लागलो ना. कशेंय आसूं ती फोवांची गजाल कसलोच अपमान बी जायनासतना सोपली म्हूण ताका समाधान जालें.

मागीर कृष्णान आनी इश्टान फळार खालो. कृष्णान दोन फावटी इश्टाच्या हातांत आशिल्ल्या खाणाचो कुडको घेवन आपणे थोडो खालो आनी रुक्मिणीक इल्लो दिलो. तो तिणे प्रसाद म्हणून मोटे व्हडविकायेन घेतलो.

सुदामाक हो अणभव सामको नवोच आशिल्लो. खोश्येच्या हुंवारांत तो उफेतालो. आपूण खंय आसां म्हणपाचेंच तो विसरिल्लो. कृष्ण आपणा म्हऱ्यांत आशिल्ल्यान सामको तृप्त जावन गेल्लो. ही रुक्मिणी देवीयबी कितल्या सरळ मनाची सम्राज्ञी म्हणपाची पळोवन ताका अजाप जालें. हें सूख भोगपाक आपूण एकटोच आयलों, घरकान्नूयबी आइल्ली जाल्यार बरें जावपाचें अशें ताका दिसलें आनी ताचो जीव इल्लो वयर सकयल जालो.

V

कृष्णाचो गुरुकुलांतलो इश्ट आयला म्हण कळ्ळें तेन्ना ताच्या नात्यांतलो एकेकटो मनीस सुदामाक मेळपाक आयलो. सुदामाक सगळ्यांनी भोवमानान अभिवादन केलें. कृष्णान वळख करून दितना ताची तरेतरेन वळख करून दिली. कोणाक ताणे सुदाम भोव मायेस्त म्हण सांगलें. कोणाक तो खूब श्रद्धाळू विद्यार्थी आशिल्लो म्हण सांगलें. आनी कोणाक तो प्रामाणीक असो गुरुभक्त म्हळें. आनी एकट्याकडेन तो गुरुपत्नीची सेवा करपी म्हण तोखणाय केली. एकट्याक ताणे सांगलें. हो इश्ट गुरुकुलांत आसतना आपूण ल्हान आशिल्ल्या कारणान आपणाल्या वांट्याचेंयबी काम करतालो. दोग जाणानी

उबारपासारको लांकडांचो भोरो एकटोच उबारतालो आनी घेवन वतालो म्हळें. जेवणाक वेळ जालो जाल्यार अतिथीगृहांत वचून थोडो फळार हाडून आपणाक दितालो म्हणपाचेंय सांगलें. अशे तरेचें स्तोत्रगायन आयकुपाची सुदामाची ही पयलीच फावट आशिल्ली. त्याखातीर ताची खूब कुचमण जाली. पूण कितें करतलो? उपाय नाशिल्लो. ताका इश्टाचे मायेचें सूख मेळटालें पूण हे कुचमणेक लागून ताका इल्ले मानसीक कश्ट सोसचे पडले.''

कृष्ण दुसरे दिसा ताका बलरामाच्या आनी आवय बापायच्या म्हालांत घेवन गेलो. तीं हाचेकडेन मायेन उलयलीं.''

कृष्णाच्यो, सत्यभामा एकटी सोडून, हेर राणयो सुदामाक ताच्या निवासांत येवन ताका नमस्कार करून आशिर्वाद घेवन गेल्यो. सत्यभामेन ''वडील मनशांनी येवन नमस्कारचो स्विकार करून आशिर्वाद दिवंचो'' अशें सांगून धाडलें. सुदामा तिच्या म्हालांत गेलो आनी आशिर्वाद दिवन परतलो.

ह्या सगळ्या गौरवाच्या घुस्पागदळांत आसतना सुदामाक आपूण कितलो व्हडलो आनी कितलो ल्हान म्हणपाचे गजालीचो सामको विसर पडिल्लो. हें सगळे ताका मोठेपणाचे भोवस्ताळे कशे दिसले. पूण हातूंतलें कितेंच नाका म्हणप ताका शक्य नाशिल्लें.

एक दीस रावून दुसरे दिसा बायलेची इत्सा कळीत करून आपणाल्या घरा परततलों अशें थारावन तो आइल्लों. हो बाबडो गरीब दुबळो. मोठेपणाचे हे सगळे खेळ खेळून जातकच आपणाले बायलेन आपणाक कित्याक धाडला ताचें कारण कृष्णाक सांगपाक तो शकलो ना. फाल्यां सांगचें, परां सांगचें अशें म्हणून तें काम मुखार वचत रावलें. एक सप्तक सोपलें तरी हाणे ती खबर काडली ना. कृष्णय बी हाका घरा परतुपाचें आसा म्हणपाचें भान ना जावन ओगीच रावलो.

सद्दां सकाळीं ते तळ्याचेर वचून न्हावन येताले. लोकूय येताले, गजाली जाताल्यो. मागीर पुजा, जेवण, थोडो विसव, दनपरां द्युताचो खेळ, सानचें संगीत, नृत्य, मागीर पुजा, जेवण, गजाली आनी मागीर न्हिदप. सुदामा राजभवनातल्या सुखाच्या प्रवाहांत सुखावलो आनी देहभान विसल्लो.

त्या द्युताच्या खेळाचें कितें जालें काय म्हणटात? हाका ताचे विशीं व्हडलेंशें कांय कळनाशिल्लें. पूण पयल्याच दिसा पयल्या डावांतूच ताणे कृष्णाक हरयलो. रुक्मिणी देवीन कुशीक बसून तांचो खेळ पळयता आसतना कृष्णाक उद्देशून गोड गोड गजाली करीत, सुदामाक उमेद हाडीत रावली. तो जिखचेखातीर ताका तशो सुचोवण्यो दीत रावली. निमाणें तिणे म्हळें 'पळयात भावोजी, तुमचे कडच्यान पयल्याच डावांत अशी हार घेवपी ह्या तुमच्या धाकट्या भावान म्हजे कडच्यान वा म्हज्या कोणा इश्टिणीकडच्यान इतले

दीस केन्ना हार घेतली ना."

कृष्णान म्हळें "दादलो दादल्याकडेन हरल्यार परवा ना. बायलेकडेन हरल्यार मूर्ख म्हणचे नात?"

रुक्मिणीन म्हळें "बरो न्याय हो तुमचो. कितल्याय दादल्यांकडेन हरुनूयबी आपणाले घरकान्नीकडेन हरूं ना म्हणपाची कीर्त पुरो जावची ना न्हीं मनशाक?" तिगांय मोठ्यान हांसली."

VI

अशे तरेन एक म्हयनो गेलो, दोन म्हयने गेले, तीन म्हयने गेले, चार म्हयने गेले. कृष्णान केन्ना ताच्या घरा परतुपाची खबर काडलीच ना. निमाणे एकदीस ताणे रुक्मिणी देवीक म्हळें "हांव फाल्यां घरा वचपाक भायर सरतां. म्हाका वचपाक मान्यताय दिवपाक सांग तुज्या घरकाराक.

देवीन म्हळें "आनीक दोन दीस रावून वचूंयेता तुमच्यानी. तुमची जीण भोव कश्टानी वता न्हीं? चार दीस आमचेभशेन सुखान रावूं म्हणून तुमचो इश्ट मातसो ओगीच रावलो. तुमी हांगा जितले चड दीस रावशात तितली तांकां खोसूच जातली."

सुदामान म्हळें "तें खरें. म्हजी घरकान्न सदांच म्हज्या परतुपाची वाट पळयता आसतली. सदांच निराश जावन वतली. हांव हांगा तुमचें खाणजेवण घेवन सुखान आसां. ती आमचें जेवण जेवन भोव कश्टांनी दीस सारता आसतली.

रुक्मिणी देवीन म्हळें "तुमच्या इश्टाक तुमी फाल्यां गावांक वचूंक सोदतात म्हण सांगतां."

कृष्ण येनाबरोबर तिणे ही खबर ताका सांगली. कृष्णान म्हळें "तो म्हणटा तें सारकें. अण्णय्याचो सांगात मेळचो अशें म्हाका दिसलें खरें पूण तेवटेन वयनीचें कशें जातलें हें हावें चिंतलेंच ना. वचुनी ताका फाल्यां."

सुदामाक उमेद जाली. आतां आपणाक भायरसरपाक मेळटलें अशें ताका दिसलें.

आपूण गावांक वचपाक भायर सरूंक शकतलों तें बरें आसा. पूण घरकान्नीन ज्या कामाखातीर धाडला, ताचें कितें?

असो विचार करता आसतनाच्च ताणे एक निर्णय घेतलो. "आमच्या वांट्याक आयलां तें जिवीत आमी जगूंक जाय. आमची दुबळी आवतिकाय सुदरावपाक ताचो आदार कित्याक मागूंक जाय? ताणे स्वता कितेंय विचारिल्लें जाल्यार सांगुंयेतालें. हात्वें जावन ती खबर काडप समा जावचें ना."

कृष्णान आपूण जावन कसली खबर काडली ना. हाणेयबी कसली खबर सांगली ना.

VII

दुसरे दिसा उठून ताणे श्रीकृष्णाक म्हळें ''राजा, ह्या असल्या वस्त्रानी हांव घरा वचूंक शकना. म्हजीं पोन्नीवस्त्रां खय आसात?'' श्रीकृष्णान तीं ताका हाडून दिलीं. सुदामान इतले दीस वापरिल्लीं राजवस्त्रां सोडून दवल्ली आनी आपणालीं दुर्बळ पोन्नी वस्त्रां न्हेसून घरचे वाटेक लागलो.

कृष्ण ताचे वांगडा थोडी वाट चलून गेलो. वाटेर एक ल्हानसो व्हाळ मेळ्ळो थंय रावलो आनी एक ल्हानशी पुडी सुदामाच्या हातांत दीत म्हळें ''ही घे, देवीन तुका दी म्हणल्या.'' प्रवासांत वाटेर भूक लागता तेन्ना खावपा खातीर कसलें तरी खाण आशिल्ली पानांनी बांदिल्ली एक पोटली ताणे ताच्या हातांत दिली. हो मुखावयली वाट चलूंक लागलो. श्रीकृष्ण ताची फाटसुरी आकृती पळयत उबो रावलो आनी तो दोळ्यां आड जालो तेन्ना फाटीं परतलो.

तो घरा पावलो तेन्ना देवीन विचाल्लें ''इश्टाक बरो करून सादूरतायेन वचपाची सुचोवणी दिली मूं.''

कृष्णान म्हळें ''ना. तोंडाक उतरांच आयलीं ना, ताचें स्वताचें आत्मबल ताची राखण करूंक शकना जाल्यार म्हज्या धिराच्या उतरांनी ताची राखण कशी जातली? असो एक विचार मनात आयलो आनी हांव ओगीच रावलों.''

देवीन म्हळें ''आसूं, सोडून दियात. तुमी बऱ्याखातीर केलां तातूंतल्यान बरेंच जातलें. तांच्या सभावांत खदूळ कांय ना, तुमी सांगिल्लें जाल्यार, ''सांगू, बरें जालें'' म्हणटले आशिल्ले. सांगुना जाल्यारूय बी तांचे प्रेरणेन, तांच्या नशिबान घडपाचें तें घडटलें.''

श्रीकृष्णान कांयच म्हळेंना. ताच्या दोळ्यांत दुकां आइल्लेवरी जालीं. ताचे ओंठ थरथरले. ताणे मान हालोवन रुक्मिणीच्या म्हणण्याक हयकार दाखयलो. मनात दाटून आइल्लो भावनेचो उमाळो लिपोवपाखातीर दुसरेवटेन पळोवंक लागलो.

VIII

वाट चलून सोपली आनी सुदामो आपणाल्या गावांत पावलो. तो आपणाल्या घरा वटेन चलूंक लागलो. ताणे आपणाल्या घरावटेन पळयलें. ताका आपणाली जुनी खोप दिसली ना. फाटल्यान जंय खोप आशिल्ली त्या जाग्यार एक भव्य अशें मंदीर दिश्टी पडलें.

ताचो दर्शनी भाग श्रीकृष्ण-रुक्मिणीच्या म्हालाच्या दर्शनी भागासारकोच दिसलो. हें कितें? हें दिसता तें खरे काय हो एक भ्रम?

ताणे मनातले मनात थारायलें. कितें घडलां तें विचारूंक जाय. ताका थंय लागीं कोणूच दिसलो ना. बरें आसा म्हणून तो फुडें सल्लो. त्या म्हालाच्या दारांत ताका एक अस्तुरी दिसली. ती शालू न्हेशिल्ली. तिच्या हातांत एक भांगराचो करो आशिल्लो. रूप वेगळें! ना जाल्यार ती रुक्मिणीच काय कितें असो संभ्रम जांव येतालो.

सुदामो मुखार गेलो. ते महिलेक संबोदून ताणे म्हळें ''नमस्कार, हांगा आमची खोंप आशिल्ली. ती दिश्टी पडना शी खंय. आनी त्या घरांतली बायलमनीस खंय?''

ती बायलमनीस हांसली. ''आं?' हें कितें उलोवप तुमचें? हांवूच न्ही ती? वळखुंना तुमी म्हाका?'' तिणे एका फावटीन विचाल्लें.

सुदामाचो आपणाल्या दोळ्यांचेर विस्वासूच बसना जालो. कानांचेर बसलो. हीच बायलमनीस म्हजी घरकान्न तर. पूण हें घर अशें कितें?

घरकान्न लागीं आयली. ताच्या पायांचेर उदक रकयलें. ती सांगूंक लागली ''तुमी हांगा साकून गेले ताचे तिसरेच दिसा तुमच्या इश्टाचे मनीस आयले. ताणीं हें घर बांदपाक सुरवात केली. एका म्हयन्यान बांदून पूर्ण केलें. मागीर तुमच्या इश्टाच्या घरांत आसा तसलें सगळें सामान हाडून भल्लें. ते म्हाका म्हणूंक लागले ''घरकाराक थंय चार दीस रावून येवंदी. म्हाराजांची तशी इत्सा आसा. तुमी हुसको करूं नाकात, येतले ते.'' आमचे खोपीचो राजवाडो केलो ताणीं. आमची राणी रावता तशी राव म्हणूंक लागले म्हाका. कितलेंय सांगल्यार आयकनात जालें. आमकां हें इतलें सोबना म्हणलें हावें. थंय तुमच्या घरकाराक आमच्या राजान सांगलें तेन्ना ताणी राजवस्त्रां आंगाक घालीं म्हणपाक लागले. तुमी आमचे राणयेसारकीं बरीं वस्त्रां न्हेंसूंक जाय अशी आमचे राणयेची इत्सा आसा म्हणपाक लागले. बरें आसा म्हणलें हावें आनी हीं वस्त्रां न्हेसलें. पळयात हो भांगराचो कळसो. घरभर सगळें असलेंच सामान भल्लां. आमची कोठयेची कूड सामकी राजवाड्यांतली कोठयेकूड जाल्या.

सुदाम्याक ह्यो गजाली एका परस एक विचित्र अशो दिसपाक लागल्यो. घरांत भितर सल्लो आनी ताणे म्हळें ''आमची खोंप खंय आसा?''

''ती पळयात थंय, उदेंतेवटेन एके कुशीक.''

''म्हज्या किच्चणाचे सदांचं हे अशेच खेळ. आपूण अशें करतां म्हण एका उतरान सांगलें ना ताणे. सांगिल्लें जाल्यार हांव नाका म्हणटलों आशिल्लों न्हीं! त्याखातीर सांगपूच ना! करून सोडपाचें! सोडलें करून ताणे! जालें, इश्टाक सांग सांग म्हणून फाटीं लागिल्ली न्ही तूं? जालें काय ना समादान?''

घरकान्नीन म्हळें ''समादान जावंना आनी म्हणूं येता? ह्या म्हज्या हातान तुमकां दोन खेपो पोटभर जेवण वाडपाचें पुण्य म्हाका मेळूं इतलीच म्हजी इत्सा आशिल्ली. पूण तुमच्या इश्टान इतलें हें सगळें उबें करून दिलें.''

सुदामान म्हळें ''बरें जालें, तुजी एक इत्सा भागली ती. म्हजी एक इत्सा आसा. देवा कृपेन तीयबी पूर्ण जावंक जाय.''

''कसली इत्सा?''

''राजवाडो बांदिल्ल्या म्हाराजांनी खोंप सांबाळून दवल्ल्या. इश्टाचे मायेचें प्रतीक म्हण हो राजवाडो. तातूंत तुका पळयता आसतना वडलांकडच्यान म्हाका मेळिल्ले अशे हे खोंपींत हावें रावचें अशीच इत्सा आसा तांची ते करणे फाटली.

सुदामाचे घरकान्नीक हागेल्या उलोवण्याचो उद्देश स्पश्ट जावंनाशिल्लो. तो तिका मागीर कळ्ळो. सुदामान राजवाडो नाका अशें म्हणुना. पूण आपणाली खोंप सोडली ना. दोनूय आपणालींच घरां अशें मानलें. दोनायमदीं खोंप इल्ली चड जिव्हाळ्याची अशें ताका दिसलें.

IX

हांगाच्यान सगळी खबर आपणामेरेन पावपाची श्रीकृष्णान वेवस्था केल्ली. खबर मेळ्ळी तेन्ना रुक्मिणी देवीक उद्देशून ताणे म्हळें ''अण्णय्यान खोंप सोडुंना अशी खबर आयल्या.''

देवीन म्हळे ''तें तांचें भाग्य.''

* * *

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

[illegible]

[illegible]

[illegible]

[illegible]

[illegible]

[illegible]

[illegible]

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

2359

Sh. Stories -7 Dev

RAM

(A)
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: मोटवो कथा
Motvo Katha

YEAR: 2003

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

cc. No. ____________

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार फावोजाल्लो मास्ती वेंकटेश अय्यंगार हांकां कन्नड मोटव्या कथांचे जनक म्हूण वळखतात. मास्तींनी साहित्याच्या सगळ्या प्रकारांनी लिखणी चलयल्या पूण 'सिद्ध हस्त कथाकार' अशीच तांची नामना आसा.

ह्या झेल्यांत वॉल्टायर, शेक्सपियर, टॉल्सटॉय हांचे सारख्या दिग्गज व्यक्तिमत्वांचे खाजगी जिणेतले भावनीक आनी नाजूक अशे प्रसंग चित्रावणी तीन कथा हांगा मेळटात. अन शेक्सपियरीचो घुस्मटमार, फ्रान्स देसांतले चेटलायट राणयेचे आनी लेखक तसोच व्हड विचारवंत वॉल्टायर हांचें भावनीक नाते दाखोवपी, टॉल्सटॉयाची दोंशी जाल्ली मनाची आवतिकाय आनी ताका लागून तांचे घरकान्नीची संवसाराखातीर चालिल्ली प्रत्यक्ष वेव्हारांतली उखल दवर हांची चित्रां त्या कथानी दिश्टी पडटात.

रोमी साम्राज्यांत अजरंवर जाल्ले कर्तृत्वी म्हालगडे आनी तांच्या जिवितांतले कांय प्रसंग तशेंच सुवर्णयूगाच्या सोंपत्या काळांत मुल्यांची विटंबना जावन भ्रश्ट जाल्ली समाज जीण हांचें चित्रणूय वाचतना मन गुल्ल जाता. इजीप्त देशाची एका काळावयली 'राणी हाटशेप सिटू' दादल्याचो भेस घालून आनी दादल्याक लजोवपी तांकीत राजकारबार चलयता पूण मान - अपमान आनी स्त्री सुलभ राग-लोभ हांचोय एके कथेंत परिचय घडटा. मेक्सिको देसांत साम्राज्यशाय पावचे आदीं मुळावी राजवट, थंयची संस्कृताय, 'नेशहुवल कोयोटल' हाचे जिणेतले नाजूक ओडलायणे प्रसंग त्या नांवाचे कथेंत पळोवक मेळटात.

मास्तींनी अस्तुरेचीं तरेकवार रुपां वाचप्यां मुखार दवल्ल्यांत. घोवाच्या भ्रश्ट हावेसांक लागून भड्डत गेल्ली 'चेन्नम्मा', वात्सल्यान भरिल्ली पूण दादल्यांचे बळजबरेक बागवनासतना धिटायेन फुडोकरणी आनीसान पिरायेचेर व्हड समजिकाय दाखोवपी 'चिक्कव्वा', पवित्रतायेची चलणूक आपणावन धिटायेन हक्काखातीर झुजपी आनी भुरग्यांक योग्य मार्ग दाखोवपी 'आंग्ल-भारतीय' आवय इसडोरा सारकी रुपरंगाचो आनी कलेचो गर्व जावन दादल्यांक आपणाक जायतशे वापरून घेवंक सोदपी नर्तकी आनी 'भ्रश्ट काळ' कथेंतली भ्रश्ट जाल्ली स्वार्थी अस्तुरी अशीं साबार तरेची अस्तुरी रूपां मास्तीनी वास्तवाचें भान राखून पितारल्यांत.

सोपें निवेदन, सुटसुटीत संवाद, मुळाव्या अणभवांची बुनयाद, गिन्यानाची धटमूट फाटभूंय अशीं तासां आशिल्ल्यो मास्तींच्यो कथा वाचकांनी अणभंवच्योच.

कर्नाटक विद्यापीठाची डी.लिट. पदवी म्हैसूर विश्वविद्यालयाची डॉक्टरेट, आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार. 1986 वर्सा संवसाराचो निरोप.

Motveo Katha (Konkani), Rs - 90.00
ISBN 81-260-1672-8

22 भासांतली पुस्तकां उजवाडावपी साहित्य अकादेमी ही संवसारांतली सगळ्यांत व्हड संस्था

website : http: // www. sahitya-akademi. org